# पुंडलीक नायक हांच्या वेंचीक नाटकांतलो
# लोकवेद आनी ग्रामीण जीण

प्रबंधाचो अहवाल

पाठ्यक्रम कोड आनी पाठ्यक्रम माथाळो : KKD-421 सोद प्रबंध

क्रेडीट्स : 08

कोंकणी विशयांत

एम. ए. पदवी पुराय करपा खातीर सादर केला


सोद वावर करपी :

**गौरांग गोकुळदास नायक**

हजेरी क्रमांक : 21P018034

मार्गदर्शक :

**प्रा. नरेश चंद्रकांत नायक**

शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला

कोंकणी अध्ययन शाखा

गोंय विद्यापीठ



एप्रील 2023


तपासणी करपी :

शिक्को

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation / Internship report entitled, **"पुंडलीक नायक हांच्या वेंचीक नाटकांतलो लोकवेद आनी ग्रामीण जीण** (Folklore and Village Life in the selected plays of Pundalik Naik)" is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shennoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision/Mentorship of Mr..Naresh Chandrakant Naik and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

GGNaik

Gourang Gokuldas Naik
Roll Number : 21P018034
Discipline of Konkani
Shennoi Goembaab School of
Languages and Literature

Date: 04·05·2023

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation / internship report **"पुंडलीक नायक हांच्या वेंचीक नाटकांतलो लोकवेद आनी ग्रामीण जीण** (Folklore and Village Life in the selected plays of Pundalik Naik )" is a bonafide work carried out by **Mr** Gourang Gokuldas Naik under my supervision/mentorship in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master of Arts** in the Discipline of Konkani at the Shennoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Mr. Naresh Chandrakant Naik
Konkani Discipline, SGSLL

Date:

Shenoi Goembab School of Languages & Lit

School Stamp

Prof. Anuradha Wagle
Dean,
Shennoi Goembab School of Languages and Literature

Date:
Place: Goa University.

कोंकणी विभाग,

गोंय विद्यापीठ

एम.ए पदवे खातीर

सादर केल्लो कोंकणी प्रबंध

# विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास.

**सोद वावर करपी**


कु. गौरांग बाबुराव भांडीये

कोंकणी विभाग

गोंय विद्यापीठ

ताळगांव-गोंय. 403 206


मे 2022

कोंकणी विभाग, गोंय विद्यापीठ

एम. ए पदवे खातीर

सादर केल्लो कोंकणी प्रबंध

# विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास.

सोद वावर करपी

कु. गौरांग बाबुराव भांडीये

मार्गदर्शक

प्रा. नरेश चंद्रकांत नायक

सहाय्यक प्राध्यापक, कोंकणी विभाग

गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय.

कोंकणी विभाग

गोंय विद्यापीठ,

ताळगांव गोंय. 403 206

मे 2022

# जाहिरनामो

गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागांतल्यान 2021-2022 ह्या शिक्षणीक वर्साच्या एम.ए पदवे खातीर सादर केल्लो **'विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास'** हो प्रबंध म्हज्या स्वताच्या अभ्यासाचें आनी वावराचें फळ आसा अशें हांव गौरांग भांडीये जाहीर करतां. गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाचे सहाय्यक प्राध्यापक नरेश नायक हांच्या मार्गदर्शना खाला हो प्रबंध पुराय केला. दुसऱ्या खंयच्याच विद्यापीठाक वा संस्थेक हो प्रबंध कसलेच पदवे खातीर वा पदविके खातीर पुराय रुपान वा एकाद्या वाटूयांत सादर करुंक ना अशें हांव जाहीर करतां.

थळ: गोंय विद्यापीठ

तारीख: 13 मे, 2022.

कु. गौरांग बाबुराव भांडीये

बसका क्रमांक: KK 20PO180002

प्रा. नरेश चंद्रकांत नायक

मार्गदर्शक

कोंकणी विभाग,

गोंय विद्यापीठ.

डॉ. हनुमंत चोपडेकार

विभाग मुखेली

कोंकणी विभाग

भाशा आनी साहित्य संकाय

गोंय-विद्यापीठ.

## उपकाराचीं उतरां

“विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास” हो प्रबंध पुराय जावपा पासत जायत्या जाणांनी मोलादीक हातभार लायला. लेखक प्रत्यक्षांत ह्या संवसारांत नाशिल्ल्यान तांका मेळून जायत्यो गजाली जाणा जावन घेवपाक मेळ्ळें ना. तरी पूण तांच्या नाट्य सहवासांत आशिल्ल्या जाणकारां कडल्यान फावती म्हायती घेवन ह्या प्रबंधांत मांडल्या. ह्या प्रक्रियेंत सगळ्यांत पयलीं हांव म्हजे मार्गदर्शक आनी म्हाका लेखनाच्या मळार सदांच प्रोत्साहीत करपी प्रा. नरेश चंद्रकांत नायक हांणी आपलो मोलादीक वेळ दिवन म्हज्या प्रबंधाक मार्गदर्शन केल्ला पासत हांव तांचो सदांच उपकारी आसतलों. तशेंच गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाचे मुखेली डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचेय बीन उपकार मानतां.

ह्या प्रबंधा पासत नाटकाच्यो संहिता एकठांय करपाक देविदास आमोणकार, प्रशांत सतरकार, विजयकांत नमशीकार, कलानंद बांबोळकार, निलेश बुगडे, हेमंत कांसार ह्या नाटकाच्या मळावेल्या वावुरप्यांचो आदार जालो. तशेंच भौ. पुंडलीक नायक, प्रो. डॉ. प्रकाश वजरीकार, प्रा. दिपराज सातोर्डेकार आनी जेश्ठ रंगकर्मी श्रीधर कामत बांबोळकार हांणी लेगीत मोलादीक आदार केला. ह्या सगळ्या रंगमाचयेच्या उपासकांच्या हांव सदांच रिणांत आसतलों.

त्या भायर पणजेचें कृष्णदास शामा ग्रंथालय, सावय-वेरेंचें पंचायतीचें ग्रंथालय तशेंच कला अकादेमीच्या नाट्य महाविद्यालयाचें ग्रंथालय ह्या ग्रंथालयांच्या ग्रंथपालांक लेगीत हांव देव बरें करुं म्हणटां.

विष्णू सुर्या वाघ हांचीं नाटकां अप्रकाशीत आशिल्ल्या कारणान तीं मेळप सोपें नाशिल्लें. अश्या वेळार लेखकाची घरकान्न अरुणा वाघ हांणीं म्हज्यावेलो हो ताण ल्हव करुन वाघ हांच्या जायत्या अप्रकाशीत साहित्याची वळख घडोवन दिली. तांच्यो चडश्यो संहिता हस्त लिखीत आशिल्ल्यान त्यो दिवपाक अनमनप साहजीक. पूण अरुणा वाघ हांणीं म्हजेर विश्वास दवरुन त्यो संहिता म्हाका दिवन म्हाका प्रबंध फुडें व्हरपाचें बळगें दिलें. तांका हांव मना काळजा सावन देव बरें करुं म्हणटां.

म्हजे इश्ट, इश्टीणी वैभव कवळेकार, अद्वैत साळगांवकार, गोविंद मोपकार, आकाश गांवकार, सुजाता कांबळी, सान्वी खांडेपारकार तशेंच म्हजी आवय प्रमिला भांडीये आनी बापूय बाबुराव भांडीये हांच्या बगर हो प्रबंध पुराय करप कठीण आशिल्लो.

कु. गौरांग बाबुराव भांडीये

थळ: गोंय विद्यापीठ, ताळगांव.

## प्रस्तावना

साहित्य हें समाज प्रबोधनाचें मुखेल माध्यम जाल्ल्यान त्या साहित्याचे विंगड विंगड प्रकार सामाजीक विकासाचो, मुल्यांचो आनी एकंदर सामाजीक प्रक्रियेचो अभ्यास करून साहित्याच्या माध्यमांतल्यान लोकां सामकार मांडटात. कितलोय गहन विशय आसलो तरी साहित्याच्या फास्केंत वास्तव आनी कल्पना हांच्या आदारान मांडू येता. असोच एक साहित्य प्रकार म्हळयार नाटक. ह्या प्रकाराचो उगम भारतीय लोकनाट्य परंपरेंतल्यान जाल्लो दिशटी पडटा.

आमची भारतीय नाट्य परंपरा खूप गिरेस्त. मुळांत ही परंपरा कितली आदली, हे कलेचो उदेव केन्ना जालो, खंय जालो, हाचो सोद घेवप म्हळयार रुशींचें कूळ आनी न्हंयचें मूळ सोदपा इतलेंच कठीण. अभिजात नाटकांच्या उदेवाचो एक वेळ सोद लागत, पूण भौसाच्या जिणे कडेन बांदून उरिल्ल्या लोकनाट्याचें मूळ सोदप कठीण. भारतांतल्या लोककलांची परंपरा ही सनातन आसा. पुर्विल्ल्या काळासावन चालु आशिल्ल्या लोककलांपासून प्रेरणा घेवनच संस्कृत रंगमाची उदेवाक आयली आनी संस्कृत रंगमाचयेर जें घडत गेलें ताचो परिणाम लोककलांच्या सादरीकरणाचेर जालो अशें सांस्कृतीक इतिहासाचो अभ्यास केल्यार कळून येता. उपरांत नाट्य व्यापक जायत गेलें आनी भारतीय भासांनी नाट्य लेखनाक चालना फाव जाली.

कोंकणीच्या मळार 1912 सावन नाटकाक चालना फाव जाली. आयज भारतांतल्या साबार भासांनी हो प्रकार स्वतंत्रपणान केळटा. गोंयांत तर अखंडीत परंपरा आसा म्हणपाचें पडटा. गोंयांत नाटक तीन प्रकारांनी पळोवंक मेळटा. वेवसायीक, निम्न वेवसायीक आनी हौशी वा उत्सवी रंगमाची. 1975 वर्सा सावन सुरू जाल्ल्या कला अकादेमीच्या नाट्यसर्तींतल्यान कोंकणी नाटकाच्या भांगराळ्या पर्वाक सुरवात जाली. नवे नवे लेखक नाटक हो प्रकार हाताळपाक लागले. हांतून भरत नायक, किसन कामत, पुंडलीक नायक आदी वावर करताले. ह्या प्रतिभावंत नाटककारां सावन सुरु जाल्ली नाट्य साधना उपरांत नवोदीत लेखकांनी मुखार व्हेली. वेवसायीक रंगमाची अदीक बळकट जाली. उत्सवी रंगमाचयेक उबारी आयली. अश्या वेळार धारदार लेखनाची तरसाद घेवन कोंकणी रंगमाचेर आयलो तो विष्णू सुर्या वाघ.

“नाटक म्हळयार वेगळें कांयच न्हय जाल्यार तो जिवीताचो नितळ निवळ फोटो” अशें जेन्ना विद्वान म्हणटात तेन्ना विष्णू सुर्या वाघ हे ह्याच गजालीक तत्व मानून मुखार सरिल्ले आसपाक जाय अशें म्हणपाक जाता. नाटक हें फक्त दोन वरांचें आसना जाल्यार तांतूतली विचारप्रणाली ही निरंतर आसता. मुळांत ती एक प्रक्रिया जाल्ल्यान केन्नाच सोंपना. विष्णू वाघ हांचें नाटक ह्याच कांय तत्थ्यांचेर खर आशिल्लें दिसता. तांणीं मराठीन उपाट नाट्यलेखन केलां.

विष्णू वाघ हांचीं कांय नाटकां काल्पनीकतायेवरवीं वास्तविकतायेचो जाल्यार कांय नाटकां वास्तविकतायेवरवीं काल्पनीकतायेचो सोद घेतात. मराठींतले एक अग्रवंर नाटककार म्हूण तांकां गोंय आनी महाराष्ट्रान वळख आसा. पूण तांणीं बरयल्लीं कोंकणी नाटकां फक्त आशय संपन्न न्हय जाल्यार ज्ञानविस्तारीत जावन आसात. तांच्या नाटकांनी कोंकणी मनशाचो आत्मो जाणवले बगर रावना.

प्रस्तूत सोदवावरा भितर विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो अभ्यास केल्लो आसा. तांच्या नाटकान समाज हो केंद्रबिंदू अभ्यासून तातूंतल्या गहन विशयांक वाचा फोडपा पासत ‘विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास’ ह्या माथाळ्या खाला ह्या वावराक आरंभ केला. तांचें फक्त एक नाटक पुस्तक रुपान आयिल्लें आसा जाल्यार बाकिचीं हेर नाटकां हीं अप्रकाशीत आसात. देखून ह्या अप्रकाशीत नाटकांच्या आशयाची-विशयाची वळख सगळयांक घडची आनी नाटकांचो गर्भाशय वाचकांक समजचो देखून समाजशास्त्रीय नदरेन ‘सुंवारी’, ‘पेद्रू पडलो बांयत’, ‘वक्षक’ आनी ‘तीन पैशांचो तियात्र’ ही चार वेंचीक नाटकां अभ्यासा पासत घेतल्यां. तांच्या हेर नाटकांचीय वळख ह्या सोदवावरान दिल्ली आसा. तांच्या नाटकांतले विंगड विंगड आयाम, तशेंच त्या आयामांचें प्रस्तुतीकरण करपाचो यत्न हांगासर केल्लो आसा. हें करता आसतना कोंकणी रंगमाचेचोय इतिहास वाचप्यां मुखार दवरिल्लो आसा.

विष्णू वाघाची खरी ताकद म्हणटा ती तांची शब्दसंपत्ती. हाका लागून तांचीं नाटकां अदीक प्रभावी थारतात. डोंगरी सारक्या कलावंत गांवान जल्मल्लो हो भूंयपूत नाट्यकलेची अखंड सेवा करतालो. गोंयान नाट्यकलेचें दायज खूप गिरेस्त आसा. दर वर्सा अडेच ते तीन हजार नाट्यप्रयोग गोंयांत जातात. गांवागांवान आनी वाड्यावाड्यार उत्सवा निमतान  नाटकां सादर जातात. एकदंर गोंयच्या रंगमाचयेक कसल्याच

प्रकारचो भंय ना हाची गवाय आमकां मेळटा. विष्णू वाघ हांचीं नाटकां अश्याच रंगमाचयेक पोसवण दितात. मोग, दुस्वास ह्या विशयां पलतडीं वचून ते नाटकाक पळयतात. विशय कितलोय ल्हान आसलो जाल्यार लेगीत त्या विशयाच्या कसाक वचून त्या विशयाक वेगवेगळे फांटे फोडून त्या फाट्यांक वाचकांच्या तशेंच प्रेक्षकांच्या मनांत पेलपाचो यत्न विष्णू वाघ हांणीं केल्लो दिश्टी पडटा.

समाज हो तांच्या नाटकाचो मुळ केंद्रबिंदू. समाजाच्या प्रस्नांक आपणाल्या लिखणेच्या माध्यमांतल्यान मुखार हाडून समाजाच्या अंतरमनाचो सोद घेतात. समाजाच्यो हालचाली, रिती, वागणूक आनी हेर गजालींक तांच्या नाटकान बेस बरी सुवात आसता. विंगड विंगड समाज, त्या समाजाच्यो वृत्ती-प्रवृत्ती तांच्या नाटकान दिसतात. अभ्यासापासत  जीं नाटकां घेतल्यांत तातूंत समाजाक कशे तरेन रेंखटायला, तशेंच त्या समाजाच्या प्रस्नांक कशे तरेन वाच्या फोडल्या, हें स्पश्ट जाता. समाजाच्या एकंदर प्रक्रियेचो थाव विष्णू सुर्या वाघ हांणीं आपल्या नाटकांनी कशे तरेन घेतला हें जाणा जावन घेवपा पासत ह्या सोदवावराक समाजशास्त्राचो फांटो वापरला.

ह्या सोद वावरान तांच्या वेंचीक चार नाटकांच्या सामाजीक प्रक्रियेचो अभ्यास केला. त्या भायर कोंकणी नाटकाच्या कांय आयामांक स्पर्श करून, समाज आनी समाजशास्त्राचेर उजवाड घालून विष्णू वाघ हांच्या नाटकांची तपासणी केल्या. हाका लागून समाजशास्त्रांच्या उपशास्त्रांचो वापर केला. समाजशास्त्राचे साबार फांटे स्पश्ट करून त्या वेंचीक नाटकांत तो फांटो कसो स्पश्ट जाला हाचीय दखल घेतल्या. प्रत्तेक नाटकांतले विशय अदीक प्रमाणान स्पश्ट जावचे देखून सगळया नाटकांची वेगवेगळी निस्तरावणी केल्या. ही नाटकां भोवआयामी आशिल्ल्यान त्या आयामांक मांडून म्हजे परीन फाव तो न्याय दिवपाचो यत्न केल्लो आसा. विष्णू वाघ हांच्या नाटकाक एका नव्या दृश्टीकोनांतल्यान पळोवपाचो यत्न केल्लो आसा.

ह्या सोदवावरा पासत कोंकणी-मराठी दिसाळीं, नाटकां, मासिकांतले लेख तशेंच कांय पुस्तकां आनी प्रबंधांचो आदार घेतला. तांचीं बरयल्ल्या चवदा कोंकणी नाटकांतलीं एकरा नाटकां एकठांय केल्लीं आसा. नाट्यमळावेलो हो लामाणदिवो खूप बेगीत पालवलो. देखून प्रत्यक्षान तांकां मेळून भासाभास करपाची संद मेळळी ना. हाका लागून तांच्या सयत वावरिल्ले नाटकां बरोवपी, बसोवपी, नाटकांनी काम करपी तशेंच कांय समिक्षकां कडेन संपर्क सादून तांच्या विशीं चड प्रमाणान जाणा जावन घेवपाचो यत्न केल्लो आसा.

तशेंच तांचीं नाटकां सादर केल्ल्या नाट्य संस्थां कडेन संपर्क सादून सादरीकरणाच्या नदरेन भासाभास केल्या. मुखेल नाटककारांच्यो मुलाखती घेवन विष्णू वाघाविशीं तांचे विचार जाणा जावन घेतल्यात. लेखकाच्या जिवीताचो ल्हानसो पट मांडून ताच्या साहित्य संपंदेची दखल ह्या सोदवावरांत घेतलेली आसा. ह्या वावरांतल्यान कोंकणी नाटकाच्या मळार विष्णू वाघ हांचें योगदान हांवे केल्ल्या ह्या यत्ना वरवीं समेस्तां मेरेन पावतलें अशी आस्त बाळगितां.

# मांडावळ


| प्रकरण | माथाळो | पा. क्र. |
|---|---|---|
| प्रकरण 1 | विष्णू सुर्या वाघ: जिवीत आनी कार्य | 1-9 |
| प्रकरण 2 | नाटक- संकल्पना आनी इतिहास | 10-28 |
| प्रकरण 3 | समाज आनी समाजशास्त्र | 29-45 |
| प्रकरण 4 | सुंवारी- एक शास्त्रीय अभ्यास | 46-73 |
| प्रकरण 5 | तीन पैशांचो तियात्र-<br>कोंकणी रंगमाचयेवेलो नवोदीत प्रयोग | 74-98 |
| प्रकरण 6 | पेद्रू पडलो बांयत- एक सत्याचो दिश्टावो | 99-119 |
| प्रकरण 7 | वक्षक- एक समाजीक अध्ययन | 120-137 |
| 8 | निश्कर्श आनी समारोप | 138-141 |
| 9 | संदर्भावळ | 142 |
| 10 | परिशिश्ट | 143 |
| 10.1 | मुलाखती | 143-145 |
| 10.2 | जाणकारांचीं मतां | 146 |
| 10.3 | फोटो दालन | 147-148 |

# प्रकरण 1

# विष्णू सुर्या वाघ: जिवीत आनी कार्य

1.1 विष्णू सुर्या वाघ: जिवीत आनी कार्य

1.1.1 जल्म

1.1.2 वैयक्तीक जीण

1.1.3 शिक्षण

1.1.4 पत्रकारीता

1.2 सामाजीक आनी सांस्कृतीक वळख

1.2.1 पुरस्कार

1.2.2 राजकारण

1.3 साहित्यीक विष्णू वाघ

1.3.1 प्रकाशीत आनी अप्रकाशीत साहित्य

1.4 मरण

## 1.1 विष्णू सुर्या वाघ- जिवीत आनी कार्य

### 1.1.1 जल्म:

अश्टताशी साहित्यीक विष्णू सुर्या वाघ हांचो जल्म 24 जुलय, 1954 वर्सा तिसवाडींतल्या डोंगरी गावांत जालो. तांच्या बापायचें नांव सुर्या वाघ आनी आवयचें नांव इंदु वाघ.

### 1.1.2 वैयक्तीक जीण:

विष्णू वाघ हांचें पयलें लग्न शर्मिला राव हांचे कडेन जालें आनी तांकां दोन भुरगीं जालीं. 2006 वर्सा तांच्या घटस्फोटा उपरांत तांणीं अरूणा चोडणकार हांचे कडेन लग्न केलें. अरूणा चोडणकार भारताच्या केंद्रीय कामगार मंत्रालयाच्या कामगार विभागान अधिकारी म्हूण कार्यरत आशिल्ली. तांकांय प्रियदर्शन आनी गगनसूर्य अशे दोन चले आशिल्ले. तशेंच विष्णू वाघ हांकां 3 भाव-भयणां आशिल्लीं. रामराव, स्मिता आनी ज्योत्सना. ल्हानपणांसावन हुशार आशिल्ल्यान तांच्या घरान बापायन साबार पुस्तकां हाडून दवरलेलीं. विष्णू वाघ हे ल्हानपणांतल्यान तितलेच बरे वाचक आशिल्ले. खाडीलकार, कानेटकार, गडकरी सारक्या प्रख्यात नाटककारां कडल्यान ते प्रभावीत जाले. जेन्ना तांच्या थळाव्या जाग्यार एक ग्रंथालय उगडलें, तेन्ना न चुकता ते थंय वचून वाचन करताले. रघुवीर नांवचो ग्रंथपाल तांकां पुस्तकांच्या आवडी प्रमाणे पुस्तकां उधार आनी विकतीं घेवपाचो सल्लो दितालो. आपल्या वाचनाच्या माध्यमांतल्यान तांका गुप्तहेर कादंबरी आनी अलंकारीत साहित्याची वळख जाली. कांय कारणांक लागून तांचें थळावें ग्रंथालय बंद पडलें. पूण तो मेरेन विष्णू वाघ थळाव्या ग्रामपंचायतीचे पंच वांगडी जाल्ले. तांणी ग्रंथालयाची नव्यान सुरवात केली. तांणीं फोंड्या आपल्या इश्ट-घरच्यां सयत खूप वेळ घालयलो. तांणीं आपले बापूय, सुर्या वाघ हांच्या मार्गदर्शनाखाला एका बाल कलाकाराच्या रुपान साबार नाटकांनी भुमिका केल्यो. ते संगीत नाट्य मंडळाचे वांगडी आशिल्ले. आपल्या कविता वाचन, धालो प्रदर्शनान ते कृष्ण, राम सारक्या पौराणिक चरित्रांचो वापर करताले. तशें तांचें घराणें धार्मीक नाशिल्लें. पूण विष्णू वाघ हांकां भजन, किर्तन तशेंच धार्मीक पाठ हांची आवड आशिल्ली. ते सातत्यान आपल्या गांवान मारुतिच्या, रामाच्या देवळांनी किर्तनाच्या कार्यावळीनीं वांटेकार जाताले. विष्णू वाघ हे ब्रम्हानंद स्वाम्याचे खूप लागिचें अनुयायी आशिल्ले. देखून अध्यात्म ह्या

विशया कडेन विष्णू वाघ खूप लागींच्यान जोडिल्ले आशिल्ले. हाचो प्रभाव आमकां तांच्या साहित्याच्या साबार आंगानी प्रखरपणान दिश्टी पडटा.

### 1.1.3 विष्णू वाघ हांचें शिक्षण:

अभ्यासान सदांच प्राविण्य मेळोवपी विष्णू वाघ धावेक बोर्डाच्या परिक्षेंत गुणवंतांच्या वळेरेंत आयलो. आपलें शिक्षण तांणी वास्को आपल्या मावशे कडेन रावन पुराय केलें. उपरांत एम.ई.एस महाविद्यालयान पदवी खातीर विज्ञान शाखेचें अध्ययन केलें. थंय तांकां बऱ्या प्राध्यापक वर्गाचें मार्गदर्शन फाव जालें. साबार सर्तींनीं, कार्यावळींनी ते सातत्यान वांटेकार जावपाक लागले. वास्कोच्या म्यून्सीपल ग्रंथालयान तांणीं नोंदणी केली. ह्या दरम्यान तांची साहित्यीक, कलाकारां कडेन इश्टागत जाली. ह्या वेळार तांच्या भितर बरोवपाची धूंद चडली. स्वता एकांकीका, नाटकां बरोवन तांणी तीं बसोवपाक लेगीत सुरवात केली. ह्या दरम्यान तांणी पत्रकारीते भितर पयल्या फावट पावल दवरलें. पदवेच्या दुसऱ्या वर्सा तांका हेर विशयां परस भासांच्या अभ्यासान बरे गूण फाव जाले. उपरांत तांणीं धेंपे महाविद्यालयांतल्यान रसायनशास्त्र आनी जीवशास्त्र हे विशय घेवन बि.एस.सी पुराय केली. जेश्ट तज्ञवंत आनी संशोधन शास्त्रज्ञ डॉ. नंदकुमार कामत हांच्या संपर्कांत आयले. तांच्या सल्ल्याप्रमाण ते विद्यार्थी चळवळींत वांटेकार जाले. तांच्या वांटेकार जाल्ल्यान विद्यार्थी चळवळ चड बळीश्ट जाली. उपरांत फुडल्या शिक्षणा पासत तांणीं गोंय विद्यापीठान बायोकॅमीस्ट्री विशयान पदव्युत्तर शिक्षणा खातीर अर्ज केलो. पूण 1987 वर्सा आपल्या बापायच्या मर्णा उपरांत तांणी दुसऱ्याच वर्सा अभ्यासक्रम सोडून पत्रकारीतेंत प्रवेश केलो.

### 1.1.4 पत्रकारीता

युवकांचें प्रेरणास्थान विष्णू वाघ हांणी शिक्षणा उपरांत पत्रकारीतेंत पावल घालें. तांणी आपली सुरवात न्यूज 123न वांटेकार जावन तरुण भारताच्या इंग्लीश प्रशासना कडल्यान केली. तरण्या वयार संपादक पदार पावपी पयले युवा संपादक म्हूण तांकां नामना फाव जाली. खूप काळान गोंयकार मनीस एका दैनीकाचो संपादक जालो. उपरांत पुढारी (कांय काळ), गोमंतक ह्या दिसाळ्यांचे संपादक म्हूण तांणीं काम पळयलें. ‘सायम’ दिसाळें गोंयान सुरु जालें. सक्रीय पत्रकारीतेंत तांणीं अल्पकाळ घालयलो. ते एक निडर पत्रकार म्हूण सगळ्यां मदीं फामाद आशिल्ले. तांच्या शब्दांची अलंकारीकता पत्रकारीतेंत खूप दिसून येता. लोकांक जागे करपा

पासत, वास्तव पटोवन दिवपा पासत, सत्य पटोवन दिवपा पासत पत्रकारीतेचें साधन भोव म्हत्वाचें अशें वाघ मानताले. आपल्या अग्रलेखांनी तांणी सामाजीक बंड केल्लें दिश्टी पडटा. एकदंर, तांणी आपल्या सगळ्या साहित्यांतल्यान एके तरेची पत्रकारीताच केल्ली दिश्टी पडटा. पूण प्रत्तेक मनीस हो दिसाळीं वाचपाक पावना. देखून सामान्य मनशाक अग्रलेखांतल्यान जागो करप तितलें सोपें ना अशें तांकां उपरांत दिसून आयलें. विष्णू वाघ हे निमणे मेरेन पत्रकार आशिल्ले. पत्रकारीता हें आपलें शस्त्र मानून सामाजीक चेतना जागोवपाचो तांणीं यत्न केल्लो आमकां दिश्टी पडटा. एक निर्भींड पत्रकार म्हूण तांचें नांव अजून अन्नवंर आसा.

**1.2 विष्णू सुर्या वाघ हांची समाजीक आनी सांस्कृतीक वळख:**

विष्णू वाघ हे एक अश्टताशी कलाकार. समाजीक आनी सांस्कृतीक क्षेत्रान तांणी स्वताक सक्रीय करून समाजकार्य व्हडा कळाशेन मुखार व्हेल्लें आमकां दिश्टी पडटा. अध्यात्माचे संस्कार तांचेर ल्हानपणासावनूच जाल्ल्यान तरण्या वयार तांची आध्यात्मीक विचारधारा तयार जाल्ली. साबार समाजीक आनी सांस्कृतीक संस्थांचे ते वांगडी आशिल्ले. समाजकार्य करता आसतना कसलोच भेदभाव करी नासतना सगळ्या लोकांक लोकाश्रय मेळपाक लागून ते वावुरताले. आमचो समाज सांस्कृतीक रित्या कितलो घटमूठ आसा हाची जाणीव ते वाटेपावला करून दिताले. आपल्या बेधडक उलोवपांतल्यान कसल्याय गजालीची वाट काडपांत तांचो हात धरपी मेळप कठीण आशिल्लो. तांच्या ह्याच गुणांक लागून साबार संस्था, आस्थापनां, गटमंडळांचे ते वांगडी जावन आसले. एकंदर तांच्या एकूण जिवीतांत तांकां आपव जाल्लीं कांय म्हत्वाचीं पदां म्हळयार;

- सल्लागार, म्हायती आनी प्रसार माध्यम खातें, गोंय सरकार.
- अध्यक्ष, गोंय राज्य अनुसूचीत जाती आनी हेर मागासवर्गीय आर्थीक विकास म्हामंडळ.
- उपाध्यक्ष, राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें-गोंय.
- सदस्य, पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर.
- कार्यकारी सदस्य, विश्व मराठी अकादेमी.
- अखील भारतीय भंडारी समाजाचो म्हणयारो.
- खासा आमंत्रीत, गोंय मनोरंजन सोसायटी.

- अध्यक्ष तशेंच उपाध्यक्ष, गोवा कला अकादेमी.
- संपादक, दै. गोमंतक, दै. वर्तमान
- संपादन मुखेली, दै. तरुण भारत (गोंय आवृत्ती), दै. पुढारी (गोंय आवृत्ती), दै. गोवा टाईम्स.

### 1.2.1 विष्णू वाघ हांकां फाव जाल्ले पुरस्कार:

| | |
|---|---|
| दुमाणी पुरस्कार, सोलापूर. | गोमंत विद्या निकेतन पुरस्कार. |
| बा. भ. बोरकार पुरस्कार, मुंबई. | गोमंतक मराठी अकादेमी पुरस्कार. |
| यशवंतराव चव्हाण पुरस्कार, पुणे. | कला अकादेमी नाट्य लेखन पुरस्कार. |
| पुणे फेस्टीवल सम्मान. | गोवा रत्न पुरस्कार. |
| धनंजय कीर पुरस्कार, मुंबई. | राज्य युवा पुरस्कार, गोंय राज्य. |
| रणजित देसाई पुरस्कार, कोबाड. | विद्या वाचस्पती पुरस्कार. |
| युवा चेतना पुरस्कार. | आचार्य पि.के. अत्रे साहित्य पुरस्कार. |

### 1.2.2 राजकारण आनी विष्णू वाघ:

आपल्या राजकीय कारकिर्दीची सुरवात वाघ हांणीं पंच सदस्य म्हूण निवडून येतकीच केली. पूण खऱ्या अर्थान तांचो राजकीय प्रवास 1990 वर्सा शिवसेना ह्या पक्षासयत सुरु जाली. उपरांत, गोंय प्रदेश कोंग्रेस मंडळाचे ते पूर्व महासचीव आनी म्हणयारे म्हूण काम पळयताले. तांच्या उलोवपाच्या शैलीक लागून तांचें उलोवप सदांच चड प्रभावी जातालें. पूण 14 वर्सां उपरांत, 30 ऑक्टोबर, 2011 वर्सा वाघ हांणीं भापजाच्या जेश्ठ फुडरी मनोहर पर्रीकार, लक्ष्मीकांत पार्सेकार, आनी श्रीपाद नायक ह्यांच्या उपस्थीतीन भारतीय जनता पक्षान प्रवेश केलो. 2012 वर्सा तांणी भा.ज.पा अंतर्गत सांत आंद्रे मतदारसंघातल्यान विधानसभा वेंचणूक लढयली आनी जैतीवंत जाले. सरकारांत रावन तांणीं साबार गजाली जाग्यार घालपाचो यत्न केलो. 14 जानेवारी, 2016 वर्सा तांणीं गोंय विधानसभेचे उप-सभापती म्हूण सुत्रां सांबाळीं. पूण उपरांत विष्णू वाघ हांच्या इबाडिल्ल्या

भलायकेक लागून 2017 वाघ हांचे भाव रामराव वाघ  हांणी सांत आंद्रेच्या तिकेटीर वेंचणूक लढयली. पूण तांकां यश फाव जालें ना. विष्णू वाघ हांची राजकीय कारकीर्द खूपश्या नव्या राजकर्त्यांक देखीच्या रुपान मुखार आसा  अशें म्हणपाक अतिताय जावची ना.

## 1.3  साहित्यीक विष्णू वाघ:

साहित्यीक क्षेत्रांत विष्णू वाघ हांचो वांटो शिंवाचो आसा. तांची साहित्य साधना, तांचो देरेका गोश्टी कडेन पळोवपाचो दृश्टीकोन आनी तांची वाचनप्रणाली तांकां व्हड व्हड साहित्यीकांच्या पंगतींत व्हरुन बसयता. तरणे पिरायेर सावन तांणी आपल्या लेखन-वाचनाक सुरवात केली. देखून साहित्याविशींची एक आगळी नदर तांका ल्हान पिरायेरुच आयिल्ली. उपरांत महाविद्यालयीन मळार तांचो नाट्यमळार वांटो तांकां साहित्याच्या खोल दर्यांत घेवन आयलो. मराठी भाशेंतले एक  ज्वलंत नाटककार म्हूण तांकां वळखतात. कोंकणींत तितल्याच खर आशयाचें साहित्य तांणीं दिल्लें आसा. तांची भाशेचेर आशिल्ली पकड सहजा कोणा मदीं आसतली अशें म्हणपाक मन तयार जायना. आपल्या शब्दसंपत्तीच्या बळार तांणीं नाटक पळोवपी प्रेक्षकाक केन्नाच बेश्टो घरा धाडूना. कसल्या तरी विचारांचें बीं ताच्या तक्लेंत पेलून विचारमंथनाक वाचा फोडल्या. आपल्या तांकीच्या बळार विष्णू वाघ गोमंतक युवा मराठी संमेलनाचे माजी अध्यक्ष, गोमंतक नाट्य संमेलनाचे माजी अध्यक्ष, युवा मराठी संघर्ष समितीचे निमंत्रक, सूर्यमंडळ फोंडें हांगचे संस्थापक अध्यक्ष म्हूण तांणीं काम पळयलां. सामाजीक तशेंच साहित्यीक कार्यांत तांणीं सदांच आपलो वांटो दाखयला. साबार कवी संमेलनांनी आपल्यो असंख्य कविता सादर करुन लोकांची मनां जिकल्यां. लोकसंस्कृतायेचो खर उपासक जाल्यान तांच्या साहित्यान संस्कृताय तशेंच समाजीक प्रस्न व्हडा कळाशेन उप्रासतात. तांचें उपाट वाचन आनी लेखन तांचें साहित्यांतलें वर्चस्व सिध्द करता. एका अश्टताशी व्यक्तीमत्वाची बेस बरी  देख म्हळयार विष्णू सुर्या वाघ.

### 1.3.1  विष्णू सुर्या वाघ हांचें प्रकाशीत आनी अप्रकाशीत साहित्य

| क्रम | मराठी नाटकां | क्रम | कोंकणी नाटकां |
|---|---|---|---|
| 1. | एका माणसाचा मृत्यू | 1. | सुंवारी |
| 2. | धर्मश्री | 2. | धरणगाज |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 3. | समुद्रपक्षी | 3. | वक्षक |
| 4. | साम्राज्य | 4. | दोंगरा माथ्यार पेंटला उजो |
| 5. | माझ्या मातीचे गायन | 5. | हांगा जाय जातीचें |
| 6. | वक्षक | 6. | पेद्रू पडलो बांयत |
| 7. | तुका अभंग अभंग | 7. | फांतोडफूल |
| 8. | स्मशानवेद | 8. | तीन पैशांचो तियात्र |
| 9. | पुन्हा एकदा | 9. | ल्हेमटो मनीस |
| 10. | चार बापांचा मुलगा | 10. | परत एकदां |
| 11. | घर थकलेली एकाकी | 11. | जय हो |
| 12. | भगव्या मातीचा माणूस | 12. | हॅलो हांव उलयतां |
| 13. | शिवगोमंतक | 13. | तीन तिके अमुरपिके |
| 14. | कृष्णव्दैपायन | 14. | लोकांफुडें हांव |
| 15. | आदित्यचक्षू | | |
| 16. | मगधमया | | |
| 17. | नोट लावीन तिथं गुददुद्या | | |
| 18. | बाई मी दगूड फोडते | | |
| 19. | प्राचीवर ये भास्करा | | |
| 20. | वैराग्यमठ | | |

***मराठी संगीत नाटकां***-सं. वसंतसेना, सं. युध्द नको मज बुध्द हवा, सं.अलख निरंजन

***मराठी पुनर्लिखीत नाटकां***- सं. स्वयंवर, सं. गरुडझेप, करीन ती पूर्व, घेऊन फिरतो गांव, ईस्फोट, दिव्य स्वातंत्र्य रवी आदी...

***मराठी एकांकीका***- अंधारलाटा, शब्दकुंड, सुंवारी, पुलावरचा माणूस, देवपारध, एका जातीय

दंगलीचं पोस्टमार्टम, चादरवेळ, तो येणार आहे, संदर्भ वेदनांचे, तम निशेचा सरला, रक्तपर्जन्य, उत्खण, महामानव, आभासमाया, होलीया, सीजफायर आदी...

| | |
|---|---|
| **कोंकणी कविता संग्रह-** सुदिरसूक्त: प्रकाशक- अपूरबाय प्रकाशन, वळवय. प्रकाशन वर्स- 2013. | **मराठी अनुवादीत साहित्य-** शांततेचे घण<br>कोलाहल<br>**चरित्रलेखन-** सळसळ पिंपळापानांची<br>एका सुरश्रीची कथा<br>हे सुरांनो जितेंद्र व्हा |

**मराठी कविता संग्रह**

| **क्रम.** | **कविता संग्रह** | **प्रकाशनाची तारीख** | **प्रकाशक** |
|---|---|---|---|
| 1. | झिंजीर झिंजीर सांज | 21 नोव्हेंबर, 2003. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 2. | फील गुड फेणी | 29 फेब्रुवारी, 2004. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 3. | सुशेगाद | 29 फेब्रुवारी, 2008. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 4. | वाघनखे | 30 मार्च, 2008. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 5. | बच्चुभायची वाडी | 31 मे, 2008. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 6. | पर्जन्यधून्य (गद्यकाव्य) | 24 जुलै, 2008. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 7. | ||लोकोपनिषद|| (भाष्यकविता) | 19 जून, 2009. | इंदुसूर्य प्रकाशन |
| 8. | ती बाई मीच आहे (दिर्घकविता) | 8 मार्च, 2013. | सृष्टी प्रकाशन, डोगरी. |

***कोंकणी एकांकीका-*** समाजपुरसाक कोण खणटा, म्हाबळी, नचिकेतस, माडा आपा वाऱ्यार धोलता, द्रौपदीची पँट, खा रे खा, आम आदमी, नखलामी, रातराणी आदी...

## 1.4 मरण

मे 2016 वर्सा वाघ हांका आकांताचो आताक आयलो. उपरांत रोखडोच ऑगश्ट म्हयन्यान पणजे एका सुवाळयाच्या वेळार आनीक एक आताक आयिल्ल्या कारणान तांकां गोंय वैजकीय महाविद्यालयान दाखल केले. तांची एंजीयोप्लास्टी करची पडली आनी उपरांत तांकां मुंबय हिंदुजा इस्पीतळांत दाखल करचे पडले. उपरांत धिरुभाई अंबानी  इस्पीतळांत तांचेर जाल्ल्या न्युरोसर्जीकल उपचारांक लागून तांच्या जिवांत जीव आयलो. मुंबय आशिल्ले कडेन नाना पाटेकार, महेश मांजरेकार सारक्या विख्यात व्यक्तीं कडेन तांची भेट जाली. एप्रील 2017 वर्सा ते गोंयांत परतले. त्या वेळार लेगीत साबार फावटीं तांकां इस्पीतळांत दाखल करचे पडले.

2019 वर्सा आपल्या घरकान्नी सयत ते दक्षिण आफ्रीकेच्या दौऱ्यार आशिल्ले. ह्याच वेळार 8 फेब्रुवारी 2019 ह्या दिसा न्हिदेन आसतनाच तांकां मरण आयलें. ही खबर तांच्या घरकान्नीन पांच दिसां उपरांत कळयली. घरकान्नीन सांगिल्ल्या प्रमाण, वाघ जेन्ना मणिपाल इस्पीतळांत दाखल आशिल्ले तेन्ना तांणी जोहान्सबर्ग आनी केप टावनची भोंवडी करपाची इस्ता उक्तायल्ली. तांकां बंद कुडीन मरण नाका आशिल्लें देखून तांणी ही आपली इस्ता उक्तायल्ली. मरण येवच्या पयलीं तांणीं आपली एक मराठी कविता ‘मरण्यापुर्वी काही सुचना’ ही कविता प्रसिध्द केली. तांचें मरण राजकीय सम्मानान जालें. 17 फेब्रुवारी, 2019 ह्या दिसा फोंडें हांगासरल्या स्मशानभुमींत वाघ हांचेर निमणे संस्कार जालें आनी साहित्याच्या मळावेलो एक अन्नवंर लामाणदिवो सदांकाळा खातीर पालवलो.

# प्रकरण 2

# नाटक- संकल्पना आनी इतिहास

2.1 नाटक

2.1.1 व्याख्या

2.1.2 घटक

2.2 गोंयचें कोंकणी नाटक

2.2.1 गोंया भायल्या कोंकणी नाटकाचो इतिहास

2.2.2 गोंय मुक्ती आदल्या गोंयच्या कोंकणी नाटकाचो इतिहास

2.2.3 गोंय मुक्ती उपरांतल्या गोंयच्या कोंकणी नाटकाचो इतिहास

2.2.4 कला अकादेमीची कोंकणी नाट्य सर्त

2.2.5 अणकारीत कोंकणी नाटयसंहिता

2.2.6 मुखेल नाटककारांचें योगदान

2.2.6.1 पुंडलीक नायक

2.2.6.2 दत्ताराम कामत बांबोळकार

2.2.6.3 प्रकाश थळी

2.2.6.4 डॉ. प्रकाश वजरीकार

2.2.6.5 डॉ. जयंती नायक

## 2.1 नाटक

'नाटक' ह्या उतराची व्युत्पत्ती 'नट' ह्या धातू सावन जाल्या, जाचो अर्थ 'साहित्यीक भावांचें प्रदर्शन' तशेंच 'नाटक' शब्दाचो संबंद 'नट' (अभिनेतो) ह्या उतरा कडेन आसा. मुळांत नट हें उतर प्राकृतांतल्यान जल्माक आयलां. इंग्लिशींतलें 'ड्रामा' हें उतर मूळ ग्रीक उतर 'ड्रन' उतरावेल्यान आयलां जाचो अर्थ 'कृती करप'. नाटक हो दृक आनी श्राव्य असो साहित्य प्रकार. नाटककार, दिगदर्शक, कलाकार आनी प्रेक्षक हांचो मेळ नाटक घडयता. साहित्याचे विंगड विंगड प्रकार आसात. पूण नाटक हो चड प्रभावी प्रकार थारता. मुळांत साहित्य प्रकार जितो-जिवो दिसपा पासत तांतूंत जिवन अणभव प्रगट जावप म्हत्वाचें आसता. नाटकान तो चड प्रमाणान जाता अशें म्हणपाक अतिताय जांवची ना. हेर प्रकारांचो आस्वाद एका वेळार एकूच मनीस घेवंक शकता (एकांकीका सोडून). पूण हें सामुहीक जाल्ल्यान एकाच वेळार साबार काळजांक स्पर्श जावंक शकता.

'नाटक' ही जशी एक साहित्यकृती तशीच एक अविस्मरणीय कला. हें दृक-श्राव्य माध्यम जाल्ल्यान नाटकाचें नेपथ्य, न्हेसवण, अभिनय, हाव-भाव हीं नाटकाचीं दृश्य आंगा जाल्यार संवाद, संगीत, ध्वनी हीं श्राव्य आंगां. नाटक ह्या साहित्य प्रकाराच्या अंतरंगाचो थाव घेत जाल्यार हेर साहित्य प्रकारां परस नाटकाच्या बळग्याक वर्चस्व फाव जाता. हांगा रंगमाचयेच्या तीन वण्टीच्या आदारान सर्जनशील लेखक आपणाल्या निर्मणी कळाशेच्या आदारान आपणाल्या अणभव विश्वाचें शब्दचित्र कागदार देंवयता. जिणेचे साबार तास दर्शायतना नाटक खूप कितें सांगून वता. वास्तवीक जिणेक कल्पनाशक्तीचो भेस चडोवन जेन्ना लेखक कसलीय गजाल मांडटा, तेन्ना नाटकाचें वेगळेंपण सिध्द जाता. आपल्या अभिव्यक्तीचें माध्यम म्हूण मानून कांय नाटककार नाटक हो प्रकार हाताळटात. नाटकाची प्रक्रिया ही नाटक बरयले उपरांत सोंपना जाल्यार माचेर सादर जाल्या उपरांत ताचो कस थारता. प्रयोगा उपरांतूच नाटकाक पुर्णत्व येता. सगळ्या घटकांच्या आदारान जेन्ना नाटक सादर जाता, तेन्ना तें सगळ्या वाटांनी प्रभावी थारता. भारतीय भासांनी हो प्रकार व्हडा प्रमाणान हाताळ्ळा. नाट्य परंपरा जंय-थंय जागृत आसा. साहित्या सयत अभिव्यक्तीचें माध्यम म्हूण फक्त लेखकांनीच न्हय जाल्यार प्रेक्षकांनी लेगीत नाटक आपणायलां. संस्कृत नाट्यपरंपरे सावन सुरु जाल्लो प्रवास अखंडपणान चलत आसा. नवे नवे प्रयोग, तंत्रांची भर नाटकान पडत आसा.

### 2.1.1 नाटकाच्यो अभ्यासकांनी दिल्ल्यो व्याख्या

संवसारांतल्या नामनेच्या जाणकारांनी नाटकाच्यो साबार व्याख्या दिल्ल्यो आसात. ह्यो व्याख्या नाटकाच्या अंतरंगाक धरून आसता. हांतूतल्यान नाटक ही संकल्पना स्पश्ट जावपाक आदार जाता. तांतूंतल्यो कांय वेंचीक व्याख्या घेवच्यो जाल्यार;

- *"नाट्यम रसात्मक काव्यम"- आचार्य भरतमुनी.*

  इ.स पूर्व सव्या शेकड्यांत भरतमुनीन नाट्यशास्त्र रचलें. तांच्या व्याख्ये प्रमाण रस आसल्या शिवाय काव्य पुराय जायना. तशेंच नाटकाक लागून परमेश्वर प्रसन्न जाता, तसो तो गंध फुलांनी पसून जायना. देखून रसाची निर्मणी नाट्या भितर भोव म्हत्वाची आसा.

- *"Drama is a copy of life, a mirror of custom, a reflection of truth."- सिसरो.*

  नाटकाच्या ह्या व्याख्ये प्रमाण नाटक हें जिवीताचें पडबिंब. आमच्या जिवीतांत घडपी दरेक गजाल फाव त्या माध्यमांतल्यान आमच्या कृतीची मोलावणी करता. तशेंच तो एक आगळो वेगळो हारसो जावन आसा जो सत्याची जाणवीकाय करून दिता. ह्या हारश्यान सत्याचो दिश्टावो जाता आनी जिवीता कडेन पळोवपाची नदर फाव जाता.

- *"The drama, therefore, must be a focussing mirror, which, instead of making weaker, collects and condenses the coloured rays, which will make of a glim a light, of a light a glame. Then only is the drama worthy of being counted an art."- बोमार्शे.*

  बोमार्शे हांच्या ह्या व्याख्ये प्रमाण नाटक म्हळयार जिवीताचो नितळ निवळ फोटो जावन आसा जो आयुश्याचे विंगड विंगड आयाम स्पश्ट करता. ह्या आयामांतल्यान आमचे भितर एक उर्जा निर्माण जाता जी आमच्या विकासाक चालना फाव करुन दिता.

- "*The drama is not a copy, but an imitation of nature."- कॉलरीज*

  नाटकान साबार गजाली भावनात्मक आनी उत्कटतायेन मांडटात ज्यो प्रासंगीक जिणेंत आमकां दिश्टी

पडना. तें फक्त सरळ जिवीताचें चित्रण न्हय. देखून जेन्ना वास्तवीत गजालीक काल्पनीकतायेचें रुप दिवन नाटकाच्या माध्यमांतल्यान मांडप जाता तेन्ना ती गजाल चड प्रभावी जाता.

- *"नाटक म्हणजे सृष्टिक्रमाचे ज्यात अनुकरण करून लेखनाद्वारे संवाद रुपाने मानव संसाराचे रूप वास्तविकपणे दाखविले असते."- रा.श. पाळिंबे*

  ही व्याख्या मनाक पटपा सारकी आसा. संवादांच्या माध्यमांतल्यान मांडलेलें जिवीताचें रूप वास्तवीक दिसपा सारकें नाटक सशक्त आसा हाची गवाय मेळटा. हांगासर संवाद हो नाटकाचो घटक नाटकाची जमेची बाजू आशिल्ल्याचेंय जाणकार सांगता.

- *"नाट्यकला म्हळ्यार सृजनात्मक अभिव्यक्तिचें एक रूप, जंय मुखेलपणान संवादमूलक आलेख वा कथा नटांच्या मार्फत बाकिच्या रंगशिल्पींच्या आदारान खंयच्याच मायचेर ना नाटक घरांत प्रेक्षकांच्या मुखार सादर जाता."- श्रीधर कामत बांबोळकार*

  हांगासर तांणी सादरीकरणाक प्राधान्य दिल्लें दिश्टी पडटा. संवाद, नाच, संगीत हांचो मेळ नाटकाक उंचेलो पावंडो फाव करुन दिता अशें ते म्हणटात. अशे तरेन नाटकाच्यो साबार व्याख्या तज्ञांनी मांडलेल्यो आसा. नाटकाक खाशेल्या दृश्टीकोनान पळोवपाची नदर ह्यो व्याख्या भेटयतात.

### 2.1.2 नाटकाचे घटक:

#### 2.1.2.1 कथानक

नाटक बरे तरेन रंगतलें जाल्यार तातूंतलो कथानक म्हत्वाचो आसता. वास्तवीक-काल्पनीक गजालींचो सांगोड घालून कथानक रंगता. आशय-विशयान जेन्ना नाटक पकदस्त जाता, तेन्ना तें चड प्रभावी जाता. मुळांत कथानक हो नाटकाची जमेची बाजु. नाटकांतलें भांगर प्रेक्षकांक दिश्टी पडपाक लेखकान कथानक बरे तरेन मांडप गरजेचें. कथानकाची सुरवात, मध्य आनी शेवट जितल्या क्लिश्टतायेन मांडप जाता, तितलो नाटकाचो पावंडो उंचेल्या थरार वता. कथानक बरें आसत जाल्यार नाटक रंगपाक वेळ लागना.

#### 2.1.2.2 संवाद

संवाद हो नाटकाचो आत्मो. जें कथानक नाटककार मांडटा, तें संवादाच्या माध्यमांतल्यान मुखार वता. संवादांक लागून कथानकाची गती कायम उरता. संवादातल्यान नाट्यात्मक आशय प्रगट जावपाक जाय. संवादाच्या प्रस्तुतीकरणान नाटकाक बळ येता. लेखकान ज्या तरेन संवाद मांडला त्या तरेन तो उलोवप म्हत्वाचें. ना जाल्यार संवादाचो गोडवो वता. तशेंच संवाद जाय थंयच आनी जाय ते तरेन जावप म्हत्वाचो. संवादातल्यान पुराय नाटक अभिप्रेत जाता. आधुनीक नाटकांनी गितांचो वापर करून संवाद सादपाचें तंत्र येवंक लागलां. जितले नाटकान संवाद बरे आसतात, तितलेंच नाटक प्रेक्षकांक बरे तरेन ग्रहण जाता.

#### 2.1.2.3. पात्रां

पात्रां शिवाय नाटक पुराय जायना. पुराय नाटक पात्रां मुखार व्हरतात. कथानग फुडें व्हरपाक पात्रांचो मोलादीक वाटो आसता. पूराय नाटक पात्रां जितीं दवरतात. पात्रचित्रण बरें जालें जाल्यार तें नाटक पळोवप्याच्या मनाचेर परीणाम घालता. हीं पात्रां वायट, बरीं, मायेस्त, झगडाळू आसुं येता. तेन्ना ताणीं भुमीका बरे तरेन निभयली जाल्यार तें नाटक रंगता. पात्रांचो व्यक्तिगत स्वभाव नाटकान येवंक जायना. तांची भुमिका नाट्यसंहितेक धरुनच आसपाक जाय. तेन्नाच तीं पात्रां आनी तें नाटक परिणामकारक थारतात.

#### 2.1.2.4. भासशैली

भास शैली हो खाशेलो घटक जावन आसा. पूण भास शैली म्हळयार कथानक न्हय. ज्या आदारान लेखकान शब्दांचो अर्थ वापरला, जंय म्हणी, पोरण्यो उतरावळी वापरल्या ती भास शैली. ह्या भास शैलेंत एके तरेची लय आनी गती आसची पडटा. ही लय संवाद, विरोध आनी समतोल ह्या तीन घटकांचेर आसता. जितले बरे तरेन भास शैली मांडटात तितलो नाटकाचो आशय पळोवप्यां मेरेन तरेन पावता. सगळेच प्रेक्षकांक साहित्यीक भास कळटा अशी ना. देखून प्रेक्षक हो सर्वसामान्य हें मतींत दवरून लेखकान नाटकान भास थरोवप आसता.

#### 2.1.2.5. घडणुको

नाटकान घडणुको बऱ्यो आसत जाल्यार प्रेक्षकाक नाटक मानवता आनी तें चड प्रभावी जावन स्मरणान उरता.

### 2.1.2.6. दिगदर्शन

एक बरी संहिता तितल्याच समर्थप्रणान रंगमाचयेर जैतीवंत जातली जाल्यार त्याच तोडीचो दिगदर्शक आसप म्हत्वाचें. ताका नाट्याची जाण आसप भोव गरजेची. कलाकारांक नाटकाच्या अंतरंगाक धरून अभियन शिकोवचो पडटा. कसबी आनी सर्जनशील दिगदर्शक संयमान नाटक मुखार व्हरता. नाटकांत  उत्पन्न जावपी प्रत्तेक रसाचेर तो नियंत्रण दवरता. नट केन्ना केन्ना हाताभायर वता तेन्ना दिगदर्शकान ताका जाग्यार हाडप आसता. नाटकाचो एकंदर परिणाम दिगदर्शकाच्या यत्नाचेर थारता.

### 2.1.2.7. नेपथ्य

बऱ्या नाटकाक बरें नेपथ्य आसप भोव म्हत्वाचें. केन्ना केन्ना खूप कमी प्रमाणांतलें नेपथ्य लेगीत नाटकाची सोबाय वाडयता. देखून नाटकाचे पैलू समजून घेवन त्या प्रमाणान नेपथ्य आसप म्हत्वाचें. तशेंच प्रयोगा वेळार लेगीत नेपथ्यकारान तटस्त रावप गरजेचें. नेपथ्याचो वापर जावंक जाय. बरें नेपथ्य सदांच नाटकाक उंचेल्या पावंड्यार व्हरता.

### 2.1.2.8. आवाजा-उजवाडा येवजण

आयज विज उपलब्द आशिल्ल्यान नाटकान जायत्यो गजाली शक्य आसा. देखावांनी जावपी नाटकांक काळोख करपाक मेळटा. तशेंच पात्रकेंद्रीत संवाद आसतात तेन्ना त्या खाशेल्या पात्राचेर उजवाड घालून नाटकाक रंगरूप हाडूंक येता. तशेंच नाटकान संगिताचो वापर करून जायते नवे प्रयोग नाटकान करपाक जातात. गावन रिकॉर्ड केल्लें वा प्रत्यक्ष गायलेल्या संगीताचो वापर नाटकान करपाक मेळटा. आयज दरेका नाट्य प्रकारान ह्यो सुविधा वापरून नाटकाक अदीक गिरेस्त करपाचें काम चालु आसा.

### 2.1.2.9. प्रेक्षक

नाटक ही एक सांघीक कृती. जाचेखातीर नाटक आसता तोच घटक जर ना जाल्यार त्या संहितेक आनी नाटक बसोवपाच्या कश्टाक मोल ना. देखून प्रेक्षक नाटकाक भोव म्हत्वाचो. कारण नाटकाचो कसब हो प्रेक्षक थारायता. प्रेक्षका नाटक आवडलें म्हणतकीर नाटक अर्दें जैतीवंत जाता. प्रेक्षकाची प्रतिक्रिया नाटकान खूप

म्हत्वाची. जसो खंयच्याय साहित्य प्रकाराचो वाचक हो प्राणभूत घटक तशेंच नाटकाचो प्रेक्षक हो म्हत्वाचे घटक.

## 2.2 कोंकणी नाटक

### 2.2.1 गोंयां भायल्या कोंकणी नाटकाचो इतिहास

कोंकणी मनीस हो गोंया सयत महाराष्ट्र, कर्नाटक केरळ सारक्या राज्यांनी शिंपडून गेल्लो आसा. कोंकणी नाटक ह्या नाट्य प्रकाराचें मुळावण कर्नाटकांतल्या दक्षिण कन्नड जिल्ह्यांतल्या बंटवाल ह्या गांवात 10 फेब्रुवारी 1912 ह्या वर्सा श्री. बोळंतूर कृष्ण प्रभू हांणीं घातलें. 'राजा चंद्रहास' हें संगीत कोंकणी नाटक तांणी बरयलें आनी हौशी कलाकारांनी तें 1912 वर्सा माचयेर हाडलें. मुळांत, ह्या दिसा आर्विल्ल्या कोंकणी नाटकाचो उगम जालो. ह्या घडणूकेक शंबर वर्सांहून चड इतिहास आसा. जरी महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांत कोंकणी रंगमाचयेचीं पाळां-मुळां दिसलीं तरी हो सांस्कृतीक भूख भागोवपाच्या हेतान केल्लो प्रकार. कोंकणी आत्म्याचें भास, संगीत, नाट्य घेवन कोंकणी मनशान आपली तान-भूख केळयल्या.

कृष्ण प्रभू उपरांत शिवानंद भट्ट गुलवाडी, आनंदराव मुदुर, पांडुरंग सिताराम तलगेरी, व्यंकट तलगेरी, नरहरी भट्ट कल्याणपुरकार आदी नाटककारांनी नाट्य परंपरेंत आपलें मोलादीक योगदान दिलें. हाका लागून 1958 वर्सा कोंकणी साहित्य समितीन कोंकणी नाटक महोत्सव मुंबयत घडोवन हाडलो. ह्या परंपरेंतल्यान बैदुर देवराय अय्यगळ, होनावरचे बाबुटी नायक, दांडेली हांगचे के. एन. राव हांणी नाटकाक पोसवण दिली. 1948 वर्साच्या अदमासाक लुईस मास्कोरेन्यस हांणीं बरयल्लें 'आब्रावाचें यज्ञदान' ह्या गितनाट्या उपरांत सुमार पंचवीशेक वर्सां मेरेन नाट्य लेखन जालें ना. मास्कारेन्यसा उपरांत नाटककार म्हूण उदयाक आयलो तो चार्लस फान्सीस दे कॉस्ता. कोंकणी संवसार तांकां चा. फ्रा. दे कॉश्ता म्हूण वळखता. तांचीं 'तर्ने तर्ने मोर्ने', 'मागीरचें मागीर', 'भांगर मनीस' सारकीं नाटकां अज्रवंर जालीं. पूण गोंयां भायर जावपी नाटकाची एक म्हत्वाची घडणूक म्हळयार 1991 वर्सा सावन कर्नाटक राज्यांत उडूपी हांगासर जावपी अखील भारतीय कोंकणी नाट्य महोत्सव. ह्या नाट्य महोत्सवान कोंकणी नाट्य संस्थांक एक व्यासपीठ फाव करुन दिलें.

कोंकणी नाटकाक कर्नाटकांतल्या रंगकर्मींनी  वेवसायीक पांवडो घालून दिल्लो आसा. तांणी फक्त नाटक समृध्द केलें ना जाल्यार तांतूत कांयच उणें पडचें ना हाची जापसालदारकी घेतली. कोंकणी नाट्य चळवळीचें मुळावण मुंबयत जालें जेन्ना 1950 वर्सा मुंबय तरणाटे, साहित्यीक वावर करताले. वण्टी पत्रकां, एकांकी वरवीं जागृताय करताले. शणै गोंयबाब हांणीं चलयल्ल्या भाशेच्या चळवळीचो प्रभाव ह्या पिळगेचेर पडलो. मुंबय जावपी महाविद्दालयीन कोंकणी एकांकी सर्तीचेर ह्या गजालींचो प्रभाव दिश्टी पडलो. किसन कामत, शंकर भांडारी, रघुवीर पै सारके साबार जाण ही चळवळ मुखार व्हरताले. कोंकणी नाटक चळवळीचें आंग घटमूठ करपा फांटल्यान मुंबय चळवळीचो मोठो वांटो आसा. साबार विशयांची सादरीकरणाची जाणविकाय जाल्ल्या रंगकर्मींनी 1943 वर्सा ‘कोंकणी नाटक सभा’ जाल्यार 1951 वर्सा ‘डॉन बॉस्को नाटक साल’ ह्यो संस्था लेगीत मुखार सरल्यो. हें सगळें चित्र गोंय मुक्ती पयलीं स्पश्ट जाल्लें.

### 2.2.2 गोंय मुक्ती आदल्या गोंयच्या कोंकणी नाटकाचो इतिहास

गोंय ही कलेची खाण. गोंयकारांल्या शिरंतरान कसली ना कसली कला व्हांवता. ही कला तांकां तांच्या मातयेकडेन, तांच्या संस्कृतायेकडेन जोडून दवरता. तशें पळोवंक गेल्यार कोंकणी नाटकाचो उगम हो लोकनाट्यांतल्यान जालो. ‘जागोर’, ‘कालो’, ‘रणमालें’ सारक्या लोकनाट्य प्रकारांनी कोंकणी नाटकाचीं बिंया मेळटात. हाची सुरवात केन्ना  सावन जाली हें सांगप शक्य ना कारण ह्या गजालींचें दस्तावेजीकरण जाल्लें ना. चड करून सगळ्याच लोकनाट्यां फाटल्यान धार्मीक विधीनाटकाचें प्रयोजन आसा. हांगासर हो प्रकार  मनोरंजनाचो संदर्भ लेगीत घेवन येता. कोंकणी नाटक भक्कम जावपा पासत हाका लोकनाट्याची फाटभूंय आसप भोव म्हत्वाची.

गोंय मुक्ती आदीं कोंकणी नाटक  व्हडा प्रमाणान मुखार गेल्लें दिसना. कारण ह्या वेळार गोंयच्या उत्सवी रंगमाचयेर मराठी नाटकांचो बेस बरो शेक चलतालो. महाराष्ट्रांतल्या विख्यात नाटककांची सामाजीक तशेंच संगीत नाटकांची चलती आशिल्ली. गोंयच्या कांय वाठारांनी कोंकणी नाटकाचें स्वरूप ज्वलंत आशिल्लें खरें पूण ताका विनोदी खेळ म्हूण पाचारताले. ‘वर्साक राखण लागली’ असो भाव मतींत दवरून कोंकणी नाटका कडेन पळोवप जाताले. विनोदी नाटकुलीं लोकांक चड प्रमाणान आवडटालीं देखून खूपशे फावट त्या

वाठाराचोच  मनीस नाटक बरयतालो. चड करून ह्या नाटकांनीं प्रासंगीक विशय हाताळप जाताले. त्या प्रयोगा पुरतेंच तें नाटक उरतालें आनी काळाच्या चपक्यान ना जातालें.

आधुनीक कोंकणी नाटकाची तशेंच साहित्याची सुरवात कोंकणीचो म्हापुरूश शणै गोंयबाब हांच्या कडल्यान जाता. मुळांत नाटक  हो स्वतंत्र प्रकार आपणावपा फाटल्यान पाश्चात नाटककारांचो प्रभाव भोव मोलादीक जावन आसा. नाटकाचें आराध्य दैवत म्हूण खंयचोय साहित्यीक जाचे कडेन पळयता तो संवसारीक पावंड्यावेलो नाटककार विलीयम शेक्सपियर हांणी लोकांक नाटका कडेन एकरूप केले. तांची साहित्यीक विचारप्रणाली नाटकांतल्यान मांडटना ते आपल्या बुध्दीमत्तेची गवाय दिताले. तशेंच ‘मॉलियर’, ‘सोफी’, ‘मॅकेनझी’ आदी पाश्चात लेखकांनी लेगीत हें तंत्र हाताळ्ळां. आनी ह्या पाश्चात नाटककारांचो प्रभाव भारतीय नाटककारांचेर पडलो. नाटक हें समाज प्रबोधनाचें माध्यम जालें आनी लेखकांनी ह्या मार्फत आपले विचार मुखार हाडले. धर्मवीर भारती, बादल सरकार, विजय तेंडुलकार, गिरीश कर्नाड, पुंडलीक नायक आनी साबार लेखक भारतीय भारतीय रंगभूमी विकसीत करपाक वावुरले/वावुरतात. ह्याच प्रक्रियेंतल्यान प्रेरीत जावन कोंकणी नाटकान आपलें पदार्पण केल्लें दिसता. आर्विल्ल्या कोंकणी नाटकाची बुन्याद मुंबयत पडली. शणै गोंयबाबांनी शेक्सपियराच्या कांय नाटकांची कोंकणी भाशांतरां केलीं. पूण ताचे प्रयोग जावप शक्य जालें ना. ही चडशी बरपावळ रोमी लिपींत आशिल्ल्या तितल्या प्रखरपणान हीं नाटकां विस्तारीत जावन मुखार पावपाक शकलीं ना. पूण शणै गोंयबाबान रुपांतरीत केल्लीं कांय नाटकांचे प्रयोग जावपाक लागले. ह्या प्रयोगानीं गोंयचें समाज दर्शन जाल्लें दिश्टी पडटा.

नामनेचो फ्रेंच खेळ बरोवपी मोलिएर हांच्या  ह्या ‘Le Medicine Malgre’Lui’ खेळाच्या आदारान शणै गोंयबाब हांणी मोगाचें लग्न हो खेळ बरयलो. मूळ खेळाची घाटणी तशीच दवरुन ताचेर गोंयचो भेस इतलो फिट्ट बसयला की नाटकाचें मूळ परकी भाशेंतल्यान आयलां हें सांगलेबगर कळना. हो खेळ पयले खेपे 1913 वर्सा उजवाडा आयलो. दुसरे खेपे  1938 वर्सा उजवाडा आयलो. हे दुसरे खेपेक तेन्नाचे पणजेच्या इस्कोल नोर्मालाचे प्रोफेसर रामचंद्र शंकर नायक हांणी व्होवळीक ही प्रस्थावना ह्या पुस्तकाक बरयल्या.

उपरांत शणै गोंयबाब हांणी मोलिएर हांच्या ‘L’avare  ह्या खेळाच्या आदारान तांणी पोवनांचे तपलें हो खेळ बरयलो. तो 1926 वर्सा बरोवन जालो आनी गोमंतक हिंदु विद्यार्थी मंडळान पयलो प्रयोग 1933 वर्सा

मुंबयच्या व्हिंसन कॉलेजीन करुन दाखयलो. मूळ खेळाची अखेर आमचे रीत- रविसेक जमना जावन हें रुपांतर अर्दकुटें उरिल्लें आनी शणै गोंयबाबांच्या मरणान तें पुर्ण जावपाची आस्त तुटिल्ली. अश्या वेळार परतून उजवाडावपी गोमंतक छापखान्याच्या धनयांनी कांय आडवाद सोडून आनी तांतुतली निमणीं दोन येवपां भारावन तें 1948 वर्सा तश्याक तशें छापून हाडलें.

झिलबा राणो हो हांसणो खेळ 1933 वर्सा बरोवन जालो आनी रोखडोच पंधरा दिसां भितर मुंबयच्या गोंयकार हिंदू सभेन आपल्या संमेलना वेळार ताचो पयलो प्रयोग करुन दाखयलो. पूण तो पुस्तक रुपान 1936 वर्सा आयलो. अरेबियन नायटसांतले अबु हसनाचे काणयेचेर आदारीत तो बरयला. राजा भेस बदलून राज्यांत भोंवताना एका मनशागेर पावता. ताचेकडेन खबरी करतना ताका राज्यांतल्यो खूपश्यो गजाली कळटा. राजा ह्या मनश्याक न्हिदेची गुर्मी दिवन ताका राजमंदीरान व्हरता आनी एका दिसा खातीर ताका राज्यार बसयता आनी ताका लागून घडलेल्यो फुडल्यो गजाली विणून ह्या खेळाची माळ गुंथल्या. हांगा शणै गोंयबाब हांची बुध्दीमत्ता स्पश्ट जाता.

जगविख्यात नाटककार विलीयम शेक्सपियर हांच्या नाटकांचो रोमी लिपींत अणकार करुन शणै गोंयबाबान कोंकणी भाशेक दिलीं. रोमी लिपींतली पुस्तकां;

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | राजपूत हॅम्लेट आनी बापायलें भूत | 6. | आगुल्ल्याचें निवळण |
| 2. | गोरे बायलेचो काळो घोव | 7. | राणयेलें जिवें बावलें |
| 3. | मुदयांखातीर घोवा-बायलांचे झगडें | 8. | घातमारो इश्ट |
| 4. | धुवांची परिक्षा | 9. | बायलेची परिक्षा |
| 5. | जुंवळया भावांचो घुस्पागोंदळ | 10. | मोगाचे पिडेचें वखद |
| | | 11. | भुसमारे आलेभाव-कोलेभाव |

गोंय सुटके आदीचो काळ मतींत धरल्यार 1955-56 वर्साच्या काळांत कोंकणी रंगमाचयेर आयिल्ले पुंडलीक नारायण दांडो हे कोंकणी रंगमाचयेच्या इतिहासांतलें एक भांगराळें सोंपण. तांचें ‘ताची करामत’ हें सर्वार्थान गोंयातलें पयलें स्वतंत्र कोंकणी नाटक आनी हांगासावन गोंयच्या अस्सल कोंकणी नाटकाक सुरवात जाता. आधुनीक तंत्रान नाटक रचतना गोंयच्या समाज जिवीताचें वास्तवपूर्ण तशेंच कलात्मक चित्रण तांच्या नाटकान

दिश्टी पडलें. ह्या नाटकाचें सादरीकरण गोंयच्या साबार वाठारांनी जालें. लोकांकडल्यान मेळपी उपाट प्रतिक्रियांक आनी प्रतिसादाक लागून 'निमीत्ताक कारण' हें दुसरें नाटक तांणीं बरयलें. मुळांत ही एक दुख्खांतीका जावन आशिल्ली. कारण कोंकणी भास फक्त लोकांक हांसोवपा पुरतीच न्हय जाल्यार त्या भाशेंतल्यान लोकांच्या काळजांतल्यो भावना उचंबळ करून हास्य रस तशेंच हेर रस कोंकणीतल्यान येवपाक जाय अशें तांकां दिसलें. आनी ह्या गजालींचें कारण 'निमीत्ताक कारण' हें नाटक थारलें. पूण करूण रसान भिजील्लें हें नाटक जाय तशें रंगमाचयेर तिगलें ना/ जालें ना अशें नाट्यकर्मी मानतात. दांडो हांणी पणजी आकाशवाणी केंद्राखातीर जायतीं नभोनाट्यां बरयलीं आनी प्रसारीत केलीं. कोंकणी नाट्यसृश्ट निर्माण करपाक ह्या नभोनाट्यांचो जायतो उपेग जालो. तांचे समकालीन कृष्णा लक्षण मोये हांणीय एकांकी वांगडा कोंकणी नाट्य लेखनाक सुरवात केली. 'तुळशीचें लग्न' हें तांचें उल्लेखनीय नाटक. अशे तरेन गोंय सुटके आदीं नाट्यसृश्ट तयार जावपाक सुरवात जाली. गोंय सुटके उपरांत कोंकणी रंगमाची सर्वार्थान सक्षम आनी व्यासंगी जाली.

### 2.2.3 गोंय सुटके उपरांतचें गोंयचें कोंकणी नाटक

गोंय सुटके उपरांत जशी हेर साहित्य प्रकारांक चालना फाव जाली तशी कोंकणी नाटकाक फाव जाली ना. कारण ह्या वेळार हेर चळवळींनी साहित्यीक सहभागी जाल्ल्यान फक्त कांय साहित्यीक लेखन करताले. हातूंत नाट्य लेखक खूप कमी प्रमाणान आशिल्ले. पूण किसन कामत, विनय सुर्लकार, अशोक कामत हांणीं एकांकी तशेंच नाट्य लेखन करून कोंकणी रंगमाची बळीश्ट करपाचो यत्न केलो. ह्या यत्नान सगळयांत म्हत्वाचो वांटो जांणी घेतलो ते म्हळयार रामकृष्ण जुवारकार.

रामकृष्ण जुवारकार हांणी मोलियराचें Le Borgeds Gontilhomme ह्या नाटकाचो अणकार 'भुतेबाब' ह्या नांवान केलो. तशेंच शेक्सपियराचें King Richards III नाटकाचो अणकार राजा चंद्रहास ह्या नावान केला. मॉलियराचें नाटक L'cole des Femmes नाटकाचो अणकार 'राखण', कालिदासाचें शाकुंतल, मॉलियेराच्या Malade Imaginaire नाटकाचो अणकार 'वखद', Malade Imaginaire चें रोमी कोंकणी रुपांतर 'ओखदाचें पिशें', Tartuffe नाटकाचो रोमी कोंकणी अनुवाद 'एक देवाचो मनीस' ह्या नाटकांक

तांणी कोंकणी भेस चडयलो. त्या शिवाय भागिरथी, आमचें राज्य आनी अनवळखी अशीं स्वतंत्र नाटकां बरोवन 1965 ते 1975 ह्या काळांत प्रकाशीत जालीं. ह्या नाटकांचे प्रयोगूय जाताले. एका काळार जेन्ना कोंकणी रंगमाचयेक संहितांची साप्प गरज आशिल्ली तेन्ना ह्या नाटकांनी बरोच हातभार लायलो.

### 2.2.4 कला अकादेमीची कोंकणी नाट्य सर्त

1975-76 वर्सा सावन कोंकणी रंगमाचयेक बरे दीस आयले. कोंकणी नाटकाच्या उदरगतीचो आरंभ अशें आमी ह्या सर्तीक म्हणपाक जाता. 1970 वर्सा जेन्ना कला अकादमीची कोंकणी नाटक सर्त जाहीर जाली तेन्ना उण्या प्रवशिकांक लागून त्या वर्सा सर्त जावपाक पावली ना. गोंयच्या कला अकादेमीन राज्यस्तराचेर नाट्य सर्तीक सुरवात केली. मराठी नाट्यमहोत्सवां सयत कोंकणी नाट्यम महोत्सवांक सुरवात जाली. हाका लागून कोंकणी नाटकांचो दर्जो भारतीय नाटका कडेन सर्त करपा इतलो वाडलो. नाटकाच्या सगळया आंगानीं परिपुर्ण अशीं नाटकां सर्तीच्या माध्यमांतल्यान सादर जावंक लागलीं. कोंकणी नाटकाच्या विकासाक व्हड हातभार लागलो. नाट्यकर्मीं मदीं एक पूरक चडाओड निर्माण जाली. ताकालागून नाट्यलेखन आनी तांत्रीक आंगासयत सादरीकरणाच्या सगळयाच आगांचो अभ्यास बेस बरे तरेन जावपाक पावलो. नव्या उर्जेचे लेखक कोंकमीतल्यान नाट्यरचना करपाक लागले. खास करून तरणी पिळगी नाटकांनी वावुरपाक मुखार आयली. खऱ्या अर्थान नाट्य चळवळीक आरंभ जालो. ह्या सर्तीन जणू काय इतल्या वर्सांचें रितेंपण भरून काडलें.

1975 वर्सा कोंकणीक साहित्य अकादमीची मान्यताय मेळ्ळी. मुक्त गोंयांत कोंकणी भास आनी साहित्याक भरते भायर येवपाक लागले. ह्या दरम्यान दोन म्हत्वाच्यो गजाली घडल्यो त्यो म्हळयार, नाट्य लेखक तयार जाले आनी महाविद्यालयीन पिळगी नाटका कडेन आयली. मुळांत कोंकणी रंगमाचयेक अखंड परंपरा नाशिल्ली. तरी आसतना महाराष्ट्राचीं संपन्नशील नाटकां गोंयान चालु आशिल्लीं.आनी हीच गजाल गोंयकारांल्या कलेची जाण समृध्द करपी थारली. लोकांक आपल्या भाशेंतल्यान नाट्याचो आविश्कार घडलो आनी समर्थ कोंकमी रंगमाची नांवारुपाक आयली.

कला अकादेमीच्या नाट्यसर्ती निमतान शंबरां वयर नाट्यसंहिता माचयेर आयल्यो. हांतूतल्यो अर्ध्यो स्वतंत्र जाल्यार उरलेल्यो अणकारीत वा रुपांतरीत आशिल्ल्यो. दर वर्सा सर्तीच्या निमतान 10/15 नाटकां रंगमाचयेर सादर जातालीं आनी उपरांत गोंयच्या साबार भागांनी संस्थाच्या फंडाखातीर वा काल्या जात्रांनी तांचे प्रयोग

जाताले. त्या भायर खाशेले नाट्य महोत्सवूय जावपाक लागले. कोंकमी महोत्सवावरवीं चालु जाल्ल्या कोंकणी नाट्य चळवळींतल्यान नवे नवे लेखक, दिगदर्शक, कलाकार, तंत्रज्ञ आनी पंगड मुखार सरले. नाट्य लेखनाच्या मळार एक आगळीच दिका दिवन कोंकणी रंगमाची आनी भारतीय रंगमाची धरून संवसारीक रंगमाची हांच्या मदलें अंतर उणें करपाच्या कामाक सुरवात जाली.

1975 वर्सा कला अकादमीच्या कोंकणी नाट्य स्पर्धेक चालना दिवपाक  किसन पै, गोपाळ गांवकार, नागेश करमली हांचेबरबर तरणाटे रंगकर्मी जशे पुंडलीक नायक, राजेंद्र आमोणकार हांणी ही स्पर्धा घडोवन हाडपाक मोलाचो वावर केला. कोंकणी नाटकां संख्यात्मक नदरेन उणीं आसलीं तरी गुणात्मक नदरेन उंचेल्या पावंड्यावेलीं थारली. कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय हांणी लेगीत मोठो आदार केला. ह्या सर्तींन शणै गोंयबाबाच्यां नाटकां सयत हेर नाटकां लेगीत मुखार आयलीं. अणकारीत नाट्यसंहिता व्हडा प्रमाणान येवपाक लागल्यो. नाट्य लेखकांनी आपल्या लेखनाच्या माध्यमांतल्यान उंच भरारी घेतली.

आयज कोंकणी रंगमाचयेक बरे दीस आयल्यात. कला अकादेमीच्या सर्तींतल्यान तशेंच वेवसायीक आनी निम्न वेवसायीक पावंड्यार नाट्य लेखनाक गती फाव जाल्या. वैश्वीक विशय हाताळून नाट्य लेखन जाता. आयच्या नाटकाच्या प्रेक्षकाची अपेक्षाय वाडिल्ल्या कारणान आयज नाटक लेगीत वेगळया विचारांनीं समृध्द जालां. आयज व्यावसायिक नदरेंतल्यान नाट्य लिखाण आनी सादरीकरण जाल्लें दिश्टी पडटा. नाट्य सर्तींच्या माध्यमांतल्यान ही चळवळ मुखार वता. कोंकणी नाट्य लेखक म्हूण पुंडलीक नायक, दिलीप बोरकार, विष्णू वाघ, प्रकाश वजरीकार, उपेंद्र तिंबलो, एन. शिवदास, जयंती नायक, दत्ताराम बांबोळकार, डॉ.राजय पवार अशीं नावां येतात. जाल्यार उत्सवी रंगमाचयेर महेश नायक, सुचिता नार्वेकार, बाबा प्रसाद, तुळशीदास घोणशीकार, संदीप मापारी, सम्राट बोरकार, अभिलाषा नायक, डॉ. हनुमंत चोपडेकार हे नाट्य लेखक योगदान दीत आसात. नवोदीत लेखकां मदीं दिपराज सातोर्डेकार, गौतम गावडे, गौतम गांवस सारके बरोवपी रंगमाचयेचो फुडार उज्वळ आशिल्ल्याची सातत्यान देख दितात.

### 2.2.5 अणकारीत कोंकणी नाट्यसंहिता

कोंकणी नाट्यसंहिता खऱ्या अर्थान गिरेस्त अणकारीत आनी रुपांतरीत नाटकांच्या माध्यमांतल्यान जाली. ही नाटकां कोंकणी रंगमाचयेचें वैशीश्ट्य जावन उरलीं. फक्त संहितेंच्या उणीवेक लागून नाटकां अणकारीत जाय नाशिल्लीं जाल्यार भारतीय रंगमाचयेर समर्थपणान गाजील्ल्यो नामवंत नाटयकृती कोंकणीन हाडपाचोय हावेस आशिल्लो. मुळांत ही काळाची गरज आशिल्ली. ही गजाल कला अकादेमीच्या कोंकणी नाट्यसर्ती निमतान जाली अशें म्हणू येता. विंगड विंगड भाशेंतल्यान अणकारीत, रुपांतरीत तशेंच अनुसर्जन केल्लीं नाटकां मुखार आयलीं. राश्ट्रीय थराचेर दुसऱ्या भाशेंतल्यान जशें बंगाली, संस्कृत, मराठी, हिंदी, कन्नड वा इंग्लीश, पुर्तुगेज, फ्रँच नाटकांचे रुपकार-अणकार करपाचें मोलादीक आनी म्हत्वपुर्ण काम लेखकांनी केलें.

नागेश करमली, रवींद्र केळेकार, बाकीबाब बोरकार, शांतराम हेदो, सुदेश लोटलीकार, भरत नायक, प्रकाश थळी, सुरेश काकोडकार, पुरुषोत्तम सिंगबाळ, गुरुदास बांबोळकार, विजय थळी, अशोंक भोंसलो, रवींद्र आमोणकार, पुंडलीक नायक ओलिव्हीन्यु गॉमिश, दत्ताराम बांबोळकार, वसंत सामंत,कमलाकर म्हाळशी, विष्णू सुर्या वाघ, उल्हास नायक, साई पेडणेकार, प्रसाद लोंलयेंकार आनी हेर लेखकांनी वेगवेगळया भासांतल्या नाटकांचे अणकार तशेंच रुपांतरां केलीं.

त्या भायर बाकीबाब बोरकार हांणी केल्लो संगीत संशयकल्लोळ नाटकाचो कोंकणी अणकार, वासवदत्ता ह्या प्रणयनाट्याचो रुपकार, तशेंच सुरेश बोरकार हांणी केल्ल्या फ्रँच लेखक आल्बर्ट वामू हांच्या नाटकाचो कालिगुला ह्या नांवान अणकार, शांताराम हेदो हांणी पुर्तुगेज बरोवपी आल्मेद गारेय हांच्या ‘फ्रेय-लुइज-दे सौज’ ह्या नाटकाचो ‘यात्रीक’ ह्या नांवान अणकार, भरत नायक हांणी केल्लो सॉफक्लीस हांच्या मूळ ग्रीक नाटकाचो राजा इडिपस ह्या नांवान कोंकणी अणकार, नागेश करमली हांणी केल्ल्या हिंदी नाटककार हांच्या ‘आधे-अधुरे’ ह्या नाटकाचो ‘एक संवसार अर्दकुटो’ नांवान कोंकणी अणकार तशेंच हेर जायतीं नाटकां कोंकणी रंगमाचयेर अदीक प्रमाणान गाजलीं. अश्या तरेच्या नाटकांक लागून रंगमाचयेचो गुणात्मक स्तर वाडलो आनी रंगमीच अदीक बळीश्ट जाली.

आयज कोंकणी नाटकाच्या मळार अणकारीत कृती व्हडा प्रमाणान येवपाक लागल्यात. खासा हेर भारतीय भासो तशेंच पाश्चात नाटकांच्या तंत्राचो आदार घेवन कोंकणी रंगमाचयेक बरे दीस आयल्यात म्हणपाक जाता.

कला अकादेमीच्या नाट्य सर्ती निमतान उत्कृश्ट संहिता अणकारीत जावन कोंकणींत येतात. हांतूंत वसंत भगवंत सामंत, डॉ. प्रकाश वजरीकार, झिलु गांवकार, दत्ताराम कामत बांबोळकार, सुनेत्रा जोग आनी हेर नामवंत बरोवपी म्हत्वाचो हातभार लायतात.

### 2.2.6 कोंकणींतले मुखेल नाटककार

#### 2.2.5.1. पुंडलीक नायक

पुंडलीक नायक हो अश्टतासांचो प्रतिभा संपन्न साहित्यीक. कोंकणी नाटकाक सर्वोच्च पांवड्यार पावोवपा पासत तांचें योगदान भोव मोलादीक आसा. अखील भारतीय पावंड्यार कोंकणी रंगमाचयेचें समर्थ प्रतिनिधीत्व करपी हो भारतीय साहित्यीक. परिपुर्ण संहिता, आधुनीक नाट्य तंत्र, समाज जाणविकाय घेवन विंगड विंगड प्रयोगां वरवीं मुखार येवपी कोंकणी रंगमाचयेचो उपासक. साबार काळ कोंकणी नाटकाचो अंदल्लो श्वास पुंडलीक नायक हांणी सोडलो. गोंयच्या समाजाचें यथार्थ दर्शन, गोंयची संस्कृती, गोंयची लोकवस्थी आनी हेर साबार गजाली तांणी नाटकांतल्यान खूप बेधडकपणान मांडल्यो. बालनाट्य, एकांकी, लघु-नाटकां, नभोनाट्य, महानाट्य आनी नाटका सयत साबार प्रकार हाताळयात. 1984 वर्सा तांच्या 'चौरंग' ह्या एकांकी संग्रहाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फाव जालो. 1980, 1986 आनी 1987 वर्साचे अखील भारतीय आकाशवाणी नभोनाट्य पुरस्कार तांकां फाव जाले. कोंकणी नाट्य लेखनांच योगदान दिल्ल्या खातीर 2013 वर्सा तांकां केंद्रीय संगीत नाटक अकादेमीचो पुरस्कार फाव जालो. त्या भायर कला अकादेमीच्या नाट्य सर्तींनी तांकां लेखना खातीर साबार इनामां फाव जालीं.

1976-77 वर्सा सुरु जाल्ल्या कला अकादेमीच्या नाट्य सर्तींवरवीं साबार लेखकांच्या सृजनशक्तीक जाग आयली. ह्या काळान कोंकणी चळवळ भौसांत रिगली. संवसारीक पावंड्यार पावपाचो हावेस कोंकणी नाटकान दवरलो आनी आपली वाटचाल चालु दवरली. हें सगळें प्राप्त करपा पासत पुंडलीक नायक हांणी लेगीत आपलें कार्य व्हडा कळाशेन चालु दवरलें. गोंयच्या दायजाचें, संस्कृतीचें दर्शन घडोवपी नाटकां तांणी

बरयलीं. 'खण खण माती' सावन सुरु जाल्लो नाट्यप्रवास 'गोंय एक जैत कथा' मेरेन अखंडीतपणान चालु आसा. तांच्या सगळ्या नाटकांची वळेरी मुखार दिल्ली आसा.

| | | | |
|---|---|---|---|
| खण खण माती | श्री विचीत्राची जात्रा | शिरी रे शिरी! अधांतरी | चतुरंगा |
| रक्तखेव | दायज | काळजाची काणी | कथा-अस्तुरी |
| देमांद | चैतन्याक मठ ना | प्रेमयुध्द | कांसुलो |
| मुक्तताय | आत्मवंचना | दिव्या दिव्या दिपत्कार | फिरंगी फटास |
| सुर्यसांवट | परिक्रमा | अंता घरा भगवंता | |
| शबै शबै भौजनसमाज | प्रेमजागोर | धनयां देंवचारा | |
| सुरींग | दिश्ट दौलत | चित्र स्वयंवर | |
| पिंपळ पेंटला | तिरंगी चक्राचक्री | सांगोड | |

अशे तरेन वैश्वीक पावंड्यावेले विशय हाताळून सत्याचो सोद घेवपी नाटककार म्हळयार पुंडलीक नायक. तांचीं नाटकां वेवसायीक, निम्न वेवसायीक, उत्सवी तशेंच भौभाशीक नाट्य महोत्सवांनी कोंकणीचो पावंडो उंचायेर व्हरपी थारला. पुंडलीक नायक हांकां कोंकणी नाट्य चळवळीचो अग्रदूत म्हळयार अतिताय जावची ना. कोंकणी रंगमाचयेची सेवा हो सेवक व्हडा भावनेन करता आनी करीत आसा.

### 2.2.5.2. दत्ताराम कामत बांबोळकार

कोंकणी नाटक समर्थपणान केळोवपी आनीक एक प्रभावी नाटककार म्हळयार दत्ताराम कामत बांबोळकार. साबार संदर्भ आनी वैश्वीकतायेचो सोद घेवपी तांचीं नाटकां कोंकणी रंगमाचयेवेलीं भांगराळीं सोपणां जावन आसात. आपल्या कल्पनाशक्तीच्या आदारान वास्तवाची उपासना करून तांणीं नाट्यलेखन केल्लें आमकां दिश्टी पडटा. एका गांवच्या एकचाराची शोकांतीका सांगपी 'शेणिल्लो गांव' हें बांबोळकार हांचें पयलें नाटक. 'महिरावण' ह्या नाटकान तांणी नव्या तंत्राचो वापर केल्लो दिश्टी पडटा. साबार गजालींचो सुरमेळ घेवन तांचें नाटक मुखार वता. 'वीख विखळटा' ह्या नाटकान तांणी मध्यमवर्गीय घराची शोकांतीका मांडल्या. 'रथोस्तव' ह्या नाटकान तांणी श्रध्दाळु भक्तांच्या जिवीताचें चित्रण केलां. करूण रसान भरिल्लें तांचें वेदना घर हें नाटक

मध्यमवर्गीय कुटंबाची शोकांतीका मांडटा. कोंकणी रंगमाचयेर इतिहास घडयलो तें दत्ताराम कामत बांबोळकार हांचें नाटक म्हळयार 'सत्य माड्डीतां माड्डीतां'. समाजान सत्य कशें फाटीं पडटा हाचो मार्मीक दिश्टावो हें नाटक घडयता. गोंयकारांच्या स्वभावाचें, वागणुकेचें पडबिंब ह्या नाटकान दिसता. देशान एकचाराचो मंत्र फांकोवपी हें नाटक अजून अव्वरं आसा. 'रंगयात्रीक' हें नाटकान शोकांतीका दिश्टी पडटा. मराठी नाट्य नटाच्या जिवीताचेर आदारीत हें नाटक खूप गाजलें. वायट परिस्थितींत लेगीत रंगमाची तिगोवन दवरपा पासत वावरिल्ल्या जिणेचेर उजवाड घालपी हें एक दर्जेदार नाटक. रंगदेवतेची अखंड सेवा करपी हो नाटककार आयज आमच्या मदीं ना. पूण तो आशिल्ल्याचो भास आमकां तांचीं नाटकां खिणाखिणाक करून दितात.

### 2.2.5.3. प्रकाश थळी

प्रकाश थळी हें कोंकणी नाटकाच्या मळावेलें एक समर्थ नांव. तांणी केल्लो वावर खऱ्यापाणी दोळे दिपकावपी जावन आसा. बादल सरकार हांच्या मूळ बंगाली नाटका वयल्यान 'सगीना महतो' हें नाटक तांणी अणकारीत केलें. तशें पळोवंक गेल्यार नाटकाचो विशय सर्वसामान्य मालक-कामगारांचो दिसता. श्रमीक आंदोलनाची सुत्रां राजकीय पक्षांच्या हातान उरतकच ते ताचो वापर आपल्या आदर्शा पासत तशेंच सत्ता वाचोवपा पासत करतात. हाका लागून सामान्यांचो बळी वता. अशे तरेचें चित्रण ह्या नाटकान जालां.त्या भायर बादल सरकारा हांचें अबू हसन ह्या नाटकाचें 'एक आशिल्लो आबू' ह्या नांवान माचयेर हाडलां. नाटकांतलें कथानक अरेबीयन नाइट्सांतल्या अबू हसनाच्या काणयेचेर आदारून आसा. प्रेक्षकांचें पुरेपूर मनोरंजन करपी हें नाटक जावन आसा. बाकीबाब बोरकार, यशवंत केळेकार, डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, उदय भेंब्रे हांच्या काव्यरचनेचें विडंबनात्मक सादरीकरण नाटकांत दिसता आनी हास्याचीं ल्हारां प्रेक्षकांमदीं उफेतात. नाटकाच्या घटकांची बांदणी कौतुकास्पद आसा. 'वक्लभपुरची दंतकथा' ह्या बादल सरकार हांच्या विनोदी नाटकाचें रुपांतर तांणी 'अजीबपुरची कल्पकथा' ह्या नांवान करून नामना मेळयल्या. मराठींत वि.वा शिरवाडकार हांणी चार्ली चॅपलीनाचे 'सिटी लायट' सिनेमाचेर आदारून 'विदूषक' हें नाटक तयार केलें. त्या विदुषकाचें कोंकणी नाट्य रुपांतर प्रकाश थळी हांणी केलें. नाटकान बगाराम नामाचो सामान्य मनीस चितारला जो लोकांची सूख-दुखां

समजून  घेता, ताच्याच वैयक्तीक सूख-दुखांक कोणूच लेखना. इतल्याच कथानकाचो आशय आशिल्लें हें नाटक खूप प्रभावीपणान रंगमाचयेर आयलें. ह्या नाटकां भायर जागतीक किर्तीचे नाटककार *डारियो फो* हांच्या 'एन एक्सीडँटल डॅत्थ ऑफ एन एनाविस्ट' ह्या नाटकावेल्यान 'पुलीस पुलीस मार पिल्लुक' ह्या नाटकाचो कोंकणी रुपकार, सतीश आळेकारांच्या महानिर्माण नाटकाचो अणकार, मनोहर काटदरे हांच्या 'आलं अंगावर घेतलं शिंगावर' ह्या नाटकाचें 'आयलें हड्ड्यार, घेतलें खड्ड्यार' अश्या थळी हांणी केल्ल्या जायत्या नाटकांनी कोंकणी रंगमाचयेर इतिहास घडयलो.

ह्या वावरांतल्यान आमचीं प्रादेशीक नाटकां खंय आसात आनी हेर भाशेतलीं नाटकां खंय आसात हाचो अभ्यास करपाची संद मेळटा. आयच्या घटकेक मूळ कोंकणी नाटकां भारतीय नाटकांच्या पंगतीन चलतात म्हणपाक जाता. रुपांतरीत नाटकांनी कोंकणी रंगमाचयेक दिल्लें योगदान हें खूप म्हत्वाचें आसा. प्रेक्षकांक तीं नाटकां प्रादेशीक दिसतलीं हाची पुराय जतनाय लेखकांनी घेतल्या. प्रकाश थळी हे स्वता नट, दिगदर्शक आशिल्ल्यान नाटकांतल्यो ल्हानांतल्यो ल्हान बारकायो अभ्यासून तांणी आपलो नाट्यनुभव दिवपाचो यत्न केला जो कोंकणी रंगमाचयेर व्हडा प्रमाणान जैतीवंत थारला.

### 2.2.5.4.  डॉ. प्रकाश वजरीकार

व्यावसायीक रंगमाचयेर परिक्रमा करपी नाटककार म्हळयार प्रकाश रमाकांत वजरीकार. कोंकणी नाटकां सयत मराठी नाटकांचेय प्रभावी लेखन तांणी केलां. ग्रामीण जिणेचें दस्तावेजीकरण तांच्या नाटकांनी दिश्टी पडटा. नाटकाची तंत्रां, नाटकाची रचना आनी नाटकाच्या साबार घटकांक एका वेगळया आयामांतल्यान हो नाटककार पळयता. तांची विचार करपाची नदर आगळीच. मुळांत ते अश्या विशयांक हात घालतात जंय हेर नाटककार सहजा पावनात. आपल्या संहितांक व्यावसायीक रंगमाचयेर दवरून नाटकाच्या मळार तांणी क्रांत घडयल्या. तांचे वेगवेगळे प्रयोग दरेका सर्तीत येशस्वी थारल्यात. कला अकादेमीच्या नाट्य सर्तींनी सगळयान चड संहितेक इनामां फाव जाल्लो नाटककार म्हूण तांका वळखतात. तांचीं दर्जेदार नाटकां म्हळयार; 'आनी एक बुटो फुल्लो', 'घट्टाण कोणाचें?', 'काणी तशी जुनीच पूण..', 'साद अंतर्मनाचो', 'आनी एक प्रश्न पर्व',

‘परतीच्या वाटेर’,  ‘तो एक दीस’, ‘द राईट टू वोट’, ‘होमकंड’, ‘दाखोवं तुमकां?’, ‘ऑत द फॅ’, ‘भूंय म्हजी भांगराची’, ‘आनंद मठी’, ‘बनवड’, ‘सून देखणी गांवची’ (रुपांतरीत), ‘नाते दर्या पलतडचें’ (रुपांतरीत).

### 2.2.5.5. डॉ. जयंती नायक

कोंकणी नाटकाच्या मळार बायल लेखिकांचें योगदान कमी प्रमाणान दिश्टी पडटा. तातूंतल्या तांतून कांय लेखिका नाटक हो प्रकार हाताळटात. ह्या लेखिकां मदली एक समर्थ बायल नाटककार म्हळयार जयंती नायक. लोकवेदाचो उपाट अभ्यास करून आपल्या साहित्यांतल्यान तांणी लोकवेद केळयला. तांचें ‘कुकुमा देविची दिपमाळ’ हें नाटक कोंकणी रंगमाचयेवेलें एक दर्जेदार नाटक. 2009 वर्सा हें नाटक कोंकणी रंगमाचयेर आयलें. ह्या नाटकाक लोकवेदाचो साज चडोवन प्रेक्षकांक मग्न करपाचें काम केलां. त्या भायर तांचें ‘काळमाया’ हें नाटक 2014 वर्सा रंममाचयेर आयलें. मुळांत एक स्त्रिवादी लेखिका जाल्ल्यान तांणी आपल्या साहित्या सयत नाटकांनी लेगीत बायलेचें प्रतिनिधीत्व केलां. तांची विचारप्रणाली तांकां हेर नाटककारां परस वेगळी करता. देखून ह्या लेखीकेन नाटक हो प्रकार हाताळप कोंकणीच्या भवितव्या पासत भोव गरजेचें आसा.

# प्रकरण 3

# समाज आनी समाजशास्त्र

3.1 समाज- एक संकल्पना

3.1.1 व्याख्या

3.1.2 समाजाचीं वैशीश्टां

3.2 समाजसंरचना

3.3 समाजवेवस्था

3.3.1 सामाजीक नेम

3.4 समाजशास्त्र-उगम आनी विकास

3.4.1 व्याख्या

3.4.2 स्वरुप

3.5 समाजशास्त्र आनी हेर सामाजीक शास्त्रां.

3.6 साहित्यांत समाजशास्त्राची संकल्पना.

### 3.1 समाज- एक संकल्पना

खंयचोच मनीस एकोडें जिवीज जगपाक शकना. ताका आपल्या अस्तित्वापासत समाजाचेर आदारुन रावचें पडटा. मनशाच्या गरजांक अंत ना. भुरगेपणा सावन जाणटेपण मेरेन आमकां समाजाच्या विंगड विंगड घटकांच्या आदारान जिवीत सारचें पडटा. जल्मा सावनूच आमी समाजाचो अतूट भाग जावन उरतात. मुळांत समाज ही समाजशास्त्रांतली मूळ संकल्पना. जायते फावट जातीच्या संदर्भांत ह्या शब्दाचो वापर जाता. तशेंच बायल-दादलो, आदीवासी समाज, ग्रामीण समाज ह्या अर्थान लेगीत ह्या संकल्पनेक पळोवप जाता. सर्वसाधारणपणान वेव्हारांत गट ह्या अर्थान समाज हो शब्द वापरप जाता. पूण जो समाज मुळांत समाजशास्त्रांत उपेक्षीत आसा, तो खूप व्यापक आनी भोवआयामी जावन आसा.

एरीस्टॉटलाच्या मता प्रमाण, "मनीस हो सामाजीक प्राणी जावन आसा." तो समाजाशिवाय रावपाक शकना. मनशाच्यो कांय निजाच्यो गरजो आसात ज्यो संघटीत रावन आकारा येवपाक शकतात. जेन्ना सावन मनीसजातीची रचना ह्या सृश्टीचेर जाली, तेन्ना सावन ताका समाज अशें म्हणटात. जेन्ना मनशां मदीं सामाजीक संबंद निर्माण जातात, तेन्ना ताका मसाज अशें म्हणटात. समाजशास्त्रांत समाज ही मुलभूत संकल्पना जावन आसा. समाज हो शब्द 'Socius' ह्या लॅटीन शब्दासावन तयार जाला जाचो अर्थ सादारण पणान सहयोगी वा इश्टागत असो जाता.

समाज हें सामाजीक संबंदांचें जाळें जावन आसा. मुळांत तिका एक वेवस्था म्हळयार अतिताय जावची ना. ह्याच नदरेन समाजशास्त्राक पळोवप जाता. कारण समाज ही अमूर्त संकल्पना. एखादो मनीस स्वता जावन सामाजीक संबंद तशेंच सामाजीक वेवस्थेचेर नियंत्रण दवरपाक शकना. लोकांल्या वर्तनाचें निरीक्षण करुन समाजांत आपल्या वागणुकेची अनुभूती घेवची पडटा. आमी सगळे एक, हेर समाजांतल्या व्यक्तींपरस आमची वळख वेगळी, तशेंच आमी सामाजीक चौकटींत रावन समाजान वागचें पडटा ह्या सारके साबार दृश्टीकोन समाज आमकां फाव करुन दिता. समाज आमच्या प्रत्तेक वर्तनाचेर नियाळटा. देखून समाजाक उपेक्षीत आशिल्ल्यो गजाली मनीस करता. समाज हो स्थितीशील आशिल्ल्यान काळाप्रमाण समाजांत जावपी बदल मनशाक आपणावन मुखार वचचें पडटा. समाज ही फक्त एक संकल्पना न्हय जाल्यार तो जिवीताचो एक नितळ निवळ हारसो.

समाजांत सदांच एक प्रस्थापीत विचारधारा तयार जाता. नव्या विचारांच्यो आचारांच्यो पध्दती समाजांत रुजवण जातात. परस्पर संबंद आनी सहयोग प्रस्थापीत जाल्ल्यान समाज एकनीश्ठ जाता. समाजांत सामाजीक संबंध भोव म्हत्वाचे आसता. हाचे शिवाय समाज ह्या कल्पनेक आकार दिवप भोव कठीण जावन आसा. समाज आनी समाजांतले वेव्हार ह्या संज्ञेचेर आदारिन आसा. समाज हो मनशांचो समूह जाल्ल्यान मानवी संबंध प्रस्थापीत जावप भोव म्हत्वाचे आसता. समाजांतल्या सगळ्या घटकांक मुखार दवरुन जेन्ना आमी अभ्यास करतात, तेन्ना आमी समाजाचो केदो व्हडलो भाग? तशेंच समाजाच्या संरचनेंत आमचो वांटो कितें? ह्या सगळ्या प्रस्नांची जाप आमकां फाव जाता. समाज दरेका सामाजीक घटनेचो अभ्यास करता तशेंच एका विशीश्ट काळाची पुर्ती करता. वंश, वर्ण, जात, वेवस्था, भेस, भास, नितीमुल्यां आदींचो पुंजो म्हणून जेन्ना आमी समाज ह्या संकल्पने कडेन पळयतात तेन्ना समाजाची एक आगळी वेगळी व्याप्ती आमच्या सामकार रावता. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळयार समाज हो सहज वळखुपाक येता. कारण ताचें भितरलें तशेंच भायलें आंग विशेशतायांनी भरिल्लें आसा. प्रत्तेक समाज एका खाशेल्या पध्दतीन जीण जगता. देखून समाज ह्या संकल्पनेक अमूर्त अश्या नांवान अभ्यासता.

### 3.1.1 व्याख्या

*"Society is a group of human beings living in co-operative efforts to win subsistence and perpetuate the species"- W.G. Sumner*

सम्नेर हांच्या व्याख्ये प्रमाण, समाज हो एकठांय यत्न करुन, जगपाची साधनां तयार करुन मनीस जातीचें अस्तित्व टिकोवपी मनशांचो समूह जावन आसा. हांगासर समाज एकठांय येवन वावुरता आनी जगता.

*"Society is a web of social relationships"- Maclver*

समाज हें सामाजीक संबंधांचें जाळें जंय मनीस एकामेकाचेर सामाजीक संबंधावरवीं आदारुन आसा.

*"It is not the group of people, it is a system of relationship that exists between the indivituals of the group."- Rayt*

रायट हांणी मनशाच्या आंतरसंबंदांक म्हत्व दिल्लें आसा. समाजान समानतायेचे गुणधर्ण आस्पाविल्ले आशिल्ल्या कारणान समाज एक विशीश्ट वळख घेवन मुखार वता.

*"A society is a group of people who share a culture and think of themselves as united."- Dressler and Wills*

समाज हो समान संस्कृताय आशिल्लो आनी आमी सगळे एक हो सदांकाळ मंत्र दिवपी फांटो. ही व्याख्या समाजाच्या एकाच घटकाक धरुन आदारिल्ल्यान समाधानकारक ना अशें म्हणपाक जाता.

### 3.1.2 समाजाचीं वैशीश्टां

समाज हें सामाजीक संबंधांचें जाळें जावन आसा. मुळांत हो समाज मनीस आनी समूहासान तयार जाल्लो आसता. हाच्या शिवाय समाजाक अस्तित्व येना. सामाजीक संबंद प्रस्तापीत जाल्या उपरांतूच समाज एकनिश्ठ जाता. मनशांच्या प्रत्तेक संबंधांची वेवस्था तयार जाता आनी ही वेवस्था मुखार समाजाक फक्त एकठांय दवरना जाल्यार समाजाक नियंत्रणान दवरता. समाज हो वेगवेगळ्या सुवातींनी आशिल्ल्या मनशां सावन तयार जाल्लो आसता. दरेक व्यक्ती सामाजीक संबंधान एकठांय आसता. त्या त्या व्यक्तिची ती ती सुवात फक्त समाजाचेंच न्हय जाल्यार मनशां भितरल्या संबंधांचें प्रतिनिधीत्व करता. आवय, बापूय, दोतोर, इंजिनियर, कामगार, शिक्षक आदी सगळे समाजांतल्यो व्यक्ती. देखून ह्या सगळयां सावन एकंदर समाज मुखार वता.

समाज हो सगळयांत व्हडलो आनी स्वतंत्र समूह आसा. समूहांतल्या प्रत्तेक गजालीचो तो अंतर्भाव आसता. भारताचो आमी विचार करीत जाल्यार, भारतीय समाज हो जात, धर्म, भास हांच्या संयुक्तपणान मुखार वता. समाजाचो दरेक घटक समाजाच्या वेवस्थेक चालना दिता आनी सगळयांक एकठांय घेवन मुखार वतना समाजाचो एकंदर विकास मुखार व्हरता.

समाज हो भूप्रदेशीय समूह आसता. प्रत्तेक समाजाक जश्यो साबार मर्यादा आसतात, तशीच एक म्हत्वाची मर्यादा म्हळ्यार भुगोलीक मर्यादा. ही मर्यादा थारलेली आसता आनी ह्या मर्यादेचो समाजाच्या एकंदर

संस्कृतीकरणाचेर प्रभाव दिश्टी पडटा. समाज ह्या चौकटींत रावन, तिचे नेम पाळून वर्तन करता. ह्या मर्यादिक लागून मनीस समाजान जाणीवपुर्वक वागता.

समाजान खाशेल्या संस्कृतायेची जिवन पध्दत दर्शायल्ली आसता. संस्कृताय हो समाजाचो आत्मो. ह्या संकृतायेक लागून समाजाचें अस्तित्व टिकून उरता. खरें-खोटें, बरें-वायट ह्या सगळयाची जाण आमकां संस्कृताय करून दिता. मनशाच्या वर्तनातल्यान ताचे संस्कार पडबिंबीत जातात. समाजान संस्कृती नासत जाल्यार समाजाक अस्तित्व येना.

समाजान काम पध्दतीची वेवस्था भोव म्हत्वाची आसता. सगळीं मनशां एकेच तरेचें काम करपाक शकनात. देखून समाजाच्या रचने प्रमाण तांकां वेवसाय दिल्ले आसात. सामाजीक सुवातींचेर सगळया समाजाच्यो व्यक्ती एकठांय येवन वेवस्था मुखार व्हरतात. हातूंतल्यान समग्र समाजाच्यो गरजो भागतात. समाजान केल्ल्या ह्या विभाजनाक लागून लोकां मदीं परस्पर संबंद तयार जातात.

समाज ही बदलती प्रक्रिया जाल्ल्यान काळा प्रमाण समाजाक वेगळेंपण फाव जाता. काळाच्या गरजे प्रमाण समाजांत बदल अपेक्षीत आसतात. हांतूतल्यान समाज काळाक धरुन मुखार वतना मनशाची जिवीतपध्दत मुखार वता. सामाजीकरणाची प्रक्रिया हांतूतल्यान नेट घेवन चालीक लागता.

### 3.2 समाजसंरचना

समाज ही संकल्पना पळयल्या उपरांत समाजसंरचना ही समाजशास्त्रांतली म्हत्वाची संकल्पना जाणून घेवप म्हत्वाचें आसा. मुळांत ‘रचना’ ह्या शब्दाचो उपेग आमी जायते फावट आमच्या वेव्हारांत करतात. हो शब्द वापरतना तांतूतल्या साबार घटकांचो परस्परांकडेन आशिल्लो स्थीर संबंद आमकां अपेक्षीत आसता. देखीक, आमी जर घर बांदपाचें येवजीलें जाल्यार फक्त माती, शिमीट, विटो, चिरे, रेंव आनी हेर आवतां हाडलीं म्हूण घर उबें जावचें ना. ह्यो सगळयो गजाली एकठांय येवन फाव त्या प्रमाणान जोडल्यो आनी तांची एका क्रमान, एका कृतीन बांदणी जाली, जाल्यारुच घर उबें जातलें. तशेंच फक्त हात, पांय, तोंड, पोट, कान आसले म्हूण मनीस न्हय, जाल्यार जेन्ना हे सगळे अवयव एकठांय येतले तेन्नाच मनीस ही संज्ञा वापरप जातलें. एकंदर, जेन्ना साबार व्यक्ती एकामेकां कडेन एका विशीश्ट रचनेन जोडिल्ले आसतात तेन्ना हाका ‘समाजरचना’ अशें म्हणटात.

समाजरचनेवरवीं समाजान संघटीत स्वरुपाचे संबंद प्रस्थापीत जाता. ह्या संकल्पनेंत समाजांतल्या मनशांचो विचार विशीश्ट व्यक्ती म्हूण न्हय जाल्यार सभासद म्हूण जाता. दरेका व्यक्तीक एक खाशेली सुवात/हुद्दो दिल्लो आसता. ताका अनुसरून समाजान आपली भूमिका साकारुन मुखार वता. समाजांतल्या दरेका गटाक संरचना तशेंच एक सुत्रबध्दता आसतात. आपल्या गरजां प्रमाण समाजांतल्यो व्यक्ती समाजान वावुरतात. देखून समाजसंरचना ही संकल्पनेचे घटक अभ्यासप भोव म्हत्वाचें थारता;

*भूमिका (Roles)* – खाशेल्या दर्ज्याच्या मनशां कडल्यान खासा वेळार खंयचें कार्य अपेक्षीत आसता हाची रुपरेशा भूमिका थारयता. मुळांत ही भूमीका संकल्पना, दर्जो आनी तांतूतल्यान घडलेल्या कार्याचेर आदारीत आसता. मनशाचो दर्जो प्रसंगा प्रमाण वेगळो आसता. अश्या वेळार दर्ज्याक धरुन आपली भूमिका मनशान मुखार व्हरप गरजेचें आसता.

गट (Groups)- समाजरचनेन साबार गट आसतात. परस्परां कडेन निश्ठ आशिल्ल्यांक प्राथमीक आनी गरजे पुरतो संबंद दवरपी गटांक दुय्यम गट अशें म्हणटात. देखीक, फामील, शेजारी हे प्राथमीक गट जाल्यार शाळा, राजकीय पक्ष हे दुय्यम गट. ह्या गटांतले मनीस मुखार नासले जाल्यार लेगीत तांचें अस्तित्व समाजान सदांकाळ उरता

सांस्कृतीक मुल्यां (Cultural Values)- समाजांत मुल्यां भोव म्हत्वाचीं. प्रत्तेक समाज मुल्यांच्या आदारान मुखार वता. बरें-वायट, योग्य-अयोग्य, पवीत्र-अपवीत्र ह्यो गजाली समाजांत म्हत्वाच्यो थारतात. समाजाच्या मुल्यांकडेन मनीस भावनात्मक पध्दतीन बांदिल्लो आसता. मुळांत ही मुल्यवेवस्था सामाजीक जिवीत पध्दतीक मार्गदर्शन करता. हांकांच लागून व्यक्तिमत्वाक विकासाची वाव फाव जाता आनी मनीस आनी समाज संघटीत रावता. समाजांतली दरेक हालचाल ही मुल्यांच्या आदारान पडबिंबीत जाता. मुल्यां हीं सामाजीक जिणेचो अविभाज्य घटक जावन आसात.

## 3.3 समाजवेवस्था

वेवस्था ह्या संज्ञेचो अर्थ आमी सदचे जिणेंत वापरतात तोच हांगाय वापरचो पडटलो. ह्या शब्दाचो अर्थ आमी दिसपट्टे जिणेंत जोडप वा गरजे पुरती रचना ह्या अर्थान घेतात. देखीक, जेन्ना आमी खंयच्या मनशाक विचारतात, “तूं मुखार शिक्षण घेता तेन्ना पयशांची वेवस्था कशी करतलो?”, तेन्ना आमकां ह्या प्रस्ना दोन

गजाली दिसतात. पयली म्हळयार, शिकप म्हत्वाचें आसा. आनी दुसरी म्हळयार शिक्षणा पासत पयसो लागतलो ही गजाल आदींच खबर आसा. हाचोच अर्थ, ज्यो गजाली गृहीत घरिल्ल्यो आसतात, तांकांय उध्देशून वेवस्था आसता. वेवस्था सारकी जाली ना जाल्यार आडखळ निर्माण जावंक शकता. देखून हांगासर जाणीवपुर्वक वेवस्था जावप म्हत्वाची आसता.

जेन्ना एखादी गजाल पुराय करपाक थारावीक क्रिया सगळे मनीस सारक्याच पध्दतीन वर्सान वर्स तश्याच पध्दतीन करतात, तेन्ना ताका उध्देशून लेगीत वेवस्था ही संकल्पना विचारांत घेवपाक जाता. प्रत्तेक घटक पुराय वेवस्थे कडेन एक कार्यान जोडिल्लो आसता. हें कार्य सामाजीक पावंड्यार म्हत्वाचें आसा. कारण साबार क्रियाशील मनीस एकठांय येवन ही वेवस्था घडयतात. देखून जेन्ना हॅरी जॉन्सन म्हणटा, “Social system is composed of inter-related acts of people” अर्थात, व्यक्तींच्यो परस्परसंबंदीत क्रिया एकठांय येवन समाजवेवस्था घडटा, तेन्ना समाजाचो खऱ्या अर्थान अभ्यास जाता.

### 3.3.1 सामाजीक नेम

वर्तनाचेर मर्यादा घालपा पासत समाजान नेमांची गरज आसता. हे नेम सामाजीक गरजांची पूर्ती करतात. मनशाच्यो गरजो भागोवपा पासत साबार गट समाजान निर्माण जातात. दरेकलो समाजान आंखून दिल्ल्या नेमां प्रमाण वागता. जर नेम नाशिल्ले जाल्यार समाजान सुसुत्रता उरची नाशिल्ली. दरेकलो जर आपणाक जाय तसो वागपाक लागिल्लो जाल्यार समाजरचना काभार जातली आशिल्ली. देखून एकठांय येवन समाज जिवन जगपाक हे नेम गरजेचे आसात. हे कांय नेम म्हळयार लोकाचार, लोकनिती, रुढी, कायदे, संस्कार, विधी, शिश्टाचार आदी. सामाजीक विचारधारेंतल्यान प्रत्तेक मनीस घडटा. ही विचारशक्त तो भोंवतणच्या वातावरणांतल्यान आत्मसात करता. हातूंतल्यान मनीस शिक्षीत जाता. पूण हे नेम प्रामुख्यान संबंधात्मक आनी नियंत्रणकारी अश्या दोन प्रकारचे आसतात. देखून ह्या नेमांचें स्वरुप आदर्शात्मक आसलें तरी वास्तवीकतायेक धरूनन ह्या नेमांची बांदणी जावप म्हत्वाची आसता. जेन्ना जेन्ना समाजान परिवर्तन येता, तेन्ना तेन्ना हे नेम बदलप तितलेच गरजेचे आसा. दरेक पिढी एका वेगळया विचारांतल्यान मुखार वता. देखून त्या त्या काळाप्रमाणे ते ते विचार आपणावप गरजेचे आसा. काळ, थळ खंयचेय आसलें तरी नेमांचें पाळप हें

समाजान रावपी कोणाकूच चुकना. समाजान ह्या पासत भोवमानात्मक तशेंच दंडात्मक येवजण लेगीत करून दवरल्या. देखून समाजाच्या दरेका क्रियेंत सामाजीक नेमांक म्हत्वाची आनी विशीश्ट सुवात आसा.

### 3.4 समाजशास्त्र- उगम आनी विकास

समाजशास्त्र हें आधुनीक शास्त्र जावन आसा. जरी ताची सुरवात 17व्या शेकड्याच्या सुरवातीक जाली, तरी समाजाचो इतिहास हो प्राचीन काळासावन अस्तित्वांत आसा. जेन्ना आमच्यो सगळयांच्यो गरजो एक हें मनशाक कळें, तेन्ना मनीस एकठांय आयलो आनी समाजाची निर्मीती जाली. उपरांत मनशान समाजाखातीर मुल्यां तयार केलीं. काळ, परिस्थिती बदलत गेली आनी उदरगती सयत मनीस लेगीत बदलत गेलो. पूण जीण जगपा पासत समाजाची गरज आसा हो विचार बदललो ना. एकदंर, काळाप्रमाण मनशान जगप बदल्लें पूण सामाजीकताये कडेन एकनीश्ठ रावलो.

प्राचीन काळासावन साबार विचारवंतानीं मानवी समाजाचो अभ्यास करुन आपल्या पुस्तकांनी मांडला. ग्रीक तत्वज्ञानी प्लेटो (इ.स.पूर्व 427 ते 347) हांणे आपल्या ‘Republic’ ह्या ग्रंथान तात्कालीन समाज जिवनाचो विचार नागरी समुदायाच्या संदर्भांतल्यान मांडला. रोमन विचारवंत सिसरो हांणे ‘De officic’ ह्या ग्रंथान राजशास्त्र, कायदो, तत्वगिन्यान आनी समाजशास्त्र ह्या सगळया विशयांचेर विस्तृत चर्चा केल्ली आसा. त्या भायर भारतांत वेद, उपनिषद, पुराणां, रामायण, महाभारत, मनुस्मती आदी आदी धार्मीक ग्रंथानी मानवी समाज जिवनाचेर चर्चा केल्ली आसा. मनशान समाजीक वर्तन हांगा स्पश्ट जाता. देखून मानवाच्या परस्पर संबंधांचो अभ्यास करपी शास्त्र अशें आमी समाजशास्त्राक म्हणटात.

जेन्ना आमी समाजशास्त्राक शास्त्र अशें म्हणटात, तेन्ना तो एक विज्ञानीक दृश्टीकोण जाता. विशयाकडेन खंयच्या दृश्टीकोनांतल्यान पळोवचें हाची जाण शास्त्रांतल्यान फाव जाता. समाजशास्त्र ही संज्ञा सगळयान पयलीं ऑगस्त कॉम्त ह्या फ्रेंच तत्वज्ञान ताच्या ‘Positive Philosophy’ ह्या ग्रंथान 1839 वर्सा वापरली. तांकांच समाजशास्त्राचो जनक अशें म्हणटात. ‘Sociology’ हो इंग्लीश शब्द ‘Socious’ ह्या लॅटीन आनी ‘logos’ ह्या ग्रीक भाशेंतल्या शब्दांसावन तयार जाला.

जेन्ना शास्त्र ही संकल्पना आमी वापरतात, तेन्ना शास्त्रान सत्य गरजेचें आसता. अर्थात, ती गजाल सदांकाळ आनी सगळया परिस्थितीन उपेगी थारता. तशेंच तें शास्त्र स्थीर रावंक शकना. तें न्हंयवरी व्हांवत रावता.

समाजशास्त्र ह्या सगळ्या गजालींक घेवन मुखार वता. समाजाचें मन, मनाचो थाव आनी समाजाच्या दिसपट्ट्या वागणूकेचो अभ्यास ह्या शास्त्रान जाता. ह्या शास्त्रा अंतर्गत समाज, सामाजीक जीवन, सामाजीक घटना, सामाजीक संस्था, समाजीक संरचना, सामाजीक संबंध ह्या संज्ञांचो अभ्यास जाता. समाजशास्त्राचो अभ्यास हो मनशान प्रवाहीक केल्ल्या प्रस्थापीत आनी तात्कालीन संबंधांचे अध्ययन करपी जावन आसा. हें शास्त्र व्यापक तशेंच भोवआयामी जाल्ल्यान  रितींचो, नितींचो अभ्यास हांगासर जाता. समाज मुखार वतलो, समाजाक वळण लागतलें आनी समाजाक आपलें अस्तित्व टिकोवन दवरपाक जाय जाल्यार समाजाचो शास्त्रीय पध्दतीन अभ्यास जावप भोव गरजेचें आसा. तेन्नाच हें समाजाच्या निर्मणे फाटलें सत्य मुखार येतलें.

### 3.4.1 व्याख्या:

समाजशास्त्राचो अभ्यास करता आसतना संवसारीक पावंड्यार ऑगस्त कॉम्त, एमिल दुरखीम, जॉर्ज सिम्मेल, मॅक्स वेबर, फ्रॅन्कलीन गिडिंगज ह्या विचारवंतानी ह्या शास्त्राचो पध्दतशील अभ्यास केला. ह्या शास्त्राचेर संवसारांत साबार व्याख्या मांडिल्ल्यो आसात. देखीक;

*"Sociology is the science of human inter-relationship, their conditions and consequences"- M. Ginsberg*

गिन्सबर्ग हांच्या व्याख्ये प्रमाण समाजशास्त्र मानवी परस्परसंबंध खंयच्या परिस्थितीन निर्माण जातात आनी तांचो मनशांचेर कसलो परिणाम जाता हाचेर अभ्यास करता.

*"Sociology deals with behaviour of men in group."- Kimboll Young*

मनशाच्या समूहांतल्या वर्तनाताचो अभ्यास करपी शास्त्र म्हूण आमी समाजशास्त्राक पळोवं येता अशें किंम्बॉल यंग म्हणटात. हाका लागून मनीस समाजान नियंत्रणान उरता.

*"Sociology is the study of systems of social action and their interrelations."- Alex Inkeles*

समाजशास्त्राच्या शाखेखाला सामाजीक वेवस्थांचो आनी आंतरसंबंधांचो अभ्यास शास्त्रीय पध्दतीन करतात.

### 3.4.2 समाजशास्त्राचें स्वरुप

आयच्या काळान समाजशास्त्र शास्त्रीय पध्दतीन अभ्यासतात. देखून ह्या शास्त्राचें स्वरुप तितल्याच प्रखरतायेन स्पश्ट करप म्हत्वाचें थारता. ह्या शास्त्रा भितर सत्याचो मोठो वांटो आसप म्हत्वाचें आसता. तशेंच कांय म्हत्वाच्यो संकल्पना ठारावीक अनुशंगान मांडप गरजेचें आसता. तशेंच ह्या शास्त्राखाला आमी खंयच्याय विशयाचो अभ्यास करपाचें येवजीलें जाल्यार त्या विशयाची रुपरेशा समाजाच्या अंतरंगाक धरून आसपाक जाय. विज्ञानीक दृश्टीकोनांतल्यान ह्या शास्त्राचो अभ्यास केलो जाल्यार आमकां चड आत्मीयतायेन काम करपाक आवड निर्माण जाता. अभ्यासकाची वृत्ती हांगासर तटस्त आसप तितलीच म्हत्वाची. हें करता आसतना भावनात्मकतायेन अभ्यासकान व्हांवून वचप समा जायना. ही  गजाल सामाजीक अभ्यासाक आडखळ निर्माण करपाक शकता. देखून ह्या अभ्यासान सुसूत्रताय आसप तितलेंच गरजेचें आसा.

समाजशास्त्राचो मुखेल घटक हो मनीस आशिल्ल्यान मनशाच्या भोंवतणी समाजशास्त्र वावुरता. समाज हो गुंतागुंतीचो जाल्ल्यान सगळ्या घटकांचें पृथक्करण करप शक्य ना. समाजशास्त्र हें भविश्यकथनात्मक नाशिल्ल्यान अभ्यासांतल्यान मांडलेलो निश्कर्श हो निमणें सत्य अशें म्हणपाक शकना. हेर शास्त्रां जशीं रसायनशास्त्र, भौतीकशास्त्र, जीवशास्त्र हांतून निश्कर्श बदलानात. पूण समाजशास्त्राक हें हाका आडवाद. हाका लागून समाजशास्त्राचें साबार प्रकारांनी विभाजन केलां. समाजशास्त्रा खाला साबार उपशास्त्रां मार्फत ह्या शास्त्राच्या अंतरंगान वचून ल्हानांतलो ल्हान आयाम स्पश्ट करपाचें उध्दीश्ट आमकां सामकार दिसता. दरेका गजाली फाटल्यान शास्त्र लिपील्लें आसा अशें जर आमी म्हणटात, जाल्यार समाज हें ताचें मुलभूच केंद्र. सत्यकथन ह्या गुणासयत समाजशास्त्र आपलें एकंदर स्वरुप स्पश्ट करता आनी मुखार वता.

### 3.5 समाजशास्त्र आनी हेर सामाजीक शास्त्रां

समाजशास्त्र हें सामाजीक संकल्पनांचो अभ्यास करपी शास्त्र जावन आसा. हाचो अंतर्भाव सामाजीक शास्त्रांत जाणवता. समाजशास्त्रासयत अर्थशास्त्र, राज्यशास्त्र, मानसशास्त्र आनी हेर शास्त्रां हीं सामाजीक शास्त्रांच म्हणून आमी वळखतात. हीं सगळीं शास्त्रां परस्परांचो आदार घेत आपले निश्कर्श मांडीत वतात अशें जर आमी म्हणत, जाल्यार ह्यो सगळ्यो स्वतंत्र शाखा अशें आमी म्हणपाक जाता. ही सगळीं शास्त्रां लेगीत मानवी समाजाचो अभ्यास करतात. जशें एका झाडाच्यो फांदयो विस्तारीत जायत वतात पूण त्यो झाडाचो भाग जावन

आसतात हें मतींत दवरतात, त्याच प्रमाण समाजशास्त्रा खाला येवपी हेर उपशास्त्रां सयत हें शास्त्र व्हड जायत वता. प्रत्तेक शास्त्राक खाशेलो असो अभ्यास आसा. देखून हेर शास्त्रां परस प्रत्तेक शास्त्र वेगळें थारता. देखून कांय वेंचीक शास्त्रांचो अभ्यास मुखार केल्लो आसा.

### 3.5.1 मानसशास्त्र:

मनशाच्या वर्तनाचो शास्त्रशुध्द अभ्यास करपी शास्त्राक मानसशास्त्र अशें म्हणटात. मनीस हो समाजाचो प्राणभूत घटक जाल्ल्यान जीवन साधनेंतल्यान तांणे आत्मसात केल्ल्या गजालींचेर मानसशास्त्र भाश्य करता. मनशाची जडण-घडण ही सामाजीक आनी सास्कृतीक गजालींवरवीं जाता. मनीस स्वताक समाजान कसो पळयता, लोक ताका कशे पळयतात हें मानसशास्त्राखाला अभ्यासतात. ह्या शास्त्राची सुरवात प्लेटो, एरीस्टोटल ह्या विचारवंतांच्या काळान जाल्ली अशें जाणकार म्हणटात. पूण मानसशास्त्र ही संकल्पना सिग्मंड फ्रॉय्ड हांणी रुजयली. मनशाच्या भायल्या तशेंच भितरल्या वर्तनाचो अभ्यास ह्या शास्त्राखाला जावपाक लागलो. ह्या शास्त्रांवरवीं बोधात्मक अनुभवांचो अभ्यास जाता. मनशाच्या फक्त मूर्त स्वरुपांचेंच न्हय, जाल्यार चिंतन,मनन, स्मरण ह्या सारक्या स्वरुपांचें वर्तन हांगासर अभ्यासप जाता. एक मनीस विशीश्ट तरेन कित्याक वागता? ह्या प्रस्नाची जाप मानसशास्त्र सोदता. ल्हानपणासावन मनशाचेर जे संस्कार जातात, ते मुखार वचून मनशाचें व्यक्तित्व घडपाक आदार करतात. आपल्या जिणेन साबार अणभव मनीस घेता. साबार गजाली ताच्या जिवीतांत येतात-वतात. जिवीताच्या ह्या अणभवी साधनेंतल्यान तो स्वताची मानसीक बसका थाटता. हाका लागून सिग्मंड फ्रॉय्ड सारको मानसशास्त्रज्ञ म्हणटा, ‘सुप्त मनात चलिल्ले प्रक्रियेचो जागृत मनाचेर तशेंच मनशाच्या वागणुकेचेर परिणाम जाता.’

प्रत्तेक मनीस एका विशीश्ट तरेन वागपाचें एक खाशेलें कारण आसता. ताची कृती, ताची लक्षणां ही गजाल स्पश्ट करता. घरांत वागता आसतना, समाजांत वागता आसतना तो स्वताक कांय नेम घालता आनी तांचेर अनुसरुन वागता. प्रत्तेक मनशाचें खाशेलें अशें मानसशास्त्र आशिल्ल्यान  मनशाच्या विचारांच्या तळाक वचून मानसशास्त्र तत्थ्यनिर्णयन करता.  साबार व्यक्तीगत संकेत पाळटा आसतना हेरांक लेगीत पाळपाक लायता. ह्या शाखेखाला लेगीत भुरग्यांचें , बायलांचें, विशीश्ट वर्गांचें मानसशास्त्र आसता. देखून मानसशास्त्र ही संकल्पना भोव परिणामदायक थारता. मानसशास्त्राचे सगळ्या तत्थ्यांचेर जेन्ना खोलायेन विचार जाता, तेन्ना

ह्या व्यापक विशयाच्या तडीक वचून तांतूतले साबार लिप्त फांटे अभ्यासपाक उर्बा मेळटा. मनीस जल्मा येवपा सावन मरणा मेरेनचें वर्तन मानसशास्त्राखाला अभ्यासप जाता.

### 3.5.2 समाजमानसशास्त्र

मनीस ज्या समाजांत रावता, त्या समाजान मनीस हेरांच्या वर्तनान प्रभावीत जाता. ताचोय प्रभाव लोकांचेर पडटा आनी तांतूतल्यान सामाजीक आंतरक्रिया घडून येता. तशेंच मनशाच्या वर्तनाचेर ताच्या साबार मानसीक भावनांचो लेगीत परिणाम जाता. मनशाच्या अमूर्त भावनांचो विचार मानसशास्त्रान जाता जाल्यार मनशाच्या भौतीक वर्तनाचो अभ्यास समाजमानसशास्त्रांत जाता. मुळांत हो सामाजीक वर्तनाचो अभ्यास अशें म्हणल्यार जाता. मुळांत ही मानसशास्त्राचीच एक शाखा जावन आसा.

मुळांत मनीस हो समाजाचो केंद्रबिंदू जाल्ल्यान ताच्या सामाजीक हालचालींचेर समाजमानसशास्त्र नियंत्रण दवरता. समाजाची बांदणी ही समाजाच्या व्यक्तिंचेर आदारून आसता. समाजान मनीस पंगड, संस्था, संघटना वरवीं वागता. तेन्ना ताची वागणूक ही समाजान नेमून दिल्ल्या नेमांचेर आदारिल्ली आसता. समाजमानसस्त्रोत्र ह्या गजालीन खूप म्हत्वाचें आसता. समाजाच्या कांय विशीश्ट विचारांचें आकलन करुन मनीस मुखार वता. ताच्या दरेका करणेक सामाजीक मान्यताय फाव जावप म्हत्वाची आसता. समाजांतल्यो प्रथा-परंपरा, संस्कृताय, विधी, प्रक्रिया, रिती रिवाज, धर्म, वर्ण, जात ह्यो गजाली भोव म्हत्वाच्यो आसतात. ह्या सगळ्या घटकांच्या आदारान समाजाची वेवस्था केल्ली आसता. देखून समाज बांदिलके पासत जावपी दरेक गजाल समाजाच्या अस्तित्वाची जाणविकाय करून दिता. देखून, समाजमानसशास्त्र अभ्यासप भोव म्हत्वाचें थारता.

### 3.5.3 मानववंशशास्त्र

ह्या शास्त्राच्या आदारान मनशाच्या वंशाचो सोद घेत समाजाच्या मुळाकडेन वचपाचो यत्न करतात. समाज हो मनशाचो आत्मो जाल्ल्यान ताच्या वंशाचो सोद घेवपाचो आसत जाल्यार ताच्या समाजाच्या वंशाचो सोद घेवप भोव गरजेचें आसा. दरेक मनीस हेरापरस वेगळो आशिल्ल्यान ताच्या शरीररचनेंत लेगीत आमकां फाव ते फरक दिश्टी पडटात. मुळांत ह्या शाखेखाला प्राचीन मनशाचो अभ्यास करप अपेक्षीत आसा. हाका मानवशास्त्र अशेंय बीन म्हणटात. प्राचीन मानवाचे अवशेश, तेन्नाच्यो वस्तू हांच्या आदारान मनशाच्या शरीराची रचना आनी हेर घटकांचो अभ्यास जाता. संवसारान अशे साबार अभ्यास जाल्यात जंय मनशाच्या

राहणीमनाची, ताच्या शरीररचनेची मोलादीक म्हायती समाजान फाव जाता. देखीक, आदीं मनीस जंगलान रावतालो. पूण उपरांत काळाप्रमाण मनशाचें वर्तन बदल्लें आनी ताच्या राहणीमनान लेगीत बदल घडलो.

मानववंशशास्त्र हें खाशेल्या चालीरितींचेर तयार केल्लें आसता. हांचेवरवीं समाजाच्या मुळाकडेन वचपाक आदार जाता. कारण मनशाच्या दिसपांतल्यान ताची जात, वंश मुखार येता. जेन्ना सावन मनशाची उत्क्रांती जाली, तेन्ना सावन हें शास्त्र अस्तित्वांत आसा. संवसारान मनशाची प्रांता प्रमाण वसणूक जाल्ली दिसता तेन्ना ताच्या समुदायांतली विभीन्नता आमच्या मुखार स्पश्ट जाता. इतिहास, भुगोल हांच्या आदारान मानवी वंशाचें तत्थ्यनिर्णयन जाल्लें आमकां दिश्टी पडटा. देखून समाजशास्त्र अभ्यासतना ताका आदारुन मानववंशशास्त्राचो अभ्यास तितलोच म्हत्वाचो आसा. हांतूतल्यान फक्त समाजाचीं पाळां-मुळांच मुखार येना जाल्यार समाजरचनेच्या प्रक्रियेचो थाव घेवप सोपें जाता. हीच ह्या शास्त्राची खाशेलताय.

### 3.5.4 अर्थशास्त्र

समाजाच्या आर्थीक वेवस्थेचो अभ्यास करपी शास्त्राक अर्थशास्त्र अशें म्हणटात. सगळया पावंड्यांचेर आमकां अर्थशास्त्र लागता. मनशाक आपल्यो दिसपट्ट्यो गरजो भागोवपा पासत आर्थीक येवजण्यो करच्योच पडटा. कारण तो जिवीताचो एक म्हत्वाचो भाग जावन आसा. मुळांत तो सामाजीक संबंधांचोच एक भाग आशिल्ल्या समाजशास्त्र आनी अर्थशास्त्र हांचो लागींचो संबंध आसा. कार्ल मार्क्स सारक्या विचारवंतान म्हणील्ल्या प्रमाण, "समाज परिवर्तनाच्या तळाकडेन अर्थशास्त्र आसता." देखून आर्थीक स्थिती, परिस्थिती हांची येवजण अर्थशास्त्रांत जाता. आर्थीक वेवस्था ही सामाजीक वेव्हारांचेर आदारून आसता. अर्थशास्त्राखाला Needs are limited, wants are unlimited ही गजाल मतींत धरुन समाज मुखार वता.

ज्या तरेन अर्थशास्त्राक आर्थीक वेव्हारासंबंधीत सिध्दांत मांडटना सामाजीक परिस्थितीचो आर्थीक वेव्हारांचेर जावपी परिणाम मतींत दवरचो पडटा. त्याच प्रमाण समाजशास्त्रान लेगीत आर्थीक वेव्हाराचें सामाजीक जिवीतांतलें स्थान आनी म्हत्व लक्षान घेवप म्हत्वाचें थारता. समाजान मनशांच्या क्रियांचें अध्ययन जाता तेन्ना आर्थीक अध्ययन हें भोव म्हत्वाचें थारता. मनशाकडेन पयसो कसो येता, वता, उरता ह्या सगळयाचें विवेचन अर्थशास्त्रान जाता. अर्थशास्त्रा शिवाय समाजाचें अध्ययन करप शक्य ना अशें म्हणल्यार जाता.

### 3.5.5 इतिहासशास्त्र

समाजशास्त्र आनी इतिहास हांचो संबंध मानवीसमाजांतल्या घडणुकां कडेन आनी मनशाच्या कृतीकडेन खूप लागींचो आसा. मुळांत इतिहास ही संकल्पना आमच्या जिणेच्या दरेका पावंड्यार खूप व्हडा प्रमाणान जोडिल्ली आसा. इतिहासांत समाजांत रावपी मनशाच्या जिवीताचो काळाप्रमाण विचार जाता. जसो मनीस काळाप्रमाण आपलें जीवीत जगत वता, तसोच समाज लेगीत काळाप्रमाण बदलत वता. खिणा खिणाक घडून गेल्ली गजाल ही इतिहासांत नोंद जाता. ह्या वेळार आमी इतिहासा कडेन आनी इतिहास आमचे कडेन कितले प्रमाणान जोडिल्लो आसा हाची जाण आमकां जाता. हें शास्त्र वर्णनात्मक शास्त्र जाल्ल्यान काळाप्रमाण घडपी घटनांचो क्रम लावपाचें काम हें शास्त्र करता. जसो मनशाक इतिहास आसा, तसोच समाजाक लेगीत एक खाशेलो इतिहास आसा. संस्कृतीची उत्पत्ती, विचारांची सुधारणा जावपा फाटल्यान एक इतिहास आसा. आमकां बऱ्या वायटाची जाणविकाय हो इतिहास घडयता. आमच्या जिणेत घडपी दरेका घडणुकांची नोंद घेता. देखून हें शास्त्र आमकां इतिहासाच्या काळाची जाणविकाय करुन दिता. देखीक, राज्यक्रांती हो इतिहासांतलो म्हत्वाचो भाग जावन आसा. देखून साबार इतिहासकार ही क्रांती घडपा फाटलें कारण सोदतात आनी ताचें वर्णन करतात, जाल्यार समाजशास्त्र ही क्रांती घडपा फाटलें कारण सोदून सर्वसामान्यांमेरेन हाची म्हायती पावयता. देखून इतिहास हो विसरपा खातीर न्हय, जाल्यार देख घेवन मुखार  वचपा खातीर आसता. ह्या गजालीची जाण आमकां इतिहासशास्त्र करून दिता. समाजीक वर्तनाचें इतिहासीक पावंड्यार जाल्लें तत्थ्यीकरण आमकां पळोवंक मेळटा. समाजशास्त्र आनी इतिहास ह्यो दोनूय गजाली सामाजीक विकासा पासत म्हत्वाच्यो थारतात.

### 3.5.6 राजशास्त्र

राजशास्त्र हें सत्तेच्या अभ्यासा संबंधीत भाश्य करपी शास्त्र जावन आसा. ह्या  शास्त्राखाला शासन, लोक प्रशासन, लोकशाय, आंदोलना, कायदे आदींचो तर्कसुध्द अभ्यास जाता. मुळांत राजकीय वर्तन हें समाजाचो एक म्हत्वाचो भाग जावन आसा. ह्या शास्त्रांत राज्य वा सरकार हांच्यो प्रामुख्यान अभ्यास जाता. राजशास्त्राचें अभ्यास क्षेत्र हें राज्या पुरतेंच मर्यादीत उरता. देखून राज्ज्याच्या एकदंर कारकिर्दीचो तशेंच तांतूतल्या साबार पावंड्यांचो अभ्यास राजशास्त्रांत जाता. खंयचीय सत्ता राज्य करून गेल्या उपरांत आपले अवशेश, आपली

संस्कृती कांय प्रमाणान दवरतात. उपरांत जेन्ना समाजशास्त्र ह्या गजालीकडेन पळयता, तेन्ना हाचो विस्तारान विचार करून मुखार वता. राजशास्त्रांत आस्पावीत जावपी दरेका गजालीचो समाजशास्त्र विचार करता. देखून राजशास्त्राच्या फाट्याक समाजशास्त्रा कडेन जोडपाचो संबंध जैतीवंत जाता. राज्ज्यांतले परस्पर संबंध दवरपी घटकांक नियाळून तांच्या तत्थ्यांचो सोद लावप म्हत्वाचें थारता. खंय ना खंय हें शास्त्र इतिहासीक शास्त्रा कडेन समतोल आसा. खूपशे मुद्दे हांगा जूळटात देखून समाजशास्त्राक हेर सगळया उपशाखांच्या आदारान अभ्यास जावप म्हत्वाचें जाता.

### 3.5.7 भासशास्त्र

भास ही समाजाचो आत्मो म्हळयार अतिताय जावची ना. भास ना जाल्यार संवसाराक अस्तित्व उरना. देखून समाजाचो एकंदर अभ्यास करता आसतना समाजांतल्या भाशेचो थाव घेवप तितलेंच म्हत्वाचें आसा. मुळांत भास ही मनशाच्या अस्तित्वाची कुरू. मनीस समाजाकडेन फक्त संस्कृताय. विधी हांच्याच मार्फत न्हय, जाल्यार भाशेवरवीं लेगीत जोडील्लो आसा. दरेका समाजान एक विशीश्ट भास घोळटा. उपरांत जसो जसो समाज व्यापक जायत वात, तशें तशें भाशे भितर वेगळेंपणां आमकां दिसून येता. हाकाच बोली ही संकल्पना वापरतात. देखून सामाजीक अध्ययना पसत भास हें म्हत्वाचें साधन मानचें पडटलें. भाशेतल्यान समाजाच्या एकंदर कार्याचेर खऱ्या अर्थान उजवाड घालप सोपें जाता. संवसारान देरका गजालीक शास्त्रीय नदरेन पळोवपाचें आमी येवजीतात जाल्यार तांतूत भास ही म्हत्वाचो घटक मानून आमकां मुखार वचचें पडटलें. धर्म, जात, पोटजात, प्रांत, शार, ग्रामीण वाठारा प्रमाण समुहाची भास बदलत आसता. बारा कोसांचेर बदलपी भाशेचें खाशेलेंपण समजून घेवप आनी ताचो चिकीत्सक अभ्यास करप म्हत्वाचें थारता. देखून समाजशास्त्राचो भासशास्त्र हो म्हत्वाचो भाग जाता. प्रत्तेक समाजाक उमाळे आसता, व्यथा आसतात. तेन्ना त्यो ज्या प्रमाणान उफाळून येतात, ताका भाशेचो फांटो म्हत्वाचो आसता. वाठारा वाठारा प्रमाण भाशेचें (बोलीचें) स्वरुप बदलता. तेन्ना दरेक वाठार आपल्या भाशीक नदरेन तितलोच गिरेस्त आसा हें आमकां कळटा. तशेंच जसो जसो समाज शिक्षीत जाता, तशी तशी भास प्रगल्भ जायत वता. भाशेन म्होवाळसाण येता, भासांचें व्याकरण तयार जाता आदी. अदीम काळार समाजान भास आशिल्ली. पूण भाशेचेर नियंत्रण

नाशिल्लें. देखून जसो जसो काळ मुखार गेलो, तसो तसो समाज काळाप्रमाण परिवर्तनशील जायत गेलो. हांतूत भास ही केंद्रबिंदू थारली. देखून भासशास्त्र अभ्यासप म्हत्वाचें जाता.

### 3.6 साहित्यांत समाजशास्त्राची संकल्पना

खंयच्याय साहित्यकृतींत जेन्ना समाजाचें पडबिंब दिश्टी पडटा, तेन्ना ती साहित्यकृती वास्तवीक समाजाच्या विचारांचें आकलन करुन तयार जाल्ली आसता. नाटक, कथा, कादंबरी, नवलिका, कविता, एकांकीका सारके आदी साहित्याच्या प्रकारांनी समाजीक मुल्यांचो दिश्टावो घडटा. वेगवेगळया पध्दतींचो तशेंच समाजीक दृश्टीकोनांचो उपेग करुन साहित्यांत समाजशास्त्राची संकल्पना विकसीत जायत वता. जायते अभ्यासक साहित्याच्या समाजशास्त्राक म्हत्व दितात. कारण समाजाच्या मूळा कडेन वतलो जाल्यार साहित्य हें एकमेव आवांत. जी जी गजाल समाजशास्त्रांत पळोवंक मेळटा, ती ती गजाल साहित्याचें समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान अध्ययन करतना दिश्टी पडटा.

साहित्याचें समाजशास्त्र हाचो मुखेल हेतू म्हळयार समाजा कडेन संबंधीत आशिल्ल्या साहित्याचो सोद घेवप. हो सोद घेवपाच्यो दोन तरा आसात. एक म्हळयार समाजाक समजून घेवपाक साहित्याचो उपेग करप, आनी दुसरो म्हळयार साहित्याक समजून घेवपाक समाजशास्त्रीय दृश्टीकोण आपणावप. लेखक साहित्याची रचना करता आसतना कल्पनेचो आदार घेता. वास्तवीकतायेच्या आदारान काल्पनीकतायेचो वापर करुन कथानक उबें करता. समाजाची दरेक करणी, हालचाल जेन्ना साहित्यांत येता आनी त्या सगळया घटकांची जेन्ना शास्त्रीय नदरेन तपासणी जाता, तेन्ना साहित्याचें खऱ्या अर्थान समाजशास्त्रीय नदरेन अध्ययन जाता. मनीस हो साहित्याचो केंद्रबिंदू थारता आनी ताका लागून साहित्याच्या समाजीक अध्ययनाच्या पावंड्यार तो म्हत्वाचो थारता. फक्त समाजाचो शास्त्रीय पावंड्यार अभ्यास करुन जायना, जाल्यार त्या समाजाच्या शास्त्रा खाला येवपी हेर उप शात्रांचो लेगीत अभ्यास तितलोच गरजेचो.

साहित्य हो समाजाचो हारसो. ह्या चित्रणांत बाह्य रुपा सयत आंतरीक रुप लेगीत पडबिंबीत जाल्लें दिश्टी पडटा. साहित्याचो विचार करता आसतना मानसीक संरचनेचो लेगीत विचार जाता. ह्या साहित्यांत समाजाचें वास्तवरुप जितल्या प्रखरपणान येतलें तितलें साहित्य गिरेस्त जातलें. साहित्याची नवीं नवीं तासां उक्तीं जातलीं. साहित्या वरवीं समाजाच्या वास्तवरुपी सत्या कडेन व्हरपाचो यत्न फळादीक जावपाक साहित्यांतली

समाजीक जापसालदारकी खबर आसप गरजेचें थारता. अभिव्यक्तीची गरज म्हूण जर साहित्याचो उगम जाला, जाल्यार त्या अभिव्यक्तींत समाजाचें रुप साहित्यांतल्यान परगटीत जाता. ह्याच पासत साहित्याचें समाजशास्त्रीय विवेचन जावप म्हत्वाचें. तेन्नाच साहित्याच्या तळागळाक लिपील्ल्या समाजीक जाणविकायेंतल्यान आमकां समाजीक प्रस्नांक तशेंच समाजीक संवेदने कडेन लागीं वचप शक्य जातलें.

# प्रकरण 4

# सुंवारी- एक शास्त्रीय अभ्यास


| | |
|---|---|
| 4.1 सुंवारी- एक शास्त्रीय अभ्यास | 4.3.3 अर्थशास्त्र |
| 4.1.1 प्रस्तावना | 4.3.4 इतिहासशास्त्र |
| 4.1.2 कथानक | 4.3.5 भासशास्त्र |
| 4.2 नाटक आनी समाज | 4.3.6 राजशास्त्र |
| 4.2.1 नाटकांतलो सैम | 4.4 नाटकाच्यो म्हत्वाच्यो बाजू |
| 4.2.2 नाटकांतली संस्कृताय | 4.4.1 संवाद आनी भास |
| 4.2.3 नाटकांतले वेवसाय | 4.4.2 पात्रचित्रण आनी पात्रनिर्मिती |
| 4.2.4 नाटकांतलो धर्म | 4.4.3 भाशीक उतरावळ |
| 4.2.5 नाटकांतलो संघर्श | 4.4.4 इतिहास आनी लोकवेद |
| 4.3 उपयोजीत शास्त्रां ( सुंवारी नाटकाच्या संदर्भांत) | 4.4.5 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान |
| 4.3.1 मानसशास्त्र | 4.5 निश्कर्श |
| 4.3.2 समाजमानसशास्त्र | |

## 4.1 सुंवारी – एक शास्त्रीय वळख

संस्कृताय ही आमच्या जिणेच्या नाळेक जोडिल्लो म्हत्वाचो भाग. आमचें दरेक वर्तन आमकां आमच्या संस्कृतायेच्या लागीं व्हरता. गोंयकारांच्या शिरंतरान संस्कृताय व्हांवता. आमच्यो प्रथा-परंपरा आनी हेर रिती रिवाज आमच्या आमच्या निजाच्या संस्कृतायेची जाणविकाय करून दितात. मुळांत, ह्यो परंपरा केन्ना सावन सुरु जाल्यो हाचो लिखीत दस्तावेज फाव जायना. आमची संस्कृताय मौखीक रितीन खूप गिरेस्त आसा. ह्या परंपरेचो दिर्घ इतिहास सासणाचो अज्रवंर आसा. ह्याच परंपरेतली एक म्हत्वाची परंपरा म्हळ्यार सुंवारी वादन. चर्मवाद्यां वाजोवपाचो एक वादन प्रकार म्हळ्यार सुंवारी. हजारांनी वर्सां सावन मनीस ह्या वादन परंपरेचो आस्वाद घेत आसा. देवळाच्या आवारांत, शिगम्या दिसांनी सुंवारी वाजयल्ली आमकां पळोवंक मेळटा. सुंवारी वादन हें फक्त गोंयच्या संस्कृतायेचें न्हय, जाल्यार गोंयकारांच्या अस्मितायेचें आनी सांस्कृतीक स्वातंत्र्याचें प्रतीक जावन आसा.

ह्याच सुंवारी वादनाक घेवन विष्णू सुर्या वाघ हांणी 'सुंवारी' हो नाट्याविश्कार कोंकणी रंगमाचयेर हाडलो. गोंयच्या इतिहासीक स्थित्यंतरांची जाणीव आनी अणभव घेतील्ल्या वाघ हांणी गोंय मुक्ती संग्रामाचो बाज वापरून सुंवारी हें नाटक बरयलें. विष्णू वाघ हांचें हें पयलें कोंकणी नाटक. 'माझ्या मातीचे गायन' ह्या नांवान मराठीन ह्या नाटकाचे जैतीवंत प्रयोग जाल्यात. गोंयच्या मातयेचो आनी गोंयच्या इतिहासीक-राजकीय पार्श्वभुमीचो वास घेवपी खऱ्या अर्थान हें प्रादेशीक नाटक गोंयच्या साबार संस्थानीं सादर करून जैत जोडलां. गोंयच्या वेवसायीक रंगमाचयेर हें नाटक व्हडा प्रमाणान जैतीवंत जालां. ह्या नाटकांतल्यान पडबिंबीत जाल्लो समाज, वेवसाय, लोकसंस्कृताय आनी हेर घटक खूब खोलायेन स्पश्ट जातात. सुंवारी वादन हें फक्त आमच्या जिणे कडेन जोडिल्लें ना, जाल्यार आमच्या जिणेचो म्हत्वाचो भाग जावन आसा.ह्याच सुंवारी ह्या लोकसंगीताक घेवन जेन्ना लेखक साहित्य प्रकार रचता, तेन्ना तांतूतल्यान मुखार आयिल्ली सामाजीक अभिव्यक्ती स्पश्ट जाता. सुंवारी वादनांतले पारंपारीक ठेके, मोड हांचें स्वरुप जरी काळाप्रमाण बदलत गेलें, तरी आमच्या संगीत परंपरेंत ह्या गजालीक म्हत्वाची सुवात आसा. अश्याच ह्या सुंवारी आनी नाट्य हांचो संगम आनी तांतूतल्यान मुखार आयिल्लो सामाजीक आशय सुंवारी ह्या नाटकांतल्यान अभिव्यक्त जाता.

### 4.1.1 प्रस्तावना:

विष्णू सुर्या वाघ हांणी बरयल्लें 'सुंवारी' हें नाटक म्हळ्यार गोंयकारांनी भोगलेल्या एका मोन्या वेदनेचो आविश्कार. सुरवातीकूच लेखकान ह्या नाटकाचो काळ 1955 वर्साच्या सुमाराचो आशिल्ल्याचें स्पश्ट केलां. ह्या नाटकाक जरी गोंयच्या सुटके झुजाची फाटभूंय आसली तरी हें नाटक म्हळ्यार सुटके झुजाचो इतिहास न्हय. 449 वर्सांच्या पुर्तुगेजांच्या खिणयाळ्या सत्तेन गोंयकारांच्या जिणेक सर्वार्थान फूट घाली. सामाजीक अत्याचार, पिडणुके सयत मानसीक अत्याचार लेगीत गोंयकारांक सोंसचो पडलो. हांतूंतल्यान वेदनांचे असंख्य दर्या निर्माण जाले. अश्या वेळार आपली संस्कृताय तशेंच आपल्यो परंपरा हांकां सांबाळून जीण जगपी समाज सुंवारी नाटकान प्रतिबिंबीत जाल्लो दिश्टी पडटा.

पुर्तुगेज शासनान जेन्ना गोंयकारांच्या संस्कृतायेचेर बंदी घाली, तेन्ना आपल्या मुळा कडेन प्रामाणीक आनी मातये कडेन जोडून आशिल्लो समाज ह्यो प्रथा-परंपरा भावार्थान पाळटालो. आपूण जी गजाल करता, त्या गजालीच्या बऱ्या-वायटाची जाणीव ताका आशिल्ली. पूण तरी आसतना आपल्या संस्कारां कडेन तडजोड करी नासतना ह्या प्रवाहान स्वताक घोळोवन घेवपी समाज आमकां ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. अश्या ह्या समाजाच्या विंगड विंगड तासांचेर सुंवारी नाटकान चर्चा केल्या.

समाज हो नाटकान केंद्रबिंदू जाल्ल्यान समाजाचे वेगवेगळे निकश स्पश्ट करपाचो यत्न सुंवारी नाटकान केल्लो आसा. ह्या नाटकान आयिल्ल्या समाजाचो शास्त्रीय नदरेन अभ्यास करून ताच्या अंतर्गत हेर वेंचीक शास्त्रांच्या आदारान नाटकाचे कांय निकश मांडपाचो यत्न केला. गोंय मुक्ती संग्राम आनी पुर्तुगेज राजवट ह्या नाटकाच्या वातावरणाचो प्राण जाल्ल्यान ताचो सामाजीक जिणेचेर पडिल्लो प्रभाव हांगासर मांडपाचो यत्न केला. त्या भायर गांधीवाद तशेंच ताचेर आशिल्ली सामाजीक विचारधारा दिश्टी पडटा. हांगासर नाटक आठ वर्सां आदी म्हळ्यार 1947 वर्सा भारत स्वातंत्र्यतायेच्या फाटभुयेचें दर्शन घडयता. त्या भायर 14 वर्सां गोंय मुक्तीक जाल्लो उशीर पात्रांच्या माध्यमांतल्यान उक्तायल्ली दिश्टी पडटा. ह्या सगळ्या वरवीं समाज जिणेचेर जाल्लो प्रभाव नाटकान अधोरेखीत जाल्लो दिश्टी पडटा. नाटकांतलीं पात्रां, संवाद, घडणुको हांची दखल घेतना साहित्यांत कशे तरेन समाज जाणीव जाल्या हाचो संदर्भ आमकां फाव जाता. नाटकाच्यो कांय म्हत्वाच्यो जमेच्यो बाजू आसात ज्यो नाटकाच्या अखेरेक आमकां स्पश्ट जाता.

नाटकाक सामाजीक अभिव्यक्तीचें साधन मानून आमी मुखार वचत जाल्यार ‘सुंवारी’ सारकें नाटक कोंकणी नाटकाचो प्राण थारता. समाजरचनेन आनी समाज वेवस्थेन आस्पावीत जावपी दरेका घटकाक नियाळून समाजाचें ताचे कडेन आशिल्लें नातें स्पश्ट करपाचो हावेस हांगासर बाळगिल्लो दिश्टी पडटा. देखून समाजशास्त्राच्या आदारीन ह्या नाटकाक एक खाशेली नदर दिवपाचो यत्न ह्या अभ्यासान केला.

घडये कोणाकूय सुंवारी नाटक वास्तवीक काय काल्पनीक? असो प्रस्न पडत. पूण वास्तवीक रित्या गोंयच्या डोंगरी गांव अश्या तरेच्या परिस्थितींतल्यान गेला. आनी वाघ हांचो तो जल्मगांव आशिल्ल्यान गोंयकारांच्या अस्मितायेची सुंवारी डोंगरी गांवान वाजल्या अशें म्हणपाक जाता.

### 4.1.2 कथानक

मुळांत हें नाटकाचें वातावरण तिसवाडी म्हालांतल्या एका ल्हानश्या गांवातलें आसा. दोंगुल्लेर वशिल्लें देव मंडलेश्वराचें देवूळ आनी भोंवतणचो पांचवोचार वाठार. ह्या गांवान पुर्तुगेजशायेच्या खाला चिड्डून उरिल्लो आसता. आपली संस्कृताय, आपली परंपरा ह्यो सगळयो गजाली लोकांक पयस करच्यो पडटा. अश्याच चिडल्ल्या माडल्ल्या समाजान रावपी लोकां मदीं एक दीस प्रभा नांवचो मुंबय रावपी पूण आपल्या ह्या गांवच्या मातयेकडेन जोडून आशिल्लो तरणाटो आपल्या बायले सयत गांवान येता. गांवच्या परिस्थितीचो अदमास घेवन तो लोकांक समजुतीच्यो गजाली सांगता. पूण स्वता गांधीवादी विचारांचो जाल्ल्यान अहिंसेचो खंयचोच मार्ग तो आपणावंक तयार आसना. खूप बेगीन प्रभा गांवच्या संस्कृतायेंत एकरुप जाता. मुंबय जरी राविल्लो आसलो तरी गांवच्या दरेका गजाली कडेन ताची नाळ जोडिल्ली आशिल्ली.

जेन्ना ताची भेट आजेंत कॉश्ता कडेन जाता, तेन्ना निडरपणान तो ताका फुडो करता. पूण बळा मुखार बुध्दी कमी पडटा आनी आजेंत पमाक उखलून घेवन वता. ह्या दरम्यान प्रभाक कितलोय समजावपाचो यत्न केलो तरी तो आपलो मार्ग सोडपाक तयार आसना. मनीस, क्रांतीराज सारकीं पात्रां येवन ताका समजावपाचो यत्न करतात. पूण तो स्वतंत्र विचारांचो जाल्ल्यान आपल्या सिध्दांतां आड वचप ताका पटना. पुराय गांव आजेंताक सोपोवपाक तयार जाता पूण प्रभा आपल्या तत्वांक सोडपाक तयार नासता. अश्या वेळार आजेंत प्रभाची बायल पमा हाका आपल्या जाळयान ओडिल्ल्याचें प्रभाक सांगता. प्रभाक सुरवेक विश्वास बसना. पूण जेन्ना

पमा ताका खूद्द आपल्या तोंडांतल्यान सांगता, तेन्ना तो हालता. व्हडा काळजान ही गजाल आपणावन तो पमाक आजेंताचें फातराळ काळीज फोडून ताका मनशांत हाडपाक पमाक सुचयता.

जेन्ना प्रभा हातान आर्म आंसून लेगीत आजेंताचेर गुळी घालीना, तेन्ना आजेंताचें काळीज विरघळटा. ह्या वेळार जेन्ना तो स्वता बरबर आनी आपल्या आवय बरबर घडिल्ल्या आगळीके विशीं सांगता, तेन्ना आजेंताक मनीस म्हूण गांव आपणायता. इतलो अत्याचार, त्रास करून लेगीत आजेंताक जगपाची आनीक एक संद गांवचो लोक दितात, तेन्ना समाज दरेका मनशाक सुदारपाक एक अवसर दिताच ही गजाल परत एकदां स्पश्ट जाता. जेन्ना गांवचो लोक सुंवारी वाजयता, तेन्ना आजेंत एका वेगळयाच धुंदीन गुल्ल जाता आनी अचकीत हातान कांसाळें घेवन वाजोवपाक लागता. जो मनीस ज्या कासाळयाचो सुंवारे वेळार प्रतिकार करतालो, त्याच मनशाच्या हातान निमणे कडेन कासाळें पावता. हाचोच अर्थ आमी जरी संस्कृतायेकडल्यान कितलेय पयस गेले, तरी आमच्या शिरंतरान जल्मजात आशिल्ली संस्कृताय ना जावंक शकना.

ह्या नाटकान जायते विशय खिणाखिणाक उप्रासल्यात. इतिहासीक घडामोडींची पडटाळमी करता आसतना लोकवेद, लोकसंस्कृताय आनी लोकमानसांत आशिल्ल्या गजालींक नाट्यरुप दिवपाचो यत्न ह्या नाटकान जाला. त्या भायर हें पुराय नाटकाचें वातावरण पुर्तुगेज काळातलें आशिल्ल्यान त्या काळाची एक रुपरेशा आमच्या सामकार स्पश्ट जाता.

### 4.2 नाटक आनी समाज:

सुंवारी नाटकाचो कथानक जाणून घेतल्या उपरांत समाज ह्या संकल्पनेची एक व्यापक आनी खासा वळख आमकां फाव जाता. नाटक आनी समाज जेन्ना एकठांय येता, तेन्ना समाजाच्यो साबार आकृत्यो आमकां नाटकान दिश्टी पडटा. समाजाचे विचार, नदर, वृत्ती-प्रवृत्ती हांच्या संबंदीत आमकां जाण जाता. नाटकाचो विचार करीत जाल्यार खंयचेंच नाटक समाजा बगर पुराय जायना. नाटकान समाज म्हत्वाचो थारता. कारण नाटक ज्या प्रक्रियेंतल्यान येता, तातूंत समाज म्हत्वाची भुमिका साकारता. ज्या भोंवतणी नाटक घडटा, जाचेविशीं नाटक सांगता, जाच्या मार्फत नाटक नाटक आपलो विचार मांडटा, तो म्हळयार समाज. ह्या धर्तीरेन आशिल्लो दरेक घटक हो समाजवेवस्थेचो भाग जावन आसा. देखून समाजान त्या घटकाची आशिल्ली

भुमिका आनी त्या भुमिकेंतल्यान साकारा आयिल्ली जनजागृती नाटक करता. विष्णू सुर्या वाघ हांचें सुंवारी हें नाटक लेगीत 'नाटक' आनी 'समाज' हांकां एकठांय घेवन मुखार वता.

नाटकाच्या सुरवातीक तिसवाडी म्हालांतलो एक गांव अशें जेन्ना लेखक सांगता, तेन्ना गांवगिऱ्या जिणेभोंवतणी आनी गांवगिऱ्या समाजा कडेन नाटक जोडिल्लें आसा म्हणपाचें कळटा. जेन्ना गांव ही संकल्पना येता, तेन्ना गांव कशे तरेन बांदिल्लो आसा हें कळटा. गांवचो लोक, सैम, संस्कृती, वेवसाय, जात, धर्म, वेवस्था आदी घटक म्हत्वाचे थारतात. कारण ह्या सगळ्या वरवीं समाज तत्वनिश्ठ आनी एकनिश्ठ जाता.

'सुंवारी' नाटकाच्या वातावरणा प्रमाण जेन्ना पुर्तुगेज काळान गोंयकारांचो श्वास अंदल्लो, तेन्ना गांवागांवान लोकवेवस्था पडींग जाल्ली. दरेक नवो दीस नव्या वेदनांचो, नव्या आकांताची जाणीव करून दितालो. तरी आसतना मनीस आपल्या मातयेकडेन पुराय प्रमाणान प्रमाणीक रावलो. हाका लागून खंय ना खंय समाजवेवस्था नियमीत उरली. लेखकान आपल्या नाटकान हीच गजाल मांडल्या आनी 1955 च्या काळान गोंयच्या एका सांस्कृतीक म्हालाची जीण बारीकसाणेन शब्दबद्द केल्या. नाटकांत चित्रायल्लो सैम, लोकसास्कृती, वेवसाय, गांववेवस्था, निज उतरावळ तशेंच पुर्तुगेज काळांतल्या लोकजिणेचो थाव घेवप तितलेंच गरजेचें. त्या भायर संस्कृतायेच्या घटकांक आंतरीक स्पर्श केल्लो दिश्टी पडटा. त्या भायर गांवाची लोकवेवस्था जाणून घेवप गरजेचें थारता. कारण खंय ना खंय हीं पात्रांच नाटकाच्या माध्यमातल्यान समाजजिणेचो दिश्टावो घडयता. देखून दरेक घटक नाटकाच्या चौकटीक आनी विस्ताराक धरून अभ्यासला. नाटक हें समाजाचेंच पडबींब आनी हाचीच जाणवीकाय आमच्या ह्या विश्लेशणात्मक चर्चेंतल्यान फाव जाता. हाका लागून नाटकाच्या कांय म्हत्वाच्या घटकांचेर उजवाड घाला.

### 4.2.1 नाटकांतलो सैम

सुंवारी नाटकान चित्रायल्लो सैम गांवाक फाव जाल्ली अप्रूप देणगी जावन आसा. गांवचें मुखेल मंडलेश्वराचें देवूळ सैमाच्या कुशीन वसलेल्या दोंगुल्लेचेर आसा अशें लेखक सुरवेक सांगता. "देवळा मुखावेलें पिंपळा पेड, मुखार बसपा पासत तयार केल्लो पाशाणी सोपो, पोरण्या तेंपाच्यो कांय चित्र-विचीत्र पाशाणी मूर्ती परिसरांत खंयखंय शिंवरुन पडल्यात" अशें जेन्ना लेखक सांगता, तेन्ना त्या गांवचें सैमीक चित्रण करता

आसतना त्या गांवाक इतिहासीक फाटभूंय आशिल्ल्याचें लेखक स्पश्ट करता. “सकाळचें चैतन्य वत फांकता, तशी झाडा-पडांतल्यान जावपी सवण्यांची अस्पश्ट किलबील आयकूंक येता” अशें सागूंन लेखक एका प्रसन्न वातावरणांतल्यान नाटक उबें करता. दोंगराचो वाठार लेखकान सुरवातीक वर्णायल्ल्या कारणान त्या वाठारांतल्या एकंदर सैमाचें मार्मीक चित्रण आमकां जाणवता. दोंगुल्लेर फुलपी कर्न्याचीं फुलां, दोंगुल्लेच्या वयल्या पायणीर आशिल्ली आयण, काण्णां-चुन्नांनी पिकील्लो दोंगर, लोकांले व्हाळ, कुळागरां हांचो उल्लेख नाटकान येता, तेन्ना नकळत सैमाचें एक निर्मळ रुप आमच्या सामकार उबें जाता. नाटकाच्या सुरवेक लेखकान फाल्गून म्हयन्याचो काळ म्हूण स्पश्ट केल्ल्यान तशे तरेन जाल्ले सैमांतले बदल दिश्टी पडटात. दोंगरावेल्यो काजी, कुळागारांतले नाल्ल पुंजावपाक लोक दिसपट्टे घोळटना दिश्टी पडटात. देवळाचो वाठार लेखक दर्शायत आशिल्ल्या कारणान सैमान लेगीत एक भावनीक प्रसन्नताय जाणवता.

उपमाच्या रुपान लेगीत सैम नाटकान प्रभावीपणान चित्रायला. देखीक;

“खुशाली: काळखें रान माड्डीत वयतना अकस्मात काजुल्यांनी भल्लेलें झाड दिश्टी पडचें तशें

दिसलें तुजी कविता आयकून.

वेंकू: न्हंयेदेगेवयल्या बांदार देंवचार भोंवता. तो कोणाक दिसना. दिसता फकत तेगेली चूड.

तुजी कविताय तशीच भाटकारा. कसली तरी जादू आसा तिंतून.”

प्रभा जेन्ना मुंबय सावन गांवान येता, तेन्ना तो आपल्या गांवच्या सैमा कडेन बेस बरे तरेन मिसळून वता. हांतूतल्यान अंतरान पयस गेल्लो मनीस मनान गांवाकडेन आनी आपल्या सैमा कडेन कितलो निश्ठ आसा हाची गवाय आमकां फाव जाता. त्या भायर जेन्ना लेखक ह्या नाटकाक गोंय मुक्तीचो संदर्भ जोडून एका काळाची दखल घेता, तेन्ना नकळत नाटक वाचतना त्या काळांतलो सैम लेगीत एका चौकटींत दिश्टी पडटा. संस्कृती, वेवसाय, रिती-परंपरा हांतूतल्यान लेगीत सैमाचें एक विशीश्ट रुप दिश्टी पडटा. पुराय नाटक तशें पळोवंक गेल्यार सैमाच्याच कुशीन घडटा. गांवचें पिंपळा पेड सैम देवतेचें प्रतीक मानतात. त्या पेडार घुमटी दवरिल्ल्या कारणान झाडाक एक दैवी म्हत्व येता. जेन्ना वेंकूदाद म्हणटा,

“वेंकूदाद: बिबे घाल चुलीन. म्हाजो मंडलेश्वर भुकेन तरशेला हांगा. पुजेक कळाव जाता.” तेन्ना देव सैमातल्या आपल्या बाळकांक हुस्केता असो विचार लेखक रुजयता. देखून आमच्या निजाच्या जिणेक दैवी स्वरुप सैमाच्या रुपान लाभिल्लें दिश्टी पडटा. गांवातलो सैम फाव ते पध्दतीन चित्रावन नाटकाची बेस बरी येवजण केल्ली आमकां दिश्टी पडटा.

### 4.2.2 नाटकांतली संस्कृताय

नाटकाच्या नांवानूच संस्कृतायेचो एक दिर्घ आभास जाता. जेन्ना आमी संस्कृती ही संज्ञा वापरतात, तेन्ना जी गजाल आमचेर संस्कार करून त्या संस्कारांची कृती मुखार हाडटा तिका संस्कृती अशें म्हणटा. हें नाटक आमच्या संस्कृतायेच्या खूप लागीं आसा. ह्या नाटकाचो मुखेल केंद्रबिंदू म्हळयार मंडलेश्वराचें देवूळ. देखून गांवान देवूळ आशिल्ल्यान धार्मीक संस्कार लोंकांचेर जाल्ले नाटकान दिश्टी पडटा. वेंकूदाद तसो पळोवंक गेल्यार गांवांतलो जाणकार. देवाची दिसपट्टी सेवा करता आसतना लोकांक लेगीत चार समजुतीच्यो गजाली सांगप ताचें कर्तव्य जाता. गांवचे भुरगे जेन्ना सुंवारी शिकोवपाक वेंकूदादाक सांगतात, तेन्ना खंय ना खंय आपल्या संस्कृतायेच्या जतनाचो हावेस हे तरणाटे बाळगितना दिश्टी पडटात. जेन्ना खुशाली म्हणटात;

*“खुशाली: तूं सांग न्हू रे, आमगेले आजेपणजे वाजयताले म्हुणोन. तेंगेलें मात् तरी उतल्लांच आसतलें न्हू आमगेल्या आंगान.”*

तेन्ना तांच्या भितरलो मातये कडेन, कले कडेन जोडून आशिल्लो मनीस जागो जाता. मनशाचेर ल्हानपणा सावन संस्कार जावप भोव गरजेचे. तेन्नाच मुखार तांच्या व्यक्तिमत्वांत संस्कारांचीं सया दिसून येता. तशेंच गांवची पिळगी जर आपली संस्कृती एके पिळगे कडल्यान दुसऱ्या पिळगे कडेन पावोवपाक लागली, जाल्यार आमी एक संस्कृतीबध्द समाजाची निर्मीती करपाक पावतले. होच विचार घडये विष्णू सुर्या वाघ आपल्या नाटकांतल्यान मांडपाक सोदताले.

खंयच्याय गांवान जेन्ना एकादें देवूळ आसता, तेन्ना त्या वाठारांतलो लोक धार्मीक रित्या एकठांय येता. धा जाण ही संकल्पना उबी जाता आनी नकळत लोक एका विशीश्ट अश्या समाजरचनेचो भाग जातात. त्या संस्कृतायेंतले कांय नीज घटक आमच्या जिणेंचें म्हत्वाचें आंग जावन पडटात. सुंवारी नाटकान लेगीत समाज

आपल्या संस्कृतायेवरवींच एकठांय येतात. मंडलेश्वराचें देवूळ हें हाचो केंद्रबिंदू म्हळयार जाता. देवळांतल्यो नित्याच्यो सेवा, विधी आनी उपरांतच्या कृतींतल्यान साबार वर्सां सावन ही सेवा नित्यनेमान चलत आयिल्ल्याचें कळटा. नाटकान जेन्ना प्रभा येता, तेन्ना वेंकूदाद सांगणें घालता;

*वेंकू: जय देवा स्वामी समर्था श्री मंडलेश्वरा s s*

*सगले: हयव्हय.*

*वेकू: काका भाटकारालो प्रभा आनी तेजी बायल*

*सगले: हयव्हय.......*

तेन्ना सांगणें आनी गाराणें हाचे मदीं लेखकाचो मातसो घुस्पागोंदळ जाल्ल्याचें कळटा. कारण गाराणें हें खूप जाणांक लागून घालतात जाल्यार सांगणें हें अमक्यांकूच. हांगासर एक चिक्तीत्सक नदर जागी जाता. पूण हें सांगणें-गाराणें आमच्या संस्कृतायेंत भोव म्हत्वाचें थारता. समाज हाका खूप भावार्थी नदरेन पळयता. कारण मनीस ह्या गजालींक खूप मानता आनी तो भोव भावार्थी नदरेन ह्या गजाली कडेन पळयता. कारण आमचो ह्या संकल्पनेंचेर खूप विश्वास आसा. देवाक सांगलें जाल्यार देव आमचें आयकतलो आनी आमकां पावतलो हो विचार मनशाच्या काळजान निरंतर आसता. 'सुंवारी'न लेगीत हेंच जाणवता. धार्मीक एकचार लोकांक एकठांय हाडून बळकट करता. त्या भायर आपल्या निजाच्या जिणेक जोडील्ले हेर घटक लेगीतल तितल्याच प्रमाणान नाटकान दिसतात आनी गांवगिऱ्या संस्कृतायेचें दर्शन घडयतात.

अन्न संस्कृतायेचो विचार करीत जाल्यार नाटकान जायते संदर्भ फाव जातात. खासा गांवानी आमकां कांय विशीश्ट खाणा-जेवणांचो आस्वाद घेवपाक मेळटा. कांय खाणां सैमीक प्रक्रियेंतल्यान फाव जातात जाल्यार कांय तयार केल्ली. पूण तांकां पारंपारीक शाखेखाला आमी पळयतात. तांची रूच, व्हडवीक सामान्यां भितर व्हडा प्रमाणान आसा. सुंवारी नाटकान अश्याच कांय वेंचीक खाणा उतरावळींचो उल्लेख फाव जाता. नाटकाच्या सुरवातेक बिब्यांचो उल्लेख येता. मुळांत बिबो हो काजू बागायतींतलो एक म्हत्वाचो खाणावळीचो प्रकार. काज चंवरली काय जें पयलें फळ काजीक लागता तें बिबो. उरतांत ताचो मुट्ठो (काजूचें फळ) तयार जाता. ह्या बिब्याची रूच काजूच्या गरा परस आगळीच आसता. हो बिबो चिरुन खावचो पडटा.

कारण दिकाळ आशिल्ल्या कारणान हाताक दीक लागल्यार चोकां पडटात. बिब्याक दोन शिरो आसता. हाका दाबळी अशें म्हणटात. हो बिबो पांयाच्या आंगठ्यान धरून चिरून खावपाची एक विशीश्ट तरा गांवांतलो मनीस जाणा आसता. खुशाली, सोनू, दिपू बिबे चिरता आसतना मन ह्या सगळ्या गजालींचो प्रवास करता. त्या भायर देवळान भट वा जल्मी दिसपट्टी पुजा जाल्या उपरांत कातलेचो प्रसाद वाट्टा. हाका शिन्नी हें उतर नाटकान वापरलां. *"वेंकू: घेयात रे चेड्यांनो, शिन्नी घेयात."* देखून आमच्या खातीर जरी ती कातली आसली, तरी संस्कृताय तिका वेगळो मान दिता हें जाणवता.

त्या भायर आमच्या दोंगरार जावपी काण्णां-चुन्नांचो उल्लेख नाटकान आयला. फाल्गून म्हयन्याच्या सुरवेक काण्णीणेक-चुन्नीणेक चंवर फुट्टा. हीं दोंगराळ फळां भोव रुचीक लागती. जेन्ना प्रभा म्हणटा,

*प्रभा: आरे, अशे बुचकळ्यांन रावन कितें पळयतात? हांव प्रभाच. तुमचो प्रभा. तुमचेवांगडा हेडपी.*

*दोंगरार वचून कांण्णां-चुन्नां खावपी. आयणार पेंवपाक येवपी, आमच्याच भाटान तुमकां व्हरुन*

*खूप आडसरां चोरपी, तो प्रभा हांवूच.*

तेन्ना आमकां फक्त खाणावळीचोच संदर्भ फाव जायना, जाल्यार ल्हानपणातल्या मजेशीर यादींचें काळीज उसवता. त्या भायर कुळागरांतली फळावळ, आयणावेलें नुस्तें, दोंगरावेलीं फळां हांचो उल्लेख नाटकान आयिल्लो दिश्टी पडटा.

सुंवारी नाटकान संस्कृतीचो अभ्यास करता आसतना सुंवारी वादन हो प्राणभूत टप्पो जाता. ही सुंवारी नाटकाच्या माध्यमांतल्यान आमची संस्कृताय, परंपरा मुखार व्हरता. सुंवारी वाजोवपाची धरून ती शिकता म्हणसर नाटकान जाल्लें वादन एक वेगळें रंग रूप हाडटा. घुमट. शामेळ आनी कासांळें ही तीन वाद्यां एका अखंड संस्कृतायेच्या प्रवासाची गवाय दितात. हरशीं सुंवारेक आनीकय जायतीं वाद्यां वाजयतात. पूण नाटकान ह्या तीन वाद्यांचोच प्रामुख्यान उल्लेख मेळटा. सुंवारेची सुरवात करता आसतना वेंकूदाद

ओ s s नमिन s s आतां s s s

या s s s देवांच्या राया s s s

नमिन आतां s s s

अशें म्हणटा. पारंपारीक सुंवारेची स्पर्श ह्या नाटकांतल्यान जाता म्हणपाक मात्तूय दुबाव ना. गोंयच्या मातयेंतल्या लोकसंगीताची एक आगळी वळख ह्या नाटकांतल्यान जाता. त्या भायर घुमटाचेर थाप कशी मारप? शामेळीचेर दोबरात, तिबरात बडी कशी मारप? कासाळ्याची सळसळ कशी काडप? ह्या गजालींचें शास्त्रीय शिक्षण आमकां नाटकांतल्यान जाल्लें पळोवंक मेळटा. वेंकूदाद सुंवारेचें शिक्षण दिवपाची सुरवात कर सावन आजेंत कासाळें हातान घे मेरेन सुंवारी विचारांची, मनांची एक दिर्ग सुरावट गावन आयिल्ली आसता. जेन्ना आजेंत सुंवारी वाजोवप्यांक माड्डयता, तेन्ना वेदना सोंसून लेगीत परत घुमट हातान घेवपाचें धाडस करपी मनीस आपल्या संस्कृतीचो कितलो व्हड उपासक हें दिसून येता. हाचे उलट नाटकाच्या निमणे कडेन जेन्ना आजेंत एका नव्या रुपान दिश्टी पडटा, तेन्ना तो हाताळ कासाळें घेवन वाजयता. अर्थात आजेंत निजाचो ह्या मातयेंतलो जाल्ल्या कारणान आपल्या संस्कृतायेन ताका पयस करूंक नाशिल्लो. देखून सुंवारी ही वादनाच्या दृश्टीकनांतल्यान ह्या नाटकान पळोवच्या परस ज्या सूचक संदर्भांतल्यान लेखकान तिचो वापर केलो तो जाणा जावन घेवप म्हत्वाचें थारता. ही सुंवारी फक्त देवाच्या उत्सवा पुरती मर्यादीत ना जाल्यार ती मनशाच्या संघर्शाची, वेदनांची आनी स्वातंत्र्याची जावन आसा. देखून जंय जंय सुंवारी वाजता, थंय थंय एक विशीश्ट हावेस परगटायल्लो दिसता. घुमटाची देरक थाप अश्टताशी वेदनांचो दर्या सोंसप्याक जागयता, शामेळीची देरक बडी शामेळीच्या भात्या सयत वायट विचारांचेर आनी आळशी प्रवृत्तीचेर पडटा आनी कासाळ्याचो सळसळ परत परत एका इतिहासाची याद करून दिता. सुंवारी हें नांव नाटकाक पकदस्त अशें म्हणपाक जाता. ह्या सुंवारेचीं सुत्रां साबार संदर्भां कडेन जुळोवपाचो यत्न लेखकान केला.

### 4.2.3 नाटकांतले वेवसाय:

खंयच्याय समाज वेवस्थेंत समाजांतल्या लोकांचो वेवसाय भोव म्हत्वाचो. गांवचो लोक कितें करता? कित्यान आसता? आपल्यो दिसपट्टयो गरजो भागोवपा पासत कसल्या सुविधांनी/ कामानीं स्वताक जोडून घेता? ह्या सगळ्याचो समाजवेवस्थेंत म्हत्वाचो वांटो आसा. आमच्या समाजान कामा प्रणान वेवसायांक नांवां दिल्लीं आसात. देखीक; लाकडाचें काम करपी- मेस्त, मातयेचीं आयदनां करपी- कुमार, चांबड्याचें काम करपी- चांबार, भांगराचें काम करपी- शेट, शेतान वावुरपी- शेतकार, लोखंडाचें काम करपी- धवड आदी. हांचेवरवीं गांवच्या लोकांच्यो फक्त गरजो भागना जाल्यार गांव आर्थीक रित्या सक्षम जाता. सुंवारी नाटकान पळयत

जाल्यार वेंकूदाद हो जल्मी. मंडलेश्वर देवाची नित्याची सेवा तो करता. चडश्या गांवानीं देंवचार वा खेत्रीदेवाक रोंट घालप, सांगणें-गाराणें घालप ह्या सारके हक्क विशीश्ट समाजांतल्या लोकांक नेमून दिल्ले आसता. एकंदर नाटकान वेंकूदाद खंयचोच वेवसाय करतना दिश्टी पडना. पूण फक्त जल्मीपण करूनूच ताचो संवसार चलता अशेंय म्हणप समा न्हय.

नाटकान आयिल्ल्या संवादां वरवीं काजू बागायती, नुस्तें गरोवणी हांचो संदर्भ मेळटा. पूण प्रत्यक्षान लोक वेवसाय म्हूण कितलो ह्या गजालीं कडेन जोडून आसा हें स्पश्ट जायना. पान 3चेर आयिल्ल्या संदर्भा प्रमाण “मेले रे तुमी! तुमी फक्त काजू मळपाच्यो दोंगरार” अशें जेन्ना वेंकूदाद म्हणटा, तेन्ना लोक काजुचो फक्त वळनात जाल्यार मळटात हो संदर्भ फाव जाता. हाचोच अर्थ काजुच्या फळाचो रोस काडल्या उपरांत रोस भाटयेर व्हरुन घालप जाताच आसतलें. काजू बागायती आशिल्ल्यान कांय लोक सोरो काडपाच्या वेवसायान आसतले असो तर्क लावपाक जाता. पूण नाटकान हेर संदर्भ फाव जाय नाशिल्ल्यान लोक दिसोवड्याच्या कामांनीय आसता अशो निश्कर्श लावपाक जाता.

प्रभा हें पात्र नाटकान प्रवेश करता, तेन्ना गांवान भाटकार-मुंडकार वेवस्था आशिल्ल्याचें जाणवता. जरी प्रभा कामा निमतान मुंबय आशिल्लो, तरी प्रभालो बापूय आनी गांवच्या लोकांचो काका भाटकाराचें गांवान वर्चस्व आशिल्ल्याचें दिसून येता. कुळागारां, माड-माडयो हांचे संदर्भ आयिल्ल्यान लोक दिसपट्ट्या कामांनी वावुरतात म्हणपाचें स्पश्ट जाता. हांतूत पाडेली, मानाय आदींचो आस्पाव जाता. म्हत्वाचें म्हळयार हे सगळे पारंपारीक वेवसाय गांवच्या दायजाची लेगीत वळख घडयतात. परकी सत्ता येवन लेगीत आमच्या निजाच्या संस्कृतायेक, आमच्या वेपार धंद्यांक कसलीच आडमेळीं हाडूंक शकली ना. आमचें शेती संवर्धन आनी हेर लोकमानसांतले वेव्हार ह्या वेवसायंतल्यान जिते उरल्या. देखून हे वेवसाय राखप भोव म्हत्वाचें थारता.

म्हत्वाची गजाल म्हळयार 1955 च्या सुमाराक वेवसायांक कितली प्राधान्यता आशिल्ली हें सांगप कठीण. कारण गांवगिरे वेवसाय सोडत जाल्यार हेर वेवसाय पुर्तुगेज राजवटींत कितल्या प्रमाणान मुखार सरपाक पावले हो दुबावाचो प्रस्न. जसो समाज चिडल्लो- माड्डल्लो आशिल्लो, तशेंच वेवसायांचेंय जालें असो भास जाता.

### 4.2.4 नाटकांतलो धर्म

1955च्या सुमाराक गोंयचेर पुर्तुगेज राजवटीचो शेक चलतालो. गांवागांवानी परकी सत्तेची घुरी सामान्य मनशाक मेकळेपणान जगपाक दी नाशिल्ली. चार शेकड्यांचो इतिहास लोक विसरुंक नाशिल्लो. हिंदु आनी क्रिस्तांव ह्या सज्ञांनी मनीस शेणलेलो. लोक आपलो धर्म सोडपाक तयार नाशिल्ले पूण तांचे कडेन दुसरो कसलोच उपाय नाशिल्लो. सुंवारी नाटकान पळयत जाल्यार आजेंत कॉस्त सारकें पात्र हाची खरपणान गवाय दिता. पुर्तुगेजांनी गोंयान निमणे मेरेन धर्मप्रचार केलो. खासा नाटकाच्या काळाचो विचार करीत जाल्यार भारत स्वतंत्र जाल्लें पूण गोंय मेकळें जावंक नासलें. देखून खंय ना खंय धर्माचो भंय लोकांक अर्दमेले करतालो. नाटकान लेगीत कांय प्रमाणान त्याच काळाचो संदर्भाचो भास जाता. अशे कितलेशेच आजेंत गोंयान वावुरल्या आसतले आनी आपलें ध्येय सादयलां आसतलें. पूण तांचो आशिल्लो भंय लोकांक धर्मा कडेन परत परत हाडटालो. संस्कृतायेचेर, रिती-रिवाजांचेर बंदी घालून पुर्तुगेज कितें करपाक सोदताले तें वेगळें सांगपाची गरज ना. देखून धर्म आनी त्या धर्मा कडेन आशिल्ली निश्टा आनी भंय नाटकान दिसता.

### 4.2.5 नाटकांतलो संघर्श

खंयचोच समाज संघर्शा बगर मुखार वचना. दरेक मनीस समाजान संघर्श करीत आसता. एक तर स्वता सयत वा हेरां सयत. जिणेन सूखा सयत संघर्श लेगीत तितल्याच प्रमाणान उद्भवता. सुंवारी हें नाटक संघर्शाचोच दस्तावेज. पुर्तुगेज शासना आड गोंयच्या मातयेन, कलेन आनी संस्कृतायेन केल्लो संघर्श आमकां ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. पुर्तुगेजांनी फक्त गोंयचेर राज्य केलें ना, जाल्यार तांणी गोंयकाराल्या मानसीकतेचेर हल्लो केलो. शासना आड वचपाचें धाडस खंयचोच मनीस कर नाशिल्लो. दरेक मनीस आपल्या परिस्थिती कडेन झुंजत आशिल्लो. नाटकांतलीं पात्रां, वातावरण संघर्शांतल्यानूच मुखार आयलां. देखून संघर्शाच्या दृश्टीकोनांतल्यान मुखार येता. हो संघर्श समाजशास्त्रांतल्या उपयोजीत शास्त्रांक धरून खूप सखोलपणान रेंखटावपाक मेळटा.

### 4.3 उपयोजीत शास्त्रां (सुंवारी नाटकाच्या संदर्भांत)

समाजशास्त्राची शास्त्रीय बसका समजून घेतल्या उपरांत सुंवारी नाटकाच्या अंतरंगाक अभ्यासप भोव गरजेचें थारता. हाका लागून समाजशास्त्रान नेमून दिल्ल्या शास्त्रांच्या माध्यमांतल्यान हें नाटक अदीक खोलायेन जाणा जावन घेवपाक मेळटा. ह्या नाटकांतलो समाज आपल्या भोंवतणी घुस्पल्ल्या प्रस्नांची जाप सोदीत आसा. हाका लागून तो खूपश्या प्रस्नांनी स्वता घुस्पून उरला. देखून खाशेल्या अभ्यासशास्त्रांच्या आदारान ह्या नाटकाचे वेगवेगळे आयाम स्पश्ट जावपाक पावतात.

#### 4.3.1 मानसशास्त्र:

मुळांत मनशाचें वर्तनाक लेगीत एक शास्त्र आसता हो विचार जेन्ना सिग्मंड फ्रॉय्ड सारक्या विचारवंतान रुजयलो, तेन्ना  मनशाक समजून घेवपाच्या एका वेगळ्या प्रक्रियेक सुरवात जाली. सुंवारी नाटकांतली कांय पात्रां आमी पळयत जाल्यार नाटक समजून घेता आसतना ह्या पात्रांक मानसीक रित्या समजून घेवप हें लेगीत तितलेंच गरजेचें. कारण तांचो स्वभाव नाटकाच्या मूळ मुद्याक खूप लागशिल्लो आसा. प्रभा सारकें एका वेगळ्या विचारसरणेचें पात्र ह्या नाटकान वाघ हांणी हाडलां. तशें पळोवंक गेल्यार प्रभा मुंबय रावपी. पूण तो आपल्या मातये कडेन जोडून आसा. आपली संस्कृताय, आपले रिती-रिवाज हांची ताका जाण आसा. आपल्या गांवान पावना फुडें पुर्तुगेज दहशदवादाचो ताका वास लागता. अश्या वातावरणान लेगीत तो गांवच्या लोकांक समजून घेवन पुर्तुगेज सोल्दादांक पिश्यान काडून धाडटा. देखून तो कितल्या बेगीन गांवच्या लोकां कडेन मिसळून गेलो हें पळोवपा सारकें आसा. जेन्ना मनीस हें पात्र प्रभाक मेळटा तेन्ना तांच्या विचारांचें आदान प्रदान जातना तेन्ना प्रभा फक्त ह्या भुंयेकडेन न्हय जाल्यार ह्या भुंयेवयल्या मनशां कडेन लेगीत तितल्याच आत्मीयतायेन जोडिल्लो आशिल्ल्याचें कळटा. तशेंच जेन्ना प्रभा कासाळें वाजोवपाचो हावेस परगटायता, तेन्ना भाटकारालो चलो जाल्ल्यान खुशाली ताका वाजोवंक दिवंक फाटी फुडें जाता. पूम स्वतंत्र विचारांचो प्रभा म्हणटा, “ मनशां-मनशांमदीं वण्टी उब्यो करपी रीती रिवाजांक हांव मानीना. मानचोंय ना.” हाचेवेल्यान आमकां प्रभा ह्या पात्राची मनीस म्हूण मनशाकडेन पळोवपाची नदर दिश्टी पडटा. जेन्ना प्रभा आजेंत, क्रांतीराज सारक्या सामकार येता, तेन्ना अहिंसेचो मार्ग आपणाय नासतना गांधीवादी विचारसरण प्रभाच्या वागपांत दिश्टी पडटा. इतलेंच न्हय जाल्यार जेन्ना आजेंत पमाक घेवन वता, तेन्ना लगीत प्रभा

अहिंसेचो मार्ग आपणायना. पमाकडेन उलयल्या उपरांत ताचो सांगात सोडपाक लेगीत प्रभा तयार आसता. पूण "बरें आसा पमा. हांव तुज्या निर्मया आड येंवचो ना. घोव-बायल अशीं नातीं निर्माण करून आमी मनशांक मायपासाच्या जाळान घुस्पावन दवरूंक सोदतात. हरशीं कितें अर्थ आसता ह्या नात्यांक? मनीस म्हूण तुजें स्वातंत्र्य, तुजो अधिकार म्हाका मान्य आसा. फक्त वचचेपयलीं एकूच उतर दी: आजेंत कॉश्ताचे फातराळ कुडींतलो मनशाचो आत्मो तूं जिवो तट्टटीत दवरतलें म्हणून" अशें जेन्ना प्रभा म्हणटा तेन्ना सामान्यां परस वेगळया विचारांचो प्रभा आमकां दिश्टी पडटा. त्या भायर प्रभा एक बरो कवी जावन आसा. देखून ताच्या कवितेतल्यान लेगीत ताची विचारसरणी स्पश्ट जाता. जेन्ना प्रभाक आपल्या कवितेक हिंसेचो साज चडोवपाक सागंतात, तेन्ना तो म्हणटा, "ना. अशी कविता म्हज्यान जांवची ना. क्रांती हो म्हज्या कवितेचो प्रांत न्ही. तिजो गाबो जावन आसा मनीस. शौर्य, कार्य, भिरांत, दया ह्या रुपड्याफाटल्यान दडलेलो मनीस. अश्या मनशांचोच सोद घेतां हांव म्हज्या कवितेंतल्यान". सगळयो गजली समंजसपणान हाताळून मुखार गेल्ला कारणान प्रभा ह्या नाटकान वर्चस्व सादता. हेर पात्रांच्या तुळेन ताची वैचारीक बसका खर दिसता. हेर पात्रांच्या आदारान ताच्या व्यक्तिमत्वाक आनीकूय खोलायेन समजून घेवपाक मेळटा.

'मनीस' हें पात्र नाटकान खूप कल्पकतायेन वापरिल्लें दिश्टी पडटा. गोंय मुक्तीच्या लढ्यांत वावुरतना ह्या मनशाक साबार अणभव येतात. तांची सया ताच्या वर्तनांतल्यान आमकां दिश्टी पडटा. घडये आपलें अस्तित्व शेणोवन बशिल्ल्या लोकांचें प्रतिनिधीत्व ह्या मनशान केल्लान नाटकान लेगीत ताका मनीस अर्थात नांवा बगर दवरला. पूण प्रभाच्या ह्याच प्रस्नाक जाप दितना तो म्हणटा, "जे दीस झुजांत पडलों, तेचदीस हांवे म्हजें नांव चितेर दवरून ताका उजो घालो. आयज गांव जाला आसतलो ताजो.", तेन्ना मनीस कसल्य पावंड्यावेले विचार आत्मसात करता हें दिसून येता. "वेंकूदाद, म्हाका देंवचारांपरस चड भंय दिसता मनशांचो" अशें जेन्ना तो म्हणटा तेन्ना मनशांच्या सहवासांत आयिल्ले अभवांनीच ताका अशे तरेचे विचार करपाक प्रवृत्त केला हें स्पश्ट जाता. जेन्ना मनीस प्रभाक त्रिस्तांव ब्रागांज कुन्य हांणी बरयल्लें 'डिनॅशनलायजेशन ऑफ गोवन्स' हें पुस्तक दिता, तेन्ना प्रभाक परिस्थितीची सत्य जाणीव करून दिवपाचें तो आंखता. असलें पुस्तक दिवन प्रभाक मुक्तीच्या लढ्यांत हाडपाचो ध्यास बाळगुपी मनीस नाटकाक नवो साज चडयता. मनीस मुक्ती लढ्यांत वावुरता आसतना साबार प्रवृत्तीच्या लोकांच्या सहवासान तो येता. पूण जी मानसीकता घेवन मनीस स्वातंत्र्याच्या लढ्यांत आयिल्लो आसता, ताचें प्रतिबिंब ताका प्रभा भितर दिश्टी पडटा. देखून तो ताका आपल्या परी

समजावन 'जय हिंद' असो मंत्र दिवन वता. मुक्तीच्या लढ्याचो प्रभाव ह्या पात्राच्या मानसीकतेचेर पडिल्लो दिश्टी पडटा.

क्रांतीराज हें पात्र लेगीत भिजूडवृत्ती आड बंड करपी जावन आसा. जेन्ना आजेंत पमाक उखलून व्हरता, तेन्ना गांवांतलो लोक कसलीच हालचाल करी नासतना सगळें उकत्या दोळयांनी पळयत रावता हाची खंत उक्तायता. मानसीक रितीन ताची मनोवेवस्था इबाडल्या. देखून सगळयांक जागे करपाच्या उध्दीश्टान तो गांवान येता. प्रभाक जेन्ना तो अहिंसेचो मार्ग आपणावपाक सांगता, तेन्ना प्रभा ह्या गजालीक मनाय करता. पूण एका वेळार घडये क्रांतीराजाच्या बाबतीन लेगीत हेंच जाल्लें आनी ताकाय अहिंसेचो मार्ग आपणावचो पडिल्लो. देखून आयज तो हेरांक उपदेश करपाक पावला. त्या भायर भारत स्वातंत्र्य आनी गोंय मुक्ती विशींची खंत तो उक्तायता. हांगासर स्वातंत्र्य आनी मुक्तीचो खर प्रभाव लोकांच्या मनार कशे तरेन पडलो हाची देख क्रांतीराज ह्या पात्रा मार्फत फाव जाता. जेन्ना तो म्हणटा, "ह्या नावाडग्या अस्तित्वाक जीण म्हणचे परस मेल्लें कितें वायट?" तेन्ना जिणेविशीं एक वेगळो दृश्टीकोन ह्या पात्राचो तयार जाल्लो दिश्टी पडटा. गांधीवादाक क्रांतीराज माननाशिल्ल्या कारणान ताचे विशींचो आक्रोश ताच्या संवादांतल्यान दिश्टी पडटा. कारण सदांच अहिंसा हो ज्ञाय प्राप्तीचो पर्याय न्हय ह्या मानसीकतेतल्यान हें पात्र जल्मल्ल्याचें कळटा. डळमळीत प्रशासनाक लागून खंय ना खंय आयज 14 वर्सां उसरां गोंय सुटकेचो श्वास घेवपाक पावलां ही खंत क्रांतीराजाक लागल्या. पूण हें करता आसतना समाज लेगीत ह्या मोन्या वेदनेच्या दर्यान स्वताक लोटून घेता हाचो क्रांतीराज प्रतीकार करता. देखून खंय ना खंय समाज हें सगळें सोंसता ह्या गजालीचो परिणाम ह्या पात्राचेर जाला आनी हाका लागून ताची विचारसरणी बदल्ल्या. देखून क्रांतीराज हें पात्र नाटकान गांवच्या लोकांच्या मानसीकतेंत बदल हाडपाचो यत्न करता.

'आजेंत' हें पात्र नाटकाचो प्रतीपक्ष. पूण नाटक सोंपता तेन्ना ही स्थिती आमकां कांय प्रमाणान बदलिल्ली दिश्टी पडटा. पुर्तुगेज मिस्तींतलो हो आजेंत कॉश्त क्लीश्ट स्वभावाचो, निर्दयी आनी क्रूर व्यक्तिमत्व. गांवांत पुर्तुगेज शासना आड चलपी दरेका गजालीचेर ताची बारीक नदर आशिल्ली. पूण नाटकाच्या शेवटाक आजेंत आपलो उमाळो उक्तायता, तेन्ना ताची अशें वागपा फाटली अवतीकाय ताचेर जाल्ल्या मानसीक परिणामांक लागून जाल्ल्याचें कळटा. अश्याच एका सुंवारे दीसा एका पाखल्यान ताच्या आवयक व्हरून तिच्या पोटान

आपल्या बळजबरेची खूण दवरली आनी थंयसावन गेलो. आनी उरांत सुंवारी आयकना फुडें आवय मानसीक रित्या हालताली आनी एक दीस तिणें जीव दिलो अशें जेन्ना आजेंत सांगता, तेन्ना आपल्या आवयचेर जाल्ली ही आगळीकेन ताच्या मनाचेर केदो व्हडलो आघात केला आसतलो हें स्पश्ट जाता. देखून संस्कृतायेच्या आड वचून आजेंत दर फावट सुंवारी थांबय नाशिल्लो, जाल्यार आपल्या मनाच्या घावे उसवचे न्हय म्हूण ताचो यत्न आसतालो ज्या गजालीन गांव बळी पडटालो. निमणेकडेन जेन्ना आजेंत आपल्या मातयेकडेन परत येता, तेन्ना ताच्या मनाचो खंयच तरी कोनसो नितळ आशिल्ल्याचें स्पश्ट जाता. तशें पळोवंक गेल्यार ल्हानपणा सावन जर आजेंताचेर बरे संस्कार जाल्ले, जाल्यार आयज एका वेगळया रुपान पळोवपाक मेळटलो आशिल्लो. पूण ताच्या भोंवतणचें वातावरण आनी ताची मनोवेवस्था ताका एका अश्या वळणार घेवन गेली, जंय तो फक्त मनीस म्हूण सोंपलो ना जाल्यार लोकांच्यो आपलेपणाक मुकलो. प्रभा जेन्ना आजेंताक वाटायता, तेन्ना ताचें हृदयपरिवर्तन जाता आनी स्वता केल्लो गुन्यांव तो भोगशिता. हाका लागून दरेक मनशाच्या जिणेन अशें वळण येता जंय तो मनीस म्हूण परत जल्म घेता. घडये आजेंत कॉश्ताच्या बाबतीन लेगीत हेंच जालें. ह्या नाटकान सगळया पात्रांमदी आजेंत कॉश्त हें पात्र भोव प्रभावी थारता.

तशेंच ह्या नाटकांतलीं हेर पात्रां जशीं पमा, वेंकूदाद, खुशाली, शाणू, सोनू, दिपू हीं पात्रां खूफ खर प्रभाव सोडटा. पमा लेगीत प्रभाच्या मानसीकतेचें जाल्ल्यान ताचोय स्वभाव आनी उलोवप खूप किंतें कथन करता. आपल्या संस्कृतयेच्या सोदान शेणिल्लो मनीस मानसीक रितीन कसो हालता? आनी आपल्या वर्तनाचो परिणाम हेरांच्या जिवीताचेर कसो जाता? हें जाणा जावन घेवप म्हत्वाचें आसा. आमकींच पात्रां अमकेच तरेन कित्याक वागतात? कित्याक वागनात? ह्या सगळया प्रस्नांच्यो जापो आमकां फाव जाता. गांवानी हजार मानसीकतेचे हजार लोक रावतात. देखून दरेकल्याचे हावेस, नदर, विचार हे वेगवेगळे जावन आसात. नाटकान एकूच स्त्री पात्र आशिल्ल्यान पमा प्रभाक कितलें सांबाळून घेतालें आनी वावुरतालें हाची देख फाव जाता. सगळें जाणा जावन लेगीत आजेंत सारक्या मनशा बरबर रावपाक लेगीत तयार आशिल्लें पमा कशे तरेन नाटकान आपलो प्रभाव सोडटा हें जाणा जावन घेवप भोव अर्थपूर्ण आसा. ह्या नाटकान जेन्ना जेन्ना सुंवारी वाजता, तेन्ना तेन्ना साबार मनां आपटिल्ल्याचो आवाज येता. समाज समजून घेवपाचो आसत जाल्यार त्या समाजांतल्या लोकांक बारीकसाणेन जाणा जावन घेवप तितलेंच म्हत्वाचें थारता.

#### 4.3.2 समाजमानसशास्त्र

जेन्ना आमी समाजाच्या विंगड विंगड आंगांचो अभ्यास करतात, तेन्ना त्या समाजांत रावपी लोकांच्या मानसिकतेक समजून घेतना त्या समाजाचें मानस समजून घेवप लेगीत तितलेंच गरजेचें आसा. आमी कितेंय म्हणलें तरी समाज सदांच केंद्रस्थानार उरता. समाज कितें म्हणटलो? कितें चित्तलो? हो विचार सामान्यांमदींच न्हय जाल्यार सगळयां मदीं येताच. ही समाजाची विचारधारा न्हय. जाल्यार समाजाचें आपल्या भोंवतणच्या गजालींकडेन समन्वय आनी वर्तन. 'सुंवारी' नाटकान पळयत जाल्यार ह्या नाटकान चित्रायल्लो समाज आपल्या भोंवतणी कसलोच हावेस घेवन भोंवना. मुक्तीचो ध्यास बाळगप लेगीत ह्या समाजान सोडून दिल्लें दिश्टी पडटा. कारण पुर्तुगेज शासना आड वचून जो परिणाम जातलो, त्या परिणामाक हो समाज भियेला.

*"शूऽ ऽ मोठ्यान उलोंव नाका. पाखल्यांनी आयकल्यार तुजो आनी म्हजो कुणो काडटले."*

अशें जेन्ना वेंकूदाद म्हणटा, तेन्ना पाखल्यांचो कितलो खर प्रभाव ह्या लोकांचेर पडला आसतलो हाची जाणविकाय जाता. मुळांत पुर्तुगेजांनी गोंयचेर साबार अत्याचार केले. पूण तांणी केल्लो समाजाचो मानसीक छळ चड वेदनापर आशिल्लो. समाजान रावता आसतना मनशांक जें स्वातंत्र्य जाय त्या गजालीक हो समाज मुकलेलो दिश्टी पडटा.

देव ही संकल्पना समाजांत खूप म्हत्वाची. व्हडांतलो व्हड मनीस देवाक भियेता. कारण देव ही संकल्पना आमकां कितें बरें, कितें वायट. कितें करप, कितें ना सारक्यो गजालींची जाणविकाय करून दिता. सुंवारी ह्या नाटकान लेगीत ही संकल्पना बरे प्रमाणान अभिप्रेत जाल्या. गांवान आशिल्लें देव मंडलेश्वराचें देवूळ आनी त्या देवाकडेन जोडील्ली गांवच्या लोकांली श्रध्देची नाळ दिश्टी पडटा. देवाची सेवा करपाक वेंकूदादाक दवरला. देखून तो जल्मी जाल्ल्यान तांणें देवाची सेवा नित्यनेमान करपाक जाय ना जाल्यार देवाचें रागणें पडटलें अशें गांवची मानसीकता आसा. सुंवारी ही गांवची संस्कृती. ती एके पिळगे कडल्यान मुखावेल्या पिळगेमेरेन पावप ही काळाची गरज जावन आसा. गांवच्या तरणाट्यांक ह्या गजालीची जाणीव करून दिवपाची तळमळ वेंकूदादा मार्फत दिश्टी पडटा. कारण समाजाक हें उपेक्षीत आसता.

जेन्ना मनीस हें पात्र येवन रातचें मंडलेश्वराच्या आवारा भायर न्हिदपाचें सांगता, तेन्ना

*वेंकूदाद: मध्यानरातीक मंडलेश्वराचो मेळ भायर सरता. तूं नोकळो?*

*मनीस: कसलो मेळ?*

*वेंकूदाद: देवाचो. फुडें भुतां. फाटल्यान आलवांतिणी. तेंचेफाटल्यान म्हारू आनी खेत्री सुंवारी वाजयत भोंवतडो घालता गांवाक. फाटल्यान पालखी आसता आनी बेताळ आनी रवळनाथाच्या खांद्याचेर. आनी पालखेन सामको राजा कसो बशिल्लो आसता मंडलेश्वर.*

अशें सांगता. आता प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष हो गजाली समाज मानीना. ही घडये आख्यायिका आसत. पूण समाजा खातीर ही गजाल खूप भावार्थी.

समाजांतल्या दरेकल्याक ही गजाल ग्रहण करचीच पडटा. कारण देव ही संकल्पना समाजान सर्वोच्च पावंड्यार उरता. समाजान एक विचार विकसीत जाल्या उपरांत समाज त्याच विचाराक घेवन मुखार वता. उपरांत त्या गजालींतलें तथ्याचो सोद ताचे खातीर म्हत्वाचो नासता. हाका आमी अंधश्रध्दा अशें म्हणचें न्हय. कारण एकट्या खातीर आशिल्ली श्रध्दा हेरां खातीर अंधश्रध्दा आसता. पूण प्रत्तेक मनशाक आपल्या परीन विचार करपाचो हक्क आसा. देखून समाजाचें मानसशास्त्र हें समाजाच्या वर्तनांतल्यान जल्माक आयिल्लें आसता.

नाटकान पळयत जाल्यार सुरवेक समाजा मदीं बंड करपाची वृत्ती दिश्टी पडना. जेन्ना प्रभा आनी पमा येतात, तेन्ना समाजान एक विशीश्ट विचारांनी जगपी लोकांमदी एक आधुनीक विचारसरणी रुजता. उपरांत मनीस, क्रांतीराज सारकीं पात्रां समाजाक कांय प्रमाणान जागृत करतात. निमणेकडेन क्रांतीराजाच्या मार्फत समाज बंड करपाक लेगीत तयार जाता. पूण नाटकाच्या तंत्राक पळयत जाल्यार समाजाच्या मानसीकतेंत इतल्या उण्या वेळान बदल हाडिल्ल्यान गजाल मातशी पचोवंक जड वता. पूण समाजान जशे बदल घडटात, तशेच बदल मानसीकतेंत लेगीत घडूं येतात असो तर्क लावपाक जाता. गांवची संस्कृताय, रिती, परंपरा आदी सगळयो गजाली समाज मानसांत म्हत्वाचो आसता. तांकां वॅर गेली जाल्यार समाज खंयच्या खंय शिंपडून पडपाक शकता. पुर्तुगेज काळाक लागून आदींच ह्या समाजाचेर मानसीक परिणाम जाला. पूण लेखकान मुखार हाडिल्ल्या कथानकांतल्यान तो अदीक प्रमाणान स्पश्ट जाता. 1955चो काळ म्हूण लेखकान सांगिल्लान त्या

काळावेलो समाज मुखार येता. तशेंच त्या काळावेल्यो घडामोडींक लागून जाल्लें समाजाचें मानसीक शोशण चिड्डल्ल्या समाजाचें मानस नाटकान तळागळाक दिश्टी पडटा.

### 4.3.3 अर्थशास्त्र:

खंयचीच समाज वेवस्था आर्थीक येवजणे बगर चलपाक शकना. गांवान कसो पैसो येता? कसो खर्च जाता? खंयच्या माध्यमांतल्यान / वेवसायांवरवीं येता? हाचो अभ्यास अर्थशास्त्र करता. गांव आर्थीक रितीन सक्षम आसप खूप म्हत्वाचें. सुंवारी नाटकान गांवगिऱ्या वा दोंगराळ वाठारांतलो लोक तशे तरेन आपल्या पोटाची वेवस्था करता हें दिश्टी पडटा. काळाचो अंदाज घेत जाल्यार गांवान करल्याच आधुनिकीकरणाचो प्रभाव दिश्टी पडना. पूण नाटकाचें वातावरण पुर्तुगेज काळावेलें आनी खासा गोंय मुक्ती लागीं पाविल्ल्याचो काळ आशिल्ल्यान  कसलोय तर्क मांडप समा न्हय. पूण नाटकांतलीं विशीश्ट पात्रां जशें वेंकूदाद, खुशाली, दिपू, सोनू हांच्या संवादांतल्यान कुळागारां, काजी, दोंगर ही खऱ्या अर्थान गांवची संपत्ती लोकांकडेन आशिल्ली. गांवान भाटकार-मुंडकार पध्दत चालंत आशिल्लीय दिश्टी पडटा. त्या भायर काजू मळपाचो संदर्भ आयिल्ल्यान गांवान लोक भाटी वेवसाय करतात हेंय बीन स्पश्ट जाता. गांवान पाडेलपण, जल्मीपण लोक करतात. देखून तांतूतल्यान तांकां येणावळ येता अशें म्हणपाक जाता. वेवसायाक धरून नाटकान चड संदर्भ फाव जाय नाशिल्ल्यान दिसवड्याच्या कामां लोक करतालो म्हणपाचें कळटा. खासा गांव भाटकारशाये खाला आशिल्ल्यान अशें म्हणप समा जातलें. लेखकान ज्या प्रमाणान नाटकांतलो समाज चित्रायला, तो पळयत जाल्यार समाज कितलो वेवसायाभिमुक आसा हाची जाप मेळप कठीण. तरी पात्रांच्या संवादांतल्यान कांय गजाली समजून घेवपाक बरें पडटा जाल्यार कांय तर्क मांडपाक बरें पडटा.

### 4.3.4 इतिहासशास्त्र:

सुरवेकूच हें शास्त्र वर्णनात्मक जाल्ल्यान काळाप्रमाण घडिल्ल्या गजालींचेर भाश्य करता हें सांगिल्ल्यान ह्या शास्त्राक सुंवारी ह्या नाटकान अदीक मान फाव जाता. हें नाटक जरी पुराय पणान इतिहास नासलें तरी वास्तवीक परिस्थितीक धरून जो इतिहास घडून गेलो, त्या इतिहासीक मुद्यांक लेखकान ह्या नाटकान हाडल्या. विष्णू वाघ हांणी सुरवेकूच नाटकाचो काळ 1955 असो सांगिल्ल्यान गोंय पुर्तुगेज शेकातळा आशिल्ल्याचें सुरवेकूच स्पश्ट जाता. अश्या वेळार जेन्ना गोंयच्या एका गांवान संस्कृतायेची इतली अवहेलना जाताली,

थंयच्या काळाचो संदर्भ घेवन सुंवरी जल्माक आयलें. जेन्ना जेन्ना संस्कातायेच्या संदर्भांत कितेंय जातालें, तेन्ना पुर्तुगेज सोल्दाद येवन लोकां भोंवतणीं सांवार करताले. जो पुर्तुगेज नेम पाळ नाशिल्लो, ताका बंदखणीची ख्यास्त भोगची पडटाली. पुर्तुगेज राजसत्तेक आव्हान दिवप सहज शक्य नाशिल्लें आनी सहजा कोण तें धाडस कर नाशिल्लो. कारण हाचो परिणाम लोकांच्या जिवार येतलो हें लोक जाणा आशिल्ले. जेन्ना मनीस प्रभाक 'त्रिस्तांव ब्रागांज कुन्य' हांणी  1945 वर्सा बरयल्लें 'डिनॅशनलायजेशन ऑफ गोवन्स' हें पुस्तक वाचपाक दिता, तेन्ना पुर्तुगेज सत्तेन गोंय कशे काबीज केलें? माती आनी मनशाक कशे वेगळे केले? ह्या गजालींविशीं प्रभाक सांगता. प्रभा शिकील्लो आशिल्ल्यान ताका त्या पुस्तकांतले संदर्भ समजून घेवप सोपें जाता. 'मनीस' हें पात्र तशें पळोवंक गेल्यार नाटकान थोड्या प्रमाणान इतिहासीक फाटभूंय स्पश्ट करता.

आजेंत कॉश्त हें पात्र नाटकान वावुरतना पावला पावला एक निर्दयी इतिहासा दोळ्यां सामकार येता.

*आजेंत: मालक्रियाद! उतोर काडल्यान फोंट घालतोलों. मोरोसोर मात्तोलों पालमुतरेन....पालमुतरी*

*पोयल्या  तुंयेन?*

अशें जेन्ना आजेंत म्हणटा, तेन्ना त्या काळार लोक कशे तरेन जगतालो, हाल सोंसतालो म्हणपाचें स्पश्ट जाता. पुर्तुगेजांक भिवन जय हिंदाच्या बदला 'व्हिवा सालाझार! व्हिवा पोर्तुगाल!' म्हणपाची पाळी लोकांचेर आशिल्ली. जीव वाटावपाक लागून लोकांक कितें कितें करचें पडटालें तें ह्या नाटकावरवीं सामकार येता. त्या भायर पुर्तुगेज काळांत थळावे लोक  पुर्तुगेजांक सामील आशिल्ले वा तांचे आमीग आशिल्ल्याचें कळून येता.

*आजेंत: पिकेन कामोत, तुगे बापूय एविनादोरा आमीग. ओशें उलोवप तुका सोंबना.*

हाचे वयल्यान त्या काळार उच्च वर्गीय लोक पुर्तुगेजां कडेन वेवसाया पासत वा आपलें सादोवपा पासत बरे नातें दवरून आशिल्ले म्हणपाचें कळटा. एकदंर त्या काळावेली समाजवेवस्था आनी खासा एका विशीश्ट वर्गांतलो लोक कशे तरेन पुर्तुगेज सत्ताधाऱ्यां कडेन जोडून आशिल्लो म्हणपाचें कळून येता. मुळांत आजेंत हें पात्र एक इतिहास म्हणल्यार अतिताय जांवची ना. कारण ताच्या तोंडातल्यान आयिल्लो प्रत्तेक संवाद, प्रत्तेक खर्जस्वर वेदनांचो चिमटो काडटा. जेन्ना आजेंत पमाक उखलून व्हरता, तेन्ना कितल्याशाच पमांक त्या काळार ह्या वेदानांतल्यान झुजचें पडलां आसतलें म्हणपाचें कळटा. "तुका गोमतलें, वेर गेल्लें घुमट सुंवारेक कित्याक

वाजोयना तें" अशें जेन्ना आजेंत म्हणटा, तेन्ना इतिहासांत अशे कितलेशेच संवसार कितल्याशाच आजेंतानीं पिसुडूल्या आसतले म्हणपाचें कळून येता.

लेखकान क्रांतीराज हें पात्र नाटकान हाडून समाजाक तशेंच स्वताक पडिल्लें प्रस्न मांडिल्ल्याचें दिसून येता. मुळांत क्रांतीराज हो सुटके झुजांत वावरत आशिल्ल्यान ताची विचारसरणी लेगीत इतिहासीक घडामोडींतल्या तथ्यांक पडटाळपांत कसाक लागिल्ल्याचें कळटा. अहिंसा हो मार्ग आपणावन आमी आमचें अस्तित्व वगडावन बशिल्ल्याचो आरोप तो समाजचेर करता. प्रभा गांधीवादी विचारांचो जाल्ल्यान क्रांतीराज हाचो प्रतीकार करता. गांधीवादान देशाक सोंपयलो असो विचार क्रांतीराज करता. गांधिजीन लेगीत अहिंसेचो मार्ग आपणावन स्वातंत्र्या खातीर जीण ओंपली. पूण तांचो स्वताचो जीव लेगीत ह्या गांधीवादांत गेलो.

*प्रभा: अहिंसेचो मार्ग आपणावन गांधीजीन भारत स्वतंत्र कलो.*

*क्रांतीराज: निमणे पिस्तुलाच्या गुळयेनच ताचो बळी घेतलो.*

*प्रभा: हो आमचो पराभव. आमी गांधीवाद पचोवंक शकले ना.*

हांगासर इतिहासाक धरून प्रभा आनी क्रांतीराज हांच्यो दोन विचारसरण्यो दिश्टी पडटा. त्या भायर आनीक एक खंत नाटकान उक्तायल्या ती म्हळयार गोंय मुक्तीक लागिल्लो चवदा वर्सांचो उशीर. देखीक,

*सोनू: म्हणजे सरकार आमच्या आदाराक येवंचोना?*

*क्रांतीराज: सरकारान थारायत जाल्यार खिणा भितर गोंय मेकळें जांव येता. येद्याश्या गोंयात पोर्तुगीज आसाच कितलें? पूण सरकाराक काम करपाची आस्त ना देखून आमकां चलचें पडलां ह्या अश्या हिंसेच्या वाटेवयल्यान.*

क्रांतीराज ह्या पात्राच्या आदारान लेखक स्वता अभिव्यक्त जाला म्हणपाचें कळून येता. ताका पडिल्ले प्रस्न क्रांतीराजाच्या मार्फत तो मांडटा. भारत 1947 वर्सा मेकळें जावन लेगीत भारत सरकाराची गोंयाकडली अनास्थेक लागून गोंयाक 14 वर्सां उरसां मुक्तीचो स्वास घेवचो पडलो. ही खंत विष्णू वाघ हांणी इतिहास

स्पश्ट करून नाटकाच्या माध्यमांतल्यान आमच्या सामकार हाडल्या. स्वता राजकीय वातावरणान आशिल्ल्यान तांतूतलीं तत्थ्यां मांडपाक तांणी सकलीच कसर सोडूना.

### 4.3.5 भासशास्त्र:

सुंवारी नाटक बरे तरेन समजून घेतले जाल्यार नाटकांतली भास समजून घेवप भोव गरजेची. कारण ह्या नाटकांतली भास हेर नाटकां परस वेगळी आसा. ह्या नाटकान तीन तरांनी भाशेक पळोवपाक मेळटा. एक गांवांतल्या लोकांली भास, दुसरी प्रभाली भास आनी तिसरी आजेंत कॉस्ताली भास.

*सोनू: तें पयलूं दी तरी. तुका न्हू हांव मागीर चार चिरोन दितां.*

*प्रभा: पमा, आयक. हे सुंवारेचे सूर. ह्या सुरांनी म्हाका, म्हजे कवितेक पिशें लायलां.*

*आजेंत: कापितावां वॉर्द! जॉयहिंदवाल्यांगेलें सॉगलें बाँद! शिगमो बाँद, नाटाँक बाँद...*

लेखकाची तुस्त करपाची गजाल म्हळ्यार भासांचीं हीं तीन रुपां खूप बरे तरेन पुराय नाटकान केळयल्यां. गांवच्या सामान्य मनशाल्या भाशेंतले बारकावे, शिक्षीत प्रभाली आशिल्ली भाशेचेर पकड आनी आजेंत कॉश्ताल्या पुर्तुगेज भाशेंत भरसल्ली कोंकणी आमकां नाटकान दिश्टी पडटा. विष्णू वाघ हांची हीच खाशेलताय. नाटक प्रमाण भाशेंतल्यान मांडच्या परस लोकांल्या निजाच्या भाशेन तें मांडलें जाल्यार तें चड प्रभावी जावंक पावता.

### 4.3.6 राजशास्त्र:

राजकीय वर्तन हो समाजाचो म्हत्वाचो भाग जावन आसा. सुंवारी नाटकान पळयत जाल्यार पुर्तुगेजांनी काबीज केल्ल्या गोंयची सामाजीक तशेंच मानसीक घडी कशी मोडली हाचो पुरावो पळोवंक मेळटा. 1510 वर्सा पुर्तुगेज गोंयात आयले. तांणी आपलो धर्म, आपल्या व्यापारा पासत गोंय काबीज केलें. गांवागांवानीं वचून शारिरीक तशेंच मानसीक अत्याचारांवरवीं आपलें ध्येय हातासपाक सुरवात केली. हाका लागून गांवच्यो परंपरा, गांवची संस्कृताय, गांवचे रिती-रिवाज आनी समाजाच्या अंतर्मनाक जोडिल्ल्यो हेर सगळयो गजाली नश्ट करपाचें क्षडयंत्र पुर्तुगेजांनी रचलें. हाका लागून सामान्य मनशाची जी अवतीकाय जाली, तांतूतल्यान

सुंवारी नाटक जल्मलें. ह्या नाटकान लेखकान त्या काळावेले वास्तवीक त्रास मांडल्यात, भंयभीच समाजाची व्यथा मांडल्या आदी. आर्जेत कॉश्त सारके कितलेशेच आर्जेतानीं लोकांले संवसार पावंणेर काडले.

ह्या नाटकाची म्हत्वाची बाजू म्हळ्यार ह्या नाटकाक वास्तवीकतायेचो तशेंच इतिहासाचो स्पर्श आसा. तिसवाडी तालुक्यांतल्या डोंगरी गांवान अश्याच परिस्थितींतल्यान संस्कृतायेचेर पुर्तुगेजांवरवीं हल्लो जाल्लो. उत्सवांचेर आडमेळी घालून गांवच्या लोकांक त्रास दिवपाक सुरवात जाल्ली. तरी आसतना आपली संस्कृताय तिगोवन दवरिल्लो गांव जैताक पावलो. आपल्या गांवान जाल्ल्या ह्या कणखर इतिहासाक नाटकाच्या रुपान विष्णू सुर्या वाघ हांणी माडला. जेन्ना खंयचीय सत्ता राज्य करुंक येता वा करून वता, ताच्या उपरांत समाजाचेर त्या गजालीचो कितलो प्रभाव पडटा आनी सासणाखातीर तो घावो कसो लोकांच्या काळजान उरता हाची देख सुंवारी नाटकांतल्यान फाव जाता.

## 4.4 नाटकाच्या घटकांच्या नदरेंतल्यान खाशेलपणां

समाजशास्त्रीय निकशांतल्यान सुंवारी नाटकाचो अभ्यास केल्या उपरांत नाटकाच्या कांय म्हत्वाच्या गजालींचेर भाश्य करप म्हत्वाचें थारता. नाटकाचो एकंदर परिणाम फलीत जावपा फाटल्यान ह्या गजालींचो म्हत्वाचो वांटो आसा. तशेंच नाटकाच्या तंत्राक आनी अतरंगाक धरून कांय विशीश्ट गजालींची पडटाळणी ह्यो बाजू स्पश्ट करता आसतना हाताळ्यात.

### 4.4.1 संवाद आनी भास

विष्णू सुर्या वाघ हांणी सुंवारी नाटकान वापरिल्ली आनी संवाद शैली कौतुकास्पद आसा. मुळांत भाशेचेर कितली पकड आसची ही गजाल हें नाटक वाचून कळून येता. संवादांमदलो संघर्श, क्लिश्टताय आदी सगळें वाचकाक जाणवता. नाटकान तीन स्वरुपान भास घोळिल्ल्यान नाटकांतल्या वास्तवीकतायेंत अदीक भर पडटा. पुर्तुगेज-कोंकणीले संवाद ह्या नाटकाचो प्राण म्हणपाक जाता. कारण ज्या वातावरणांतल्यान हें नाटक घडटा, त्या वातावरणांली भास बरे तरेन लेखकान मांडल्या. गरज पडटा थंयच दिर्घ संवादांचो वापर लेखकान केला. त्या भायर प्रभाली कविता ह्या नाटकांत प्राण ओंपता. सुंवारी हो नाटकाचो माथाळो ह्या कवितेबगर अपूर्ण आसतलो आशिल्लो. देखून नाटका भितर काव्याचो आस्पाव करून एक आगळो प्रयोग आमकां पळोवंक मेळटा. म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार नाटकार स्वल्पविराम, उद्गारचिन्हां, प्रस्नचिन्हां हांचो वापर उपाट

प्रमाणान जाला. देखून नाटक समजून घेता आसतना संवादांतले बारकावे समजून घेवप हें लेगीत तितलेंच म्हत्वाचें.

### 4.4.2 पात्रचित्रण आनी पात्रनिर्मीती

सुंवारी ह्या नाटकान प्रभा, पमा, वेंकूदाद, आजेंत, दिपू, खुशाली, सोनू, मनीस आनी क्रांतीराज अशीं पात्रां दिश्टी पडटात. नाटकान लेखकान पात्रांच्या विशीं जायत्यो गजाली सांगून तांचें एकंदर चित्र सामकार स्पश्ट केलां. मुळांत गांवान जीं निजाचीं पात्रां पळोवंक मेळटा, तीं ह्या नाटकान आसा. पूण आजेंत, मनीस आनी क्रांतीराज हीं पात्रां लेखकान भोव कल्पकतायेन निर्मील्यांत. कारण सामान्यां मदीं येवन हीं पात्रां आपलें अस्तित्व स्पश्ट करतात, आपले उमाळे दर्शायतात आनी मुखेल म्हळयार समाजान स्वताची जागा तयार करतात. मनीस ह्या पात्राक नांव ना. तो फक्त न्हिदलेल्यांक जागृत करपाचें काम करता. नांवा परस स्वताच्या कामाक प्राधान्य दिवपी अशे कितलेशेच मनीस मुक्तीच्या लढ्यांत वावुरताले आसतले. पूण ते मुखार आयले ना. देखून लेखकान अश्या कितल्याशाच मनशांचें प्रतिनिधीत्व ह्या पात्राच्या मार्फत केल्लें आमकां दिश्टी पडटा. देखून ह्या पात्रांक पात्रनिर्मीती ही संज्ञा वापरल्या.

### 4.4.3 भाशीक उतरावळ

नाटकाचें खोलायेन वाचन करीत जाल्यार विशीश्ट उतरां आमकां फाव जातात. देखीक; काळयारो, षंढ, तांडवताल, कुलपाद आदी. तशेंच पुर्तुगेज उतरावळ खूप प्रमाणान नाटकान फाव जाता देखीक; ऑर्द, आफोर्साद, रिव्हॉल्युसांव, वॉर्द आदी. तशेंच आजेंत कॉश्त हें पात्र कांय कोंकणी शब्दांक पुर्तुगेज करपाचो यत्न करता देखीक; खॉबोर-खबर, मॉतीन-मतीन, जॉमात-जमत, ओस्तुरी-अस्तुरी, बोळगें-बळगें, गॉरोज-गरज, जॉयहिंद- जय हिंद आदी. त्या भायर पुर्तुगेज अधिकाऱ्यां कडल्यान कांय इंग्लीश संवादांचोय उपेग नाटकान जाल्लो दिश्टी पडटा. खासा वेंकूदाद, सोनू, दिपू हीं पात्रां जेन्ना नाटकान उलयतात, तेन्ना गांवातल्या निजाच्या उतरांकडेन संवकळ जाता. तशेंच जेन्ना प्रभा, मनीस, क्रांतीराज हीं पात्रां उलयतात, तेन्ना लिखीत स्वरुपांत जीं उतरां कोंकणीन वापरतात तीं दिश्टी पडटात. विष्णू वाघ हांचेकडेन अभ्यासपूर्ण शब्दसंपत्ती आशिल्ल्यान ताचो दिश्टावो सुंवारी नाटकान जातना दिश्टी पडटा.

### 4.4.4 इतिहास आनी लोकवेद

पुंडलीक नाटक हांचें प्रेमजागोर, जयंती नायक हांचें कुकुमा देविची दिपमाळ, श्रीधर कामत बांबोळकार हांचें सूडजागोर ह्या नाटकांच्या पंगतींत विष्णू वाघ हांचें सुंवारी ह्या नाटकाक व्हड मान फाव जाता. कारण इतिहास आनी लोकवेद तशेंच संस्कृतीक रित्या खंयचेंय नाटक बरोवप सोपें न्हय. ताका फक्त अभ्यस लागना जाल्यार कुशळ बुध्दीची गरज आसता. सुंवारी हो लोकवादनाचो प्रकार. पूण नाटकाच्या तंत्रान तो लेखक हाताळटा. त्या भायर वास्तवीक इतिहास ताका जोडून नाटकाक आनीक वर्चस्व फाव करून दितना लेखकाचो लेखनीय दर्जो उच्च पावंड्यार पावता. नाटकाच्या माध्यमांतल्यान इतिहास लोकांमेरेन पावोवप खूप कौतुकास्पद थारता.

### 4.4.5 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान

गोंयच्यो साबार नाट्य संस्था हें नाटक गोंयच्या तशेंच गोंया भायल्या वाठारांनी तळगळाक सादर करतात. ह्या नाटकाची म्हत्वाची गजाल म्हळयार जंय जंय हें नाटक सादर जाता, थंय थंय लोक ह्या नाटकान स्वताक पळयतात. आमचीं निजाचीं मुल्यां, आमचो संघर्श, आमच्यो व्यथा-वेदना हांका सगळयांक नाटकान सुवात आसा. गोंयच्या साबार नाट्य सर्तींनी हें नाटक सदांच इनामांच्या वलेरेन उरलां. कारण ह्या नाटकांचें प्रभावीपण ह्या नाटकाक उंचेल्या पावंड्यार व्हरता. नेपथ्य, दिगदर्शन, आवाजा येवजण, उजवाडा येवजण ह्यो सगळयो नाटकाच्यो बाह्य गजाली नाटकाक अदीक प्रमाणान बळीश्ट करतात. नाटकांतले देखावे घुस्पागोंदळ जावपी ना. एका खाशेल्या स्वरुपान हे देखावे वतात. नाटकाचो प्रेक्षक नाटक चलता आसतना सहजा उठचो ना. कारण नाटक त्रासदी जाल्ल्यान प्रेक्षकांमदली उत्कंठता वाडत वता आनी आजेंत कॉश्ताचो शेवट पळोवपाक सगळे आत्मीयतेन रावतात. पूण जेन्ना आजेंत कॉश्त सर्वसामान्यां भितर भरसता, तेन्ना एक वेगळीच अनुभुती पळोवप्यांक जाता. सुंवारी वादन नाटकाचो प्राण जाल्ल्यान जेन्ना जेन्ना नाटकान सुंवारी वाजता, तेन्ना लोक स्वता त्या ठेक्याचेर ती आरत गायतात. तशेंच ह्या नाटकाक व्हडांतली व्हड माची जाय अशेंय ना. पूण निम्नव्यावसायीक वा हौशी रंममाचयेर ह्या नाटकाचे प्रयोग सातत्यान शक्य ना. कारण खर्चाचो विचार करीत जाल्यार ह्या नाटकाक तसो जायतो खर्च आसा. पूण संस्था व्हडा उमेदीन ह्या नाटकाचे प्रयोग करतात तशेंच पेलतात ही खोशयेची गजाल.

## 4.5 निश्कर्श

गोंयच्या मातयेंतलें आधुनीक नाट्यशिल्प म्हूण 'सुंवारी' ह्या नाटकाक कोंकणी साहित्य आनी रंगमाचेयच्या मळार सुवात आसा. इतिहासाक धरुन गोंय मुक्तिच्या पुर्व काळांतलो रणसंग्राम नाटकाच्या रुपान मांडून इतिहासाचें दस्तावेजीकरण करपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. ह्या नाटकाक गोंयच्या मातयेचो, काळाचो आनी वेदनांचो वास आशिल्ल्यान हें नाटक काळदर्शीय थारता. गोंयच्या समाजीक, सांस्कृतीक आनी इतिहासीक संघर्शाचो नितळ निवळ हारसो म्हळयार हें नाटक.

लेखकान आपल्या कल्पनाशक्तीच्या बळार वास्तवीकतायेचो आनी काल्पनीकतायेचो बेस बरो सांगोड घाल्लो दिश्टी पडटा. इतिहास जाल्ल्या कारणान तो नाट्य रुपांत मांडटा आसतना लेखकान स्वताकूय कांय मर्यादा घाल्ल्यो दिश्टी पडटा. आयच्या शारिकरणाच्या जगांत लेगीत मनीस आपल्या मातयेकडेन कसो प्रामाणीक आसा हाची गवाय ह्या नाटकांतल्यान फाव जाता. रिती-परंपरा, समाजीक एकवट नाटकांत पडबिंबीत जातना दिश्टी पडटा.

मुळांत पुर्तुगेज काळार आजेंत मोंतेर नांवाचो अधिकारी लोकांची आकांत छळणूक करतालो. ह्या मोंतेराच्या वास्तवीक जिणेक आपल्या कल्पनीशक्तीच्या बळग्यार आकार  दिवन लेखकान हें नाटक बरयलां. तशें पळोवंक गेल्यार ह्या नाटकाचें थळ तिसवाडींतल्या डोंगरी गावान तशेंच शिरोडेच्या शिवनाथीं हांगासर आशिल्ल्याचें दिसता. पूण डोंगरी गांवां कडेन आनी थंयच्या इंत्रूज परंपरे कडेन हें नाटक खूप लागीं आसा. देखून हें नाटक वास्तवीकतायेच्या म्हालवज्यार उबें केलां.

लेखकान ह्या नाटकान गोंयच्या आनी भारताच्या स्वातंत्रतायेचो हुस्को परगटायल्लो दिश्टी पडटा. गोंय मुक्तीक जाल्ल्या चवदा वर्सांचो उशीर गोंयच्या समाजीक जिवीताक कितल्या आकांताचो थारलो हें ह्या नाटकान दिसता. क्रांतीराज, मनीस सारकीं पात्रां निर्माण करुन लेखकान स्वताक पडिल्ल्या प्रस्नांची जाप सोदपाचो यत्न केल्लो दिसता.

समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान पात्रांची मानसीकता जाणून घेत जाल्यार नाटक अदीक प्रमाणान भावता. लेखकाक नाटकाचो शेवट आजेंत कॉश्ताक सोंपोवन लेगीत करपाक जातालो. पूण आपल्या मातये कडेन परत येवन जेन्ना आजेंत कॉश्त हातांत कासाळें घेवन कासाळयाचो सळसळ काडटा, तेन्ना नाटक चड प्रभावी जाता.

देखून गोंयच्या मातयेंत वाडिल्ल्या समाजाच्या  अस्मितायेची सुंवारी ह्या नाटकान शब्दांतरीत जाता. पाशाणी काळजाक लेगीत पाझर फुटपाक शकता हो सकारात्मक हावेस लेखक नाटकान मांडटा. सादरीकरणाच्या संदर्भांत ह्या नाटकाची ख्याती गोंयच्या तळागळाक आयज लेगीत तितलीच ज्वलंत आशिल्ली दिश्टी पडटा.

# प्रकरण 5

## तीन पैशांचो तियात्रः
## कोंकणी रंगमाचयेवेलो नवोदीत प्रयोग


| | |
|---|---|
| 5.1 तीन पैशांचो तियात्र | 5.3.5 राजशास्त्र |
| 5.1.1 थ्री पेनी ऑपेरा ते तीन पैशांचो तियात्र | 5.4 नाटकाचे निकश |
| 5.1.2 प्रस्तावना | 5.4.1 संगीत |
| 5.1.3 कथानक | 5.4.2 सरकार, प्रशासन आनी शासन |
| 5.2 नाटक आनी समाज | 5.4.3 पात्रचित्रण |
| 5.2.1 नाटकांतले वेवसाय | 5.4.4 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान |
| 5.2.2 नाटकांतली संस्कृती | 5.5 निश्कर्श |
| 5.2.3 नाटकांतलो धर्म | |
| 5.2.4 नाटकांतलो संघर्श | |
| 5.2.5 नाटकांतलें स्वातंत्र्य | |
| 5.3 शास्त्रीय नदरेन नाटकांचें विवेचन | |
| 5.3.1 मानसशास्त्र | |
| 5.3.2 समाजमानसशास्त्र | |
| 5.3.3 भासशास्त्र | |
| 5.3.4 अर्थशास्त्र | |

## 5.1 तीन पैशांचो तियात्र

संवसारीक पावंड्यार नामनेचे नाटककार, रंगकर्मी आपली छाप सगळ्याक सोडून गेले. जागतीक पावंड्यार नाटक हो साहित्य प्रकार व्हडा प्रमाणान लेखकांनी केळयला. पूण नाटकां करता आसतना नाट्याचे साबार प्रयोग लेगीत आमकां जाल्ले दिश्टी पडटा. खासा फ्रँच, जर्मन भासांनी हे प्रयोग नावांरुपाक आयल्यात. असोच एक प्रयोग आपल्या नाटकान करपी संवसारीक पावंड्यावेलें एक म्हान व्यक्तिमत्व म्हळयार बेर्टोल्ट ब्रेश्ट. ब्रेश्ट हो जागतीक स्थरावेलो श्रेश्ठ नाटककार. कांय जाण तांच्या नांवाचो उच्चार बेर्टोल्ट ब्रेख्ट वा बेर्तोल्त ब्रेश्त असोय करतात. 1898 वर्सा जर्मनींतल्या ऑसबर्ग शारांत जल्माक आयिल्ल्या ब्रेश्टालें कुटुंब खावन पिवन धादोशी आशिल्लें. घरची अर्थीक परिस्थिती लेगीत बरी आशिल्ली. पूण एकदां मनशाक सपनां पडपाक लागलीं काय मनशालें चित्त थाऱ्यार उरना. तीच गजाल ब्रेश्टाच्या बाबतींत घडली. वाघ हांणी ब्रेश्ट हांच्या ल्हानपणांतली एक गजाल सांगतना म्हळां, एक दीस ब्रेश्टाक शाळेंतल्यान मास्तरान निबंद बरोवन हाडपाक सांगलें. जाल्यार ब्रेश्ट हांणी राजवेवस्थेच्यो तिस्त्यो करपी कडक भाशेंतलो निबंद बरयलो आनी मास्तराक दिलो. देखून ल्हान वयाचेर ब्रेश्ट हांच्या विचारांक आकार आयिल्लो. उपरांत होच आकार संवसारान नामनेक पावलो.

वीस वर्सांच्या पिरायेर तांणी साहित्याच्या मळार पावल दवरलें. 1818 वर्सा ब्रेश्ट हांणी बरयल्ल्या 'बाल' ह्या नाटकान जर्मनींतल्या बुर्ज्वा ह्या प्रतिश्ठीत समाजाक हालोवन सोडलें. उपरांत अश्याच तरेन लेखनाची धरती ब्रेश्ट साहित्यांत हाजीत रावले. तांतूतलेंच एक नाट्यशिल्प म्हळयार 'थ्री पेनी ऑपेरा'. 1928 वर्सा ब्रेश्ट हांणी बरयल्लें हें नाटक मूळ कृती न्हय. सोळाव्या शेकड्यांत जॉन गे नांवाचो मनीस लंडनात 'द बेगर्स ऑपेरा' नांवाची एक सांगितीका चलयतालो. कूर्ट वेल या जर्मन मनशान त्या ऑपेराचें संगीत नव्यान बसयलें आनी जर्मनींत सागर केलें. उपरांत ह्या मूळ ऑपेराची जर्मन भाशेंत अणकारीत केल्ली प्रत ब्रेश्टाक फाव जाली आनी ताका ह्याच काणयेच्या धर्तेर एक वेगळें नाटक बसोवपाचें येवजलें. मुळांत ब्रेश्ट हांचे नाटकाविशींचे विचार हेरां परस वेगळे आशिल्ले. नाटक हें फक्त लोकांक हांसपा पासत वा करमणूके पासत आसना, जाल्यार त्या नाटकांतल्यान वा तें नाटक पळयल्या उपरांत लोकांक कितें तरी कळीत जावपाक जाय. कांयच न्हय जाल्यार पलोवप्याची तकली भेरावन तरी सोडपाक जाय. हें करता आसतना नाटकाची चौकट आनी मर्यादा विसरुन

फावना. त्या भायर नाटकान दाखयल्लें सगळें खरें अशेंय दिसून उपकारना. आयज संवसारांत ‘एपीक थियेटर’ ह्या नांवाखाला मान्य जाल्ली दिसता. नाटकाच्या प्रेक्षकाच्या मनाकाळजार खर प्रभाव घालपाचें काम ब्रेश्ट करता. ब्रेश्ट हांणी म्हणिल्ल्या प्रमाण, “ नाटकाच्या खेळांतल्यान तुमी कितलेच भयानक विशय मांडात- पूण खेळ हो निमाणो खेळूच आसता हें मतींत दवरात.” अशे तरेन आपल्या विचारधारेंतल्यान ब्रेश्ट हांणी ‘थ्री पेनी ऑपेरा’ संवसारभर पावयलो. एका वेगळ्या तंत्राची लोकांक वळख घडयली. ह्या कृतीचे साबार अणकार, रुपांतरां, अनुसर्जनां संवसारांतल्या साबार भासांनी जाल्लीं आमकां पळोवंक मेळटा.

### 5.1.1 थ्री पेनी ऑपेरा ते तीन पैशांचो तियात्र

विष्णू सुर्या वाघ हांणी थ्री पेनी ऑपेरा ह्या कृतीचें अनुसर्जन तीन पैशांचो तियात्र ह्या नांवान केलां. लेखकाच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या नाटकाचो अणकार करुन फायदो नाशिल्लो. कारण थळ आनी काळ वेगळो आशिल्लो. तशेंच हें नाटक खूप पोरणें. आधुनीक काळाकडेन हें नाटक जोडप शक्य आशिल्लें. नाटकाचो मूळ युवरोपीयन गाभो कोंकणीन हाडपाचो जाल्यार गोंयच्या सांस्कृतीक आनी भाशीक भेसांत श्रृंगारचें पडटलें. कारण हें नाटक आपलें अशें दिसपा पासत आपल्या संवकळीचें करप म्हत्वाचें आशिल्लें. देखून हाचो अभ्यास केल्या उपरांतूच ह्या नाटकाक न्याय दिवप शक्य आसा अशें वाघ हांकां दिसलें. ह्यान पयलीं  पु. ल. देशपांडे हांणी ‘तीन पैशांचा तमाशा’ ह्या नांवान हें नाटक मराठींत हाडलें. पूण वाघ हांणीं थ्री पेनी ऑपेराचे हेर रुपकार, अनुसर्जनां वाचल्या उपरांत पु. ल. देशपांडे हे नाटक समजून घेवंक खंयतरी फांटी पडल्या अशें तांकां जाणवलें. तंत्र, हेतू पात्रयेवजण हें सगळें मूळ साच्या परस खूप्प वेगळें आसा म्हणपाचें तांकां जाणवलें. देखून तांणी पु. ल. हांच्या कृतीचो आदार घेवपाचें सोडलें आनी इंग्लीश भाशेंतल्यो संहिता वाचत रावले आनी तांतूतल्यान आपल्या अनुसर्जनाक आकार दीत रावले आनी 25 ऑगश्ट 2002 ह्या दिसा ह्या नाटकाचो रितसर प्रयोग जावंक पावलो.

मूळ कृतीचो विचार केलो जाल्यार लंडनांतल्यान व्हिक्टोरीयन शारान हें नाटक घडटा जंय मॅछीत हो शारांतलो नांवाडगो गुंड, जॉनाथान पिछम हो भिकाऱ्यांचो मुखेली, सिलीया पिछम ही जॉनाथानाली घरकान्न, पॉली पिछम हें जॉनाथान आनी सिलीयालें चली, टायगर ब्राव्न पुलीस अधिकारी, लुसी ब्राव्न हें टायगरालें चली, जॅनी हें मॅछीताली *नायकीण,* फिल्च हो कामा निमतान येवपी तरणाटो, स्मिथ हो कॉनस्टेबल, आनी हेर उपपात्रां

ह्या नाटकान फाव जातात. ह्या नाटकान मॅछीत पॉली पिछमा कडेन लग्न जाता. ही गजाल पॉलीचो बापूय जॉनाथानाक मान्य नासता. ह्या दरम्यान जॉनाथान मॅछीतालो इश्ट इंस्पेक्टर टायगर ब्राव्न हाका गुटलावन मॅछीताक भितर उडयता. आनी जेन्ना ताका फांशीची ख्यास्त फर्मावपीची आसता, तेन्ना लंडनाच्या राणीलो एक सेवन येवन पुलीसांक ख्यास्त दिवपा सावन आडयता आनी मॅछीताक एक उंच पदवी दिता. उपरांतच्या रुपांतरांनी, अनुसर्जनांनी हें रुप बदलत गेल्लें दिश्टी पडटा. आनी ह्याच धरतेक घरुन विष्णू वाघ हांणी थ्री पेनी ऑपेराचें तीन पैशांचो तियात्र केलां. फक्त हांतून गोंयचो सांस्कृतीक आनी राजकीय भेस चडोवन ताका वेगळें वळण दिवपाचो यत्न केला. लेखकाची बुध्दी कसाक लागता, जेन्ना अनुसर्जन करता आसतना ह्या नाटकाक कशे तरेन गोंयचो वा कोंकणीचो साज चडोवचो हें तो थारायता. ब्रेश्टाक जें वातावरण फाव जालें तें कोंकणी भितर हाडपाक लेखकान फक्त हेर गजालींचें वाचनूच न्हय जाल्यार सामाजीक जाणविकायेची लेगीत तितल्याच प्रमाणान गरज भासता. विष्णू वाघ हांणी ही गजाल मतींत धरुन वातावरण, पात्रनिर्मीती, संवाद, भास ह्या सगळ्यांच्या आदारान तीन पैशांचो तियात्र हें ब्रेश्ट हांच्या थ्री पेनी ऑपेरा ह्या नाटकाचें अनुसर्जन केलें आनी कोंकणी नाटकाच्या मळार एक वेगळो प्रयोग केलो.

हें नाटक कोंकणीन हाडटा आसतना गरज आशिल्ली ती म्हळयार फाव त्या वातावरणाची. विष्णू वाघ हांणी ह्या पासत गोंयच्या वास्को शाराची निवड केल्ली आसा. मुळांत आनी खंयच्याच शाराक ह्या नाटकाचो भेस सोबचो नाशिल्लो. हाचेर विस्तारान भाश्य मुखार जाल्लें आसा. तशेंच नाटकान आयिल्लीं पात्रां आनी त्या पात्रांक मूळ कृतींतल्या पात्रां कडेन एकरुप करपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. देखून पात्रांचो विस्तारीत तकटो मुखार दिल्लो आसा.

| **मूळ पात्र (थ्री पेनी ऑपेरा)** | **अनुसर्जीत पात्र (तीन पैशांचो तियात्र)** | **खाशेलताय/वेवसाय** |
|---|---|---|
| मॅछीन | अँथनी | नांवाडगो गुंड |
| जॉनाथान | रामा शेट्टी | भिकाऱ्याचो तारणहार |
| सिलीया | सीतादेवी | रामा शेट्टीली घरकान्न |
| पॉली | अपूरबाय | अँथनीली बायल |

| | | |
|---|---|---|
| टायगर ब्राव्न | प्रकाश मायमोडो | इंस्पेक्टर |
| जॅनी | बेबी | अँथनीची प्रेयसी |
| फ्लिच | झिला | कामा निमतान भोंवपी |
| स्मिथ | हवालदार डोईफोडे | हवालदार |

त्या भायर जायतीं उपपात्रां देखीक अंडरटेकर, इक्बाल, कोंबो, मोटेलो आदी पात्रां हाडिल्लीं आसात. त्या भायर दोन सुत्रधार वापरून नाटकाक एका वेगळयाच पावंड्यार व्हरुन लेखक दवरता. ह्या नाटकान पात्रां समजून घेवप भोव गरजेचीं. लेखकान त्या त्या पात्राक विशीश्ट अशी भास दिल्ली आसा आनी एक मल्टिलिंग्वल खतखतें तयार जाल्ल्याचें आपल्या प्रस्तावनेंत म्हळां.

नाटकाच्या पुर्वरंगान ह्यो सगळयो गजाली जाणून घेतल्या उपरांत नाटकाक तीन पयशांचो तियात्र हें नांव लेखकान कित्याक दिलां? हो प्रस्न उप्रासल्या बगर रावना. मुळांत जरी नाटकाच्या माथाळयान तियात्र आसलें तरीं हें तियात्र न्हय. आमी जर हेर तियात्रां आनी हें नाटक पळयत जाल्यार हांतून खूप्प फरक आसा. तियात्राच्या सायड शोचो मूळ कथानका कडेन कसलोच संबंध ना. फक्त लेखकान दोन सुत्रधारांच्या आदार घेवन सायड शो निर्माण करुन नाटकाचें कथानक मुखार धुकलपा खातीर वापरलां. देखून नाटकांत आमकां तियात्राचें प्रतिबिंब जरी दिश्टी पडलें तरी हें तियात्र न्हय हें लक्षान दवरचें.

बेर्टोल्ट ब्रेश्ट ह्या ह्या कृतींची साबार अनुसर्जनां विंगड विंगड भासांनी जाल्लीं आसा. पूण कोंकणीत केल्लें हें अनुसर्जन सगळयांचे दोळे दिपकायता. हेर अनुसर्जनांचो विचार करीत जाल्यार कोंकणी नाट्य मळार असो यत्न श्रीधर कामत बांबोळकार हांणी हॅम्लेट ह्या नाटकांत जागोर हाडून 'सूडजागोर' हें नाटक मुखार हाडलां. कोंकणीच्या मळार अशे तरचीं अनुसर्जनां साहित्याचो कस वाडयतात. हाका लागून साहित्य एका वेगळया दिकेन प्रवास करता. विष्णू वाघ हांचो हो यत्न ह्या गजालीची एक तटस्त देख. देखून ह्या नाटकाक समाजशास्त्रीय नदरेन पळोवपाचो यत्न केल्लो आसा.

### 5.1.2 प्रस्तावना:

'तीन पैशांचो तियात्र' हें विष्णू सुर्या वाघ हांणी बरयल्लें एक भौवभाशीक खतखतें. हें नाटक हेर नाटकां परस वेगळें. ह्या नाटकाक तियात्राचो साज आसलो तरी हें एक स्वतंत्र स्वरुपाचें नाटक. नाटकान आमकां

नाट्यगीतां, फिल्मांतल्या पदांच्यो पॅरोडी, विडंबन गितां आनी कितल्याशाच प्रकारांचो वापर करुन ह्या नाटकाची आगळी वेगळी रुपरेशा स्पश्ट केल्या. मुखेल म्हळ्यार ह्या नाटकाक कोंकणी भेस चडोवन नाटकाक गोंयच्या फास्केंत हें नाटक बसोवपाचो यत्न केला. ह्या नाटकाच्या तंत्राचेर, वेवस्थेचेर आनी मुखेल म्हळ्यार ह्या नाटकान जाल्ली समाज जाणविकाय जाणून घेवपा पासत समाजशास्त्रीय दृश्टीकोन ह्या नाटकाक वापरुन ह्या नाटकाचें अध्ययन करपाचो यत्न केला.

लेखकान ह्या नाटकाच्या वातावरणा पासत वास्को शाराची निवड केल्या. मुळांत वास्को हें गोंयचें मॅट्रोपॉलीटन शार म्हणल्यार जाता. ह्या शारान सगळ्या प्रकारच्यो गजाली दिश्टी पडटात. प्रकाश पाडगांवकार हांचो ‘वास्कोयन’ हो कविता संग्रह वाचत जाल्यार हाची बेस बरी जाप फाव जाता. हें नाटक जेन्ना बरयल्लें तेन्ना वास्को हें शार खूब गतीन मुखार वतालें. आधुनीकरणाच्या वाटेर वतना साबार बऱ्यो तशेंच वायट गजाली ह्या शारान पावल्यो.  ‘थ्री पेनी ऑपेरा’ नाटकाची जी धरती आसा, ती अश्याच तरेच्या वातावरणाक संवकळीची आसा. लेखकान ह्या शाराच्या चित्रणाचो वापर आपल्या नाटकान फाव तसो केल्लो आसा. खासा वास्कोतलो बायणा हो वाठार हांगासर चित्रायला. कारण ह्या वाठारान चोरी, गुंडागिरी, वेश्यावस्ती सारक्यो गजाली व्हडा प्रमाणान चलताल्यो. ह्या सगळ्या गजालींची फाटभूंय लेखकान नाटकांत बेस बरे तरेन वापरल्या.

नाटकान पळयत जाल्यार ज्यो गजाली संवाद व्यक्त करनात, त्यो गजाली काव्य प्रकारांतल्यान व्यक्त जातात. नाटकान कामदी, त्रासदी सारके घटक नाटकाक बळीश्ट करतात. ह्या नाटकान राजकीय भाश्य कांय प्रमाणान सुचनात्मक पध्दतीन जाल्लें दिश्टी पडटा. त्या भायर जायते सामाजीक विशय, सामाजीक प्रस्न लेखकान मांडल्यात.

### 5.1.3 कथानक:

ह्या भौ-भाशीक खतखत्याची सुरवात दोन सुत्रधारां वरवीं जाता. एकलो सूट-बूट आनी माथ्यार चेपें घालून जाल्यार दुसरो पुडवें, खोमीस आनी उपरणें अश्या भेसान दिश्टी पडटा. भारतीय आनी पाच्छात भेसांतले सुत्रधार म्हूण पळोवप्यांक कळून येता. सुरवातीक भारतीय सुत्रधार नमनाच्या चरणान सुरवात करता, जाल्यार उपरांत पाच्छात सुत्रधार कांताराक आरंभ करता. धांदळी-गोंदळी सुरवात केल्या उपरांत झिला पेडणेकार

कामाच्या सोदांत भोंवतना सुत्रधाराक दिश्टी पडटा. सुत्रधार ताका समजावन भिकाऱ्यांच्या मिस्तींत धाडटा. थंयचे भिकारी संघटनेचे लोक झिलाक धारेर धरता आनी संघटनेचे अध्यक्ष आनी कर्नाटकांतल्यान येवन स्थायीक जाल्ल्या रामा शेट्टी म्हऱ्यांत व्हरतात. ह्याच दरम्यान रामा शेट्टीची मुलाखत सुत्रधार निवेदक जावन घेता. देखाव बदल्ल्या उपरांत रामा शेट्टी सगळया परिस्थितीचो आडावो घेता आनी झिलाक टेंपररी लायसन फाव करुन दिता. झिला कडेन लायसना पासत पयशे नाशिल्ल्यान ताची सरपळी घाणाक दवरता आनी ताका भिकाऱ्याच्या भेसान मोनेपण पांगरुन भीक मागपाक प्रवृत्त करता. परिस्थिती कडेन झुंजून मोनेंपण पांगरुपी झिला सगळें मोनेपणान आपणायता.

रामा शेट्टी आपली बायल सितादेवी कडेन उलयता आसतना आपलें चली अपूरबाय घरा कडेन ना म्हणपाचें कळून येता. रामा आपल्या घरकान्नीचेर आकांतान तिडकता. ह्याच दरम्यान दोनूय सुत्रधार आपल्या संवादांतल्यान घडलेल्या परिस्थितीची उजळणी करतात. इतल्यान अपूरबाय चलत येता आसतना वाटेर तांकां मेळटा. दोगूय जाणा ताची वाट आडायतात आनी ताका छळटात. इतल्यान नांवाडगो गुंड अँथनी थंय पावता आनी दोनूय सुत्रधारांची खबर घेता. त्या म्हणसर न्यायालयाचो देखाव उबो जाता जंय आदोगाद दोनूय सुत्रधारांनी केल्ल्या गुन्यावाची ख्यास्त फर्मायता. ह्या दरम्यान अँथनी आनी अपूरबायची बेस बरी वळख जाता आनी तांचीं मनां जुळटात. रामा शेट्टीक ह्या गजालीचो वास लागतकच तो आपल्या धुवेक आनी बायलेक सादून करता. पूण मोगाच्या खोल दर्यांत रिगील्लें अपूरबाय अँथनी बरोबर लग्न जावपाक पळून वता. कांय तेपान अपूरबाय आपल्या घरा येवन आपलो वांटो घेवन वता. संवसाराचीं सोबीत सपनां पळयता आसतना अँथनीलें मोगी बेबीची गजाल अपूरबायक कळटा. ताचें काळीज कंवचे सारकें तुटता. ह्या दरम्यान रामा शेट्टी आनी सितादेवी अँथनीलो खास इश्ट इंस्पेक्टर पोडेच्या आदारान बेबीक विश्वासान घेवन अँथनीक सोदून हाडून कायद्याच्या चौकटींत दवरतात. जिवापरस चड मोग केल्ल्या इश्टान आनी मोगीकेन केल्ल्या कृत्याक लागून अँथनी खचून वता. ताका कायदो फांशीची ख्यास्त फर्मायता. ह्या दरम्यान अँथनीली निमणी इत्सा विचारता आसतना अँथनी सगळयांक एका गजालीचो विचार करपाक लायता. इतल्यान नाटकान एक घडणूक घडटा जंय सरकार बदलून अँथनीली फांशीची ख्यास्त माफ जाता आनी ताका ताचे तारणहार मंत्रीमंडळान सामील करुन घेतात. ह्या नाटकान विचार करपा सारके साबार टप्पे आयल्यात. धांवतो नाटकाचो नियाळ घेतल्या उपरांत विस्तारान नाटकाच्या आगांचेर चर्चा करप गरजेचें थारता.

## 5.5 नाटक आनी समाज:

तीन पैशांचो तियात्र ह्या दोन अंकी नाटकाचो सामाजीक संदर्भांवरवीं अभ्यास करपाचो जायत जाल्यार ह्या नाटकान आयिल्ल्या समाजाचीं विंगड विंगड आंगां स्पश्ट करप म्हत्वाचें थारता. शारांतल्या ह्या वातावरणान कशे तरेन लेखकान समाज दर्शन घडयलां हें जाणून घेवप गरजेचें थारता. ह्या नाटकांतलो सामान्यांतलो सामान्य मनीस हो शारीकरणान जगता. दरेक व्यक्ती आपली दिसपट्टी जीण जगपा पासत साबार साधन सुविधा, वेवसायांनी मग्न आसा. अश्या वेळार ह्या नाटकांतल्यान अभिप्रेत जाल्ल्या समाजाक जाणा जावन घेवप म्हत्वाचें थारता. देखून सामाजीक दृश्टीकोनांतल्यान ह्या नाटकाचें अध्ययन केल्लें आसा.

### 5.5.1 नाटकांतलो वेवसाय

खंयच्याय समाज वेवस्थेन समाजांतल्या लोकांचे वेवसाय भोव म्हत्वाचे. लोक ज्या वेवसायांनी आसतात, तांतूंतल्यान समाज स्वताची जबाबदारी पेलपाक सक्षम जाता. ह्या नाटकान पळयत जाल्यार समाज प्रामुख्यान खंयच्याच वेवसायान दिश्टी पडना. रामा शेट्टी आनी ताचें भिकारी फाऊंडेशन फक्त भीक मागपाचें काम करतात. मुळांत त्या लोकां खातीर हो तांचो वेवसाय. कारण हे लोक आनीक कसल्याच येणावळ प्राप्त करपाच्या कामान स्वताक जोडून घेनात. लोकांची ह्या बाबतींत एक आगळीच विचारसरणी तयार जाल्ली दिश्टी पडटा. जेन्ना सुत्रधार रामा शेट्टीक हाचे बद्दल विचारता, तेन्ना;

*शेट्टी: आय टेक स्ट्राँग ऑब्जेक्शन फार कॉलींग भिकारी धंदा एँज घटीया. इट इज नॉट घटीया. इट इस ए व्हेरी ऑनरेबल प्रॉफेशन. आयज्ज भीक कोणी मागीनात रे? सक्कडे मागताती. उमेदवार मतांची भीक मागता. आमदार मिनीस्ट्रीची भीत मागतात. मुख्यमंत्री दिल्ली वचून भीक मागता. कलाकार बक्षिसाची भीक मागतात. देशाची फायनान्स मिनीस्टर वर्ल्ड बँकालागी भीक मागता. म्हूण सगली भिकारी! सगली प्रतिश्ठीत!*

अशें म्हणटात. तशेंच अँथनी सारक्या गुंडालो वेवसाय म्हळयार लोकांल्या मनान ताच्या विशीं आशिल्लो भंय. एक नावाडगो गुंड म्हूण ताका नामना मेळ्ळया उपरांत ताका आवश्यक आशिल्ल्यो सगळयो गजाली ताका लोकांकडल्यान फाव जाता. देखून वेवसाय अशें म्हणपाक ताचे कडेन कांय ना. पूण नाटकाचें वातावरण पळयत जाल्यार साबार जोड धंद्यानी वाठारांतले, आशिकुशीकचे मनीस जोडील्ले आसात म्हणपाचें कळटा. जेन्ना सुत्रधार झिलाक गोमंतभूमीत पसरिल्ल्या अतिभव्य भिकारी साम्राज्याची झलक दाखयता, तेन्ना वाठारांतले साबार लोक आपल्या कामांक आरंभ करतना दिसतात. देखीक: हिलावयल्या हिंदी भय्यांचो च्याचो धंदो, दोनेल्यांतल्या गवळयांचो गोठ्यान बसून म्हशीचें दूद काडपाचो धंदो, मांगूर हिलावेल्या दिसोवड्याच्या कामाक भायर सरपी कामगार, शेतकामा पासत वचपी  सासमोळेचीं बायलां, बायणा काम करपी वेश्यांची वेश्यावस्ती सारक्यो गजाली सुत्रधार झिलाक समजावन सांगता. त्या भायर अँथनीलें लग्न नुस्त्या मार्केटान जाता. हाचेवेल्यान त्या वाठारान नुस्त्याचो वेवसाय लोक करतात. बेबी ही अँथनीली मोगी. मुळांत ती बायणा ह्या वाठारांतल्या वेश्यांच्या वस्तींत रावता. देखून वेश्या वेवसाय हो लेगीत व्हडा प्रमाणान दिश्टी पडटा.  हाच्या भायर नाटकान प्रतिबिंबीत जाल्लो वाठार आनीकय जायत्या वेवसायांनी आसा आनी स्वताची जीण सारता म्हणपाचें दिसून येता.

### 5.5.2 नाटकांतली संस्कृती

समाजान व्यक्तीचेर संस्कार जावप भोव म्हत्वाचे. हे संस्कार एक तर घरांतल्यान जातात वा समाजांतल्यान. पूण ह्या नाटकाचो विचार करीत जाल्यार संस्कार आनी नाटकांतल्या पात्रांचो पयस पयस मेरेन कसलोच संबंध ना. कारण ज्या वातावरणान हीं पात्रां वाडल्यांत वा जंयसावन आयल्यांत, थंय आमकां खंयचीच सुसंस्कृत वेवस्था दिश्टी पडना. लेखकान भारतीय आनी पाश्चात संस्कृतायेचे सुत्रधार नाटकान निर्मिल्ल्या कारणान नाटकाक एक आगळी नदर फाव जाता. त्या भायर अँथनी आनी अपूरबाय हांच्या लग्ना वेळार हिंदू आनी क्रिस्तांव संस्कृतीची वळख नाटकांतल्यान घडटा. हांगासर दोनूय सुत्रधार भट आनी पाद्री जाल्ल्यान आपल्या संस्कृतीची व्हडवीक गावन खंयच्या धर्माच्या रिती प्रमाण लग्न काय काजार पयलीं जावचें हाचेविशीं एकमत ना. देखून नाटकान लग्न विधी दोनूय धर्माच्या रितीप्रमाण एकाच वेळार चालु जातात. पूण कितलेंय जालें तरी आपल्या धर्मांतल्यो प्रथा परंपरा, आपली संस्कृती पात्रां विसरनात. हें करता आसतना खंय ना खंय आमच्या

हिंदू-क्रिस्तांव संस्कृतीची फकाणां मारिल्ल्याचोय भास जाता. हांगासर हें मत मूळ तशेंच अनुसर्जीत कृतीक घरून मांडिल्लें आसा.

आतां खंयचीय संस्कृती ही रिती-रिवाजां पुरतीच मर्यादीत उरना जाल्यार हेर गजालीय आमच्या संस्कृतायेचो भाग जावन पडटात. देखीक; आमी जें खातात ती अन्न संस्कृती, आमी जें न्हेंसतात ती वस्त्र संस्कृती आदी. ह्या नाटकान भिक मागपी समाज लेगीत स्वताक एका प्रकारान नेमून घेता. कारण तांच्या पासत तें फक्त दिसपट्टें काम न्हय जाल्यार ती तांची संस्कृती. त्या प्रमाणे ते जगतात, त्या प्रमाणे ते वागतात. जसो आमकां आमच्या संस्कृतीचो अभिमान, तसोच तांकां तांच्या संस्कृतीचो अभिमान. देखून ह्या नाटकान हो विचार लक्ष केंद्रीत करता.

### 5.5.3 नाटकांतलो धर्म

मुळांत ‘तीन पैशांचो तियात्र’ हें तियात्र काय नाटक? हो प्रस्न सगळयांक पडटा. आनी हांगासरुच धर्माची संक्लपना रुजवणेक येता. पूण हें एक पुराय स्वरुपाचें नाटक जंय तियात्राचें एक आंग नाटकान वापरलां. समाजान धर्म ही खूब नाजूक गजाल. मनीस आपल्या धार्मीक मुल्यां कडेन कसलीच तडजोड करीना. कारण ताज्या खातीर धर्म हो सर्वोश्रेश्ठ. ह्या नाटकान पळयत जाल्यार हिंदु आनी क्रिस्तांव ह्या दोन धर्मांक केंद्रस्थानार दवरुन हें नाटक मुखार वता. अँथनी हो क्रिस्तांव जाल्यार अपूरबाय हें हिंदु घराण्यांतलें चली. पूण जेन्ना तांचें लग्न जावपाचें आसता, तेन्ना खंयच्या धार्मीक रिती प्रमाण लग्न आदीं जांवचें हाचेर एकमत आसतना. हांगासर आमकां एक गजाल कळटा, मोग कुड्डो आसता अशें जरी आमी म्हणलें तरी ताका धर्म हो दिसताच. कारण जी गजाल आमचेर ल्हानपणा सावन संस्कार करता, ज्या वातावरणांत आमी वाडटात, ते गजालीक आमी खंयच्याच पावंड्यार नदरेआड करपाक शकनात. नाटकान अपूरबाय आपल्या बापाय कडेन संवाद सादतना म्हणटा,

*अपूरबाय: काळजांत सावन मोग कोत्ताय तेंका धोर्माची शीम आडावंक शकना पाय!*

पूण तरी आसतना आपल्या धर्माच्या नेमांक पाळपाक तीं चुकनात. तीन पैशांचो तियात्र ह्या नाटकान अँथनी आनी अपूरबायच्या लग्ना वेळार भट आनी पाद्री आपापल्या धार्मीत रितीं प्रमाण लग्नाक/काजाराक सुरवात

करतात. अश्या वेळार ह्या धार्मीक मार्गदर्शकां कडल्यान स्वताच्या धर्माचो प्रचार करता आसतना हेर धर्माची बकत्शाय केल्ली दिश्टी पडटा. देखीक;

*पाद्री: नोवरो क्रिस्तांव. म्हुण्टोरी पोयलो मान नोवऱ्याचो.*

*भट: नवरा असेल तुमचा पण नवरी आमची आहे हे लक्षात टेवा... **तुमच्याकडे एकच आकाशातला बाप. आमच्याकडे तेतीस कोटी देव आहेत म्हटलं**.*

देखून आमी धर्माच्या नांवार फक्त वांटून गेल्ले ना, जाल्यार आयज लेगीत आमी धर्माक धरुन आमची वांटणी करीत आसात. नाटकान दोनूय धर्माच्यो लग्न पध्दती बरोबर आयल्या. हाचोच अर्थ आमी खंयच्याय परिस्थितीन धर्माक वेगळावंक शकनात.

जेन्ना अँथनीक फांशी दिवपाची जाता, तेन्ना तो इन्सपेक्टर आनी हवालदाराक एके कडेन म्हणटा,

*अँथनी: आमचे हिंदू भाव क्रिश्णाची पूजा कोत्ताय. तेज्या पांयां पोडटाय. तोर म्हाका सांगात, मोथुरेच्या राज्यान गोवंळी लोकांच्यो बायलो, धुवो, सुनो क्रिश्णाचो मोग कोत्ताल्यो आनी तो एकेच फावटी सोगल्यांक आपलो मोग दितालो तें खरें न्हूय? लोकांक पीडटा देखून आपल्याच मामाचो तेणे जीव घेयलो हें खोरें न्हूय? आनी ओद्रोमान झोगोडपी कौरवांक काबार कोरपाक तेणेंयबी ओद्रोमाचीच नीत उजार केली हें खोरें न्होय? तोर म्हाका सांगात भावानों, क्रिश्णाची कोरणी देवाची जाल्यार म्होजी कोरणी राकेसाची कित्याक? क्रिश्णाची नीत बोरी जाल्यार म्होजी नीत वायट कित्याक? गुन्यांव कोरुन लेगीत क्रिश्ण देव जातां जाल्यार तेच गुन्यांव कोरुन हांव गोळार कित्याक चॉडटा? कित्याक?*

तेन्ना कांय गजाली येवजून येतात. हो घडये लेखकालो उमाळो आसतलो जो ह्या नाटकांतल्यान व्यक्त जाला. पूण हांगासर धर्माचो संदर्भ घेवन एक विचार मांडिल्लो दिश्टी पडटा. जर एका धर्मांतलो प्रवर्तो सगळें करुन बरोबर, जाल्यार मनशांमदींच हें अंतर कित्याक असो प्रस्न अँथनीक पडटा. देखून आमी धर्म पाळटात काय

धर्म आमकां पाळटा? हो प्रस्न मनाक पावला कणकणी पडटा. हें नाटक लेगीत अश्याच आशयाक धरुन निर्मील्लें दिश्टी पडटा.

### 5.5.4 नाटकांतलो संघर्श

नाटकान फक्त सामाजीक संघर्श न्हय जाल्यार मानसीक संघर्श लेगीत तितलोच म्हत्वाचो आसा. मानसीक संघर्शा अंतर्गत आमी पात्रांच्या आंतरीक मनाची दखल घेतात, जाल्यार सामाजीक संघर्शा खाला समाज ज्या परिस्थितींतल्यान जगता वा जगिल्लो आसता, त्या परिस्थिची पडटाळणी जाता. तीन पैशांचो तियात्र ह्या नाटकान झिला हें पात्र आमकां सुरवेक पळोवंक मेळटा. कामा निमतान घडपड करपी झिला सुत्रधाराच्या सांगण्या प्रमाण भिकारी संघान स्वताक जोडून घेता. भीक मागप हें लेगीत तितल्याच कश्टाचें काम ही गजाल ताच्या मेंदवान पेरील्ली आसता. देखून घामा कश्टाचें काम करपा सोडून झिला एका वेगळयाच मोडार पावता. आपल्या मातयेंत, आपल्याच भुंयेत जंय संघर्श करुन पोट भरपाक तो आयिल्लो, थंय ताका आपूण ह्या भुमिचो भुमिपुत्र म्हणपाची गवाय दिवची पडटा. देखून आयज आमच्या भोंवतणी अशी परिस्थिती निर्माण जाल्या, जंय मूळ भुंयेच्या पुतांक आपल्या मातयेकडल्या नात्याची गवाय परकी पुतांक दिवची पडटा.

सितादेवी हें पात्र नाटकान निमणे कडेन आपल्या विशींचें एक आगळें सत्य सांगून नाटकान  नवो रंग भरता. बेबी मार्फत अँथनीक धरपाक लागून जेन्ना ती बायणा वाठारान पावता, तेन्ना आपूण लेगीत अशीच ह्या वाठारान कुडीचो धंदो करताली म्हणपाचें सांगता. देखून आपल्या धुवेक अँथनीच्या सांगाता पळयतना तिचें आवयचें काळीज जागें जाता. आपली धूव लेगीत फाल्या दुसरें बेबी जावचें न्हय हाची भिरांत तिका दिसता. ज्या त्रासांतल्यान आपूण आयल्या, ते त्रास आपल्या धुवेच्या वाट्याक येवचे हेंच सितादेवी येवजीता. तशे नाटकान पळयत जाल्यार आनीकूय जायत्यो गजाली, देखीक; अपूरबायलो संवसारा खातीरचो संघर्श, रामा शेट्टीलो धुवेच्या फुडाराचो हुस्को, समाजांतल्या लोकांचेर इन्सपेक्टर पायमोडो आनी हवालदार दोईफोडे सारक्यांनी केल्लो पक्षपात, आनी अश्या तरेच्या परिस्थितीन रावपी त्या वाठारांतल्या समाजाचो त्रास, संघर्श आमकां वाचतना जाणवता. जरी ते प्रत्यक्षान संघर्श करतना दिसना, तरी तांणी मानसीक रित्या केल्ल्यो हालचाली नाटकान दिश्टी पडटात.

### 5.5.5 नाटकांतलें स्वातंत्र्य

मनशाक समाजान जगता आसतना मेकळीक फाव जावप खूप म्हत्वाची आसता. ताच्या विश्वाक आकार दिवपा पासत हें स्वातंत्र्य भोव म्हत्वाचें आसता. ताची दरेक एक हालचाल, दरेक करणी तो समाजान कितल्या प्रमाणान व्यक्त जावपाक मेकळो आसा हाची गवाय दिता. हें स्वातंत्र्य मनशाक समाजान नासत जाल्यार मनशाची उदरगत जायना. 'तीन पैशांचो तियात्र' ह्या नाटकान लेगीत स्वातंत्र्याचे कितलेशेच पैलू दिश्टी पडटात. हांगा फक्त पात्रांक जगपाचें स्वातंत्र नाका, जाल्यार आपल्या विचारांक आकार दिवपाचें लेगीत स्वातंत्र्य जाय. जेन्ना अँथनी आनी अपूरबायचें लग्न थारता, तेन्ना अपूरबायलो आवय-बापूय रामा शेट्टी आनी सितादेवी धर्माच्या अर्थान लग्नाक चड विरोध कर नासतना अँथनीच्या स्वभावाक आनी केल्ल्या वावरांक लागून चड विरोध करतना दिसतात. देखून हांगासर आंतर-धर्मीय लग्न पध्दतीक चड विरोध तितल्या प्रमाणान जाल्लो दिसना. लग्न जावन आयल्या उपरांत पाय म्हणटा,

*रामा: अय्ययो- म्हजी चली किरीस्तांव जाली की कलें रे?*

हांगासर हो बापायलो एक संवाद सोडत जाल्यार धार्मीक रित्या कसलोच आक्षेप लग्नचेर जाल्लो दिसतना. घडये हें सितादेवीच्या सत्तेच्या लोभान आसत पूण वास्तवीक रित्या आमकां विरोध जाल्लो दिसना. देखून खंय ना खंय आयज तें स्वातंत्र्य समाजान फाव जावपाची गरज आसा असो हावेस ह्या नाटकांतल्यान मांडिल्लो दिसता.

ह्या नाटकान निमणे कडेन अँथनीली फांशीची ख्यास्त माफ जावन ताका नवनिर्मीत सरकार आपल्या मंत्री मंडळान सामील करुन घेता. हाचोच अर्थ, व्हडांतल्या व्हड संकश्टांतल्यान भायर सरपाचें स्वातंत्र्य सामान्यांक घडये आसना, पूण सगळ्या अर्थान बळिश्ट आशिल्ल्या लोकांक फाव जाता. अँथनी सारक्या मनशांक ह्या समाजान स्वातंत्र्यान जगपाक मेळटा, जाल्यार कामा निमतान धडपड करुन आयिल्ल्या झिला पेडणेकाराचो भिकाऱ्यांच्या पंगडान आस्पाव जाता. त्या भायर बायणा वाठारांतल्या वेश्यावस्तींतल्यान सितादेवीक फाव जाल्लें स्वातंत्र्य लेगीत तितलेंच म्हत्वाचें. हें नाटक एक भौ-भाशीक खतखतें जाल्ल्यान सामाजीक तशेंच मानसीक स्वातंत्र्याचें लेगीत खतखतें ह्या नाटकान जावना व्हय? असो दुबाव येता. देखून समाजान हीं पात्रां

जगता आसतना तांच्या वाट्याक आयिल्ल्या संघर्शांतल्यान स्वातंत्र्याचो वा स्वातंत्र्यातल्यान संघर्शाचो दिश्टाव आमकां घडटा.

## 5.6 शास्त्रीय नदरेन नाटकांचो अभ्यास

तीन पैशांचो तियात्र हें नाटकान पळोवंक गेल्यार सामाजीक शास्त्रां भितरले फाव तितले आयाम मेळप कठीण जाता. कारण नाटकाची धरती हेर नाटकां परस वेगळी आसा. देखून समाजशास्त्राच्या अंतर्गत हें नाटक कांय वेंचीक शास्त्रांच्याच आदारान अभ्यासचें पडटा. नाटकान स्थीर समाज सोदचो पडटा. पूण हें नाटक एक अनुसर्जन जाल्ल्यान पाछचात धर्तेचें नाटक कोंकणीच्या स्वभावान बसयता आसतना ही गजाल घडूं येता. देखून त्या त्या निकशाक नाट्याच्या तेच नदरेन पळोवप जातलें अशें ना. कांय वेंचीक शास्त्रां घेवन अध्ययन करपाचे जाल्यार;

### 5.6.1 मानसशास्त्र

मानसशास्त्राच्या आदारान नाटकांतल्या पात्रांचो अभ्यास बरे तरेन करुंक येता. हीं पात्रां समाजान वावुरता वा वागता आसतना समाजाच्या हेर गजालींचो तांचेर जाल्लो प्रभाव, आनी त्या प्रभावांतल्यान मुखार आयिल्ली मानवी वृत्ती नाटकान स्पश्ट जाता. कांय वेंचीक पात्रां जशीं अँथनी, अपूरबाय, सितादेवी, रामा शेट्टी ह्या मुखेल पात्रांच्या वागपांतल्यान एक निर्भीस्त जगपाची तरा आमकां दिश्टी पडटा. अँथनी तशें पळोवंक गेल्यान एक गुंड, रामा शेट्टी भिकारी संघटनेचो मुखेली, सितादेवी एक घरकान्न जाल्यार अपूरबाय हें वयार आयिल्लें चली. वेगवेगळया कामांनी, तरांनी, गजालींनी घुस्पल्ले हे लोक स्वता खातीर जगतना दिश्टीच पडना. स्वताच्यो गरजो, हावेस ह्या पात्रांमदीं नाच अशें दिसता. खंयचीय गजाल योग्य मार्गान करपाचेर कोणूच विचार करीना. अपूरबाय मदीं आशिल्ल्या आधुनीक विचारांची सया दिश्टी पडटा. पूण अँथनी कडेन लग्न जाल्या उपरांत ताकाय एका प्रकारान मर्यादा पडिल्ली दिश्टी पडटा. नाटकान इन्सपेक्टर पायमोडो हें पात्र एके कडेन अँथनीक अटक न करपा संबंदान म्हणटा,

*इन्स्पेक्टर: हवालदार डोईफोडे, प्रत्येक गुंड हा शेवटी माणूस असतो आणि माणसाला कायद्याची*

*नव्हे तर प्रेमाची गरज असते.*

हो डायलॉग जरी फकाणांनी मारिल्लो आसलो, तरी खूब खर आशय ह्या संवादांतल्यान अभिव्यक्त जाता. फक्त नाटकाच्या अंतरंगाक धरुन न्हय, जाल्यार वास्तवीक रित्या ही गजाल भोव म्हत्वाची. बेबी वेश्या जरी आसलें, तरी एक बायल आशिल्ल्यान ताच्याय भितर भावनांचो दर्या व्हांवता हें आमकां दिश्टी पडटा. एका वेळार बायणा वस्तींत आपली कूड विकपी सितादेवीक जेन्ना फाटल्या गजालींचो भास जाता, तेन्ना ती स्वताक त्या काळान पळयता. देखून तांचे विचार, तांची मनोभावना ही तांच्या वागपांतल्यान अभिव्यक्त जाता. तांच्या वागपांत गूढ मानसीकतेची सया दिसून येता. देखून खंय ना खंय ही पात्रां आपल्या परीन संघर्श करतात. आमकां घडये तो दिसून येवचो ना, पूण मनोचिकीत्सक नदरेन ही पात्रां अभ्यासल्यार साबार गजाली स्पश्ट जांव येतात.

### 5.6.2 समाजमानसशास्त्र

लेखकान  प्रस्तावनेंत बरयल्ल्या प्रमाणे जेन्ना हें नाटक कोंकणींत हाडपाचें जालें, तेन्ना तें थळावें दिसप भोव गरजेचें आशिल्लें. थळावो लोक, थळावी भास, थळावी संस्कृताय हांच्या आदारांतल्यान नाटकाची बांदणी गरजेची आशिल्ली. जेन्ना वास्को शाराचें चित्र लेखक नाटकान रेंखटायता, तेन्ना फक्त थंयच्या थारावीक पात्रांचो न्हय जाल्यार एकंदर समाजाचो विचार जावप गरजेचें. तीन पैशांचो तियात्र ह्या नाटकान फक्त एकेच तरेचो न्हय जाल्यार साबार तरांचो समाज दिश्टी पडटा. सत्ता (भंय) गाजोवपी समाज, चोरी करपी समाज, चाकरी करपी समाज आदी. हे लोक इतल्या निश्ठेन वावुरतात, जणू काय तांणी आपूण करता तें परमात्म्याक मान्य अशे तरेचें वातावरण तयार करुन दवरलां. अँथनी, रामा शेट्टी हांच्या विरोधांत लोक वचनात. कारण लोकांच्या मनान आशिल्लो भंय तांकां हें करपाक लायना. समाजान खंयचीय एक ताकद राज्य करता आसत, जाल्यार ताच्या आड वचपाचे धाडस सगळेच पत्कारपाक शकनात. जरी कोण तें धाडस करता, जाल्यार तो त्या व्यक्तिच्या नदरेन न्हय जाल्यार त्या समाजाच्या नदरेन वेगळो थारता. देखून समाजा सयत चलपी मनीस समाजान तिगता.

जेन्ना सितादेवी रामा शेट्टीक अपूरबाय आनी अँथनी बद्दलचें सांगता, तेन्ना रामा शेट्टी म्हणटा

*शेट्टी: हो इश्ट कोणू? खैंचो? तागेलें नांव कल्लें? गांव खैंचो? बापसू नांव कल्लें? कूळ खैंचे, गोत्र खैंचें?*

हांगासर समाजाची विचारसरणी दिश्टी पडटा. समाज कितलोय आधुनीक जालो तरी कूळ, गोत्र ह्यो गजाली आयज लेगीत ज्वलंत आसात. समाज ह्या गजाली कडेन खूब बारीकसाणेन पळयता. देखून समाज सामाजीक कायद्या विरुध्द आशिल्ल्या गजालीं आड केन्नाच वचना. ही घडये आवय-बापायची चिंताय आसुं येता वा सामाजीक मानसीकतेचो प्रभावूय आसुं येता. समाजनासन हाचो खोलायेन विचार करता. झिला सारकें पात्र जेन्ना भीक मागपी लोकां मदीं एकरुप जाता, त्या वेळार ताचे स्वताचे विचार कांयच उपेगाचे ना. कारण तो एका नव्या मानसीकते बरबर चलपाक शिकता. ताका साबार गजाली करीन दिसता पूण ताच्या सामकार एक मर्यादा पडटा, ती म्हळ्यार समाजाची. अँथनीक अटक जावपाचें कारण म्हळ्यार समाज एकठांय येवन ताच्या आड क्षडयंत्र रचता. मागीर तीं ताचीं सख्खी मनशां जायना. देखून समाजान कसलीच गजाल शाश्वत ना. मनशाची बदलिल्ली वृत्ती ही लेगीत समाजमानसाचो म्हत्वाचो वांटो म्हणपा येता. नाटकान पळोवंक गेल्यार पात्रांच्या मानसीकतेंतल्यान समाजाच्या विचारसरणेक एक वेगळो आयाम फाव जाल्लो दिसता. समाजाचें चिंतन, मनन ह्यो गजाली ह्या नाटकान पळोवंक मेळटात. अप्रत्यक्षरित्या जरी नाटकाची सामाजीक बांदीलकी स्पश्ट जाता आसली, तरी तांतूतल्यान फाव जाल्ले संदर्भ सादरीकरण आनी संहितेच्या नदरेन म्हत्वाचे थारतात.

### 5.6.3 भासशास्त्र

भाशीक नदरेन तीन पैशांचो तियात्र हें नाटक पळोवचें जालें जाल्यार शास्त्रीय पावंड्यावेलें विवेचन ह्या नाटकाचेर करपाक जाता. ह्या नाटकान कोंकणी, मराठी, हिंदी आनी इंग्लीश अश्या भासांचो आस्पाव जासा. हें मल्टिलिंग्वल नाटक जाल्ल्यान नाटकांतलीं विंगड विंगड पात्रां त्या त्या भाशेंतल्यान अभिव्यक्त जातात आनी जावप गरजेचीं आसात. कोंकणीचो विचार करीत जाल्यार भाशे भितरल्यो साबार बोली ह्या नाटकान दिश्टी पडटात. देखीक; अंत्रुजी, मंगळुरी, पेडणेची, साश्टीची. नाटकांत अँथनी साश्टीची कोंकणी उलयता, अपूरबाय अंत्रुजी बोली उलयता, झिला पेडणेची बोली उलयता, रामा शेट्टी मंगळुरी बोली उलयता. देखून एके तरेचें बोली दर्शन ह्या नाटकान जाता. पात्रांच्या संवादांतल्यान हें चड प्रमाणान दर्शन घडून येता. देखीक;

*अँथनी: ए, देवडां वोंस आनी भोटा गुंठली खांक्या मारन तेका घेवन यो.*

*झिला: काय नाय वो....आमचे पूर्वज अजून राजकारणात शिरांक नाय.*

*शेट्टी: आं...पैशे ना जाल्यारी तुगेल्या गळ्यांतू चकचकता तें कल्लें?*

*अपूरबाय: काय ना जाल्यार तिरश्या दोळ्यांनी कित्याक पळयता कावळ्याभशेन?*

त्या भायर म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार ह्याच पात्रांच्या मुखांतल्यान आयिल्ले हिंदी, मराठी संवादांक कोंकणीची सया दिश्टी पडटा. हे संवाद त्या त्या भासांनी आयिल्ल्या कारणान नाटकाक एक वेगळोच रंग चडटा. खासा गीत-संगिताचो वापर नाटकान उपाट प्रमाणान जाल्ल्यान तांतून लेगीत फाव त्या भाशेचें रुप दिश्टी पडटा. नाटकांतलें अँथनी हें पात्र क्रिस्तांव जाल्ल्यान ताच्या मुखांतल्यान येवपी संवाद तितल्यान कल्पकतायेन लेखकान मांडल्या. पूण नाटक सोंपता म्हणसर खंय ना खंय ताच्या उलोवपांत बदल जाल्ले दिश्टी पडटा. अर्थात, ताचें क्रिस्तांव भास उलोवपाचें स्वरुप बदलत गेल्ल्याचें दिसून येता. चड करुन पुर्तुगेज शब्दांचो उल्लेख उपाट प्रमाणान जाल्लो दिश्टी पडटा. हाचें कारण जाणून घेवपाचें जायत जाल्यार लेखकान ज्या वातावरणान हें नाटक उबें केलां, त्या वास्को शाराची भाशीक स्थिती लेखकान दर्शावपाचो यत्न केला. वास्तवीक रित्या वास्को शारान येवन स्थायीक जाल्ले देश-विदेशांतले लोक आनी तांची भास कोंकणीन भरसल्या उपरांत जी एक वेगळी भास भौसांत तयार जाली, ताचो आडावो लेखक घेता. बेबी हें पात्र हाची बेस बरी देख. देखून लेखकान सुरवातीक म्हणलां तशें हें नाटक म्हळ्यार भौ-भाशीक खतखतें. ह्या नाटकान भासो वा बोली पात्रांचें स्वभाव दर्शन लेगीत तितल्याच प्रमाणान घडयतात. वाचकाची घडये हे भाशीक संदर्भ मनरिजवण करीत, पूण तांतूत लेगीत एक आशय आशिल्लो आमकां जाणवता. जे तरेन लेखकान हें नाटक कोंकणीन हाडलां, तांतूत भाशीक समरसताय आयिल्ल्यान मनोरंजनाचे नदरेन न्हय जाल्यार वैचारीक नदरेन लेगीत हें नाटक गिरेस्त थारता.

### 5.6.4 अर्थशास्त्र

नाटकाची धरती हेर कोंकणी नाटकां परस वेगळी आशिल्ल्यान नाटक चड प्रभावी थारता. जरी हें नाटक अनुसर्जन आसलें, तरी ताका कोंकणी भेसान न्हेंसयल्या उपरांत कोंकणीच्या वातावरणान आनी खासा गोंयच्या वाठारान हें नाटक कशें तगता हें म्हत्वाचें. जेन्ना कार्ल मार्क्स म्हणटा, ‘‘समाजाच्या तळा कडेन अर्थशास्त्र आसता’’, तेन्ना ह्या नाटकान लेगीत अभिव्यक्त जाल्लो समाज आर्थीक नदरेन स्वताक कसो सक्षम करता हें दिसून येता. वेवसायीक दृश्टीकोनान वास्को शाराचें चित्र लेखकान रेंखटायल्ल्यान साबार वेवसायांचें

केंद्र म्हूण वास्तवीक रित्या ह्या शाराची वळख फाव जाता. कामगार वर्ग दिसोवड्याच्या कामांक, बायलां शेतकामाक, जेटी आनी हार्बर सारक्या जाग्यांर लोक वावुरतात हाचें चित्रण सुरवातीक सुत्रधार दिता. देखून हें मॅट्रोपॉलीटन शार साबार वेवसायांचे केंद्र म्हणपाक जाता. पूण नाटकाच्या कथानकाच्या आनी पात्रांच्या आदारान नाटकाचो अर्थशास्त्रीय पावंड्यार अभ्यास करप गरजेचें.

नाटकान भिकारी संघटना स्थापन जाल्ल्यान भीक मागप हो ह्या संघटने खातीर वेवसाय जावन पडिल्लो दिसता. कारण तांच्या खातीर पैसो येवपाचें आनीक कसलेंच साधन ना. जरी आमी हो वेवसाय म्हणलो ना, तरी लोकां खातीर हेंच आर्थीक साधन जाल्लें आमकां दिश्टी पडटा. नुस्त्या मार्केटाचो संदर्भ नाटकान आयिल्ल्यान खंय ना खंय नुस्तेंमारी ह्या वेवसायान लोक जोडिल्ले आसात म्हणपाक जाता. पूण शार जाल्ल्यान थळावो लोक ह्या वेवसायान कितल्या प्रमाणान जोडिल्लो आसा हें सांगप कठीण. अँथनी गूंड जाल्ल्यान तेंच ताचें येणावळीचें साधन जाल्लें दिसून येता. सुरवेकूच जेन्ना सुत्रधार झिलाक वास्को शाराचें चित्रण सांगता, तेन्ना निमणेकडेन म्हणटा;

*1 सुत्रधार: झिला, अरे झिला चल या रांगेत उबो राव आनी बग भिकाऱ्यांचो टर्नओव्हर कसो*

*चलता तो.*

देखून हो एक वेवसायूच मानून हें नाटक मुखार गेल्ल्याचें आमकां दिश्टी पडटा. हांगासर लेखकूय तितल्याच प्रमाणान आपलें विशय प्रस्तुतीकरण करतना दिश्टी पडटा.

### 5.6.5 राजशास्त्र

नाटकांतली दोन मुखेल पात्रां अँथनी आनी रामा शेट्टी हे एके तरेन नाटकान आपलें वर्चस्व दाखयतना दिश्टी पडटात. एकलो आपल्या भंयवरवीं वेवस्था हाताळटा, जाल्यार दुसरो आपणे स्थापन केल्ल्या भिकारी संघटने मार्फत लोकांक आपल्या खाला दवरता. लोक आपल्या दडपणा खाला उरिल्ल्यान आपलें एक सुपुल्लें राज घडयल्ल्याचो हें पात्रांक दिसून येता. फक्त राजवटी वा प्रशासनूच न्हय, जाल्यार मनशां मदलेच मनीस केन्ना केन्ना हांतूत वर्तस्व सादतात. ह्या नाटकाच्या शेवटाक जी ज्ञाय वेवस्था अँथनीन केन्नाच पाळी ना, त्याच ज्ञाय

वेवस्थेचो मंत्री जाता. हांगासर लेखकान खंय ना खंय अँथनीक केंद्रस्थानार दवरुन वास्तवीक राजकारभाराचेर बडी मारिल्ली दिश्टी पडटा.

## 5.7 नाटकाचे निकश

तीन पैशांचो तियात्र हें नाटक एक आगळो वेगळो प्रयोग. संहितेच्या नदरेन नाटकाक साबार आयामांनी पळोवं येता. हे आयाम विशय प्रस्तुतीकरण तशेंच सादरीकरणाच्या नदरेन म्हत्वाचे थारतात. मूळ कृती जरी वेगळी आसली, तरी ज्या वातावरणान हें नाटक बसयलां त्या वातावरणाक तशेंच तांतूतल्या सूक्ष्म गजालींचें तितल्याच आत्मीयतायेन अध्ययन जावप गरजेचें. देखून कांय वेंचीक निकश हाताळून नाटकाच्या ह्या अध्ययनाक अदीक प्रगल्ब करपाचो यत्न केला.

### 5.7.1 संगीत

मनशांक मंत्रमुग्ध्द करपी आवडी मदीं संगीत ही एक म्हत्वाची गजाल. ह्या नाटकान संगीता वरवीं जायतो आशय लेखकान मांडला. कांतारा वांगडा नाट्यगितां, फिल्मांतल्या पदांच्यो चाली, प्रत्यक्ष पदां, विडंबन गितां, धालो, मंगलाश्टक सारक्यो गजाली नाटकान वापरल्या. हाका लागून प्रेक्षक नाटका कडेन अदीक प्रमाणान जोडून उरता. पूण हें करता आसतना लेखकान ज्या संदर्भांक धरुन हें संगीत केळयलां, तें भोव ओडलायणें आसा. सुरवेक दोनूय सुत्रधार येवन नमन आनी कांतारान सुरवात करतात. सुत्रधारां मदीं जायते संवाद अलंकारीक भाशेंतल्यान मांडिल्ले दिश्टी पडटात. तशेंच सुत्रधार झिलाक समजायता आसतना संगीत सौभद्र नाटकांतलो 'प्रिये पहा' ह्या नाट्यगीताचो बाज वापरुन 'रात्रीचा समय सरुनी येत उष:काल हा s s' ह्या वळींचो आदार घेवन सकाळच्या सुर्योदयाचें वर्णन लेखक करता. जेन्ना दामोदराच्या देवळाकडेन बायलां आनी दादले भीक मागतात, तेन्ना धालो ह्या लोकगिताचो वापर लेककान केला. देखीक;

*बायलो: येया बाये येया गे s s, भीक मागूंक येया गे s s*

*दामूबाब भितर बसला, आमी भायर रावया गे s s*

मुखार रामा शेट्टीचो जयजयकार करपी भिकारी रामा शेट्टीचें भजन तशीच प्रार्थना गायतात. हें भजन, प्रार्थना हिंदी गिताच्या चालीर रचिल्लीं आसा. देखीक; 'दे दे प्यार दे, प्यार दे' ह्या गिताचें 'दे दे भीक दे, भिक दे', 'हे

मालीक तेरे बंदे हम' ह्या गिताचें 'रामा शेट्टी तेरे चेले हम', 'प्यार हमें कीस मोड पे ले आया' ह्या गिताक 'प्यार हमें फीश मार्केट में ले आया' हे तरेन ह्या गितांचे शब्द वापरल्यात.

जेन्ना दोनूय सुत्रधार अपूरबायची फकाणां मारतात, तेन्ना यमकान संवादांची बांदणी लेखकान केल्या.

*1 सुत्रधार: नखत्रांची न्हेंसून साडी कोण आयल्या काय...*

*2 सुत्रधार: ही तर मला भूलोकींची मुळीच वाटत नाय!............*

देखून फक्त संवादांतल्यान पडपी प्रभाव अलंकारीत भाशेंतल्यान अदीक प्रमाणान पडिल्ल्याचे कळटा.

अँथनी सारकें पात्र 'माय नेम इज अँथनी गोन्सालवीस' ह्या सिनेगीतच्या चालीर आपली वळख सांगता. हें करता आसतना सिनेगित कोंकणींतल्यान मांडटा आसतना आपल्यो परस्पर गजाली पदांतल्यान व्यक्त केल्या. रामा शेट्टी जेन्ना सीतादेवी सयत अपूरबायविशीं उलयता, तेन्ना शेट्टी अपूरबायचेर दुबाव घेता. ह्या वेळार सीतादेवी संगीत संशयकल्लोळ ह्या नाटकांतलें 'संशय का मनी आला? कारण काय तयाला?' ह्या नाट्यगित गायता. देखून नाट्यसंगीताचो वापर फाव त्या जाग्यार मांडपाची कल्पनाशक्त लेखका मदीं आशिल्ली दिश्टी पडटा.

विष्णू वाघ हे संत साहित्याचे व्हड उपासक जावन आशिल्ले. साबार संतांचो प्रभाव तांच्या जिणेचेर पडिल्लो दिसता. नाटकान जेन्ना म्हारगायेक लागून नुस्तें खावपाचें बंद करपाची शाबूदाद (सुत्रधार) खंत उक्तायता, गोंयचे संत सोहिरोबानाथ आंबिये ह्या संतकवीन रचिल्ल्या 'हरी भजना वीण काळ घालवु नको रे' ह्या अभंगाक वास्तवीकतायेक धरुन विशयाच्या साजान बसयतना लेखक बरयता,

*कढी इस्वणाविण भात कालवू नको रे*

*कल्लीच्या काट्या भिऊनी जीवा*

*सुका जरी बांगडा हवा*

*शेंवट्याच्या घे तू जीव चाळवूं नको रे*

त्या भायर कांय संस्कृत श्लोक नाटकान वातावरणाक धरुन निर्मील्ले आसात. तांचो मूळ गाभो तसोच दवरुन तांकां एक वेगळेंपण दिवपाचो यत्न केला. देखीक,

| गुरुर्ब्रम्हा गुरुर्विष्णू गुरुर्देवो महेश्वरा<br>गुरु साक्षात परब्रह्म तस्मै श्री गुरुवेनम: | दुडूर्ब्रम्हा दुडूर्विष्णू दुडूर्देवो महेश्वरा<br>दुडू साक्षात परर्ब्रम्ह तस्मै श्री दुडूवेश्वरा! |
|---|---|

तशेंच कांय मंगलाष्ठकां नाटकान लग्नावेळार अंतरपाट धरतना आयिल्लीं दिश्टी पडटात.

नाटकान लग्न आनी काजार एकठांय चालु आसता, तेन्ना साबार विधीं कडेन आमचो परिचय लेखक करता. आनी ह्यो सगळयो विधी घडयल्ल्यो न्हय जाल्यार शास्त्रान जे तरेन ह्यो लग्नपध्तती जातात, त्या पध्दतींक धरुन लेखक बरयता. हाचो अर्थ लेखकाक दोनूय धर्माच्या शास्त्रांची बेस बरी जाण आसा. हाका लागून नाटकाक वर्चस्व फाव जाता. क्रिस्तांव धर्मांतलीं कांतारां आनी हेर पध्दती तितल्याच खरेपणान लेखकान मांडल्या.

त्या भायर कोरस गायता आसतना ‘कोंब्या शेव शेव’ म्हणटा तेन्ना बाकीबाबाल्या काव्याची याद जाता. तशेंच रामा शेट्टी आपणां विशीं सांगता आसतना हांव ‘वज्रमुष्टी!’ म्हणत स्वताची वळख करता, तेन्ना प्रकाश पाडगांवकार हांच्या ‘हांव मनीस अश्वत्थामो’ ह्या काव्याची याद जाता. अशे तरेन संगीताचो वापर करुन हें मल्टीलिंग्वल खतखतें विष्णू सुर्या वाघ हांणीं शिजयलां. हांतूतल्यान लेखकूय संगिताचो व्हड उपासक आशिल्ल्याचें सिध्द जाता.

### 5.7.2 सरकार, प्रशासन आनी शासन

ह्या नाटकान पळोवंक गेल्यार सरकार प्रशासन आनी शासन हांच्या भोंवतणी नाटक उबें जाल्लें दिसता. खंय ना खंय लेखकान ह्या नाटकांतल्यान बंडखोर विशयांचेर बडी मारपाचो निव्वळ यत्न केल्लो दिसता. जेन्ना लेखक वातावरणाची निर्मीती करता, तेन्ना त्या वातावरणान आपणाक अपेक्षीत आशिल्लो वाठार फाव तसो मांडपाचो यत्न तो करता. ह्या नाटकान एके काळावेल्या वास्को शाराचें चित्रण लेखकान मांडलां. हें करता आसतना त्या काळावेलें प्रशासन, त्या काळावेली ज्ञायवेवस्था तशेंच सरकारी मळ कशे तरेन एकंदर वेव्हार करताले वा चलयताले, हें लेखकान सांगपाचो यत्न केला. गुंडगिरीक लागून प्रशासन डळमळीत जाल्लें दिसता. हाकाच लागून शासन नियंत्रणान उरना. रामा शेट्टी, अँथनी सारकीं पात्रां समाजाक आपणाल्या ताब्यान

दवरुन राज्य करतात. निमणेकडेन जेन्ना अँथनीली खास्त माफ जाता आनी ताका नवें घडिल्लें सरकार मंत्रीमंडळान आस्पावीत करुन घेता, तेन्ना लेगीत आयच्या परिस्थितीन लेगीत आमचें शासन शिक्षितांच्या न्हय तर अशिक्षीतांच्या हातान आशिल्ल्याचें लेखक सांगपाचो यत्न करता. आयज आमची ज्ञायवेवस्था फांटीं पडिल्ल्यान आमी एका आगळया वेगळया समाजान कुड्डेंपण आनी भेड्डेंपण पांगरुन बसल्यात म्हणपाचो यत्न लेखक करता.

### 5.7.3 पात्रचित्रण

नाटकान रेंखटायल्लीं पात्रां आनी खासा गोंयच्या भेसांत न्हेसयल्ली पात्रां नाटकाक सोबा हाडटा. मूळ कृतीच्या स्वभावाक फाव शीं पात्रां आसात काय ना हो प्रस्न द्विमताचो आसूंक येता. पूण गोंयच्या एका म्हालाच्या वास्तवीक परिस्थितीक धरुन जीं पात्रां लेखकान उबीं केल्यांत ती तोखणायेस्पद जावन आसा. पूण नाटकान पळोवंक गेल्यार सगळयान म्हत्वाचीं पात्रां म्हळयार नाटकाचो दोनूय सुत्रधार. हे सुत्रधार परिस्थितीप्रमाण, काळाप्रमाण आपलें रुप बदलत आसतात. नाटकाच्या दरेका वळणार ते आपली छाप सोडटात. लोकां प्रमाणे आपलो स्वभाव, भास, वृत्ती हे सुत्रधार बदलतात. मुळांत हे सुत्रधार दोन धर्मांचें प्रतिनिधीत्व करत आशिल्ल्यान अदीक प्रमाणान तांची समरसताय दिश्टी पडटा. हे सुत्रधार भट आनी पाद्री जातात, गुंड जातात, पत्रकार जातात, आबुदाद-शाबुदाद जातात आदी. देखून नाटकाच्या मांडणे प्रमाण फाव तें रुप हे सुत्रघार आपणायतात. ते भायर हेर गौण पात्रां जशीं कोंबो, इक्बाल, मोटेलो, भिकारी, मेकपमॅन, जज आदी सगळे नाटकान तितल्याच प्रमाणान आपली भुमिका मुखार व्हरतात. नाटकान कांय पात्रांक चड व्हडली भुमिका नाशिल्ल्यान एक कलाकार दोन वा तीन पात्रां लेगीत हाताळपाक शकता हें लेखकान दिल्ल्या पात्रयेवजणे वरवीं कळून येता. मूळ ऑपेराच्या साचांतल्यान कांय पात्रां कुशीक दवरुन लेखकान आपल्या संवकळी प्रमाण पात्रांची मर्यादा थारायल्या. नाटकांतलीं पात्रां फक्त संवादां वरवीं उलयनात जाल्यार समाजाच्या वस्तुस्थितीचेर भाश्य करतात. खंय ना खंय काल, आज आनी फाल्यां ह्या काळांचो संदर्भ वाचक आनी प्रक्षकांक दिता.

### 5.7.4 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान

तीन पैशांचो तियात्र हें नाटक सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान जैतीवंत थारलां अशें नाट्य क्षेत्रांतले रंगकर्मी सांगतात. मुळांत 2000 वर्सा जेन्ना ह्या नाटकाचो प्रयोग जालो, तेन्ना हो एक जैतीवंत प्रयोग नाटकाच्या मळार थारलो. ह्या नाटकांतलीं पात्रां, नेपथ्य, संगीत, ध्वनी येवजण, उजवाडा येवजण फाव त्या प्रमाणान जावप गरजेची. तशेंच ह्या नाटकान किबोर्ड, ढोलक, ऑक्टोपॅड, तबलो, ध्वनीमुद्रक अशे जायते साथी कलाकारांची गरज आसा. नाटकान संगीत चड प्रमाणान आशिल्ल्यान हें संगीत साथी खूब म्हत्वाची भुमिका साकारतात. तशेंच नाटकांतलीं पात्रां हीं संगीता कडेन संवकळीचीं आसप गरजेचें. गीत, लय, ताल हाची जाण कलाकारांक नासत जाल्यार नाटकाचें सादरीकरण थंड पडपाक शकता. ह्या नाटकान रंगभूशा आनी वेशभूशा लेगीत तितलीच म्हत्वाची. भिकारी, अँथनी सारकीं पात्रांचीं रंगवण अपेक्षीत प्रमाणान जावप गरजेची. कारण रंगवणेवरवीं लेगीत तितलोच प्रभाव नाटकाचेर पडटा. ह्या सगळया गजालींतल्यान पळोवप्यां मदीं सौंदर्यानुभव निर्माण जाता.

सगळयान म्हत्वाचें म्हळयार नाटकांतल्या पात्रांचें आपणाक दिल्ल्या भुमिकेच्या भाशेंत समरस जावप गरजेचें. कारण कोंकणीच्यो साबार बोलयो आनी हेर भासांचो वापर नाटकान जाला. देखून ती भास आदीं तोंडार घोळप गरजेचें. तेन्नाच ती स्पश्टपणान व्यक्त जावंक पावतली. तशेंच एक पात्र दोन-तीन भुमिका करत आशिल्ल्यान पात्रांनी स्थीर रावप गरजेचें. तशेंच प्रसंगा प्रणान आपल्या भुमिकेन लेगीत फाव ते बदल हाताळप गरजेचें. ह्या नाटकांतले देखाव खूब कमी वेळान बदलतात जेणेकरुन नेपथ्याची कसोटी थारता. कथानकाचो सगळोच भाग नेपथ्य पुराय करुंक शकना. देखून दिगदर्शकाची कलात्मकता लेगीत तितलीच म्हत्वाची जावन आसा. लेखकान जरी विशय मांडलो आसलो तरी तो लोकां मेरेन कसो पावतलो हाचेर दिगदर्शक यत्न करता. ह्या नाटकाचो दिगदर्शक अश्टताशी आसप भोव गरजेचें. कारण जवळ जवळ कलेचे सगळेच प्रकार जेन्ना लेखक हाताळटा, तेन्ना तांका फाव तसो न्याय दिवपाक भोव जिज्ञासेची गरज आसता. देखून तीन पैशांचो तियात्र ह्या नाटकान दिगदर्शक हो नाटकाचो प्राण म्हणल्यार अतिताय जांवची ना.

प्रयोगाच्या नदरेन विचार करीत जाल्यार निम्नवेवसायीक रंगमाचयेर हें नाटक करप तितलें सोपें न्हय. कारण खर्च आनी हेर साधन सामग्रींचो विचार करीत जाल्यार खंयचीय संस्था सध्याच्या काळार ह्या नाटकाचे

निम्नवेवसायीक वा हौशी प्रयोग करपाक फाटीं फुडें जातली. पूण वेवसायीक रंगमाचयेर हें नाटक भोव प्रभावी थारुंक येता. ह्या नाटकाक आमी संगीत नाटक म्हणपाक शकनात कारण ह्या नाटकान हेर गितांच्या चालींचो वापर जाल्ल्यान नाटकान अस्सलपण फाव जायना. तशेंच संगीत नाटकाच्या कांय तत्वांक हे नाटक बसना. देखून एक निव्वळ दोन अंकी नाटक म्हणू येता. जसो जसो काळ मुखार वतलो तशे तशे नाटकाच्या सादरीकरणांत नवे बदल जायत वतले.

## 5.8 निश्कर्श

'तीन पैशांचो तियात्र' हो कोंकणी नाट्य मळावेलो आधुनीक आनी कणखर नाट्य प्रयोग. कॉमेडीयन डॅल आर्ट ह्या प्रकारांतल्यान हें नाटक स्पूरील्लें दिश्टी पडटा. ब्रेर्टोल्ट ब्रेश्ट हांच्या 'थ्री पेनी ऑपेरा' ह्या कृतीक गोंयच्या साजान बसोवपाचो येशस्वी यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. गोंयच्या प्रेक्षकाच्यो गरजो मतींत दवरुन नाटकाची बांदणी जाल्ली आसा. तियात्राची धरती वापरुन नाटकाचो गर्भ फुलोवपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिसता. ह्या नाटकान उद्देगीकरणाक लागून जाल्ल्या गोंयच्या लोकमानसाचो थाव दिश्टी पडटा. नाटकांत आकारा हाडिल्ले दोनूय सुत्रधार दरेका पावंड्यार मुखावेल्या घडणुकेची सुलूस दितात. लेखकान ह्या नाटकाक भौभाशीक खतखतें म्हणील्ल्या कारणान नाटकान भासदर्शन, बोलीदर्शन दिश्टी पडटा. नाटका वरवीं कोंकणी भाशीक वाठारांतल्या लोकांक एकठांय हाडपाचो यत्न केल्लो दिश्टी पडटा.

समाजशास्त्रीय नदरेन विचार करीत जाल्यार नाटकान भाशीक, धार्मीक आनी वेवसायीक एकवट दिश्टी पडटा. देवा-धर्माच्या नांवार मनीस जातीन मांडिल्लो अच्छेव दिसून येता. समाजीक संघर्शांत भुरग्यांक मेकळीक दिता आसतना आमी मर्यादा घालूंक विसरतात हाचेर लेखक खंत उक्तायता. वास्को शाराचो भेस नाटकाक दिल्ल्यान नाटकाक अदीक सोबाय फाव जाल्या. ह्या शाराचो समाजीक आनी सांस्कृतीक अभ्यास लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. समाजान खंयचीच गजाल शास्वत नाशिल्ल्यान मनशाचो समाजा कडलो, तशेंच खूद्द हेर मनशां कडलो संघर्श लेखक उक्ताडार हाडटा.

नाटकाच्या शेवटाक लेगीत सत्य सदांच भ्रश्टाचाराच्याच होटयेंत फळटा व्हय? हो प्रस्न लेखक मांडटा. जेन्ना अँथनी मंत्री जावन ताची ख्यास्त माफ जाता, हें केन्ना सामान्य मनशाच्या बाबतींत घडटलें व्हय? हाचेर लेखक चिंतन करता. अँथनी जेन्ना प्रस्न विचारता, कृष्ण इतलीं लग्नां करुन देव जाल्यार आपूण गुन्यांवकारी

कित्याक? तेन्ना नाटकांत लेखक स्वता हो प्रस्न प्रेक्षकांक विचारील्ल्या बशेन दिसता. पूण अँथनीक ह्या प्रस्नाची जाप दिवपाची जाल्यार, कृष्णान खंयच्या कारणाक लागून इतलीं लग्नां केल्लीं? हें जाणा जावन घवप म्हत्वाचें थारता. कृष्णान हेरांक आदार दिवंक, राज्यां वाचोवपाक बायलांक सांगात दिल्लो जाल्यार अँथनीन स्वताच्या तृप्ती खातीर हें कर्मकांड केल्लें. देखून कृष्णाच्या आनी अँथनीच्या करणेन मळबायेदो फरक आसा.

'थ्री पैनी ऑपेरा' जाणून घेत जाल्यार मूळ कृतींत जायतीं पात्रां म्हत्वाचीं आसात, जीं 'तीन पैशांचो तियात्र' हातूंत दिश्टी पडना. देखीक; मूळ नाटकान टायगर ब्राव्न (इस्पेक्टर पायमोडे) हाची धूव मॅक (अँथनी) कडेन लग्न जावपीची इस्ता परगटायता. पूण वाघ हांणी हें पात्र नाटकान हाडूंक ना. इतलेंच न्हय तर मूळ नाटकान सुत्रधर लेगीत खूप कमी प्रमाणान माचयेर आसता. लेखकान गोंयच्या प्रेक्षकाक कितें अपेक्षीत आसा, हाचो विचार करुन नाटकाची बांदणी केल्या. देखून अनुसर्जनाच्या न्हय, तर रुपांतराच्या फास्कें‍त हें नाटक बसता अशें म्हणचें पडटलें. ह्या मताक आदार दिवपा पासत शणै गोंयबाबालीं नाटकां म्हत्वाचीं थारतात. जर आमी शणै गोंयबाबान मॉलियराच्या नाटकांचें रुपांतर केलां अशें म्हणटात, जाल्यार ह्याय नाटकाक रुपांतरुच म्हणचें पडटलें. कारण लेखकान हांगासर स्वताच्या आनी गोंयच्या सोयीप्रमाण रुप दिवपाचो यत्न केला. लेखकाचो हो यत्न गोंयच्या मातयेंत फळादीक जातलो जाल्यार त्या मातयेचेंच रुप नाटकाक दिवप गरजेचें आसा आनी तेंच रुप दिवपाचो वाघ हांणी यत्न केला.

# प्रकरण 6

# पेद्रू पडलो बांयत: एक सत्याचो दिश्टावो


| | |
|---|---|
| 6.1 पेद्रू पडलो बांयत- विशय वळख | 6.3.4 राजशास्त्र |
| 6.1.1 कथानक | 6.4 नाटकाच्या घटकांक धरुन आदारिल्ले निकश |
| 6.2 नाटक आनी समाज | 6.4.1 संगीत |
| 6.2.1 नाटकांतलो सैम | 6.4.2 म्हणी-वाक्यप्रचार |
| 6.2.2 नाटकांतले वेवसाय | 6.4.3 भास |
| 6.2.3 नाटकांतली निज उतरावळ | 6.4.4 पात्रवेवस्था |
| 6.2.4 नाटकांतलें राजकारण | 6.4.5 नाटकाचो गूढ माथाळो |
| 6.2.5 नाटकांतली स्त्री व्यक्तीरेखा | 6.4.6 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान |
| 6.2.6 नाटकांतलो संघर्श | 6.5 निश्कर्श |
| 6.3 शास्त्रांच्या आदारान नाटकांचें अध्ययन | |
| 6.3.1 मानसशास्त्र | |
| 6.3.2 समाजमानसशास्त्र | |
| 6.3.3 अर्थशास्त्र | |

## 6.1 विशय वळख

आमच्या जिणेचो एक म्हत्वाचो भाग म्हळ्यार आमचें सरकार. आमी ज्या शारांत , ज्या देशांत रावतात, थंयची एकंदर वेवस्था सरकार चलयता. सरकारा बगर वेवस्था मुखार वचपाक शकना. देखून वेंचणुके वरवीं आमच्या प्रतिनिधींची निवड करुन समाजवेवस्था चालीक लागता. आदल्या काळार नितळ हेतान जन सामान्यां खातीर कसलीय गजाल करप हाका राजकारण अशें म्हणटाले. पूण जसो जसो काळ बदलत गेलो, तशें तशें राजकारण नवीन वळण घेवपाक लागलें. हें वळण राजकारणान घेतलें ना जाल्यार त्या वेवस्थेन आशिल्ल्या स्वार्थी प्रवृत्तीच्या लोकांनी घेतलें. स्वताच्या हिता मुखार सामान्यांचें हीत पळोवप कठील जालें देखून खंय ना खंय समाजाचो राजकारणाविशीं एक वेगळो दृश्टीकोन तयार जालो. आयज लेगीत चित्र कांय प्रमाणान तशेंच आशिल्लें आमकां पळोवंक मेळटा.

सरकारी कार्यालयांनी वचत जाल्यार सरकारी सुवेवस्थेचो स्वार्थी राजकारणाक लागून कशे बारा बिरेस्तार जाल्या तें पळोवंक मेळटात. अशें न्हय, सगळेंच सरकार हें स्वार्थी वृत्तीचें. अशे साबार जाण आसतले जे निश्ठेन आनी व्हडा एकाग्रतायेन वावुरता आसतले. पूण लोकमानसांत जेन्ना सरकार ही संज्ञा वापरप जाता, तेन्ना तेय बीन नकळत त्या गटान आस्पावीत जातात. पूण ह्या सगळ्याचो परिणाम जो सामान्य मनशाचेर जाता. जो मनीस आपलो दिसपट्टो वावर करुन सरकारी कार्यालयांनी आपल्या हक्काच्या गजालींची मागणी करता, त्या मनशाक खिणयाळ्या वेवस्थेक तोंड दिवचें पडटा. सरकारी ऑफीसांनी दिसपट्ट्यो जायत्यो फायली तयार जातात. ह्या फायलींचो दाळ खोल खोल जायत वता आनी ताची एक बांय तयार जाता. आपल्या काम जावपा पासत आयिल्लो मनीस ह्या बांयत पडटा आनी वयर सरपाक जायनाशिल्ल्या कारणान स्वताकूच बांयच्या सुवादीन करता. अश्याच आशयाच्या कथानकाक धरुन विष्णू सुर्या वाघ हांणी ‘पेद्रू पडलो बांयत’ हें नाटक रंगमाचयेर हाडलें. हें नाटक म्हणच्या परस लेखकान वास्तवीक तशेंच काल्पनीकतायेच्या आदारान गुंथील्ल्या सरकारी वेवस्थेचें यथार्थ दर्शन म्हणल्यार अतिताय जांवची ना. लोकगितां, जनपदां तशेंच परंपरेच्या पोडान ही नाट्यकृती लेखकान गुंथल्या. पुर्विल्या भारतीय नाट्यशैलीच्या आदारान तशेंच कांय प्रमाणान ताचे अवशेश नाटकांत मांडून नाट्यशैलीचें दर्शन घडयलां.

लेखक स्वता एक बंडखोर राजकारणी. राज्याच्या सुवेवस्था चालीक लावपा पासत कारण जावपी राजकारणी. देखून नाट्यकरणी आनी राजकरणी हे दोनूय पोड लेखकान ह्या नाटकान बेस बरे गुंथल्यात. आपल्या भोंवतणची वेवस्था आनी स्वताक सतावपी प्रस्न हांका शब्दबध्द करुन नाटकाच्या माध्यमांतल्यन हो विशय मुखार व्हरपाचो यत्न केला. राजकारण हें राज्या खातीर मुखार वचपाचें एक निव्वळ कारण जांवचें हो हेतू लेखकान बाळगिल्लो दिसता. नाटकान जना हें पात्र लेखकान केंद्रस्थानार दवरलां. पूण अशे कितलेशेच जना आशिकुशीक भोंवता आसतले हाचीय लेखकाक जाण आसा. देखून हें नाटक फक्त नाटक न्हय जाल्यार आमच्या भोंवतण्या वेवस्थेचें नितळ निवळ दर्शन. ह्या नाटकावरवीं राजकर्त्यां मदीं समाजकार्याची आत्मनुभुती जागोवपाचो यत्न केला. हें नाटक खंयतरी समजावेवस्था बदलपाचें कारण जांवये हो हेतू लेखकान आपल्या लेखनीय ताशणेन हाडपाचो यत्न केला.

**6.2 कथानक:**

'पेद्रू पडलो बांयत' हें नाटक सर्वसामान्यपणान भोंवतणच्या स्वार्थी राजकारणीय वृत्तीचेर बडी मारता. नाटक सुत्रधाराच्या माध्यमांतल्यान मुखार व्हरतना लेखकान समाज जिणेचीं विंगड विंगड तासां नाटकान मांडपाचो यत्न केला. त्या भायर राजकारण खूब लागींच्यान पळयल्ल्या आनी अणभविल्ल्या कारणान तांतूतल्यो बारकायो आनी प्रशासकीय कामांची निस्तरावणी करुन कल्पकतायेन नाटकाचीं सुत्रां जोडल्यांत. जना हो ह्या नाटकाचें मुखेल पात्र. जनाच्या सामान्य जिणेंत घडपी आनी घडोवन हाडिल्ल्यो घडामोडी लेखकान नाटकान मांडल्या. ज्योती कडेन जनाचो संबंद आयल्या उपरांत जनाच्या जिणेंत जाल्लें परिवर्तन लेखक दर्शायता. मळो घालून आपल्या दिसपट्ट्या जिणेक भुकेच्या उपासमारी सावन मुक्त करपाचो ध्यास जना बाळगिता. पूण राजकारण आनी प्रशासकीय वेव्हारांनी घुस्पून उरिल्लो जना आपल्या उण्या शिक्षणाक लागून कशे तरेन फसता हाचें चित्रण ह्या नाटकान जाल्लें आसा. ह्या नाटकान सरकारी कार्यपध्दतीचेर विडंबनात्मक भाश्य केल्लें दिश्टी पडटा.

ह्या नाटकान राजकारण ह्या विशयाक केंद्रस्थानार दवरुन वातावरण निर्मिती लेखकान केल्ली आसा. दामु सुरसुरो, मामलेदार, बिडीओ, तलाठी, ठकरवाल सारकीं पात्रां हाडून राजकीय तशेंच प्रशासकीय मळार सामान्य मनीस आपल्या उणाक बुद्दीक लागून कसो बळी पडटा? तशेंच उच्च पदावेले मनीस आपल्या पदाचो

दुरुपेग करुन कशे तरेन भश्टाचार करतात? हाची ज्वलंत देख म्हळयार पेद्रू पडलो बांयत. जेन्ना ज्योतीक जना कडेन लग्न जाल्या उपरांत जनान मारिल्ल्या फटीविशीं कळटा, तेन्ना जनाचो आदार जावन तें ताच्या बरबर रावता. ह्या दरम्यान जनाचो आकांत छळ जाता. पूण ज्योतीचो सांगात आशिल्ल्या कारणान केद्याय व्हड संकटाचेर मात करपाची शक्त ताच्या भितर आसता. जनाक मळया पासत बांय खणून दिवपाचें कंत्राटाचो खेळ वयल्या वयर खेळोवन सरकाराची आशिल्ली सामान्यांविशींची अनास्था लेखक हांगासर मांडटा. नाटकान जायतीं सिनेगितां, लोकगितां, नाट्यगितां, तशेंच हेर विडंबनात्मक गितांच्या आदारान व्हडा सुसुत्रतायेन नाटकाचो गर्भाशय मुखार व्हेल्लो दिश्टी पडटा.

नाटकान सुत्रधार व्हड भुमिका केळयता. गरज पडटा थंय हो सुत्रधार निवेदनाच्या माध्यमांतल्यान नाटकाच्या प्रसंगांक मुखार व्हरता. सुरवातीक स्वता लेखक माचयेर येता तेन्ना एका आगळया वेगळया प्रयोगाकडेन प्रेक्षक वर्ग समरस जाता. उपरांतचे नाटकांतले साबार टप्पे, तशेंच जनाच्या भोंवतणी घुंवपी नाटकाचें कथानक कितल्याशाच वायट प्रवृत्तींचेर बडी मारता. आमी ज्या ज्ञायवेवस्थेक मानतात, ती न्याय वेवस्था कोतवालांची न्हय तर चोरांची जावन पडिल्ल्याचोय भास जाता. रामा सारकें पात्र ज्योतीच्या पदरा फाटल्यान नाचता. हाचेवेल्यान बायलेच्या स्वातंत्र्याक बांद घालपाचो यत्न अजून चालु आशिल्ल्याचें कळून येता. निमणे कडेन जनाक ज्ञाय मेळटा. पूण अशे कितलेशेच जना समाजांत सरकारी चेंपणाखाला चेंपून उरल्या आसतले. ह्या सगळया जनांचो सोद हें नाटक घेता. लेखकान भोंवतणचे संदर्भ घेवन, गोंयच्या राजकीय क्षेत्राक स्पर्श करून उद्भवपी साबार निकश नाटकान मांडल्यात. जाय ते खेपे आमी पेद्रू पडलो बांयत अशें साबार अर्थान म्हणटात. पूण विष्णू सुर्या वाघ हांचो ह्या विशया कडेन आशिल्लो दृश्टीकोन जाणा जावन घेवप गरजेचें थारता.

### 6.3 नाटक आनी समाज

समाज ही संकल्पना नाटकांतल्यान बेस बऱ्या रितीन अभिप्रेत जांव येता. कारण नाटकान समाजाचीं फक्त आंगां न्हय, जाल्यार समाजाची विचारधारा, मुल्यां, सामाजीक चौकट ह्या गजालींक दृक-श्राव्य माध्यमांतल्यान मांडप शक्य जाता. समाज हो जरी व्यक्तींचो पुंजो आसलो तरी तांतूत व्यक्तींच्या सभावाची, तत्वांची भर लेगीत तितलीच गरजेची आसता. पेद्रू पडोल बांयत हें नाटक सामाजीक दृश्टीकोनांतल्यान खूब व्हडलो विशय गहन करी नासतना मांडटा. राजकारण हो समाजाचो भोव म्हत्वाचो भाग. राज्य चलपाचें तें

कारण जाल्ल्यान ताका राजकारण ही संज्ञा वापरतात. पूण हेंच जेन्ना राज्यांतल्या व्यक्तींच्या संघर्शाचें कारण थारता, तेन्ना समाजाचो अंदल्लो आवंडो लेखक आपल्या नाटकान मांडटा. जना हें पात्र नाटकान निर्माण करुन साबार खांची कोनशांनी आशिल्ल्या जनांचें प्रतिनिधीत्व लेखक करता. त्या भायर आयच्या समाजाक अभिप्रेत आशिल्ल्यो गजाली लेखकान नाटकांत सुचकतायेन मांडल्यात. गांवातल्या कश्टकरी वा अशिक्षीत लोकांचो समाजांत उच्च पदांचेर रित्त आशिल्ल्या लोकांकडल्यान जाल्लो छळ आनी ताका सामान्य मनीस आपल्या जिवीतांत कसो पचोवन घेता हाची फावशें चित्रण पेद्रू पडलो बांयत ह्या नाटकान केल्लें आसा. नाटकांतलो समाज पळयता आसतना समाजाचे विंगड विंगड आयाम जाणा जावप तितलेंच म्हत्वाचें. हे आयाम नाटकाचो सामाजीक दृश्टीकोनांतल्यान अभ्यास करता आसतना गरजेचे थारता. मुळांत ते समाजाचे घटक जाल्ल्यान समाजाची एकंदर हालचाल नाटकांत निर्मिल्ल्या वातावरणांतल्यान अभिव्यक्त जाता.

### 6. 3.1 नाटकांतलो सैम

नाटकान पळोवंक गेल्यार सैमचित्रण व्हडा आयामान जाल्लें दिश्टी पडना. जनाचो मळया भोंवतणचो परिसर नाटकान चड प्रमाणान दिश्टी पडटा. मळयाचो देखाव लेखकान मुखार दवरिल्ल्या कारणान सरभोंवतणचें एक चित्र दोळयां सामकार स्पश्ट जाता. मळयांतल्यो रोपयो, मळयाची वंय, चिबडां-कारात्यांची माटवी आदी. त्या भायर जना आपल्या मळयाचें तशेंच आपूण मळया पासत बांय खणपाविशींचें सांगता, तेन्ना जनाचो मळो सैमाच्या बेस बऱ्या आलाशिऱ्यान वसला म्हणपाचें कळटा. हे भायर पुराय नाटकान सैम तश्या प्रमाणान दिश्टी पडना. कारण नाटकाचो विशय आनी धरती एका वेगळया विशया कडेन केंद्रीत आसा. पूण लेखकान आपल्या सुत्रनिवेदनावरवीं यमकान काव्य गुंथून कांय प्रमाणान सैमाचें रुप स्पश्ट करपाचो यत्न केला. देखीक;

*चंद्रमळब जालां निळें चडत वता रात*

*नाटक खेळूंक तुमच्या मुखार आयल्यां आमी आज*

*वारो विण्टा कुपांनी रे*

*रंगयाळी फाती*

*पेटयत वता नखेत्रांच्यो, लक्ष चंदरज्योती..........*

ह्या नाटकान सैमाच्या चित्रणाची सया तशेंच अप्रत्यक्षरित्या काव्यमय पध्दतीन सैमाक होरायल्लो दिश्टी पडटा.

### 6.3.2 नाटकांतले वेवसाय

पेद्रू पडलो बांयत हें नाटक जरी राजकारणाक जोडिल्ली काणी आसली तरी नाटकांतलीं पात्रां समाजान वावुरता आसतना आपल्या दिसपट्ट्या जिणे खातीर तजवीज वा तडजोड करतना दिश्टी पडटा. नाटकांतले मुखेल पात्र जना. मळो करुन तवशीं, चिबडां, दुदी, वायंगीं, वाल आदी भाज्ज्यो पिकोवन आपलें पोट भरता. पूण जेन्ना मळ्याक दुकळ पडटा तेन्ना तो दुकळ नकळत ताच्या पोटार लेगीत पडटा. कारण हे वेवसाय उदकाचेर आदारुन आसात. पावस जरी कांय म्हयनेच पडटा आसलो तरी उरिल्ल्या म्हयन्यांनी मळे शिंपून काडचे पडटात. ह्या पासत सगळ्याच मळेकारां कडेन बांय आसताच अशी ना. देखून जनालो वेवसाय ताच्या कश्टांचेर तशेंच ताच्या खातीर आशिल्ल्या साधन सुविधांचेर आदारुन आसा. ज्योती पळोवंक गेल्यार एक नटी. आधुनीक काळार रंगमंचाचेर स्त्री भुमिका करपी कलाकारांक आकांत संद आसा. ह्यो संदी बायलो घेवन स्वताची आगळी अशी वळख घडयतना आमकां दिश्टी पडटा. ह्या भायर नाटकान जना आनी ज्योतीचो संबंद कसल्याच वेवसाया कडेन वा वेवसाय करतल्याकडेन येतना दिश्टी पडना. नाटकांतलीं हेर पात्रां सरकारी तशेंच प्रशासकीय कामांनी जोडील्लीं आसात. पूण खासगी वा पारंपारीक वेवसायांच्या नदरेन नाटकान कांय गजाली स्पश्ट जातना दिश्टी पडना. मुळांत नाटकांत सामाजीक वातावरणनिर्मिती करता आसतना समाजाच्या आंतरीक आगांचो आनीक अभ्यास जावप अपेक्षीत आशिल्लो जेणेकरुन जनाच्या भोंवतणचो समाज अभिप्रेत जातलो आशिल्लो.

### 6.3.3 नाटकांतली निज उतरावळ

विष्णू वाघ हांच्या नाटकाची सगळ्यांत व्हड जमेची बाजू म्हळयार तांणी आपल्या नाटकान वापरिल्ली शब्दावळ. ही शब्दावळ फक्त वाचनांतल्यान न्हय जाल्यार अनुभवांतल्यान लेगीत विकसीत जाल्ली दिश्टी पडटा. चड करुन समाजान जगता आसतना वाठारा प्रमाण उतरावळीचें स्वरुप बदलत गेल्लें दिश्टी पडटा. ह्या नाटकान लेगीत कांय उतरांकडेन लेखक आमची वळख घडयता. मळयान पिकपी नासणो, अळसांदे, कांदो,

चिबडां, तंवशीं, दुधी, काळंगां, मिरसांगो, चवळयो आदी भाज्ज्यांचो उल्लेख फाव जाता. त्या भायर कांय पुर्तुगेज शब्दां भितर कॉमेस, त्रातामेंत, इन्सपेक्सांव सारक्या शब्दांचोय उल्लेख फाव जाता.

### 6.3.4 नाटकांतलें राजकारण

नाटकाचो सगळयान म्हत्वाचो आनी गरजेचो विशय म्हळयार राजकारण. कारण ह्याच भोंवतणी नाटकाचें कारण लिपील्लें आसा. लेखकान ह्या नाटकावरवीं स्वार्थी राजकीय प्रवृत्तीचेर टिकात्मक भाश्य केल्लें दिश्टी पडटा. दामु सुरसुरो, तलाठी, ठकरवाल, बिडीओ, मामलेदार सारके उच्च पदांचेर रिक्त आशिल्ले लोक आपल्या पदाचो गैरवापर करुन सामान्य मनशाक कसो त्रास दितात, कसो छळ करतात ह्या गजालींचो आडावो लेखकान नाटकान मांडिल्लो दिसता. खासा ह्या पात्रांचें चित्रण आनी स्वभाववृत्ती एका विशीश्ट कटाव संवादांतल्यान तयार केल्ली दिसता. देखीक, विकासाच्या बाबतींत बिडीओ उलयतना म्हणटा;

*बिडीओ: आमी खंयच्याच गटाचो विकास करीनात. सगळ्यांत चड विकास आमी आमच्या पोटाचो करतात. या पोटाखातीर आमी कितें्य करतात. किदें्य पचयतात. लोकांच्यो गाळीलेगीत! हा हा हा ऽ ऽ ऽ...*

त्या भायर एके कडेन सुरसुरो म्हणटा, *"हांव राजकारणी. फटींगपणां करीनास्तना कदेल सांबाळूंक जाता?*

देखून राजकारणाची व्याख्या आयज पुराय पणान बदलिल्ली दिश्टी पडटा. स्वताच्या सोयीप्रमाण राज्यकर्ते समाजाच्या विकासाचो आंवाट थरयतना दिश्टी पडटात.

नाटकान सुरवातीक लेखकान स्वता लेखक हें पात्र माचयेर हाडलां. ह्या वेळार गोंयच्या राजकीय क्षेत्राची दखल लेखक घेतना दिश्टी पडटा. हांतूंत मनोहर पर्रीकारचो लेखक नकळत उगडास करता. मुखार जनाल्या बांयचो प्रस्ताव घेवन सरपंच दामु सुरुसुऱ्याकडेन ज्योती मांडटा, तेन्ना तांतूत लेगीत सरपंच आपल्या फायद्याचें बीं सोदता. बांय मार नासतना बांयचे हफ्ते घेवन जनाक पिश्यान काडून आपलीं बोल्सां भरतात. हांगासर हे फक्त नाटकाचो कथानक न्हय, जाल्यार वास्तवीक समाजस्थिती. लोकांल्या उणाक शिक्षणाचो वापर करुन राज्यकर्ते कशे आपले हेतू सादयतात हें नाटकान दिश्टी पडटात. त्या भायर सत्य उक्ताडार पडटा तेन्ना आपलेंच

खरें कशें करुन दाखोवप ही कला निमणे कडेन लेखकान पात्रांच्या स्वभावान मांडल्या. राजकारणाखाला प्रशासन कशें पेजान उरता हाचोय पाठपुरावो लेखक नाटकान करता. देखीक;

*सुरसुरो; आगो हांव पालाशीन .ता म्हुणोन कळ्यार पुरो. मंत्री येवन दारार रावतात.*

देखून राजकारणांतली लाचारीय कांय प्रमाणान स्पश्ट करपाचो यत्न लेखक करता. जुवीज आनी आदोवगाद हांची नाटकान निमणे कडेन भुमिका दिश्टी पडटा. हांगासर राजकारणाक धरुन एक गजाल स्पश्ट जाता ती म्हळयार आमची न्याय वेवस्थेक आयज लेगीत लोक मानतात. जर समाजान कोणूच कोणालीय गजाल आयकना, जाल्यार कोर्ट ज्ञाय दितलो ही भावना लोकां कडेन आसा. देखून हें नाटक एके तरेन ज्ञाय वेवस्थेविशीं लोकांक सकारात्मक दृश्टीकोन भेटयता. पूण नाटकान जसो सुत्रधार जनाक वाचयता, तशेच आनीकूय सुत्रधार समाजान तयार जावचे हो हावेस लेखक बाळगितना दिश्टी पडटा. लेखक स्वता राजकारणी आशिल्ल्यान राजकीय क्षेत्रांतल्यो घडामोडी आनी तांकां धरुन उप्राशिल्ल्या बारीकांतल्या बारीक संदर्भांक नाटकान मांडटा. जी न्याय वेवस्था चालीक लावपा पासत सरकारान कायदे केल्यात, त्याच कायद्याचो गैरवापर करुन भ्रश्टाचार केळोवपी राजकर्त्यांचें चरीत्रात्मक दर्शन ह्या नाटकान घडिल्लें दिश्टी पडटा.

### 6.3.5 नाटकांतली स्त्री व्यक्तीरेखा

ह्या नाटकान एकूच स्त्री पात्र दिश्टी पडटा तें म्हळयार ज्योती. मुळांत ज्योती ही एक नटी. सामान्यतायेन आदल्या काळार बायलांक नाटकांनी भुमिका करपाक मेळ नाशिल्ली. पूण काळा प्रमाण हें चित्र लेगीत बदलत गेलें आनी बायलां व्हडा आत्मियतायेन नाटकांनी, माचयेर वावरुंक लागलीं. ज्योती कांय प्रमाणान त्याच वातावरणांतल्यान उबें केल्लें पात्र. रंगमाचयेर काम करता आसतना ताची वळख जना कडेन जाता. जनाल्या निर्मळ स्वभावा कडेन तें लागीं येता आनी ताच्या मोगान पडटा. पूण ज्योती बरबर सदांकाळ सांगाता आशिल्लो रामा ज्योतीच्या संवसारा आड आशिल्लो दिश्टी पडटा. ज्योतीच्या पावलाक पावल दिवन रामा ताच्या बरबर आशिल्लो दिश्टी पडटा. देखून मेकळेपणान जगपाचें स्वातंत्र्य ज्योतीक तितल्या प्रमाणान फाव जाल्लें दिश्टी पडना. जना कडेन लग्न जाल्या उपरांत जनाल्या बांयचें सत्य कळया उपरांत लेगीत ज्योती जना बरबर रावता. जेन्ना जनना रजिस्टर लग्न करचें पडिल्ल्या संबंधान खंत उक्तायता, तेन्ना ज्योती म्हणटा, "बरें जालें. खर्च वाटावलो." देखून बायले कडेन संवसाराची केदीय व्हडली जापसालदारकी दिली जाल्यार ती

हांसत ती पेलता. दामु सुरसुरो जेन्ना ज्योती कडेन लंपटपणा करपाचो यत्न करता, तेन्ना जना थंय पाविल्ल्या कारणान दामु सुरसुरो ज्योतीचेर आगळीक घालपाचो यत्न करता. सहजा आमचो समाज असल्या बाबतींत बायलेक गुन्यावकारी मानता. पूण हांगासर ज्योती सांगाता उबो रावन जना आपल्या बायलेचेर आशिल्ल्या विश्वासाची गवाय दिता. तशेंच केद्याय व्हड संकटांतल्यान वाट सोडून काडपाचेंय धाडस बायल बाळगित. निमणे मरेन ज्योती जनाचो सांगात सोडीना. नाटकाची एक खाशेली गजाल म्हळयार जेन्ना जेन्ना ज्योती भुमिकेन रिगून मराठी संवाद उलयता, तेन्ना तेन्ना ते संवाद ताच्या त्या वेळावेल्य विशय प्रस्तुतीकरणाक फाव तसो आदार करतात. ह्या नाटकान स्त्री भुमिका जरी फाव त्या प्रमाणान नाशिल्ल्यो, तरी ज्योती हें पात्र वेदना तशेंत संवेदना जागोवन वतात. पेद्रू पडलो बांयत ह्या नाटकान लेगीत हेंच पळोवंक मेळटा.

### 6.3.6 नाटकांतलो संघर्श

मनशाचो/ समाजाचो संघर्श हो अनंतकालीन आसा. ह्या नाटकान पळयत जाल्यार जना संघर्शाच्या जाळयान घुस्पल्लो आसा. ताचो वेवसाया कडलो संघर्श, प्रशासना कडलो संघर्श तशेचं मानसीक संघर्श नाटकान ठळकपणान दिश्टी पडटा. खंय ना कंय जनाचें उणें शिक्षण, ताचो शांत सभाव ताच्या ह्या संघर्शाचें कारण थारता. समाजाक दुसऱ्यांच्या खुस्तार आपलें सादोवपी जायते जाण आसात. ह्या लोकांक सामान्य मनीस बळी पडटा आनी आपल्या जिवीताक खेपता. मळो करुन पोट भरपाचो नितळ निवळ हावेस जना बाळगिता. पूण ताच्या ह्या हावेसाक सरकारी फाटबळ जाय आशिल्ल्यान जना भोंवतणीं जायतीं बंदनां तयार जातात. जना आड तयार जाल्ल्या जायत्या आडमेळयांक लागून कंटाळून जना देवाक होरायतना म्हणटा,

*जना: देवा आरे तूं हें मोन्यानी कशें पळयता? या फटकीऱ्यांचेर एक तरी जोगूल घाल आनी तेंचो गोबोर कर.*

जनाची सांगातीण ज्योती आपल्या कुंकमाच्या तिब्याक लागून झडटना दिश्टी पडटा. आपल्या घोवाचो गैरफायदो घेवन ताचो मानसीक रितीन छळ जातना ती पळयता. “मोव थंय खणप ही संवसाराची रीत” ही गजाल ज्योती जनाक पटोवन दिवपाचो यत्न करता. आपल्या परीन जायत्यो आडमेळी पयस करपाचो यत्नूय करता. पूण पैशांच्या मुखार स्वाभिमान दिमी मारता हें सत्य जावन नाटकान होलमता. आमचो समाज फटकीऱ्यांच्या हातांत सत्ता दिवन, चोरांच्या हातांत वेव्हार दिवन बसला आनी आमी सगळे हें नाटक जाल्ल्यावरी पळयत आसात ही खंत घडये लेखकाक आसा. पैशांच्या मुखार आमी मनीसपण विसरल्यात.

ना जाल्यार जनाची ही अवतीकाय जावंक पावची नाशिल्ली. मनशाच्या मुळाव्या गरजां मदीं उदक हें भोव म्हत्वाचें. पूण ह्या भायर समाजान मनशा मनशाक सगळ्यांत चड म्हत्वाची गरज भासता ती आदाराची. हो आदार खंयच्याय रुपान आंसु येता. त्या आदारा खातीर मनशाक संघर्श करचो पडपाक जायना. त्या भायर लोकांचो न्यायवेवस्थेवेलो विश्वास टिकोवन दवरपाक सरकारी कर्मचाऱ्यांनी वावुरपाक जाय. पूण नाटकांतल्या वातावरणाचो अंदाज घेत जाल्यार आयज मुखार लोकां मदीं विश्वास जागृत दवरपाक सरकाराक संघर्श करचो पडटलो. देखून हें नाटक समाजीक संघर्शाच्या विंगड विंगड फाट्यांक वाचा फोडटा.

## 6.4 समाजीक शास्त्राच्या नदरेन नाटकाचो अभ्यास

'पेद्रू पडलो बांयत' ह्या नाटकान एका गांवगिऱ्या समाजान दिसपट्टी जीण जगपी जना मळेकाराली जीण चित्रायल्ली दिश्टी पडटा. आपल्या वेवसाया पासत तांणे केल्लो संघर्श तशेंच जिवीताच्या देरका पावंड्यार ताका आय्गिल्लो अनुभव लेखकान ह्या नाटकान मांडला. समाजान राजकारण हो म्हत्वाचो घटक. पूण ह्या घटकाची समाजीक रित्या तर्कशुध्द निस्तरावणी करता आसतना समाज जिणेचेर जाल्लो परिणाम लेखक नाटकान दर्शायता. ह्या नाटकांतलो समाज पळोवंक गेल्यार दोन तरांनी दिश्टी पडटा. एक म्हळयार कश्ट करुन जगपी आनी दुसरो म्हळयार उपेक्षीत वर्गाच्या अशीक्षितपणाचो फायदो घेवन आपल्या जिणेक पाजर फोडपी लोकांचो. हांगासर दुसरो समाज स्वताच्या हातान सत्ता, संपत्ती वा पद आशिल्ल्यान आपणाक जाय तसो समाजांतल्या लोकांची जीण थारायता. पूण ह्या नाटकान समाजाक आदारुन आशिल्ल्यो आनीकूय जायत्यो गजाली अभ्यासप गरजेचें थारता. देखून कांय वेंचीक शास्त्रांचो उपेग हांगासर करप म्हत्वाचें थारता. देखीक;

### 6.4.1 मानसशास्त्र

मनशाचें आंतरीक मन भोव संवेदनशील आसता. मनीस जसो वागता, जें करता, जें करना, जें करपाक सोदता तें सगळें ताच्या मनाच्या बसकेचेर आदारिल्लें आसा. मुळांत, खंयच्याय साहित्यकृतीची योग्य अर्थप्राप्ती करपा पासत मानसशास्त्रीय दृश्टीकोन वापरप गरजेचें थारता. कारण केन्ना केन्ना त्या कृतींतली पात्रां स्वता भितर गूढ आसतात. तांचें आंतरीक रुप बाह्य रुपा परस वेगळें आसता. पेद्रू पडलो बांयत ह्या नाटकान दामु सुरसुरो (सरपंच) हें पात्र लेगीत सुरवातीक कांय प्रमाणान वेगळें रुपाचें आशिल्ल्याचें स्पश्ट जाता. पूण उपरांत जनाच्या सगळ्या संघर्शाक खंय ना खंय दामु कारण थारता. मुळांत स्वताचें तशेंच हेरांचें पोट भरपा पासत

जनाचो उपेग जाता. देखून मनीस दुसऱ्या मनशाक आपल्यो गरजो पुराय करपाचें नकळत साधन जाता. ज्योती एक नटी आसता खरी पूण सदच्या जिवीतांतूय रंग बदलपी न्हय. जनाच्या मळयाची येवजण सरपंचा कडल्यान तें पास करुन घेता. खंय ना खंय ज्योतीक जनाच्या सादेपणाची जाण आशिल्ल्यान ताका पावला कणकणी सादूर करता. जेन्ना ज्योती जनाक ताच्या खासगी जिणेविशीं विचारता, तेन्ना जना म्हणटा;

*जना: जल्माक येयलो तेन्ना आवय मेली. दोन वर्सांनी बापूय गेलो. ना भाव ना भयण. हांव एकलोच नांवाडगो. मायेचो हात फाटीवयल्यान कोणेंच भोवंडायलो ना. झाडा आदार घेत वाल वयर चडटा तसो हांवूय बी वाडलो गांवचो आदार घेयत. शाळेन गलों म्हूण कोणें तोखणाय केली ना. शाळा सोडली तेन्ना तर कोणें तापयलो ना. शाळा सोडली आनी मळ्याक जीण ओंपली. आतां मळो म्हळ्यारुच म्हाजें घर. दुधी, वाल हेच भाव आनी तंवशीं, घोसाळीं ह्यो भयणी.*

देखून खंय ना खंय ल्हानपणांतल्यान जी माया, आदार मनशाक जाय पडटा, तें कांयच जनाक फाव जालें ना. ताका लागून घडये आयज जनाची ही अवतीकाय जाल्ली दिश्टी पडटा. पुराय नाटकान जनाचो मानसीक छळ जाल्लो दिश्टी पडटा. हो छळ रक्ताच्या घाव्यां परस चड त्रासदायक आसता. कायदेशीर रित्या जनाक फाव जाल्ले पंचवीस हजार जनाचो फक्त मळो न्हय जाल्यार संवसार लेगीत चालीक लावपाक शकताले. पूण ताका नागोवन केल्ली पयशांची विभागणी ताच्या ह्या सपना आड येता. ज्योतीचो देरका प्रसंगांत जनाक फाव जाल्लो सांगात जनाक मानसीक रित्या आदाक करता. आनी होच आदार जनाक आपल्या हक्काची लडाय मुखार व्हरपाक बळगें दिता. मुळांत बायलेचो सांगात दादल्याक आसत जाल्यार दादलो संवसारांतलें व्हडल्यांतलें व्हडलें किजील पयस करुंक शकता हें आमकां ह्या नाटकांतल्यान कळटा. मनशाची खंयच्याय गजालीकडेन पळोवपाची नदर नितळ आसत जाल्यार मनीस आपली मुखावेलें तारु धाडसान वल्लोवंक शकता.

### 6.4.2 समाजमानसशास्त्र

समाज हो आमच्या जिवीताचो अविभाज्य घटक. आमची दरेक हालचाल, दरेक करणी समाजाच्या निश्कर्शाचेर आदारिल्ली आसा. आमच्या जिणेंत समाजाक सर्वोच्च स्थान आशिल्ल्यान सदांच आमकां

मनान एक भंय उरता. आमी जें करतात, तें समाज कशे तरेन घेतलो हाची दूगदूग मनशाक सदांकाळ आसता. पेद्रू पडलो बांयत ह्या नाटकांत चित्रायल्लो समाज भोंवतण्या वातावरणाक लागून पिडेस्त जाल्लो दिश्टी पडटा. कसलेंय सरकारी काम आसत जाल्यार तें सरळ मार्गान केन्नाच जायना हें लोक आपल्या मनांत फिट्ट बसोवन आसात. जनाचें कवळें मन भोंवतणची परिस्थिती पळोवन सरपंचाक जेन्ना प्रस्न करता "मामा, अशींच आसता रे सरकारा कामां?", तेन्ना सरकारविशींची एक वेगळीच मानसीकता लोकांमदी तयार जाल्ली आमकां दिश्टी पडटा. हांगासर ह्या संवादांतल्यान जना थकिल्ल्या भागिल्ल्या समाजाचें प्रतिनिधीत्व करतना दिश्टी पडटा. नाटकान सुत्रधार हें पात्र कांय प्रमाणान हाचें स्पश्टीकरण आपल्या काव्य संवादांवरवीं दितना दिश्टी पडटा.

*सत्य हांगा चलना.....चलना...*

*फटींगपणाचो आदार नास्तना*

*भाग्य तुजें फुलना....फुलना....*

ह्या सारकें काव्य लेखक वापरता. देखून समाजांतल्या दरेकल्याक हें सत्य लागू जातना दिश्टी पडटा. समाजान अशे कितलेशेच जना न्यायाच्या सोदान भोंवता आसतले. पूण सगळ्यांक सुत्रधार येवन पावना हेंय बीन तितलेंच खरें. देखून समाजाचें मानस समजून घेवपी वेवस्था निर्माण जावपाचो हावेस लेखक बाळगिता. तशेंच समाजान देवाक सगळेच जाण भितात. जेन्ना कोर्टान जनाचेर खटलो चालु जाता, तेन्ना जना म्हणटा;

*जना: कटमगाळी दादाच्यान खरें उलयतलों. फट उलवंचीना. फट उलयता तेजी जीब झडटली.*

देखून आपल्याचेर जाल्ल्या अन्यायाचो बदलो देव तरी घेतलोच ही मानसीकता समाजामदीं सदांकाळ आसा. पूण समाजीक पावंड्यार जावपी शोशीतांची व्यथा आनीक बऱ्या पध्दतीन व्यक्त जावपा पासत नाटकान आनीक पात्रांची गरज आशिल्ली. हांगासर जना समाजीक दृश्टीकोनांतल्यान कितले उमाळे व्यक्त करतलो हो प्रस्न पडटा. समाजमानस हें व्यक्तीकेंद्रीत न्हय जाल्यार समूहकेंद्रीत जावन आसा. देखून ह्या नाटकान जनाक मुखार काडून राजकीय दृश्टीकोनांतल्यान समाजाची विचारधारा स्पश्ट करपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा.

### 6.4.3 अर्थशास्त्र

ह्या नाटकान अर्थशास्त्राचें अध्ययन करप समाजीक नदरेंतल्यान भोव म्हत्वाचें थारता. दरेक मनीस आर्थीक नदरेन सक्षम जावंक सोदता. मनशाची परिस्थिती कितलीय वायट आसली तरी तो आपलें आर्थीक नियंत्रणाची बसका थाटता. नाटकान पळोवंक गेल्यार जनाक पैशांची भोव गरज आसता. कारण ताणें जायत्यो गजाली येवजून दवरल्यात. जेन्ना सरपंच ताका ह्या विशीं विचारता, तेन्ना तो म्हणटा;

*जना: हय तर. बांय खणोन जायना फुडें हांव तिजेर पोंप बसयतलों. सबंद मळ्यान उदक खेळयतलो. वरसाक तीन-तीन पिकां घेतलो. नासणो, अळसांदो, बिकणां, कांदो, मिरसांग, तवशीं, चिबडां, काळंगा खूब्ब कितें पिकयतलों. तें बाजारान व्हरुन विकतलों. म्हाका पैशे गावतले. उप्रांत एक पिकप घेतलो. पिकपीन माल भरुन फोंड्यां, म्हापशां, वाळपय बाजारांनी भोंवतलों. जोडूच जोड. मागीर हांव एक सोबीत घर बांदतलों. माळयेचें. एक मोटार घेतलों. मागीर लग्न करतलों. भुरगीं जातलीं. तेंकां मोटारींतल्यान शाळेन पावयतलो. बायलेक घेवन वेळेर भोंवपाक वतलो आनी मागीर...आनी मागीर...*

देखून मळयाच्या पैशांचेर जना कितली व्हड वेवस्था करता तें दिसून येता. ताच्या फुडाराचें आर्थीक नियंत्रण तो करता. देखून सामान्य मनशा खातीर ह्यो येवजण्यो, हे पैशे कितले म्हत्वाचें तें आमकां दिसून येता. जेन्ना जनाच्या लग्नाचो प्रस्न येता, तेन्ना लेगीत जनाची तयारी आर्थीक स्थितीचेर अडून उरता. तो म्हणटा;

*जना: पूण अजून म्हाका बांय खणपा आहा...मळो शिंपपाचो आहा... बाजारा म्हाल व्हरपाचो आहा, दुडू जोडपा आहा. हांव इतल्या बेगीन लगीन जांवपाचो ना.*

हाचेवेल्यान सामान्य मनशाची आर्थीक वेवस्था आमकां ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. त्या भायर गांवान आनीकूय जायते वेवसाय लोक करतात अशें म्हणपाक नाटकान पुरक संदर्भ फाव जायनात. ज्योती नाटकांनी भुमिका करुन कलेच्या माध्यमांतल्यान येणावळ जोडटा. बायल स्वावलंबी आशिल्ल्याचें एक समाधानकारक चित्र नाटकान रेंखटायल्लें दिश्टी पडटा.

### 6.4.4 राजशास्त्र

राजकारण हो नाटकांतलो मुखेल केंद्रबिंदू आशिल्लो आमकां दिश्टी पडटा. मंत्री हें पात्र आपल्या स्वार्थी प्रवृत्तीचें दर्शन घडयता आसतना समाजाक कशे तरेन छळटा, हाची देख ह्या नाटकान फाव जाता. सरकारा मार्फत लोकां खातीर आशिल्ल्या साधन सुविधांचो वापर जेन्ना समाजकर्तें स्वता पासत करतात (देखीक; दामु सुरसुरो, बिडीओ, मामलेदार आदी), तेन्ना समाजाचो वेवस्थेवेलो विश्वास नानपश्चात जाता हें दिसून येता. समाजकार्य करपी लोक लोकांच्याच पैशांचो सवदो करुन लोकांलीच जीण पावणेर काडटना नाटकान दिश्टी पडटा. ह्या नाटकान लोकांच्या जिवीता सयत मानसीकतेचेर लेगीत राज्य केल्लें आमकां पळोवंक मेळटा.

## 6.5 नाटकाच्या घटकांक धरुन आदारिल्ले निकश

पेद्रू पडलो बांयत हें नाटक साबार आयामांनी पळोवं येता. कारण एक वेगळी शैली, वेगळें तंत्र नाटकान वापरिल्ल्या कारणान नाटकांतल्या कांय म्हत्वाच्या बाजूंचेर भाश्य करप म्हत्वाचें थारता. देखून नाटकाक उंचेल्या स्थरार व्हरपी कांय निकशांचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला.

### 6.5.1. संगीत

विष्णू सुर्या वाघ मुळांत एक संगीत प्रेमी. तांच्या नाटकांनी संगीत नाटकाचो प्राण जावन मुखार येता. संगिताचें तंत्र नाटकाक वापरलें काय नाटक अदीक पकदस्त जाता. लोकसंगीत, नाट्यसंगीत, सिनेसंगीत सारके प्रकार नाटकांनी हाताळपाक विष्णू वाघाचो हात धरपी दुसरो लेखक कोंकणीच्या मळार ना. कारण त्या गिताक लेगीत विशयाचो साज कसो चडोवचो हें वाघ हांचे कडल्यान शिकचें. नाटकाच्या सुरवातीक सुत्रधार आनी कोरस येवकाराचें गीत गायतात. ह्या गितांतल्यान रंगदेवते सयत सैमदेवतेक लेगीत लेखक होरायतना दिश्टी पडटा. उपरांत संगीतांतलो साकी हो प्रकार लेखक सुत्रनिवेदनान वापरता. देखीक;

*हातान धल्ला सूत हांवें सबंद या नाटकाचें*

*म्हज्या मर्जीप्रमाण सगल्या बावल्यानी नाचपाचें*

*उखलतां नाटकाचो भारs s s*

लेखक कुंडयच्या तपोभुमिवेल्या ब्रम्हानंद स्वामीचे व्हड शिश्य आशिल्ले. थंय आसतना तांची प्रवचनांनी रुची वाडली. तेन्ना व्हड  संतांचे, स्वामींचे श्लोकांक आपलो साज चडोवन ते लोकां मुखार मांडपाक लागले. देखीक;

*समर्थ रामदास स्वामी म्हणटात,*

*मुख्य हरिकथानिरुपण*

*दुसरे ते राजकारण*

*तिसरे ते सावधपण...सर्वविषय़ी*!

देखून संवसाराचें सत्व समजता आसतना समाजांतलेंय सत्व समजावन सांगपाचें काम लेखक करता. मुखार लेखक निखणदार ह्या जागरांतल्या पात्राचो वापर जना मळेकाराक उध्देशून म्हणटा. देखीक;

*आला मळेकार सभे केला नमस्कार...*

*आला मळेकार सभे केला नमस्कार.*

हांगासर खंय ना खंय जना बुध्दीन थोटो आशिल्ल्यान ताची निखणदार ह्या जागरांतल्या पात्राच्या चालीर नाटकान वळख घडटा. लेखकान जो जो लोकप्रकार नाटकान वापरला, ताका उध्देशून कसलो तरी विचार हांगा रुजोवपाचो यत्न केल्लो दिश्टी पडटा. हेच तरेन धालो, मुसळनाच, देखणी गीतांची देख घेवपा जाल्यार;

| (मुसळनाच) | (धालो) | (देखणी नाच) |
|---|---|---|
| फुडल्यान खळखळ चमच्यांचो<br>फाटल्यान सळसळ पयशांचो<br>मंत्री आमच्या गोंयचो<br>सोयऱ्यांची पोटां भरपाचो! | घाट निमणी वाजू लागे<br>घाट निमणी वाजे रे<br>नाटक संपवूनी<br>लोक घरी जाती रेs s s | चलता चलता हाका आमी लुटलो<br>हफ्तो लाटलो काबार पोटलो<br>दिले फक्त पाचशींs s s<br>हांव सायबा लुटूंक वयता<br>सुरसुरें पेटवंक वयता<br>म्हाजें सायबा पोट भरना..... |

देखून ह्या लोकगितांचो वापर पुरक अश्या पध्दतीन लेखकान नाटकान केल्लो दिश्टी पडटा. त्या भायर मराठी सिनेगितांचोय वापर लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. तशेंच ‘या या मयां या’, ‘म्हजे राणी म्हजे मोगा’  ह्या

फामाद गितांक स्वताच्या उतरांनी शब्दबध्द करुन नाटकाक रंग चडोवपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. ह्या भायर भारुण हो गायनाचो प्रकार नाटकान दिश्टी पडटा. हाकाच जोडून संगीत स्वयंवर ह्या नाटकांतलें 'नरवर कृष्णा समान' ह्या नाट्यगिताच्या चालीर लेखकान आपल्या शब्दांनी विडंबन काव्य प्रस्तूत केलां. देखीक;

| (भारुड) | (नाट्यगीत) |
|---|---|
| जनाच्या मळयाचेर<br>जमले पाच कोले<br>चार नाडपी रे<br>एक खरोच ना<br>खरोच ना खरोच ना खरोच ना...... | सत्य हांगा चलना.....चलना...<br>फटींगपणाचो आदार नास्तना<br>भाग्य तुजें फुलना... फुलना...<br>मंत्री जांव तो जांव अधिरारी<br>सदांच आपली बोल्सां भरी<br>हार उतरांचे घातले ना |

त्या भायर कातार, गजर, शिमगो, भारुड सारक्या गितांचो प्रकार नाटकान बेस बरे तरेन आयिल्लो दिश्टी पडटा. मुळांत हाका लागून प्रेक्षक नाटका कडेन चड लागीं येता. काळाची गरज पळोवन हें नाटक बरयल्ल्या वरी दिसता. ह्या गितांच्या चालीक स्वताचे शब्द घालून आपणाक मांडपा आशिल्लो अर्थ प्रगटावन विशय अभिप्रेत करपाचो यत्न लेखकान ह्या नाटका वरवीं केल्लो दिश्टी पडटा.

### 6.5.2. म्हणी-वाक्यप्रचार

ह्या नाटकाची खाशेलताय म्हळयार ह्या नाटकान म्हणी ओपारांचो उपेग लेखकान बेस बरे तरेन केल्लो दिश्टी पडटा. दरेक ओपार फाव तो अर्थ सुचीत करतना दिश्टी पडटा. देखीक; पानयेली धर्मान म्हसकाक उदक, दोळयांतल्या दुकांनी शेत शिपपाचें, जगलोक खाती नी पसरकारा तोंडा माती, देवान दिलें केळें..आनी भटान दिली साल, मेरेवयलें बावलें तारीकडेन पावलें, पेजित खांवक तू आनी गुड्डो मारुंक हांव? आदी.

### 6.5.3 भास

विष्णू सुर्या वाघ हांचें खंयचेंय नाटक पळयल्यार तांच्या नाटकान प्रमाण भास न्हय जाल्यार तांची थळावी भास दिश्टी पडटा. भाशेंतल्या हेळयांवरवीं लेखक फाव ते पध्दतीन नाटकांत भाशेचो वापर करतना दिश्टी

पडटा. ह्या नाटकान कोंकणी, हिंदी, मराठी, इंग्लीश सारक्यो भासो उलयल्लें दिसून येता. त्या भायर ज्योती हें पात्र मराठी नाटकांनी भुमिका करत आशिल्ल्यान मराठी नाटकांतली भास ताच्या संवादांनी पावला कणकणी दिश्टी पडटा. तशेंच मामलेदार, तलाठी, ठकरवाल, बिडीओ सारक्या रेंखटायल्ल्या पात्रांची भास निजाच्या कोंकणी परस वेगळी आशिल्ल्याचें जाणवता. कांय जाण सरळ हिंदी उलयतात, जाल्यार कांय जाण तांबडी कोंकणी उलयतना दिश्टी पडटा. मुळांत हे लोक गोंयचे नाशिल्ल्यान गोंयांत येवन स्थायीक जाल्ले दिश्टी पडटा. नाटकांतलो सुत्रधार आपल्या सुत्रनिवेदनांतल्यान एके सुवातेर म्हणटा;

*सुत्रधार: बिहारांतल्यान येवन हांगा लोकांनी बंगले बांदले. आनी या भुंयेचे पूत मात खोपीक लेगीत पारखे जाले.*

देखून आमची फक्त भूंय न्हय जाल्यार भास लेगीत परक्यांच्या सुवादीन जाल्ली दिश्टी पडटा. त्या भायर मामलेदार हें पात्र उलयता त्या प्रमाण क्रिस्तांव जनांची भास दिश्टी पडटा. तशेंच पावला कणकणी इंग्लीश उतरांचो उपेग जाल्लो दिश्टी पडटा. घडये हो आयचो काळाचो बदल दाखोवपा पासत लेखकान ही युक्ती वापरल्या आसतली. कारण ही निरंतर बदलत आसता. त्याच सत्या कडेन लेखक आमची वळख करुन दिता.

सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार ह्या नाटकांचे फामाद मराठी नाटकांचो प्रभाव दिश्टी पडटा. संगीत स्वयंवर, शाह शिवाजी सारक्या नाटकांतल्या संवादांक ह्या नाटकांत वापरपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिसता. हें करता आसतना उलोवपाची शैली त्याच प्रकारा दवरिल्ली दिश्टी पडटा. साबार म्हणी, ओपारी, थोमणे आदी नाटकांतल्या भाशेक जडसाण फाव करुन दिता. प्रत्येक पात्राच्या भाशेन खरतत्व आसा. दरेकल्याचें उलोवप ताची भासूच न्हय जाल्यार ताची स्वभाव वृत्ती लेगीत फाव त्या प्रमाणान दर्शायता.

### 6.5.4 पात्रवेवस्था

'पेद्रू पडलो बांयत' ह्या नाटकान एकूण चवदा पात्रां आसात. जना, ज्योती हीं पात्रां मुखेल जाल्यार दामु, सरकारी सेवक आनी हेर पात्रां गौण म्हणपाक जाता. नाटकान सुत्रधार आशिल्ल्यान नाटकाच्या दरेका पावंड्यार काव्य निवेदनांतल्यान नाटक मुखार वतना दिश्टी पडटा. मुळांत जी गजाल संवादांतल्यान अभिप्रेत जातली आशिल्ली, ती काव्यांतल्यान चड प्रखरपणान पाविल्ल्याचें दिसून येता. पात्रांची स्वभाववृत्ती, पात्रांची

मानसीकता नाटकान दिश्टी पडटा. जायतीं पात्रांक वास्तवीकतायेचो साज चडोवपाचो यत्न लेखकान केल्लो दिश्टी पडटा. स्वता लेखक सुरवेक माचयेर येता. प्रत्यक्षांत लेखकाचो स्वभावगूण नाटकान दर्शावपाचो यत्न लेखक स्वता करता. राजकीय वातावरणांतलीं तशेंच सरकारी हुद्यावेलीं पात्रां लेखकान अभ्यासलेलीं दिश्टी पडटा. स्वता लेखक त्या क्षेत्रान आशिल्ल्यान लेखकाक ही गजाल बेस बरे तरेन जमलेली दिश्टी पडटा. पूण समाजीक दृश्टीकोनांतल्यान विचार करत जाल्यार नाटकान लोकांचो पंगड दिश्टी पडना. खंय ना खंय जनाच्याच भोंवतणी कथानक घुंवतना दिश्टी पडटा. देखून लोकवस्थी नाटकान आयल्यार अदीक प्रभाव पडूं येतालो अशें दिसता.

### 6.5.5 नाटकाचो गूढ माथाळो

ह्या नाटकान पळयत जाल्यार नाटकांतलीं पात्रां जनाक पेद्रू पडलो बांयत अशें म्हणत पुराय नाटक हिणसायतना दिश्टी पडटा. पुरातन काळांतल्यान हें काव्य समाजान घोळटना आमकां दिश्टी पडटा. वेगवेगळे तरेन ताका अर्थाची जोडणी आसा. पूण सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळयार ह्या नाटकान ह्या काव्याक लायिल्लो अर्थ आगळोच आसा. नाटकांतलो सुत्रधार ह्या अर्थाक फावत्या प्रमाणान स्पश्ट करता. जेन्ना कोर्टान जुवीजाक आनी हेरांक सत्य होलमता, तेन्ना सुत्रधार म्हणटा;

*सुत्रधार: पेद्रू पडलो बांयत अशें म्हणून ह्या चोरांनी जनाक हिणसायलो. पूण जाणा जायात मिलॉर्ड...ह्या पदाक एक शेणिल्लो अर्थ आसा. ही बांय जावन आसा भ्रश्टाचाराची आनी पेद्रू हें नांव आसा सत्याचें. पेद्रूच्या रुपान भ्रश्टाचाराच्या बांयत सत्य पडलां. दिसानदीस बुडत चल्लां. बांय इतली खोल- केदीय व्हड निसण हाडल्यार ती पांवना. सत्य वयर येवंक शकना. दरेका सरकारी ऑफीसांत अश्यो बांयो आसात. आनी कितलेच पेद्रू तांतूत पडून ना-नपयत जावन वतात. देखून मिलॉर्ड... ख्यास्त करपाची आसत जाल्यार एकोड्या मनशाक न्ही, या वेवस्थेक करात. जी वेवस्था जनासारकिल्ल्या गरीबांच्यो बांयो न्ही, दोळ्यांतली दुकांलेगीत चोरुन व्हरता. दोळ्यांतली दुकांलेगीत चोरुन व्हरता!*

हांगासर नकळत सुत्रधाराची मानसीकता स्पश्ट जातना दिश्टी पडटा. आमच्या सगळयां मदीं एक पेद्रू भोंवता. नकळत तो आमच्या सगळया संवसाराचेर एक अदृश्ट जावन वावुरता. पेद्रू हें सत्य अशें लेखक म्हणटा आसत जाल्यार त्या सत्याचो भास देरेकल्याक जावन भोव गरजेचें आसा. मुखार एके कडेन जुवीज म्हणटा,

*जुविज: तुमी जनाची आर्थीक न्हय तर मानसीक नुकसाणी केल्या.*

देखून आमच्या वास्तवीक जिवीताचें सत्य आमच्या जिणेंतल्या जायत्या गजालींनी समरस जाता. तें सत्य खूब मोलादीक आसता. पूण तें सत्य उक्ताडार हाडप हेंय बीन तितलेंच म्हत्वाचें. जनाचेर आकांत अन्याय जालो. पूण ताचो जनान प्रतिकार केल्लो जाल्यार पेद्रूक बांयत पडपाची गरज भासची नाशिल्ली. पूण आमची हीच वृत्ती आयज भ्रश्टाचाराक वाव दितना दिश्टी पडटा. भ्रश्टाचार मुळासकट हुमटावन उडोवपाचो आसत जाल्यार सत्याक जाग हाडची पडटली. लेखकाची दुरदृश्टी हेंच पळयता. लेखक परत परत 'आवय म्हजे मांय, पेद्रू पडलो बांयत' अशें म्हणटा आसत जाल्यार तांणे दिल्ली ही पावला पावलावेली शिटकावणी. देखून हें नाटक म्हूण पळय नासतना वास्तवीकतायेचो दिश्टावो म्हूण पळयत जाल्यार अदीक प्रखरपणान मांडप जाता. लेखकान कोर्टाचो देखाव ह्याच पासत नाटकान उबो केला. जंय सत्याक वाचा फुट्टा, अश्या जाग्यार पेद्रूक बांयतल्यान काडपाचो यत्न लेखकान केला. विष्णू वाघ हांची सत्या कडेन पळोवपाची एक वेगळीच नदर आमकां नाटकान दिश्टी पडटा. ह्या नाटकाक पेद्रू पडलो बांयत हो  माथाळो जुस्ताक जुस्त लागता अशें म्हणटा आसतना कसलीच अतिताय जायना.

### 6.5.6 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान

'पेद्रू पडलो बांयत' हें एक व्यावसायीक नाटक. हौशी रंगमाचयेर लेगीत ताचे प्रयोग जांव येतात. पूण निम्नवेवसायीक पावंड्यार हें नाटक करप तितलें सोपें न्हय. कारण खर्चाच्या बाबतींत हें नाटक खूब आडखळी निर्माण करपाक शकता. नाटकाक फाव तशी उजवाडा येवजण साप्प गरजेची. आयज आधुनीक काळार नाटकांत उजवाडा येवजण विकसीत जायत आसास. कारण पात्रांच्या मुखामळावेले भाव दिसप भोव गरजेचें. फक्त संवादूच न्हय जाल्यार भाव लेगीत नाटकाचो आत्मो जावन आसात. तशेंच ह्या नाटकान आवाजा येवजण भोव म्हत्वाची. जायतीं गितां, काव्यांचो आस्पाव आशिल्ल्यान तेंवूय तितलेंच गरजेचें. ह्या खातीर खासा

संगीताची जाण आशिल्लीं पात्रां नाटकान आसप गरजेचीं थारता. नाटकांतलो नेपथ्य हो नाटकाचो प्राण. वातावरण निर्मीती जाता आसतना पूरक असो नेपथ्य म्हत्वाचो आसता. तशेंच दरेका देखाव्या प्रमाण सुत्रधार येवन आपलीं सुत्रां मुखार व्हरता. त्या म्हणसर नाटकाचें नेपथ्य सेकंदांच्या फरकार जाग्यार घालप कसोटीचें थारता. सुत्रधार माचयेचो एक कोनसो घेवन वावरत जाल्यार नेपथ्यकाराक बरें पडटा.

दिगदर्शनाच्या बाबतींत नाटकांत जीव हाडपाचें काम बसोवपी करता. कारण खंय ना खंय वास्तवीकतायेक जोडून आशिल्ले संवाद जातात, तें नाटकाच्या चौकटी भायर वचचे न्हय हाची जतनाय घेवप गरजेची. नाटक वाचता तेन्ना एकाद्यावेळा प्रेक्षक नाटकांत मग्न जावपाक कठीण अशें दिसता. कारण प्रेक्षकांक फक्त कटाव संवादांची न्हय जाल्यार त्या भायर आनीकूय गजालींची आस्त आसता. देखून प्रेक्षक अडेच वरां सभाघरांत बसून रावपा पासत कितें करपाक जाय हें लेखकाक खबर आसपाक जाय. लेखकाची जरी संहिता आसली, तरी दिगदर्शकाक नाटकाच्या सोयी प्रमाण फाव ते बदल करुन, नाटकाचो गर्भाशय तसोच दवरुन नाटक बसोवपाची मेकळीक ह्या नाटकान फाव जावप गरजेचें आसा.

## 6.6. निश्कर्श

‘पेद्रू पडलो बांयत’ ह्या नाटकान लेखकान गोंयच्या राजकीय घडामोडींचेर बंडखोरपणान बडी मारपाचो यत्न केला. लेखक एका वेळार स्वता सरकारी शासनान आशिल्ल्यान वाडट्या भ्रश्टाचारा आड चिंतेची भावना व्यक्त करपी हें नाटक बरयल्लें दिश्टी पडटा. परिहास हो विनोदाचो प्रकार ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. लेखकाचेर मराठी फिल्मांचो तशेंच नाटकांचो बरोच प्रभाव आशिल्लो दिश्टी पडटा. नाटकान सुत्रधाराची निर्मीती केल्ल्यान नाटकाक अभिजात भारतीय संस्कृत नाट्य शैलीचो लेखकान वापर केल्लो दिश्टी पडटा. गोंयच्या लोकसंस्कृतींतलीं गितां, कोंकणी गितां हांच्यो चाली लावन नाटकाचें निवेदन मुखार व्हेल्लें दिश्टी पडटा. नाटकान संगीताचो वापर लेखकान फाव तसो केला. पूण हाका लागून नाटकान अतिशयोक्ती निर्माण जायना व्हय? असो प्रस्न पडटा.

समाजान सदांच अशिक्षीत वर्ग शिक्षीत वर्गाच्या चेंपणा खाला उरता हें नाटकान जाणवता. जना सारक्या कश्टकरी मनशाक आनी हेरांक भ्रश्टाचाराच्या मुखार कश्यो दिमयो तेंकोवच्यो पडटात हें दिश्टी पडटा.

गोंयच्या भुंयेंत गोंयकार आपल्या हक्कां सावन, आपल्या अधिकारां सावन कसो पयस उरला, हाची खंत लेखक शब्दबध्द करता. सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान नाटकाचो प्रेक्षक दोन-अडेज वरां आपली बसका सोडचो ना, हाचे पासत नाटकाचेर तशेंच आपल्या भुमिकेचेर पात्रांनी काम करप गरजेचें आसा.

समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान नाटकांत समाज वेवस्था फाव तशी दिश्टी पडना. पात्रांची उणीव नाटकान भासता. देखून खंय ना खंय पुराय नाटकान जनाच दिश्टी पडटा. समाजांतलो राजकीय संघर्श, समाजीक न्याय वेवस्था नाटकांत दाखोवपाचो यत्न केला. नाटकाच्या माथाळ्या प्रमाण भ्रश्टाचाराच्या एका व्हड बांयत सत्य बुचकळत आसा. त्या सत्याक वयर काडपाक आमच्या मदल्या दरेकल्याक सुत्रधार  जावचो पडटलो आनी ही बांय पुरोवची पडटली हो हावेस नाटका वरवीं मुखार येता. नाटकांतलीं पात्रां हीं आमच्याच भोंवतणचीं जाल्ल्यान तीं आपलीं कशीं नाटकान दिसतात. नाटकाचो शेवट शिगम्यान जाता. देखून सगळें असत्य पयस जावन नव्यान जागृती जावची ही लेखकाची इत्सा दिसून येता. ‘पेद्रू पडलो बांयत’ हें नाटक  समाजांत सत्याक नव्यान वाचा फोडपाचो हावेस बाळगितना दिश्टी पडटा.

# प्रकरण 7

## वक्षक- एक समाजीक अध्ययन



| | |
|---|---|
| 7.1 वक्षक- एक सुक्ष्म वळख | 7.3.1.1 पुरुश मानसशास्त्र |
| 7.1.1 कथानक | 7.3.1.2 स्त्री मानसशास्त्र |
| 7.2 नाटक आनी समाज | 7.3.2 समाजमानसशास्त्र |
| 7.2.1 नाटकांतलो सैम | 7.3.3 अर्थशास्त्र |
| 7.2.2 नाटकांतले वेवसाय | 7.3.4 भासशास्त्र |
| 7.2.3 नाटकांतलो वर्ग संघर्श | 7.4 नाटकांतले विशीश्ट निकश |
| 7.2.4 नाटकांतले स्त्री-पुरुश संबंध | 7.4.1 पात्रांची विचारधारा |
| 7.2.5 नाटकांतली स्त्री संवेदना | 7.4.2 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान |
| 7.2.6 नाटकांतलो एकंदर संघर्श | 7.5 निश्कर्श |
| 7.3 शास्त्रांच्या आदारान नाटकांचेर चर्चा | |
| 7.3.1 मानसशास्त्र | |

### 7.1 वक्षक- एक वळख

विष्णू सुर्या वाघ हांणी साबार कोंकणी नाटकां रंगमाचयेर केळयलीं. दरेका नाटकांचो भावस्पर्शीय प्रभाव तांच्या नाटकान दिश्टी पडटा. नाटकांतलो समाजीक आशय आनी पात्रांची अभिव्यक्ती खर प्रमाणान स्पश्ट जाता. पूण जेन्ना वास्तवीकतायेक काल्पनीकतायेचो भेस चडयतात, तेन्ना लेखक आपल्या कुशळ बुध्दीच्या म्हालवज्यार एक नवो आविश्कार जल्माक घालता. समाजांत रावन समाजाच्या अंतर्गत रचनेचो थाव घेवन समाजाक पारदर्शक नदर भेटोवपी कल्पना लेखक सामकार हाडटा. अशीच एक काणी, एक दुख्ख आनी एका बायलेच्या कुडीचो मोनो उलो म्हळयार विष्णू सुर्या वाघ हांणी बरयल्लें नाटक 'वक्षक'.

जर्मन बरोवपी नामनेचो लेखक जॉर्ज बुरनर हांचें कथासुत्र घेवन विष्णू वाघ हांणी हें नाटक तयार केलें. हें नाटक मराठींत लेगीत बरयल्लें आसा. ह्या नाटकान वैश्वीक मुल्यांचो दिश्टावो घडटना आमकां दिश्टी पडटा. नाटकाचो विशय एका वेगळयाच टप्प्यार नाटकाक व्हरुन सोडटा. नाटकांतल्या खासा वातावरणाचेर भर दीत जाल्यार हेर नाटकां भशेन ह्या नाटकाचें वातावरण न्हय. सुरवातीच्यानूच एका गांभिर्यमय वातावरणांतल्यान नाटक लेखकान उबें केल्लें दिश्टी पडटा. नाटकांत वक्षक नावाचें पात्र लेगीत आसा. पूण त्या पात्राचें नांव आनी नाटकाचो एकंदर परिणाम हांचेर चर्चा करीत जाल्यार जो निश्कर्श येतलो तो वेगळोच आसतलो. खंयच्याय साहित्याचें कथासुत्र घेवन साहित्य निर्मणी करप सोपें न्हय. त्या भायर ह्या प्रयोगांतल्यान विशय ज्वलंत दवरप हें लेगीत तितल्याच कश्टाचें जावन आसा. विष्णू वाघ हांच्या ह्या तरेचे जैतीवंत प्रयोग केल्ल्यान तें जैत ह्या नाटकान लेगीत दिसून येता. ह्या नाटकाची काणी काळजाक पीळ घालपी जावन आसा. वाचकाक तशेंच प्रक्षकाक वेगवेगळया निकशांतल्यान नाटकाचें रसग्रहण जावंक शकता. ह्या नाटकाक खासा स्त्रीवादी, मानसशास्त्रीय दृश्टीकोनान अभ्यासल्यार कांय गजाली स्पश्ट जांव येता. पूण एकंदर जो समाज ह्या नाटकान लेखकान चित्रायला, ताका शास्त्रीय नदरेन पळोवप म्हत्वाचें थारता. समाजशास्त्राच्या चौकटींत हें नाटक फिट्ट बसता अशें म्हणपाक कांयच अतिताय जावची ना.

जेन्ना नाटकांत त्रासदी आसता, तेन्ना सत्याक वास्तवांत घुसोवपाचो यत्न लेखक करता. काव्यात्मक भाशेवरवीं नाटक अदीक प्रभावी जावन पडटा. खंय ना खंय संवाद एका वेगळया तरेन दिका धरतात. हें नाटक एका जोडप्याचीच काणी. पूण दरेकल्याच्या जिवीतांत सूख आसताच अशें ना. आनी सूख आसलें लेगीत

जाल्यार मनीस समाधानी आसा काय ना हो दुबाव मारता. वक्षक ह्या नाटकान होच प्रस्न उप्रासता. वसुकी ह्या बायलेची कूड शरीरसुखा पासत आपलो घोव वक्षकाक होरायता. पूण दोगांचीय मानसीकता लेखकान मांडिल्ल्या कारणान कोणाक हाचें कोडें दरेका वाचकान तशेंच प्रेक्षकान सोडवपाक जाय. एका बायलेचो मानसीक उमाळो आनी एका घोवाचो संघर्श ह्या नाटकान दिसता तेन्ना कळून येता, हें नाटक एका खंतेर वचून सोपतलें. लेखकान केल्लें पात्रचित्रण, ग्रामीणतायेचो घाल्लो साद नाटकान पळयतकीर ह्या नाटकाक राश्ट्रीय पावंड्यावेलो मान फाव जावपाचें दिसता. हें नाटक जितलें पळोवपाक बरे तितलेंच वाचपाक बरें. कारण वाघ हांची शब्दशक्त अपार आसा. देखून असले तरेच्यो नाट्यकृती कोंकणी रंगमाचेयर सातत्यान फळादीक जायत रावतना दिश्टी पडटा. हेंच नाट्य कलेचें भाग्य अशें म्हणपाक जाता.

## 7.2 कथानक

वक्षक हें नाटक वसुकी आनी वक्षक ह्या पात्रांक केंद्रस्थानार दवरुन बरयल्लें आसा. एका बायलेच्यो आंतररीक वेदना आनी एका घोवाचो संवसारा पासत केल्लो संघर्श ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. अंगीळ, मार्जारी, घुमटी, वैजीण, सरदार, मदारी, शास्त्रज्ञ, शामेळी आदी पात्रां लेगीत ह्या नाटकान व्हडा तत्परतायेन आयल्यांत. वसुकी ही वक्षकाची बायल. लग्न जाल्ल्या सावन वसुकी कुडीची भूक भागोवपाक आशेल्ली वसुकी जुवानपण आंगार केळयता. पूण वक्षक शरीर संबंद दवरप टाळीत आसता आनी वसुकीची वासना पुराय करपाक शकना. वसुकी जायते फावट वक्षका लागीं ह्या बद्दल उलयता. पूण वक्षक संवसाराच्या गजालींनी घुस्पून उरिल्ल्यान वक्षक आपली संवसारीक जिणेचो त्याग करत आसता. पूण ह्या त्यागाचो हुलोप वसुकीचेर बसता आनी नकळत तिवूय ह्या त्यागान जळून वता ही गजाल वक्षकाच्या लक्षांत येना. मार्जारी ही बायल वसुकीचो गर्भ केन्नाच वाडूंक शकचो ना हाची जाणविकाय परत परत करुन दिता. खंय ना खंय वक्षक भलायकेन कमी आशिल्ल्यान हें सत्य तिका मानून घेवचें पडटा.

ह्या बोवाळान वसुकी एका परपुरुशा कडेन संबंद दवरता. गांवांत मदारी बैलाक घेवन आयिल्ले कडेन वसुकीची वळख घुमटी कडेन जाता. गांवात सुंवारी वाजोवंक आयिल्ल्यां मदीं तो एक म्हत्वाचो वाजोवपी. आपल्या गोड आनी म्होवाळ उतरांनी तो वसुकीक फुसलायता. वसुकीचीय कूड शरीराच्या वासनेच्या भोगान अतृप्त उरिल्ल्यान ती आपली कूड घुमटीच्या सुवादीन करता. मुळांत सुंवारी चलता आसतना वसुकीच घुमटी

कडेन  आकर्शीत जाता. हाची सुलूस घुमटीक लेगीत लागता आनी आयत्या गरयेक नुस्तें फारावल्ल्याची ताका खोस भोगता. ह्या गजालीचो वास वक्षकाक लागता आनी घरा येवन तो  वसुकीक अप्रत्यक्षपणान ह्या गजालीची जाप विचारता. सगळें नकळत जाणा जावन घेतल्या उपरांत वक्षक पुराय पणान खचून वता. ह्या दरम्यान तो ज्या सरदारागेर काम करता, थंय संवसाराच्या मुल्यां कडेन तडजोड करतना वक्षक दिश्टी पडटा. संवसाराच्या दरेका पावंड्यार घामा कश्टाचो वावर करुन लेगीत वसुकीच्या मनान आपल्या विशीं आदर निर्माण जायना हाची खंत वक्षकाक जाता. वक्षक एका शास्त्रज्ञाच्या वळखीन येता, जो ताका पिश्यान काडून, ताचेर फाव ते प्रयोग करुन ताचें जिवीत पावंणेर काडटा. वक्षकाचो फक्त शारिरीक छळ न्हय जाल्यार मानसीक छळ लेगीत तितल्याच प्रमाणान जाल्लो दिश्टी पडटा. ह्या दरम्यान घमुटीची भूक परत चाळवता आनी वसुकीच्या कुडीपासत तो परत तिगेर पावता. हांगासर घुमटीचो मूळ हेतू वसुकीक कळटा आनी ती आपल्या नशीबाक शिणटा. वैजीणी कडल्यान गर्भपात करपाची पाळी येता. हें सगळें जेन्ना वक्षकाक कळटा तेन्ना तो मानसीक रितीन हालता. ही गजाल गांवार फुटची न्हय हाची तो जतनाय घेता पूण गजाल गांवान पावता. समाजान जगपाचेर एक व्हड प्रस्नचिन्ह दोगांय सामकार स्पश्ट जाता. ह्या दरम्यान वसुकी आनी वक्षक साबार गजालींनी आडून उरतात आनी समाजान तांचें अस्तीत्व पावणेर पडटा. एक दीस दर्यादेगेर भोंवपाचें निमीत करुन वक्षक वसुकीचो खून करता आनी स्वताचोय जीव काबार करता. हें नाटकान जायते घटना प्रसंग नाटाकाच्या अंतरंगाक धरुन चित्रायल्ले आसात. नाटकाचो एकंदर परिणाम आनी नाटकाची धरती ही कुटुंबीक जिविता कडेन लागींची आसली तरी समाज दृश्टीकोनांतल्यान उप्राशिल्ली ही एक काल्पनीक सर्वेसर्वा काणी.

### 7.3  नाटक आनी समाज

जेन्ना साहित्यांतल्यान समाज दर्शन घडटा, तेन्ना ती साहित्यकृती वाचकाक चड भावता. खासा तो साहित्य प्रकार दृक-श्राव माध्यमांतल्यान मांडपाक मेळटा, जाल्यार तें अदीक प्रभावी जांव येता. नाटक हो प्रकार  हाची बेस बरी देख. नाटकांतल्यान लेखक आपले उमाळे, हावेस, विचार पात्रांच्या माध्यमांतल्यान मुखार हाडटा. हीं पात्रां आमच्याच भोंवतणी आसतात आनी तांची दरेक करणी ही आमच्याच जिवीताच्या लागीं आसता. वक्षक हें विष्णू वाघ हांचें नाटक  समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान खूब उंचेल्या अभ्यासाचें थारता. ह्या नाटकांतले

घटना-प्रसंग  वास्तविकतायेचो भास घडयतात. मनशाच्यो कांय मुळाव्यो गरजो आसतात. कांय गरजो व्यक्तीकेंद्रीत जाल्यार कांय गरजो समाजकेंद्रीत आसतात. ह्यो गरजो पुराय करता आसतना समाजान तो मनीस कशे तरेन वागता, वा कसल्या वागणुकेची अपेक्षा करता, हें तंत्र समजून घेवपाक हें नाटक बेस बरो आदार करता. आमची देरक करणी ही समाजाच्या निश्कर्शाचेर आदारिल्ल्यान समाजाक केंद्रस्थानार दवरुन आमकां वागचें पडटा. वक्षक ह्या नाटकान  लेखकान ह्या गजालींचो बारीकसाणेन विचार करुन नाटकांत प्रभावीकरण हाडपाचो यत्न केला. हें जाणून घेता आसतना नाटकांत अधोरेखीत जाल्ल्या मुखेल घटकांची नोंद घेवप म्हत्वाचें थारता.

### 7.3.1  नाटकांतलो सैम

ह्या नाटकान बदलत्या थळा प्रमाण सैमाचें सोबीत चित्रण लेखकान दिल्लें पळोवंक मेळटा. सुरवेक वक्षक आनी अंगीळ रानान मेळटात तेन्ना रानान किड्यांची किरकीर, सवण्यांचो चिंवचीवाट आयकूंक येता. भिल्लमाड जळीमळी दिश्टी पडटात. खोलयां पोंदच्यो जळवो गुठ्ठो करुन आशिल्ल्याचें कळटा. रानान कवळे सोशे आशिल्ल्याचें लेखक सांगता. त्या भायर काळे काटांडर हांचीय वळख फाव जाता. मुळांत रानांतली सुवात कणकिंनी भरिल्ली आशिल्ल्याचें कळटा. चाटेपावला पडलेलीं शिरीं आनी कणखर कणकींचीं शिरीं तासपी अंगीळ रानांतल्या देरेका गजाली कडेन संवकळीचो आशिल्ल्याचें कळटा. हें रान अटंगें न्हय. कारण ह्या रानाक तेंकूनुच गांव आशिल्ल्याचे पयल्या प्रवेशाच्या देखाव्याच्या निमणे कडेन कळटा. घुमटीस वसुके खातीर कर्णफुलां घेवन येता तेन्ना ह्या नवोदीत फुलाची वळख घडटा. नाटक चडशें गांवात केंद्रीत आशिल्ल्यान गांवचें एक सामाजीक तशेंच सांस्कृतीक वातावरण नाटकाक फाव जाता. नाटकान गारां धरप खूप प्रमाणान दिश्टी पडटा. तशेंच एकंदर ह्या नाटकांत गांवगिऱ्या वाठारांतलो सैम दिश्टी पडटा. रान ह्या नाटकान मुखेल थळ आशिल्ल्यान रानाचें एकंदर चित्रण तशेंच त्या रानाचो भास वक्षक, अंगीळ ह्या पात्रांच्या उलोवपांतल्यान तशेंच नाटकाच्या वातावरणांतल्यान दिश्टी पडटा.

### 7.3.2  नाटकांतले वेवसाय

नाटकाच्या वातावरणांतल्यान दिसपट्टे जिणेंत पोटाक पेटिल्लो उजो पालोवपाक जी गजाल करची पडटा ती लोकांचो वेवसाय आशिल्ल्याचें कळटा. रानांत कोणे तांसपांत अंगीळ वावुरता. कोण्याचीं शिरीं निवळ करता,

तीं आपणा सयत घेवन वता हाचे वेल्यान अंगीळ म्हारवत आशिल्ल्याचें दिसून येता. तशेंच वक्षक सरदारागेर म्हालो म्हूण वावुरतना दिश्टी पडटा. पूण हो ताचो वेवसाय न्हय हेंय बीन तितलेंच खरें. पूण गावांत सरदारशाय आशिल्ल्यान गांवचो चडसो लोक राजाखाला वावुरता म्हणपाचें कळटा. तशेंच आदल्या काळार बायलां गुरवार आसतालीं तेन्ना गांवांतली वैजीण तांचें बाळंतपण करताली. तशेंच बायलांनी कितें खावचें, कितें ना, कशे तरेन जतनाय घेवची  ह्यो सगळ्यो गजाली भोव बरे  रितीन ती सांगताली. हांगासर पैशांचो वेव्हार न्हय पूण मनीसपणान हें सगळें करताले म्हणपाचें कळटा. उपरांत लोकांच्या ऐपती प्रमाण लोक वैजीणी कडेन आर्थीक वेव्हार करताले. त्या भायर नाटकान घणसाबैलाक घेवन येवपी मदारी दिश्टी पडटा. बैलाच्या खुस्तार आपली जीण सारपी आनी बैलाच्या दैवी गुणांक समाजा मुखार मांडून आपलें पोट भरपी हो समाज हांगां दिश्टी पडटा. पूण ह्या नाटकान आमकां एक शास्त्रज्ञूय दिश्टी पडटा, जो वक्षकाच्या रगताचेर संशोधन करुन आपलो स्वार्थ सादता. खंय ना खंय ह्या नाटकान एक मनीस वा मोनजात दुसऱ्या मनशा खातीर वेव्हाराचें साधन जाल्लें दिश्टी पडटा. लोक आपलें पोट भरतात खरे. पूण तें पोट भरपा पासत तांच्या मनीसकुळाचेर जाल्लो आकांत ह्या नाटकान फाव जाता.

### 7.3.3  नाटकांतलो वर्ग संघर्श

समाजाचें वर्गांनी विभाजन जाल्लें आसा. उच्च वर्ग, मध्यम वर्ग आनी निम्न वर्ग. ह्या वर्गांतल्या समाजाच्या प्रस्नांचेर विचार करप म्हत्वाचें थारता. कार्ल मार्क्साचें वर्गविरयत समाज घडोवपाचें सपन अजून अजुनूच सपनूच जावन उरिल्लें दिश्टी पडटा. ह्या वर्गलढ्यांत काळंतरान गिरेस्त गिरेस्त जायत गेलो आनी गरीब गरीब जायत गेलो. परिवर्तनाच्या पावंड्यार जरी नवे वर्ग तयार जायत आसतात. ह्या वर्गांक आत्मजाणीवे बगर दुसरो पर्याय आसना. पूण वक्षक ह्या नाटकान पात्रांक कसल्याच आत्मजाणीवेचो भास जाल्लो दिश्टी पडना. पद, प्रतिश्ठा, संपत्ती, सत्ता ह्या गजालींकडल्यान मनीस पयसूच उरिल्लो दिश्टी पडटा. खासा वक्षकाविशीं उलोवपाचें जाल्यार सगदार आनी शास्त्रज्ञ हे दोग जाण आपल्या पदाचो आनी बुध्दीमत्तेचो वापर करुन वक्षक मानसीक तशेंच शारिरीक रित्या काभार करतात. हाका लागून खंय ना खंय वक्षक आनी वसुकीच्या खासगी संवसारांत अंतर पडटा. वक्षक सरदारागेर सगळीं कामां करता पूण त्या कामाचें फाव तें मोल ताका फाव जायना. सरदार वक्षका कडेन उलयतना म्हणटा,

*सरदार: वक्षक, तुका इतली ताकतीक कित्याक? सवकास धार काड वाखराक... दाढी काडपाची आसा..गोमटी कातरुपाची ना...तुजें कामूच अशें...सगळीं धांदळ आनी गडबड...एकूय काम धड करपाचो ना...इतली धांवधापटी करुन तूं कितलो वेळ वाटायतलो? धा मिण्टां, पंधरा मिण्टां- काय अर्द वर? आनी त्या वाटायल्ल्या वेळाचो म्हाका कितें उपेग?*

*चिंतून पळय वक्षक- तुजी अजून तीस वर्सांची पिराय उल्ल्या. तीस वर्सां. म्हळ्यार तिनशे साठ म्हयने..म्हळ्यार धा हजार आठशें दीस..म्हळ्यार लक्षांनीं वरां, कोट्यांनी मिनटां...इतलो तेप तूं कसो जियेतलो वक्षक? म्हणून सांगतां.. शितीदान वच. सवकासायेन वच...*

हांगासर खंयना खंय वक्षकाचें स्वातंत्र्य लिपील्लें आसा. वक्षकान स्वताखातीर वाटयल्ल्या वेळांत लेगीत सरदार स्वताचो स्वार्थ सोदतना दिश्टी पडटा. दिसपट्टें सगळें काम करुन लेगीत निमणेकडेन मेळपी नकारात्मक अभिप्राय नाटकान म्हत्वाचे बिंदू थारता. शोशक आनी शोशीत वर्ग सदांच एकामेकां आड उबे आसले तरी शोशीत वर्गाक केन्ना ना केन्ना परिस्थिती मुखार दिमयो तेंकोवच्यो पडटात. वक्षकाक आत्मजाणीव जायना तो मेरेन हें शक्य ना. पूण ती जाली जाल्यार मुखार संवसारांत भांडवल कशें उबें करप हाचेर खंय ना खंय विचार जाता. वसुकीचो घुमटी फायदो घेवन वता. हांगासर जरी तिच्या भितर कुडतृप्तीची भावना जागी जाल्ली आसली, तरी निम्न वर्गांतली जाल्ल्या कारणान तोच फायदो घेवप सोपें जाल्ल्याचें दिसून येता. ह्या वर्गसंघर्शाक लागून खासगी जिवीताच्यो वादऱ्यो जाल्ल्यो आमकां दिश्टी पटा. ह्या नाटकान आमकां बाह्य परिवर्तन दिसता आसत. पूण त्या परस आंतरीक परिवर्तन जावप भोव म्हत्वाचें आसता.

ह्या नाटकान मदारी घणसाबैलाक घेवन आपलें पोट भरतना दिश्टी पडटा. हांगां जरी अंधश्रध्दा दिश्टी पडटा आसली, तरी जेन्ना भुकेचो प्रस्न येता तेन्ना अंधश्रध्दा लेगीत गोड लागता. अंगीळ नाटकाच्या निमणे कडेन म्हणटा, “मनीस म्हूण तांका जियेवंक मेळळें ना. मनीस म्हूण मरुं तरी दी.” हांगासर खंय ना खंय मरणा उपरांत लेगीत एक संघर्श आसता हाची गवाय आमकां फाव जाता. तशेंच संघर्शा बगर उपाय ना हीय गजाल ह्या नाटकांतल्यान रसीक मनांत पेलपाचो यत्न जाल्लो दिश्टी पडटा.

### 7.3.4 नाटकांतले स्त्री पुरुश संबंद

संवसाराचो पोड हो घोव-बायलेच्या सोबीत संवसाराचेर आदारीत आसा. एक दादलो बायले कडेन जाल्यार एक बायल दादल्या कडेन ह्या संवसारांत सगळयांत सगळयांत चड व्यक्त जावंक शकता. वक्षक ह्या नाटकान वक्षक आनी वसुकी तशेंच वसुकी आनी घुमटी अशीं दोन स्त्री पुरुश नातीं पळोवंक मेळटा. हांगासर वसुकी हें समानसुत्र आशिल्ल्यान दोन दादल्यांची मानसीकता आनी एका बायलेच्या मानसीकतेन कशे तरेन वेगळेंपण जाणवता हें ह्या नाटकान दिसून येता. वक्षक आनी वसुकीचो विचार करीत जाल्यार एक अतृप्त संवसार दिश्टी पडटा. वसुकीचो संवसार वक्षकाच्या वागण्याक लागून विस्कटील्लो दिश्टी पडटा. दर वेळा वसुकीक आपल्य घोवाचो सांगात जाय आसता मागीर तो शारिरीक आसुं वा मानसीक. ह्या सहवासाक वसुकी तळमळटा. वक्षक आपल्या संवसाराच्या शर्य़तींत खूब मग्न आसता. जरी तो हें सगळें आपल्या आनी वसुकी पासत करता आसलो, तरी ताच्या वैयक्तीक संवसाराक हाचो धपको बसता ही गजाल समजना. जाल्यार दुसरे वटेन सुंवारी वाजोवंक आयिल्लो घुमटी वसुकीक आपल्या जाळयान फसोवन तिचो फायदो घेता. वसुकी खातीर जरी हो मोग वा आकर्शण आसलें, तरी तिच्या अतृप्त कुडीक घुमटी तृप्तताय फाव करुन दिता. खंय ना खंय ती घुमटी कडेन बेस बरे रितीन अभिव्यक्त जाता आनी आपले हावेस, आपल्यो व्यथा उक्तायता. एके वटेन शरीरान काडी आशिल्लो वक्षक जाल्यार दुसरे वटेन आंगलोटान धिप्पाड आशिल्लो घुमटी हे दोगूय वसुकीच्या जिवीताचो भाग जावन उरतात. आपल्या वासनेची भूक भागोवपी घुमटी बायलेक भोगवस्तू म्हूण पळयता, जाल्यार संवसारांत फक्त वावर करपी वक्षक आपलें आनी आपल्या बायलेचें पोट भरपा पासत वावुरतना दिश्टी पडटा. बायल आनी दादलो हांचो संबंद ह्या नाटकांत जाणून घेवप म्हत्वाचें थारता.

### 7.3.5 नाटकांतली स्त्री संवेदना

वक्षक ह्या नाटकान बायल ही म्हत्वाची केंद्रबिंदू थारता. नाटकान तीन स्त्री भुमिका आसात. वसुकी, मार्जारी आनी वैजीण. हांतूत मार्जारी आनी वैजीण हीं गौण स्त्री पात्रां धरलीं जाल्यार पुराय नायकान वसुकी केंद्रपात्र थारता. लेखकान ह्या पात्रा वरवीं एका बायलेच्या मनाचो बेस बरे तरेन थाव घेतील्लो दिश्टी पडटा.वक्षक आपल्या अशक्त कुडीक लागून वसुकीक भुरगें दिवपाक शकना. पूण त्या भायर वसुकीचें शारिरीक संबंदांक

आशेल्ली आसता. एक मनशाची ही गरज म्हळयार अतिताय जांवची ना. पूण दुर्दैवान तिच्या वाट्याक हें सूख केन्नाच फाव जायना. जेन्ना मार्जारी म्हणटा,

*मार्जारी: कुंकमाचो आदार खंय! इं. एक पोर काडपाची कापस्ताद ना आनी मारता नेट घोव म्हणून*

तेन्ना एका बायलेक जाल्ली मानसीक पिडणूक नाटकान दिसता. जेन्ना आपलो गर्भ फळना, तेन्ना समाजाच्या प्रस्नांक घोवाक न्हय जाल्यार बायलेक मुखार वचचें पडटा हें आमकां दिश्टा पडटा. सुंवारी आयकुपाक गेल्ले कडेन वसुकीची नदर घुमटीचेर थिरावता. उपरांत मदारी कडेन जाल्ल्या संवादांतल्यान खंय ना खंय तांच्यो एकामेकाच्यो कुडी वसवसल्यात हाची गवाय मेळटा. हांगासर वसुकी वक्षकाचो विचार करी नासतना वक्षकाच्या अपवित्र कुडींत विलीन जाता. तिचेर आशिल्लो सामाजीक आनी मानसीक दबाव तिच्या संघर्शाचें कारण थारता. जेन्ना वसुकी गुरवार जाता, तेन्ना तिचो खरो संघर्श सुरु जाता. घुमटी तिका आपणावंक तयार नाशिल्ल्यान तिच्या मुखार दोंगरा येदें संकट मुखार उबें रावता. आपली कूस फळची म्हूण तिणें जें सपन पळयल्लें तें सपन साकार जाता. पूण तें साकारपी तिचो आपलो न्हय जाल्यार परकी आसता. ही गजाल वक्षकाक कळया उपरांत तांच्या संवसाराचो अच्छेव जाता आनी दोगांय ह्या संवसाराक पुर्णविराम दितात.

आदीं जेन्ना वसुकी वैजीणी म्हऱ्यांत वचून आपली कूस परकी दादल्या कडल्यान फळळया म्हणपाचें सांगत, तेन्ना वैजीण लेगीत वसुकीचो तिरस्कार करता. खंय ना खंय वसुकीची चूक वैजीण तिका दाखोवन दिता. जायत्या तिरस्कारी संवादांनी तिची खबर घेता. पूण हांगा वसुकीचें मन ज्या चिंतनांनी घुस्पलां, ती चिंतना ह्या नाटकान आमकां पावला कणकणी दिश्टी पडटात. एक बायल आपल्या घोवा कडल्यान जी अपेक्षा करता, ती अपेक्षा जेन्ना एक परकी मनीस भागयता तेन्ना ती बायल आपल्यी संवेदनांक मारुन उडयता. खंय ना खंय वसुकी वक्षकाक समजूंक शकली ना. वक्षक जें कितें करतालो तें वसुकीच्याच सुखाखातीर. पूण नाटकांतल्या वातावरणांतल्यान वसुकीची ही चूक तिच्या स्त्री संवेदने फाटल्यान लिपील्ली दिसता. एका बायलेच्या अलिप्त मनाचो थाव हांगासर लेखकान ह्या नाटकाच्या माध्यमांतल्यान घेतिल्लो दिश्टी पडटा.

### 7.3.6 नाटकांतलो संघर्श

मनशाक संघर्शा बगर अंत ना हें वक्षक नाटक वाचल्या उपरांत खूब प्रमाणान स्पश्ट जाता. ह्या नाटकान व्यक्ती संघर्शा सयत मनाचो परिस्थिती कडलो संघर्श, दोन कुडींच्या आत्म्यांचो संघर्श, वक्षकाचो परिस्थिती कडलो

संघर्श, वसुकीचो वक्षकाच्या लागीं वचपाचो संघर्श, आपली कूस फळना देखून समाजाक जाप दिवपाचो वसुकीचो संघर्श आनी सगळयांत म्हत्वाचें म्हळ्यार परिस्थिती मुखार जाल्लो मानवीय संघर्श ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. मनशाची परिस्थिती ताच्या संघर्शाचें कारण थरिल्लें दिश्टी पडटा. वर्ग संघर्शाविशीं ह्या आदीं विस्तारान मांडिल्लें आसा. पूण ह्या संघर्शाक लागून जाल्ली सामाजीक पिडणूक आनी त्या पिडणुकेंतल्यान मुखार आयिल्लो शोंशीत समाज ह्या नाटकान अधोरेखीत जाता. वक्षकान सरदारा मुखार उलयल्लो दरेक संवाद ताच्या संघर्शाची गवाय दिता. ह्या सगळया सयत एक बायल, एक दादलो ज्या शारिरीक, मानसीक आनी हाका लागून उप्राशिल्ल्या सामाजीक संघर्शाक जेन्ना मुखार वता, तेन्ना जाल्ली पिडापीड नाटकान दिश्टी पडटा. हें नाटक समाजशास्त्रीय नदरेन संघर्शाच्या पावंड्यार जमेचें थारता. नाटकांतली दरेक घडणूक, दरेक प्रसंग एका आगळया वेगळया शैलीन मांडिल्ल्यान नाटकाक एक वेगळोच रंग चडटा. नाटक जो विशय मांडपाक सोदता, तो ह्या संघर्शाच्या म्हालवजार चड स्पश्ट जातना दिश्टी पडटा.

## 7.4. शास्त्रांच्या नदरेंतल्यान नाटकाचें अध्ययन

समाजशास्त्रीय दृश्टीकोनांतल्यान विष्णू सुर्या वाघ हांचें वक्षक हें म्हत्वाचें नाटक. कारण ह्या नाटकान एका वेगळया विशयाक हात घाल्लो दिसता. समाजांतल्यो व्यक्ती, तांचे विचार, तांच्यो रिती ह्या सगळया गजालींक ह्या नाटकान सुवात फाव जाता. जॉर्ज सिमेल हांची "समाजशास्त्र हें मानवी आंतरसंबंधाच्या स्वरुपाचें अध्ययन करपी शास्त्र जावन आसा" ही व्याख्या ह्या नाटकाक फाव त्या प्रमाणान लागु जाता. वक्षक आनी वसुकी हीं नाटकांतलीं मुखेल पात्रां. ज्या समाजीक प्रक्रियेंतल्यान मुखार वतात, त्या प्रक्रियेचो अभ्यास ह्या शास्त्रां मार्फत जाता. समाजीक पांवड्यार घडपी दरेक गजाल आनी त्या गजालींक हीं शास्त्रां लावन भायर सरिल्ले वेगवेगळे निकश ह्या नाटकान मांडल्यात.

### 7.4.1 मानसशास्त्र

मानवी वर्तव ह्या नाटकाचो प्राण म्हळ्यार अतिताय जावची ना. मनशाच्या दरेका करणेंतल्यान ताच्या स्वभावाची आनी संस्कारांची सया दिश्टी पडटा. मानसशास्त्रीय पांवड्यार विचार करता आसतना वसुकी, वक्षक, अंगीळ हीं तीन पात्रां सकारात्मकतायेंतल्यान जाल्यार घुमटी, सरदार, शास्त्रज्ञ हीं पात्रां नकारात्मकतायेचो सूर नाटकान लायतात. देखून लिंगा प्रमाण पात्रांचें मानसशास्त्र समजप सोपें जाता.

### 7.4.1.1 पुरुश मानसशास्त्र

अंगीळ ह्या पात्राचो विचार करीत जाल्यार दिसपट्टो रानान वावुरता आसतना ताचे विचारुय अटंगे जाल्ले दिश्टी पडटा. नाटकाच्या सुरवेक कांय गजाली तो काव्यात्मक संवादान मांडटा. वक्षका कडेन उलयता आसतना अंगीळ म्हणटा,

*अंगीळ: किदें तरी उलय. असो घुमो जावन राव नाका. ना जाल्यार हें रान* ***तुकांय*** *खावन उडयतलें.*

हांगासर ह्या संवादांतल्यान अंगीळ लेगीत ह्या रानांतल्या मोनेपणान शेणला म्हणपाचें कळटा. निमणे कडेन लेगीत जेन्ना वक्षक आनी वसुकीच्यो कुडी स्वता कडेन सुपूर्त करपाक सांगता, तेन्ना लेगीत दळडीरी जीण जगील्ल्यांक मरण तरी सुखान भेटोवपाचो हावेस अंगीळ बाळगिता. अंगीळ नाटकान खूब कमी आसा, पूण जो विचार मांडून गेला तो सासणाचो जावन आसा. स्वताभितर रडपी अंगीळ आपल्या जिणेक कशे तरेन पळयता हें ह्या नाटकांतल्यान कळून येता. वक्षक हें पात्र अभ्यासतना ताच्या उण्या बुध्दीमत्तेक लागून जाल्ल्या ताच्या शोशणाची गवाय मेळटा. जशें वसुकी आपूण आवय जावंक शकना म्हूण दुख्ख भोगता, तशेंच वक्षका भितरलो बापूय लेगीत मोनेपणी रडटा. आपल्या बायलेच्या परक्या नात्याविशीं कळटना वक्षकाची मनस्थिती लेगीत हालता. पूण हें सगळें करता आसतना वक्षकाक कोण समजूंक पावला व्हय? हो प्रस्न पडटा. आपल्या संवसारा खातीर वावुरता आसतना जेन्ना वसुकीविशीं वक्षकाक कळटा, तेन्ना तो म्हणटा,

*वक्षक: खरें सांग- कोणें दिलीं हीं कर्णफुलां? बरें आसा..सांगु नाका...हांव काडटलों सोदून.. पूण एक मतींत दवर... रगताचें उदक करुन हांव मर मर मरतां.. कोणाखातीर? कित्याखातीर? म्हज्या बायलेन चेडयेपणां केल्लीं म्हाका उपकारचेना. हे घे पयशे...आयज दिसभर घाम जावन उफेवन गेल्ल्या रगताचें मोल.*

देखून हांगासर आमकां वक्षकाचें मन आपल्या संवसारा भितर तशेंच भोंवतणी घुस्पल्लें दिसता. ह्या भायर जेन्ना सरदार वक्षकाक निती मुल्यांविशीं सांगता तेन्ना वक्षक म्हणटा,

*वक्षक: सायब, निती मानप तुमकां परवडटा. आमकां परवडना. आमी गरीब... दळडीरे. आमचे असले*

*मनीस तत्वांक, मुल्यांक उश्याक घेवन न्हिदूक शकतात. हय आमी नितीशुन्य- दुबावूच ना. पूण सायब तुमचेभशेन म्हजोय बंगलो आसलो, आंगभर कपडे, पोटभर अन्न, न्हिदूंक कुल्चांव मेळटालें जाल्यार हांवूयबी तुमचे भशेनूच नीतीवान- सज्जन जावपाचो. ना सायब. नीती नेम दळडिऱ्यांखातीर नासतात.*

हांगासर खंय ना खंय वक्षकान संवसाराच्या शर्यतींतलो आपलो पराभव मान्य केल्लो दिश्टी पडटा. देखून ताचे विचार बदलत चल्ल्या. भोंवतणी घडपी सगळ्या गजालींचो ताच्या मानसाचेर जाल्लो परिणाम नाटकांतल्या ताच्या दरेका संवादांवरवीं दिश्टी पडटा.

### 7.4.1.2 स्त्री मानसशास्त्र

वसुकी हें पात्र लेगीत मानसीक रितीन खूप त्राण सोंसतना दिश्टी पडटा. मार्जारी जेन्ना वसुकीक कूस फळना म्हूण हिणसायता, तेन्ना एके बायलेक जाल्ली वेदना विचारां पलतडची आसता हें जाणवता. आपल्या घोवाची बाजू घेवन उलयतना वसुकी म्हणटा,

*वसुकी: म्हजो घोव कसोय आंसू...ताका मानतां हांव...कांयच ना जाल्यार कुकमाक तरी आदार!*

हांगासर वसुकीच्या तोंडार नकळत सत्य घोळटना दिश्टी पडटा. एके बायले खातीर घोव हेंच आपलें सर्वस्व ही गजाल कळून येता. पुरुशप्रधान समाजांत एके बायलचें भावविश्व कितलें मर्यादीत आसता हें दिसून येता. प्रत्यक्षांत संवसारांत घडपी घडामोडी कश्यो वसुकीक अस्वस्थ करता हें दिश्टी पडटा. जेन्ना घुमटी वसुकीक मेळपाक आयिल्लो आसता, तेन्ना वसुकी म्हणटा;

*वसुकी: कित्याक लायलें तुवें म्हाका नादाक! कित्याक फुसलायलें..कितें गत करुन उडयल्या पळय तुवें म्हजी.. तिनसांज जाली की आंगाक हुलोप पेट्टा. पावलां अचळय रानवट्यां धावूंक लागतात. तुज्या कुडीच्या सावळेन केन्ना काय घालून घेताशें दिसता.*

खंय ना खंय एक बायल आपले हावेस, आपल्यो वेदना कशे तरेन व्यक्त करतें हें दिश्टी पडटा. जेन्ना वसुकी वैजीणी म्हऱ्यांत वता, तेन्ना वैजीण बायलेच्या जातीक कलंक लायिल्ल्याचें सांगून तिका परतून परतून बाळांत

जा म्हूण हिणसायता. हांगासर वसुकी एक जाळयांत घुस्पल्ल्यान सगळया वटांनी तिका त्रास जाल्ले दिश्टी पडटा. पुराय नाटकान वसुकी खंयच स्वतंत्रपणान जगतना दिश्टी पडना. शोशण आनी वेदनांच्या लोटान व्हांवपी वसुकी आपल्यो इत्सा, हावेस माड्डीत एक निरार्थक जीण जगतना ह्या नाटकान दिश्टी पडटा. पूण निमणे कडेन वसुकीक कांय प्रमाणान आत्मजाणीव जाल्ल्याचें दिसून येता. देखून जेन्ना वक्षक तिका गाळी घालता आनी मारपाक वता, तेन्ना वसुकी म्हणटा;

*वसुकी: हात  उबारु  नाका वक्षक...आयजमेरेन खूप सोंसलें पूण ह्यानफुडें सोंसची ना... आयक म्हाका हात लावपाचो तुका  अधिकार ना. कापराची कणी कशी जळत रावलां हांव तुज्या धगान. आतां जळचीना. म्हाका हात लायशी जाल्यार लासून गोबोर जातलो तुजो!*

त्या भायर जेन्ना मार्जारी, वैजीण ह्यो बायलो वसुकीच्या चरीत्राचेर भाश्य करतात, तेन्ना एक बायल दुसऱ्या बायलेक समजून घेता आसतना सदांच सत्याच्या तागडेर स्वभाव आनी परिस्थिती हांचे भितर फरक समजता. एक बायल दुसऱ्या बायलेच्यो वेदना समजूंक शकता, जाल्यार तिच्या भितर लिपील्ल्या सत्याक लेगीत पारखूंक शकतात. ह्या नाटकान बायलेच्या विश्वाचीं ह्या सारकीं साबार तासां लेखकान मांडिल्लीं दिश्टी पडटा.

### 7.4.2 समाजमानसशास्त्र

वक्षक ह्या नाटकान एका वेगळया विचारसरणेचो समाज चित्रायल्लो दिश्टी पडटा. खासा हो समाज एका उच्च वर्गा खाला आपले दिसपट्टे वेव्हार करतना दिश्टी पडटा. नाटकान सरदार हें पात्र गांवान  आशिल्ल्या हुकूमशाहीची नोंद दिता. गावांत व्यक्तीस्वातंत्र्य खंयच दिश्टी पडना. वक्षक सरदारागेर रगताचो घाम करुन वावुरता पूण ताची जी पोंचपावती ताका मेळटा, तांतूतल्यान ताची चूल कितलो पेट घेता आसतली हेंय नाटकान कळून येता. वसुकी जेन्ना परकी दादल्या कडल्यान गुरवार जाता, तेन्ना तिका वक्षक कितें म्हणटलो हाचे परस समाजाचो भंय तिका आशिल्लो दिश्टी पडटा. कारण ह्यो गजाली समाज मान्य करीना. जेन्ना गावांत मदारी येता, तेन्ना ताच्या सांगण्या प्रमाण  दरेकलो घणसाबैलाक पायां पडटा आनी आपल्यो मनोकामना पुराय करपाचो हावेस बाळगिता. पूण ही जरी अंधश्रध्दा आसली तरी समाजा खातीर ही श्रध्दा. कारण ह्या गजालींचेर

समाजाचो विश्वास आसा. समाजान जंय जंय देव आसा, थंय थंय श्रध्दा आसा. देखून समाजान जायते फावट मनशाची मानसीकता ही समाजाच्या मानसीकतेक धरुन आकारा आयिल्ली आसा.

### 7.4.3 अर्थशास्त्र

संवसारांत मनीस कसलीय गजाल सहन करुंक शकता, पूण पोटाक पेटील्लो उजो न्हय. भूक जेन्ना पोटा भितर खोटो मारपाक लागता, तेन्ना हेर समाजीक प्रस्नां परस पोटाचो प्रस्न म्हत्वाचो आसता. नाटकान वक्षक हेंच करतना दिश्टी पडटा. सरदारागेर म्हालो धरुन हेर सगळीं कामां तो करता. जेन्ना वसुकी आनी वक्षक भासाभास करतात, तेन्ना तांच्या वैयक्तीक संवसारा मुखार पैशांची आडमेळ खूप त्रासदायक आशिल्ल्याचें कळून येता. नाटकान मार्जारी ही बायल आपल्या कुडीचो धंदो करुन चार पयशे जोडटा. वक्षक, अंगीळ दिसोवड्याचीं लेगीत कामां करुन आपले पोट भरतात. पूण खंय ना खंय पैशांच्या नादान नात्यांक वेर गेल्ली नाटकान दिश्टी पडटा.

### 7.4.4 भासशास्त्र

वक्षक ह्या नाटकांतली भास ही सर्वासामान्यांची आशिल्ली दिसून येता. विष्णू वाघ हांचें नाटकान प्रमाण बोली उलोवपी पात्रां दिसतलीं, पूण नाटकाचें वातावरण हें थळाव्या भाशेंतल्यानूच अधोरेखीत जातना दिश्टी पडटा. लेखकान अंगीळ,वसीक ह्या पात्रांच्या संवादानीं काव्यात्मक भास रुजोवपाचो फळादीक यत्न केल्लो दिश्टी पडटा. खंय ना खंय नाटकांतली भास साहित्यीक भास म्हूण दिसून येता. हांगासर रसीक ही भास कितलो पचोवंक शकतलो ही गजाल विचार करपा सारकी आसा. देखीक;

*सरदार: नीती म्हळ्यार... नीती. रीत भात. समाजांत बरेपणान वावुरपाचीं लक्षणां.... राव तुका देख दिवनूच सांगतां. आयक. खिणभर समज- हांव ह्या जनेलांतल्यान भायर पळयतां. आनी रस्त्यावयल्यान एक बायल चल्ल्या. बायल सकली? उफाड्याची! तिका पळयतांच म्हजी मठी चळटा. दिसता- तिका रस्त्यावेल्यान ओडून हाडची आनी आड घालची हांतरुणाचेर..पूण हांव तशें करीना....कित्याक जाणा वक्षक.....हांव एक नीत मानपी, रीत मानपी मनीस म्हणून...मागीर*

*हांव किदें करतां? हांव म्हाकाच सांगत रावतां..हें पळय तूं एक नितीवान मनीस...ते बायलेचो हावेस धरु नाका...तूं एक सज्जन मनीस..सज्जन मनीस..सज्जन मनीस...*

देखून अश्या तरेचे कांय संवाद नाटकान साहित्यीक भाशेचो भास घडयता. जरी हें एका खाशेल्या मनशाचे विचार आसले, तरी ह्या विचारांचें भाशेंतल्यान जाल्लें प्रस्तुतीकरण आगळेंच आसा. वक्षक नाटकाची भास जरी कणखर आसली, तरी विचारांच्या गर्भातळा वचपाचो हावेस बाळगिता. देखून हें नाटक करपी पात्रांची भाशेचेर बेस बरी पकड आसप गरजेची.

## 7.5. नाटकांतले विशीश्ट निकश

नाटकाचो समाजशास्त्रीय नदरेन अभ्यास केल्या उपरांत नाटकांतल्यो कांय म्हत्वाचो गजाली उक्ताडार हाडप म्हत्वाचें. लेखकान आपल्या उफाट बुध्दीमत्तेतल्यान निर्माण केल्लो विशय आनी आशय प्रेक्षका मेरेन पावयता आसतना कांय नव्या विचारांक फांटे फुट्टात. नाटकाच्या विशयाची व्याप्ती जाणून घेतना नाटक खंयच्या निकशांवरवीं पळोवं येता हें स्पश्ट जाता. नाटकाचो शेवट जरी मन खिन्न करपी आसलो, तरी लेखक पावला कणकणी एक विचार समाजांत रुजयता. आमच्या समाजांत अशे तरेचे वक्षक आसात काय? हो प्रस्न मनाक  पडटा. देखून ह्या प्रस्नाच्या तडीक वचपा पासत कांय निकशांची निस्तवारी करप गरजेचें.

### 7.5.1  पात्रांची विचारधारा

लेखक विष्णू सुर्या वाघ हांणी वक्षक ह्या नाटकान बेस बरें पात्रचित्रण केलां. मुखेल म्हळयार नाटकान प्रसंगा प्रमाण पात्राची निर्मीती करप भोव म्हत्वाची. ह्या नाटकान मुखेल पात्रां सोडलीं जाल्यार कांय पात्रांच्या संवादांतल्यान विशीश्ट तरेचें तत्वगिन्यान तशेंच समाजीक गिन्यान फाव जाता. कांय पात्रां प्रसंगा प्रमाण वा परिस्थिती प्रमाण आपली अशी विचारसरणी तयार करुन बशिल्लीं आसता. पूण कांय फावट तांचे हे विचार हेर मनशांक तितलेच मोलाचे थारुंक येता. देखीक;

*मार्जारी: हयव्हय..न्हिदतांच  हांव  धा जाणांकडेन. तूं  मात स्वताक पतिव्रता  समजू  नाका आं..पोटाक चिमटे पडले काय तुकाय येवचें पडटलें रस्त्यार झक मारत....कुडीची पांवणी करुंक!...*

ह्या भायर जेन्ना वसुकी आपलें घुमटी बरबरचें पाप पाडपाक वैजीणी म्हऱ्यांत वता, तेन्ना वैजीण म्हणटा;

*वैजीण: नाका म्हणपी तूं कोण? दिवपी तो! जगाचो नेम तरी कितलो विचीत्र...पोरां जल्माक येवचीं म्हूण घोव बायलेक नात्यान जोडटात....आनी परकी मनीस येवन कूस फळयता...आयक- शितीदान आयक... ही तुजी व्हंटी- पोरां काडपाची भाटी... विर्याचो थेंब कोणाचोय आसूं- पोराक नांव मात तुज्या घोवाचेंच लागतलें...आमच्या देसाक जाय मानाय..पिकवंक शेतां, चलोवंक जोतां, गांवक गितां.... निर्मितीचो वर घेवन ओग्गी राव.... अशीच घडूं देश सेवा, तूं पर्तून बाळांत जांव.. तूं पर्तून बाळांत जांव...*

हांगासर एक आक्रोश पात्रां मदीं दिश्टी पडटा. हीं पात्रां सामान्य मनशां परस वेगळे तरेन विचार करतात. आनी तांचें चिंतप हें सत्याच्या लागीं आसता. नाटकांत निमणेकडेन आयिल्ले भोवंडेकार जगपाच्या विशयाचेर भासाभास करतात, तेन्ना ते कटाव छंदान उलयतना म्हणटात;

*भोवंडेकार 2: कित्याक जाणा देवानूच मनशाक जगपाक शिकयला. मनीस आसा म्हूण जीण आसा. मनशाक नागडेपणाची लज नाशिल्ली जाल्यार आल्फियाद आसपाचे? मनशाक दुयेसां नाशिल्लीं जाल्यार वैज जावपाचे? आपल्याच जातभावांच्यो गोमट्यो कारतुपाचो हावेस नाशिल्लो जाल्यार शिपाय जावपाचे?*

अशे तरेचे विचार जेन्ना पात्रां माडंटात, तेन्ना हे लेखकाची न्हीद खिळोवन उडोवपी प्रस्न म्हूण कळटा. ही पात्रां मुखेल न्हय. पूण समाजीक पावंड्यार एक वैश्वीव सत्य मांडटना ही पात्रां दिश्टी पडटात. देखून ह्या पात्रांक समजून घेता आसतना तांच्या विचारधारेक लेगीत समजून घेवप म्हत्वाचें थारता.

### 7.5.2 सादरीकरणाच्या नदरेंतल्यान

वक्षक हें नाटक कोंकणी रंगमाचयेच्या इतिहासांतलें एक अव्वर नाटक म्हूण नावारुपाक आयलां. ह्या नाटकान एकूण तेरा देखावे आसात. दरेका देखाव्या उपरांत नेपथ्या खातीर फावती येवजण करपाची मेकळीक लेखकान दवरिल्ली दिसता. थळा-काळाचो अभ्यास लेखकाक आशिल्ल्या कारणान नाटकांत लेखक प्रेक्षकांक बरे तरेन समरस करपाक येशस्वी जाला. म्हत्वाचें म्हळयार ह्या नाटकाक व्यावसायीक रंगमाचयेचीच गरज आसा अशें ना. हौशी पावंड्यार लेगीत हें नाटक सादर करपाक मेळटा. पूण ह्या नाटकाचो प्रेक्षक हो व्यावसायीक पावंड्यावेलो प्रेक्षक जावन आसा. देखून हौशी वा निम्नवेवसायीक माचयेर हें नाटक सामान्य प्रेक्षकाक कितलें भावतलें हाची खात्री दिवप कठीण.

ह्या भायर नाटकान गाळी, तशेंच लैंगीकतायेक धरुन जायते संवाद आयिल्ले दिश्टी पडटात. पूण ह्यो गजाली जायना, जाल्यार नाटकाचो आत्मोच ना जालो म्हणपाक जाता. हांगासर दिगदर्शकाचो वांटो म्हत्वाचो आसा. नाटकांतल्या पात्रांक तयार करप म्हत्वाचें थारता. नाटकान लोकसंस्कृती दाखयल्ल्या कारणाक अदीक उबारी येता (देखीक; सुंवारी वादन). आवाजा आनी उजवाडा येवजणेंतल्यान नाटक एक सादरीकरणाचो वेगळोच पावंडो गाठतना दिश्टी पडटा.

### 7.6 निश्कर्श

वक्षक ह्या नाटकाक ग्रामीण जिणेच्या लोकमानसाचो दस्तावेज म्हळयार अतिताय जावंची ना. रक्ताचीं नातीं जेन्ना अच्छेव करतात, तेन्ना मनाक जाल्ल्या वेदनेचो पुरवो म्हळयार हें नाटक. नैताक-अनैतीक संबंदाचेर भाश्य करपी, बायलेच्या संवसाराप्रतीच्या संघर्शाचो दिश्टावो घडोवपी तशेंच सैमीक आनी सांस्कृतीक निरीक्षणांतल्यान ग्रामीण जिवन दर्शावपी हें नाटक. मानसीक आनी शारिरीक भुके मदलो संघर्श वक्षक आनी वसुकी ह्या पात्रां वरवीं दिसून येता. नात्यांमदीं समजीकायेचो सूर ना जाल्यार नातीं कशीं ना जातात, हें आमकां कळटा. जेन्ना एक संवसार उदवस्त जाता, तेन्ना ताका जोडून आशिल्ल्या साबार संवसारांचेर आयिल्लो मर्णकाळ म्हळयार ह्या नाटकाचें खाशेलेंपण.

समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान जिवीताच्या संघर्शांत विस्कटून गेल्ल्या जोडप्याची काणी सामकार येता. आयज ज्या वर्गलढ्यांत आमी वावुरतात, तांतूंत आत्मजाणीव जावपाक समाजीक एकवट कितलो गरजेचो हें दिसून येता. रानांत, गांवांत वशिल्ल्या मनशाचो जिवन संघर्श दिश्टी पडटा. ज्या परिस्थितींत तो वावुरता, त्या परिस्थितींतल्यान ताची खाशेली अशी विचारधारा तयार जाता. ह्या नाटकाक  लेखकान विज्ञानीक दृश्टीकोन भेटयल्लो दिश्टी पडटा (देखीक; वैजीण, शास्त्रज्ञ). जॉर्ज बुरनर सारक्या फाकीवंत लेखकाचें कथासुत्र घेवन लेखक हें नाटक उबें करता. देखून लेखकाचो पाश्चात साहित्याचो आशिल्लो अभ्यास दिसून येता.

अंगीळ सारकें पात्र नाटकान चड वावुरना. पूण ताचे मोजकेच संवाद नाटकाचो आत्मो थारतात. शास्त्रज्ञ सारकें पात्र संशोधनाच्या नांवार गरीब मनशाच्या जिवाचें कशें भांडवल करता हें दिश्टी पडटा. सादरीकरणाच्या नदरेन लेगीत हें नाटक भोव परिपक्व थारता. कोंकणींत पुंडलीक नायक सोडत जाल्यार चडश्या नाटककारांनीं लैगीकता फाव ते प्रमाणान नाटकान हाताळिल्ली दिसना. पूण हें नाटक ती खंत पयस करता. ‘वक्षक’ नाटक कोंकणी रंगमाचयेर सादर जाल्या उपरांत आधुनीक कोंकणी नाटकाच्या मळार दर्जात्मक नाटकां नाशिल्ल्याचो हुस्को मेकळो जातना दिश्टी पडटा.

**8. निश्कर्श आनी समारोप**

गोंयच्या वेवसायीक, निम्न वेवसायीक तशेंच हौशी रंगमाचयेर सदांकाळा खातीर आपली फांक सोडून अमर जाल्लो विष्णू सुर्या वाघ खऱ्या अर्थान साहित्यांतलो वाघ आशिल्लो. नाटक हो समाजाचो हारसो हें आमी व्याख्यांतल्यान आयकल्लें. पूण त्या हारश्यान जें पडबिंबीत जाता, ताच्या तळा कडेन वचपाचो यत्न केन्ना जालो ना. हो यत्न विष्णू सुर्या वाघ हांणीं केलो. गोंयच्या मातये कडेन सदांच प्रामाणीक आशिल्लो हो पूत गोंय तशेंच महाराष्ट्रान गाजलो. तांकां जरी कवी म्हूण चड मान आसलो, तरी तांकीवंत नाटककार म्हूण तांकां समाजांत नांव आसा.

जेश्ठ नाटककार पुंडलीक नायक म्हणटात, " प्रत्तेक नाटककारान ग्रीक नाटककार इपसीन हांच्या नाट्य तंत्राचो अभ्यास करपाक जाय. इपसीनान कथासुत्र घेवन आयचें वासत्व, कालची चर्चा आनी फायचो हुस्को परगटायलो. हातूंतल्यान नाटकाक कथासूत्र फाव जालें. ही शैली आयज लेगीत नाटकान साबार लेखक हाताळटात". पूण विष्णू वाघाल्या नाटकान फायचो हुस्को फाव तसो दिश्टी पडना. तांणी आपल्या जायत्या नाटकांतल्यान फुडाराक अपेक्षीत आशिल्ल्यो गजाली चड प्रमाणान मांडिल्ल्यो दिश्टी पडना. घडये विष्णू वाघ आपल्या कल्पकतेच्या म्हालवजार एक नव्या तंत्राक आरंभ करपाक सोदतालो. पूण गोंयच्या कोंकणी नाट्यतंत्रा भितर ताची शैली जरी वेगळी आनी आकर्शक आसली, तरी ती कोंकणी नाटकांत कितली झळकता हें रसीक आनी वाचकान थारावचें पडटलें.

विष्णू वाघ हांचीं हेर नाटकां जशीं 'फांतोडफुल', 'धरणगाज', 'जय हो', 'दोंगरा माथ्यार पेंटला उजो', 'परत एकदां' सारकीं नाटकां पळयतना लेखकाच्या मानसिकतेची गवाय मेळटा. कांय विशय जरी गोंयच्या भायले आसले, तरी गोंयच्या लोकांक अभिप्रेत आशिल्ल्यो गजाली, तशेंच त्या विशयाक नाटकांत परिवर्तीत करुन ताका गोंयचो साज चडोवपाचो यत्न लेखकान बेस बरो केल्लो आसा. तांच्या नाटकांतल्या पात्रांनी भोंवतणच्या वाठाराचो आत्मो दिश्टी पडटा. विष्णू वाघ गोंयच्या वातावरणान जगिल्ल्या कारणान आपल्या भुंयेविशींची भावना ते नाटकान मांडटात. समाजाच्या दरेका घटकाचो ताणीं बारीकसाणेन थाव घेतिल्लो दिश्टी पडटा. जेन्ना ताच्या नाटकान समाज दर्शन जाता, तेन्ना तीं पात्रां, तीं थळां, तो गांव, तीं झाडां, ती साळोर विष्णू वाघा मदल्या लेखकाक जागयता. कारण लेखकाच्या शिरंतरान रगता सयत समाजाच्या प्रस्नांची धार

व्हांवता. समाजीक प्रस्न लेखकाक अस्वस्थ करतात. ह्या वेळार सुंवारी, वक्षक सारकीं नाटकां जल्माक येतात. नाटक हें अभिव्यक्तीचें साधन अशें आमी म्हणटात, जाल्यार विष्णू वाघ हांकां गोंयच्या अभिव्यक्तीचो भास जाला म्हणपाक जाता. डॉ. अमृता इंदूरकार म्हणटात, "केन्ना केन्ना अशें दिसता, जेन्ना ब्रम्हांडाच्या अंतराळांत निर्माण जावपी उर्जा जेन्ना ब्रम्हांडाच कडेन पेलना, तेन्ना ती धर्तरेवेल्या कांय लोकांमदीं संक्रमीत जाता. ह्या लोकांचो बौध्दीक ताकतीचो जसो जसो हेरांक अणभव येता, तशें तशें तांच्या भितरल्या उर्जेचे साबार आयाम स्पश्ट जातात. अश्याच उर्जेन भरिल्लो गोंयचो भुमिपुत्र म्हळ्यार विष्णू सुर्या वाघ."

विष्णू वाघ हांकां वास्तवीक प्रस्न खूब सतायतात. खासा इतिहास तांकां लोकांक जाल्ल्या मोन्या वेदनांचे चिमटे काडटा. सुंवारी नाटकांतलो आजेंत कॉश्त आसूं वा धरणगाजांतली मुग्धा आसूं, ती घडणूक ते नाटकान व्हडा प्रमाणान हाताळटात. पूण हें करता आसतना तांच्या नाटकाच्या इतिहासाक पुराय पणान सत्याचो दिश्टावो जायना. देखीक, सुंवारी नाटकान आजेंत कॉश्त दाखयला. वास्तवान आजेंत मोंतेर नांवाचो क्रूर आनी निर्दयी मनीस गोंयचेर अत्याचार करतालो. ताचो अंत लेगीत तितलोच भयानक जाल्लो. पूण सुंवारी नाटकान लेखकान ताचें मन परिवर्तन केलां. खंय ना खंय सत्य लिपोवपाचो यत्न केल्लो दिश्टी पडटा. इतिहास कितलोय कडू जावं पूण तो निमणे कडेन इतिहास आसता. लेखकाचेर मराठी नाटकांचो प्रभाव आशिल्ल्यान मनपरिवर्तन ही संकल्पना थंयसावन लेखकान कोंकणी नाटकान हाडपाचो यत्न केला अशें दिसता.

रुपांतर आनी अनुसर्जन ह्या संकल्पनां मदीं लेखक घुस्पल्लो दिश्टी पडटा. 'तीन पैशांचो तियात्र' हें नाटक लेखक अनुसर्जन म्हणटात. ह्या नाटकान लेखकान सुत्रधार केळयल्यात. पूण मूळ कृतीन सुत्रधारांचो वापर खूब कमी प्रमाणांत जाला. तशेंच आनीकूय जायतीं पात्रां मूळ 'थ्री पैनी ऑपेरां'त आसात. पूण तीं 'तीन पैशांचो तियात्र' हातूंत दिश्टी पडनात. देखून लेखकान मूळ कृतीचें सर्जन करी नासतना ताका आपल्या परीन आनी गोंयच्या नाट्याच्या भेसा प्रमाण रुप दिल्लें आसा. देखून ह्या नाटकाक रुपांतर अशें म्हणचें पडटलें. विष्णू वाघ हांचीं जायतीं नाटकां पाश्चात नाटककारांच्या कथाबिजांतल्यान मुखार आयल्यांत. जरी नाटकां दर्जेदार आसलीं तरी तांच्या मूळ सभावा कडेन लेखकान आडनदर केल्ली ना न्ही? असो चिमटो नाटकाचें वाचन करतना मुजरत जाणवता.

वाघ हांच्या नाटकांतली भास चड प्रभावी थारता. भौसाच्या भाशेंतले प्रस्न मांडपाचे आसत जाल्यार ते भौसाच्या भाशेनूच मांडपाक जाय. तेन्नाच ते भौसा मेरेन पावतात. वाघ हांचीं सगळींच नाटकां सामान्यांच्या भाशेंत आसात. त्या भायर जायते फावट कांय पात्रांची भास ते अभ्यास करुन मांडटाले (देखीक; प्रभा कामत, आजेंत कॉश्त, फादर आदी). विष्णू वाघ क्रिस्तांव संस्कृताये भितर खूब वाडला.  देखून त्या भाशेचो, त्या धर्माच्या चाली रितींचो ताका बेस बरो अभ्यास आसा. जेन्ना वाघ हांचीं नाटकां गांवागांवानीं सादर जातात, तेन्ना लोकांक तें नाटक, त्या नाटकांतलो संघर्श आपलो कसो दिसता. नाटकाची खरी पावती हीच. विष्णू वाघालें नाटक कितल्या गांवांनी पावलें खबर ना, पूण पळयतल्ल्यांच्या मनांनी पावलां हें ताठ कण्यान सांगू येता.

समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान वाघ हांचीं सगळीं नाटकां दर्जेदार थारतात. शास्त्रांच्या आदारान नाटकांचेर भासाभास केल्या उपरांत नाटकांतले साबार आयाम स्पश्ट जातात. कांय शास्त्रां कांय नाटकांक फाव ते प्रमाणान लागनात. पूण कांय शास्त्रां वरवीं नाटकाच्या आत्म्यान रिगपाक मेळटा. समाजाचे घटक तशेंच घटकांच्या आदारान मुखार आयिल्ले निकश नाटकांत पळोंवक जातात. पूण कांय नाटकांनी पुराय स्वरुपान समाजाचें चित्रण जायना (देखीक; पेद्रू पडलो बांयत). ज्या नाटकाचें कथाबीज गावांत फळटा, त्या नाटकान गांवचें राहणीमन आसप अत्यंत म्हत्वाचें. ना जाल्यार नाटक आपलें दिसपाक शकना.  समाजाचें वास्तव रुप मांडप हो लेखकाचो आध्य धर्म. थंय कसलीच तडजोड करुंक फावना. घडये लेखकाचो हावेस व्यक्ती केंद्रीत नाटक रचपाचो आसूं येता.  पूण तें नाटक समाजीक फास्केंत आशिल्ल्या कारणान ताका तत्वनिश्ठ करप तितलेंच म्हत्वाचें. कांय नाटकां सोडत जाल्यार तांच्या हेर नाटकांनी समाज रसरसता. हींच नाटकां तांची अभिव्यक्ती थारतात. विष्णू वाघ हो समाज मानसाचो आपल्या नाटकांतल्यान थाव घेवपी एक संशोधक म्हळ्यार अतिताय जावंची ना.

निमणे कडेन, विष्णू वाघ म्हळ्यार फांतोडेवेलें एक दिव्य सपन जें गोंयच्या साहित्याक पडून गेलें. गोंयात भाशीक वाद जाल्ल्यान जायते लेखक कोंकणी कडल्यान पयस गेले. हेर भाशेचें रुपटें तांणीं आपल्या साहित्याक घालून स्वताच्या स्वाभिमानाक आनी अभिमानाक वॅर घाली. दुर्दैवान तांतूतलोच एक विष्णू वाघ थारलो. आयज लेगीत साहित्यीक मळावेले साबार जाणकार दोन गजाली म्हणटात. एक, “ विष्णू तूं जाय

आशिल्लो" आनी दोन, " विष्णू, तूं कोंकणीक जाय आशिल्लो." पुंडलीक नायक हांचे कडेन संवाद सादता आसतना तांणीं म्हळें, "जर विष्णू भाशीक वादांत पडूंक नासलो, जाल्यार लोक पुंडलीकाक विसरतले आशिल्ले." आपल्या सुदीरसुक्ता वरवीं सामान्यांची जीण शब्दबध्द करपी विष्णू वाघाक आनी राजकीय मळार एक कणखर आनी प्रभावी व्यक्तीमत्व आशिल्लो विष्णू वाघाक गोंयची माती हुस्केता. घडये 17 फेब्रुवारी 2019 ह्या दिसा गोंयच्या मातयेन एक मोनी बनवड गायल्या आसतली.

## 9. संदर्भावळ


- इंदूरकर, डॉ. अमृता. "सिध्दहस्त नाटककार: विष्णू सुर्या वाघ". पणजी-गोंय, गोवन वार्ता (अमृतवेल), 14 जुलय,2019.
- थळी, प्रकाश. "कोंकणी नाट्य स्पर्धेचीं 25 वर्सां: सुवाळो (1)" पणजी-गोंय; सुनापरांत, 13 ऑगश्ट, 2000.
- थळी, प्रकाश. "कोंकणी नाट्य स्पर्धेचीं 25 वर्सां: सुवाळो (2)" पणजी-गोंय; सुनापरांत, 22 ऑक्टोबर, 2000.
- नायक, पुंडलीक. रंगपाठ. फोंडें-गोंय; अपूरबाय प्रकाशन, 1992.
- पर्येकार, डॉ. प्रकाश. गोंय विद्यापीठांत सादर केल्लो "महाबळेश्वर सैल हांच्या कादंबऱ्यांचें समाजशास्त्रीय अध्ययन" हो प्रबंध, ऑक्टोबर 2014.
- बांबोळकार, कामत श्रीधर. "नाटक: उगम आनी विकास" पणजी-गोंय; सुनापरांत, 13 ऑगश्ट 2000.
- मायी, डॉ. सुनील. समाजशास्त्राची ओळख. पुणे- महाराष्ट्र; डायमंड पब्लिकेशन, मे 2008.
- वाघ, सुर्या विष्णू. तीन पैशांचो तियात्र. डोंगरी-गोंय; सृष्टी प्रकाशन, 2013.
- विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वाडदिसा निमतान गोमंतक दिसाळ्यांत आयिल्लो 'वाडदिवस विषेश' हें सदर, 24 जुलय, 2014.
- वेरेंकार, श्याम (संपा). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. मडगांव-गोंय; कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003.
- सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, खांडोळें-माशेल गोंय हांणीं तिसरें वर्स कला शाखेच्या अभ्यास प्रकल्पा निमतान तयार केल्लो "निम्न वेवसायीक कोंकणी नाटक" हो अभ्यास प्रकल्प, 2017-2018.

❖ संकेतथळां

1. www.bhangerbhui.in
2. http://hi.wikipeedia.org/w/index.php?title=विष्णु-वाघ&oldid=4927474

❖ मुलाखती

1. श्रीधर कामत बांबोळकार हांची मुलाखत, 2 मे 2022.
2. भौ. पुंडलीक नारायण नायक हांची मुलाखत, 6 मे 2022.

# परिशिश्ट

## 10.1 मुलाखती

### 10.1.1 भारतीय नाटककार भौ. पुंडलीक नारायण नायक

प्रस्न 1- विष्णू सुर्या वाघ हांकां नाटककार म्हूण तुमी कशे पळयतात?

जाप: विष्णू वाघ हाका नाटकाच्या तंत्रा संबंधानच्यो सगळयो गजाली खबर आशिल्ल्यो. ल्हानपणा सावन ताका बापाय कडल्यान नाटकाचें बाळकडू फाव जाल्लें. फोंडें हांगासर हंस नाट्यमंडळाची नाटकां तो बसयतालो. तेन्ना सावन नाटककाराची मुल्यां ताच्या भितर निर्माण जालीं. उपरांत नाटकाचें वातावरण कोंकणी वटेन जालें आनी कोंकणी सरस थारली. अश्या वेळार कोंकणी नाट्याच्या मळार विष्णू वाघान पावल दवरलें.

प्रस्न 2- समाजाचें वास्तव दर्शन विष्णू वाघ हांच्या नाटकान कशें दिश्टी पडटा?

जाप: विष्णू वाघ कोंकणी नाटकान मराठी नाट्य परंपरा हाडटा. ताच्या चडश्या नाटकांनी मनपरीवर्तन ही गजाल थळकपणान जाणवता. ही मराठी परंपरेंत दिश्टी पडटा. कोंकणीची धरती वेगळी. महाराष्ट्राचो आनी थंयच्या नाटकाचो प्रभाव विष्णूचेर पडिल्ल्यान ताची स्वताची ती शैली जावन पडली. सुंवारी नाटकान मन परिवर्तन हाडून सत्य लिपोवपाचो यत्न केल्लो दिसता. लेखकान सत्य मांडपाक जाय, मागीर तें कितलेंय कोडू आसुं.

प्रस्न 3- सुंवारी नाटकाविशीं तुमचें मोलादीक मत दिवचें.

जाप: सुंवारी नाटक एक दर्जेदार नाट्यकृती. कोंकणी नाटकाक यश फाव जाले उपरांत तांणें तें मराठींत 'माझ्या मातीचे गायन' ह्या नांवान केलें. पूण तें चड काळ तिगलें ना. कोंकणी समाज तेन्ना तरी विष्णू गोंयची राजभास कोंकणी मानतलो म्हूण येवजीतालो. सुंवारी सारकें मातये कडेन जोडून आशिल्ल्या नाटकान गोंयकारांच्या प्रतिभेक पाझर फोडलो.

प्रस्न 4- नाटक आनी तियात्र एकठांय येवंक शकतात व्हय?

जाप: हय. हांवें हो प्रयोग सुरींग नाटकान केला. मुळांत भारतांत श्री पेनी ऑपेराचीं जितलीं अनुसर्जनां जाल्यां, ती सगळीं येशस्वी थारु ना. ह्या नाटकांत तो प्रयोग जाला खरो. पूण ब्रेश्टाच्या मूळ संकल्पने कडल्यान हो तीन पैशांचो तियात्र पयस वता. प्रकाश थळी हांणी विष्णू वाघाक नाटकाचें नांव बदलून 'तीन तांगांचो तियात्र' दवर म्हणलेलें. पूण लोकांक अर्थ कळपाना देखून लेखकान तेंच नांव मुखार व्हेलें.

प्रस्न 5- रुपांतर, अनुसर्जन ह्या प्रकारां वरवीं परकी मातयेंतलें नाटक गोंयच्या मातयेंत प्रभावी जावंक शकता?

जाप: हय. शणै गोंयबाबान हो येशस्वी यत्न केल्लो आसा. तीं नाटकां परकी भाशेतलीं हें सांगल्या बगर कळना. सगळेच प्रयोग येशस्वी जाताच अशें ना. मॉलियराचें नाटक 'संशयकल्लोळ' ह्या नांवान

गाजलें कारण त्या तरेचें काम त्या नाटकाचेर जाल्लें. नाटक हें समाज जिणेचो हारसो जाल्ल्यान त्या हारश्यांत वास्तव दिसपाक जाय. तेन्नाच इश्चीत फलप्राप्ती जाता.

प्रस्न 6- तुमी ‘समाज’ ह्या संकल्पने कडेन कशे पळयतात?

जाप: लेखक जें समाजीक चित्र मांडटा, तें अर्द सत्य आसता. समाजीक नाटकां सदांच व्यक्तीकेंद्रीत न्हय जाल्यार समाज केंद्रीत आसपाक जाय. समाजान सगळे आस्पावतात. तेन्ना समाज दर्शन प्रातिनिधीक जावपाक जायना. तांतूतल्यान जें निर्माण जातलें तें समाज दर्शन.

प्रस्न 7- विष्णू वाघ हांचो मराठी तशेंच कोंकणी नाटकांनी गोंयचो इतिहास दाखोवपाचो यत्न फळादीक जाला अशें तुमकां दिसता?

जाप: गोंयचो इतिहास गोंयच्या भाशेंतूच दाखयल्यार तो वास्तवदर्शी थारता. हांगासरलें जिवीत दर्शन दाखोवपाक कोंकणी बगर पर्याय ना.

प्रस्न 8- विष्णू वाघ एक कोंकणी लेखक म्हूण तुमी कशे तरेन पळयतात?

जाप: विष्णू वाघ कोंकणी बरयतालो. पूण निश्ठा कोंकणी कडेन नाशिल्ली. भाशीक वादान घुस्पून आपली साहित्यीक प्रतिभा वगडायल्ल्यां भितर विष्णू आडकलो. कोंकणी भाशे कडेन निश्ठेन रावुन वावरिल्ल्यो जाल्यार आयज पुंडलीक नायका परस श्रेश्ठ आनी प्रतिभावंत नाटककार म्हूण गाजतलो आशिल्लो. पूण जो वावर तो नाट्य मळार करुन गेलो, ताका उतरां ना. तो एक बरो वक्तो आशिल्लो. ताचीं भाशणां आयकूंक लोक आतुरतेन रावताले. पूण जेन्ना तांणें लेखक म्हूण सगळयांच्या काळजान घर केलें, तेन्ना तो एक सिध्दहस्त नाटककार म्हूण गोंयच्या कणाकणाक गाजलो आनी गाजत आसा.

### 10.1.2 जेश्ठ रंगकर्मी भौ. श्रीधर कामत बांबोळकार

प्रस्न 1- विष्णू वाघ आनी तुमचो नाट्य प्रवास खंयसावन सुरु जालो?

जाप: विष्णू वाघ म्हजो घनिश्ठ इश्ट. आमची वळख खूप आदली. पुंडलीक नायका फाटल्यान वा ताच्या इतलोच ताकतीचो नाटककार म्हळयार विष्णू सुर्या वाघ. ताच्या नाटकांनी गोंयचें थळावें दर्शन घडटा, गोंयचें समाज जिवन दिसता. तांच्या मराठी नाटकां परस कोंकणी नाटकां चड परिणामकारक थारल्यां. तांणें आपलें ‘तीन पैशांचो तियात्र’ हें नाटक म्हाका पावतो सा केलां. म्हाका तो खूब मानतालो आनी आमचो नाट्य प्रवास मुखार सुवादीक जायत गेलो.

प्रस्न 2- विष्णू वाघ हांच्या कोंकणी नाटकांक तुमी एक लेखक आनी दिगदर्शक म्हूण कशे पळयतात?

जाप: विष्णूलें नाटक म्हळयार पुराय वास्तव न्हय. आपल्या कल्पनेच्या बळग्यार तो विशयाचें आकलन करता आनी नाट्य स्वरुपांत मांडटा. सुंवारी ह्या लोकवादनाचो प्रतिकात्मक वापर करुन तांणें हें नाटक उबारलें. मेधा पाटकर ह्या समाज सेविकेच्या जिवीताच्या आदाराचेर ‘धरणगाज’ हें नाटक उबारलें, राजकारणान स्वाभिमान विकील्ल्या जनतेचो दिश्टावो घडोवपाक ‘फांतोडफुल’ हें नाटक बरयलें आदी. देखून एक दिगदर्शक ह्या नात्यान त्या नाटकांनी समरस जावपाक चड मेकळीक मेळटा आनी दिगदर्शकाक हाचो आदार जाता.

प्रस्न 3- लोकवेद आनी नाटक हांकां समरस करपाचो यत्न विष्णू वाघ नाटकांनी कसो करतात?

जाप: लोकसंस्कृतीचो बेस बरो अभ्यास विष्णूक आशिल्लो. गांवच्या इंत्रूज परंपरेंतल्यान घडिल्लो विष्णू आपल्या साहित्यान लोकवेदाच्या आगांक स्पर्श करपाक लागलो. कारण तांतूत ताका आपलेंपण दिसतालें. हो यत्न चड प्रभावी जाता आनी नाटक नव्यान रंगता.

प्रस्न 4- समाजीक दृश्टीकोनांतल्यान नाटक रंगमाचयेर केळोवपाक विष्णू वाघ जैतीवंत जाला व्हय?

जाप: हय. ताच्या नाटकांनी समाजाचें चित्रण आसा. थंय ना थंय ताका एक कानस पडपाक जाय आशिल्ली ती पडली ना. ती पडिल्ली जाल्यार नाटक अदीक फुलपाचें. विष्णून नाटकाचो शास्त्रीय अभ्यास चड केलो ना. हाका लागून मुखार ताचीं नाटकां सादरीकरणाच्या बाबतींत फसपाक लागलीं. पूण विशय दर्जेदार आशिल्ल्या कारणान ताचीं नाटकां लोकांच्या मनांत जैतीवंत जालीं अशें निश्चीतूच म्हणपाक जाता.

प्रस्न 5- विष्णू वाघाच्या व्यक्तीमत्वाचें खंयचें तास तुमकां सगळयांत चड आवडटा?

जाप: सर्वार्थान विष्णू वाघ हो तोखणायेस्पद. तो एक मनीस म्हूण बरो आशिल्लो. दोन व्हड्यांचेर पांय दवरल्यार कितें जाता हाची बेस बरी देख म्हळयार विष्णू. आयज विष्णूची साहित्याक गरज आशिल्ली. जैताची तेंगशी ताचीच आशिल्ली, फक्त तो वळखूंक पावलो ना.

## 10. 2 जाणकारांचीं मतां

### ❖ प्रो. डॉ. प्रकाश वजरीकार.

“विष्णू वाघ हो लेखक समाजीक जाणविकायेंतल्यान आनी संस्कृतीच्या अभ्यासा वरवीं मुळांचो सोद घेवपी थारता. समाजीक निरीक्षण, परिक्षण आनी निर्भींड प्रतिक्रिया दिवपी विष्णू वाघाच्या साहित्यांत संवेदना आनी सहवेदना दिश्टी पडटा. राजकी, अर्थीक, प्रशासकीय, निर्णय अधिकार, सत्ते खातीर वाघ धडपडटना सामाजीक विशमतेचें पडबिंब मांडटात. सामाजीक अन्यायान भोवजन समाज कसो हुल्पला ताचो दिश्टावो ते आपल्या साहित्यांतल्यान घडयतात. पिढ्यान पिढयो आनी पिळग्यान पिळग्यो भोवजन समाजाचें शोशण जालें. सामाजीक अन्यायाची अभिव्यक्ती भोवजन समाजान लोकभाशेंतल्या लोकवेदान आनी गाळयांनीय उक्ती केल्ली दिश्टी पडटा. साहित्याच्या मळावेलो एक प्रतिभावंत आनी सिध्दहस्त  नाटककार म्हूण विष्णू सुर्या वाघ हांची वळख आमकां तांच्या अप्रतीम आनी दर्जेदार साहित्यांतल्यान  घडटा.”

### ❖ भौ. हेमा नायक

“विष्णू सुर्या वाघ हो एक मानवतेचो मठ. ह्या मठाक कसलींच दारां, वण्टी, जनेलां, गर्भकुड ना.  शिक्षणान गुणसंपन्न, गोल्ड मेडलीस्ट! साहित्यांतले सर्जनात्मक प्रकार जशे कविता, नाटक, एकांकीका ह्या सगळ्या प्रकारांनी तशेंच एक बऱ्यांतलो बरो वक्तो म्हूण तांची वळख आशिल्ली. विष्णू वाघ हांचो भूतकाळ जाणून घेवपाक जाय जाल्यार तांचो सुदीरसुक्त हो कविता संग्रह वाचचो पडटलो. समाजान प्रतिश्ठीत म्हूण जगपाचें आसत जाल्यार फक्त पैसो आसून फावना जाल्यार जातीचो शिक्को आवश्यक आसता. विष्णू कडेन दोनूय नाशिल्लें. पूण ताचे कडेन शिक्षण आनी कला आशिल्ली. ताच्या बळग्यार तांणे आपलें नांव गाजयलें. विष्णू सुर्या वाघ म्हळ्यार मानवतेचो जागोर अशें म्हणचें पडटलें. ताच्या एकंदर प्रवासाचेर नदर मारल्यार विष्णू हो भूतकाळांतली किंकाळी, वर्तमानांतली गर्जना आनी भविश्याची वाणी जावन आसा.”


## 10. 3 फोटो दालन

**धरणगाज**






**तीन पैशांचो तियात्र**






**सुंवारी**





सुंवारी नाटकांतलो आर्जेंत कॉश्त आनी पमा



| सुंवारी नाटकान क्रांतीराजाचे भुमिकेंत विष्णू सुर्या वाघ | श्रीधर कामत बांबोळकार आनी विष्णू सुर्या वाघ |
|---|---|
|  |  |

**समाजीक कार्यावळींनी उलयतनाचो एक खीण**

